मेघ-मल्हार

चंद्रकांत केणी

[illegible]

मेघ मल्हार

मेघ मल्हार

चंद्रकांत केणी

चंद्रकांत केणी सत्कार समितीचें प्रकाशन

Megha Malhar
(Konkani Short Stories)

मेघ मल्हार

पयली आवृत्ती :
२६ नोव्हेंबर, १९९४

अधिकार :
लेखकाकडेन

मुद्रक :
ओमेगा एन्टरप्राएझेस,
११५८, विद्यानगर, मडगांव गोंय ४०३-६०१

प्रकाशन :
अनंत नरसिंह नायक,
अध्यक्ष, चंद्रकांत केणी षष्ठ्यब्दिपूर्ति सत्कार समिती,
'तीर्थरूपा', न. दा. नायक मार्ग,
आकें, मडगांव - ४०३ ६०१

मुखचित्र :
श्रीधर कामत बांबोळकार

मोल : ५० रुपया

चंद्रकांत केणी षष्ठ्यब्दिपूर्ति सत्कार समितीन उजवाडायिल्ले हे आवृत्तीच्या वितरणाचे सगले अधिकार 'कुळागर प्रकाशन' हे संस्थेक दिल्ले आसात.

दोन उतरां

लेखकाचो खरेलो गौरव तागेल्या अप्रकाशित साहित्याच्या प्रकाशनांत आसता. देखून आमचे मित्र श्री. चंद्रकांत केणी हांचे षष्ठ्यब्दिपूर्तीच्या प्रसंगाचेर तांचीं कांय अप्रकाशित पुस्तकां उजवाडावपाची एक येवजण आमी आंखली. ते येवजणेखाला 'मेघ मल्हार' हो तांगेल्या कथिकांचो संग्रह उजवाडाक येता, हाची आमकां खोस भोगता.

हो कथिका संग्रह वाचकांक आनंद दितलो आनी कोंकणी साहित्याचे समृध्दींत भर घालतलो असो आमकां भरवंसो आसा.

'तीर्थरूपा',
न. दा. नायक मार्ग,
आकें, मडगांव.
ता. २६ नोव्हेंबर, १९९४

अनंत नरसिंह नायक
अध्यक्ष,
चंद्रकांत केणी षष्ठ्यब्दिपूर्ति सत्कार समिति

‘कथिके’ विशीं...

‘कथिका’ म्हळयार कितें? ह्या प्रस्नाची जाप अजून म्हज्यान सारकी दिवंक जावची ना. फाटलीं तीन वर्सां हांवें हो साहित्यिक प्रयोग चलयला. पूण कथिकेचो म्हजे कल्पनेतलो तोंडावळो अजून म्हाका संवकळीचो जावंक ना. कथिका बरोवपाचें तंत्र गावतां गावतां म्हज्या हांतातलें गळसणून पडटा आनी बरोवंक घेतिल्ली कथिका केन्ना कथेचें, केन्ना निबंधाचें ना जाल्यार अनामी गंद्य प्रकाराचें रूप घेवन बसता.

व्याख्या होलमना, कल्पनेतलो आकार अजून निराकार आसा, तरी ह्या साहित्य प्रकाराक बरो फुडार आसा हे विशीं म्हज्या मनांत दुबाव ना. नव्या युगाची कथा कशी आसतली असो जेन्ना हांव विचार करतां, तेन्ना ‘कथिका’ हेंच कथेचें युगानुरूप स्वरूप अशें म्हाका दिसूंक लागता.

कथिका म्हळयार पूर्ण कथा न्हय. एके ल्हानशे बियेपसून म्हारूख जावं येता. कथा ही लेखकाच्या मनांत रुजता, वाडटा, फुलता आनी फळटा. कथिकेचें बीं मनांत रुजतां-रुजतां लेखक तें वाचप्याच्या मनांत पावयता आनी आपूण फाटीं सरता. त्या बियापसून कसले तरेचें झाड जातलें, ताचें रूप, ताचो रंग-गंध कसो आसतलो हें वाचप्याची प्रकृती, तागेले संस्कार, ताची वृत्ती आनी ताचे भोंवतणचें वातावरण हांचेर आदारून उरता.

कांय कथिकांचो एक संग्रह ह्या आदीं हांवें उजवाडायलो आनी त्या संग्रहाक रसीक वाचकांनी बरो येवकार दिलो. त्या अणभवाक लागून हो दुसरो संग्रह उजवाडावपाची प्रेरणा म्हाका मेळूंक पावली. तातूंतय म्हजे षष्ठ्यब्दिपूर्तीच्या निमतान म्हगेली कांय अप्रकाशित पुस्तकां उजवाडावपाची येवजण म्हज्या लागशिल्ल्या मित्रांनी आनी इश्टांनी आंखून आर्थिक भार उखलिल्ल्यान हें पुस्तक इतले बेगीन उजवाडाक येवंक पावलें. कोंकणी कथेंत विविधताय हाडपाचे भावनेन फाटलीं तीस-पस्तीस वर्सां हांव तरेकवार प्रयोग करीत आयलां. अशा तरेच्या कांय वेंचीक, मनाक ओड लावपी, कल्पनेक आव्हान दिवपी आनी वाचकाचे सृजनशक्तीक साद घालपी कांय कथिकांचो हो संग्रह. हांवें केल्ल्या प्रयोगांची वाचकांनी आस्थेन आनी लक्तुबायेन नोंद घेतल्या. ह्या नव्या प्रयोगाकय तांचेकडल्यान दाद मेळटली अशी आस्त बाळगितां.

मडगांव,
२६ नोव्हेंबर, १९९४

-चंद्रकांत केणी

मांडावळ

१.	मेघ मल्हार	...	९
२.	वळख	...	११
३.	कळो	...	१४
४.	भावार्त	...	१७
५.	केंसांचें धन	...	१९
६.	माजर	...	२२
७.	अरुंधती	...	२५
८.	एकवट	...	२७
९.	आलवांतीण	...	३०
१०.	घोंट	...	३३
११.	स्ट्रोक	...	३५
१२.	फुलां	...	३८
१३.	कुकूम	...	४१
१४.	झणझण	...	४३
१५.	तिळो	...	४५
१६.	जात्रा	...	४९
१७.	मनीस	...	५२
१८.	ख्यास्त	...	५३
१९.	केळ	...	५७
२०.	ती	...	५९
२१.	याद	...	६१
२२.	योग	...	६५
२३.	भेळ	...	६७
२४.	झाड	...	७०
२५.	ओले कण	...	७२
२६.	कांय घडलें ना!	...	७५
२७.	मिली	...	७७
२८.	नदर	...	८०
२९.	सांवर	...	८३
३०.	ती खंय?	...	८५

३१.	उस्मान	...	८८
३२.	टेलिफोन	...	९१
३३.	लिफ्ट	...	९३
३४.	बावली	...	९५
३५.	गंधा	...	९७
३६.	सत्री	...	१०१
३७.	लग्न	...	१०४
३८.	बिराड	...	१०६
३९.	आल्सेशियन	...	१०९
४०.	मोगरें	...	१११
४१.	देवतेचें मळ	...	११३
४२.	जोडें	...	११५
४३.	फूल	...	११८

❊

मेघ मल्हार

भर दनपारच्या वेळार आकांताचें वारें सुटलें. सुट्येचो दीस आसलो आनी तुकाराम पोरसांत काम करतालो. नव्यानच बांदिल्ल्या ताच्या घरा फाटल्यान उक्तो जागो आसा. ह्या पावसांत थंय शाकभाजी, फुलां आनी फळांचे रोपे रोवपाची येवजण ताणें आंखिल्ली. दुदनी, तवंशिणीखातीर ताणें माटोव घाल्ले. घोसाळ्याच्यो बियो हाडून दवरिल्ल्यो. पडोळीं आनी भेंडेय ताणें रोयिल्ले. पावस येईसर शिंपचें पडटलें. एक खेपे पावस येतकच आपलें पोरसूं रसरशीत वाडटलें म्हणपाचो ताका भरवंसो आसलो.

शारांत नोकरेक लागत सावन एक ल्हानशें घर बांदपाचें सपन ताणे आनी ताचे बायलेन खूब वर्सां आदीं रंगयिल्लें. भविष्य निधीच्या खात्यांतल्यान पयशे काडिल्ले आनी सरकारी रीणय घेतिल्लें. घराच्यो वणटी वयर चडटां चडटां वतांत धुकें विरगळून वचचें तशे पयशे खर्चूंक लागले तेन्ना श्रेयान आपलें स्त्रीधन ताच्या मुखार दवरिल्लें.

"ना, तो अधर्म हांव केन्नाच करचों ना." तुकारामान आपले बायलेक सांगिल्लें.

"हातूंत अधर्म कसलो?" श्रेयान घोवाक परतें विचारिल्लें, "तूं कांय व्यसनाखातीर हें भांगर विकिना. कोणाक दानय दिना. घराक घाल्ले पयशे म्हळयार गुंतवणूकच. आमी दोगांय जोडटात. देवान बरें केलें जाल्यार फुडें भांगर करूं येत."

बायलेच्या शाणेपणाची ताका सदांच लक्तुबाय दिसत आयल्या. त्या दिसाय ती दिसली आनी ताचे दोळे भरून आयले. संत तुकारामाच्या चरित्रांत असोच एक प्रसंग ताणे वाचिल्लो. संताची बायल वयलेचाराखातीर तरी खाश्ट आसली. पूण एकाद्र्या नाजूक खिणाक ती तापिल्ल्या तव्यावयल्या लोणयाच्या गुळयासारकी कळवळटाली. श्रेयाची गजाल वेगळी. इतली शाणी, इतली गुणी बायल आपल्याक मेळ्ळया हें आपलें परम भाग्य अशें तुकाराम मानतालो.

पोरसांत काम करतां करतां तो प्रसंग ताच्या दोळयांमुखार उबो रावलो आनी परत दोळयांच्यो कडो ओल्यो जाल्यो. रांदचे कुडींत आयदनांचो आवाज येता. खंयच्याय खिणाक श्रेयाचो उलो कानार पडटलो हें तो जाणा. सकाळच्यान ती रांदचे कुडींत बोवाळटा. सुट्येच्या दिसा अशेंच घडटा. दोगांय सांगातान जेवतलीं. सुख-दुख्खाच्यो गजाली करतलीं. फुडाराचीं सपनां रंगयतलीं आनी उपरांत सगली दनपार सुस्तावन सारतलीं.

अचकीत वारो आयलो आनी तुकारामाल्या उकत्या घामेल्ल्या आंगांत सुखदिण्यो संवेदना झणझणल्यो. ताणे नदर वयर करून पळयलें. सूर्य पूर्ण तेजान चकचकता. उदेन्तेकडल्या क्षितिजाकडलें मळब निवळ आसा. पूण अस्तंत आनी दक्षिणेकडल्यान क्षितिजाचेर काळीं कुपां दाटूंक लागल्यांत. आनी व्हांवत्या वाऱ्याचे गतीन तीं पुराय मळब

व्यापून उडोवपाच्या हावेसान फुडें सरकत आसात.

एक आळें खणपाचें उरलां. तितलें खणून जालें म्हणटकच भितर येतलों आनी थंड शावर आंगार घेवन वताचो धग धुवून काडटलों, अशें येवजितासर मळबांतल्यान थेंबे झडूंक लागले.

परत तकली वयर करून पळय जाल्यार पावशी कुपांनी सुर्याक धांकून उडयला आनी पावसाची एक व्हडली दडक नैऋत्येचे दिशेन फुडें सरकत आसा. टोळधाड येवची तशी ताका ती दडक दिसली आनी बेगीन ताणें खोरें, कोयती उखलून घरांत पावल दवरलें. ते मेरेन तो भिजलोच.

घरांत येवन पळय जाल्यार भायर घोग्यांनी पावस रकता आनी आकांताचें वारें सुटलां.

रांदचे कुडींत मिक्सर चलतालो. ताका लागून ताणें मारिल्लो उलो श्रेयान आयकूंक नासलो.

"श्रेया, भायर यो. पयलो पावस कसो वाजत गाजत आयला पळय! म्हादेवाचें असलें तांडव नृत्य सदांच पळोवंक मेळना."

तो फुडल्या व्हारांदांत केन्ना पावलो तें ताचें ताकाच कळ्ळें ना. उजवाडाचीं किर्णां कुपाचे फाटीर चाबकाचे धपके मारतालीं. एका एका धपक्यासरशीं कुपाची फाट फुटून तेजाच्या रगताच्यो शिळक्यो उसळटाल्यो आनी मागीर कुपांचो गडगड. आकांतून काळीज पिंजून तीं रडटात, अशें दिसतालें. इतलें भव्य दिव्य नर्तन मळबांत चल्लां आनी श्रेया दनपारचें जेवण रांदचे खातीर रांदचे कुडींत बंदिस्त जावन रावल्या ही कल्पनाच ताका सोंसली ना. श्रेयाक ताणें व्हडान उलो मारलो, "श्रेया!"

घरांतली वीज गेली आनी मिक्सर बंद पडलो. घोवालो उलो श्रेयाच्या कानार पडलो. ती धांवत फुडल्या दारांतले गॅलरींत आयली.

थोड्याशा आकांतान आनी थोड्याशा अजापान तिणें घोवाक विचारलें, "कितें जालें?"

"कितें जावंक ना म्हणून विचार. वाजत गाजत पर्जन्यराज दारांत आयला आनी तूं रांदचे कुडींत बसलां...! चल सात वातींचें निरांजन पेटोवन ताका येवकार दी."

तुकारामान मेघ मल्हाराचो सूर आळयलो.

कच्... कच्... कचांयंच!

...गड ...गड ...गडांयंच!!

"आवयस्!" श्रेयान भियेवन दोनय कानांनी बोटां घालीं.

अचकीत वाऱ्यान उग्र रूप धारण केलें. मुखारच एक माड आसा. आंगान बरो पुश्ट आनी कवळांत सात पेंडी फुटल्यांत. तुकाराम त्या माडाक सदांच तोखेता. घराची जाग आनी धनयाची माया हाका लागून माडासारकें झाड सुखावलें जाल्यार अजाप ना. पूण आतांच्या वाऱ्यान तो माड विचित्र तरेन धोलूंक लागलो. आकांतून तो आदाराखातीर साद घालता अशें तुकारामाक दिसलें. तो गंभीर जालो.

हें वारें वेगळेच तरेचें. दर्याचे वेळेर वाऱ्या सांगातान धोलत धोलत कवाथ्याचो माड जाल्ल्या झाडाक वाऱ्याची केन्ना भिरांत दिसना. पूण हें वारें वेगळें. पळयतां पळयतां मुखावयल्या घराचे नळे उडून गेले. कुशीचो पणस मागूस फळांनी कुचकुचीत भरिल्लो तो उबोच फाळून एक अर्द तुटून पडलें. कितें जाता तें कळचे आदींच त्या पुश्ट माडाचो कवळ

चुडटांसयत भोंवऱ्यावरी घुंवलो आनी सुमार शंबर मिटर पयस आशिल्ल्या उकत्या मळाचेर वचून पडलो!

असलो देखाव तुकारामान आदीं केन्नाच पळोवंक नासलो. मेघ-मल्हाराचो सूर आपसूक विरून गेलो आनी ताचें उकतें तोंड उकतेंच उरलें. ही सादी सुदी घडणूक न्हय. हें एक वादळ, चक्रीवादळ म्हणपाचें ताच्या लक्षांत येवंक लागलें. हे आदीं ताणें वादळाचीं वर्णनां वाचिल्लीं आनी सिनेमांनी वादळाचे देखावे पळयिल्ले.

ते अवस्थेंतय ताका त्या माडाची लक्तुबाय दिसली. धडापसून तकली वेगळी जाल्ले अवस्थेंत तो मोडको माड आजून उबो आसा. केदी शिकस्त केली आसतली ताणें! तो कवळ घराचेर पडिल्लो जाल्यार केदो आकांत जावं येतालो!

पावसाचो नेट वाडलो. पिसाविल्लो वारो अदीक नेटान व्हांवंक लागलो. श्रेयान घोवाच्या हाताक धरून ताका भितर हाडलो. दार बंद केलें.

ती कांय उलयना आसली. भियेल्ल्या माजरावरी ती फकत घोवाकडेन पळयत रावली. तुकारामाचो लेगीत ह्या वेगळया अणभवान आवर.. उडिल्लो. एके तरेन ताची वाचा धरिल्ली.

चक... चक... चकांयच...

गड... गड... गडांयच...

पयलो पावस, पूण त्या पावसाच्या लोटा सांगातान तुकारामाची खोस व्हांवन गेल्ली... मातयेचो घमघम घेवपाची उमेद वादळा सांगातान उडून गेल्ली.

मेघ-मल्हाराचो सूर गळयांतच विरिल्लो... आपूण गायलों आनी पावस आयलो असो एक समज ताचे मतींत रिगिल्लो!

*

वळख

बोरीबंदर स्टेशनावयल्यान डेक्कन क्वीन सुटली तेन्ना पयल्या वर्गाच्या डब्यांतले सगळे सीट भरिल्ले. गाडी हाल्ली आनी आनंद डब्यांत चडलो. हातांतले तिकेटीचेर डब्याचो आनी सिटाचो नंबर बरयिल्लो आसलो. ताका दिशिल्लें, खंय तरी आपलो सीट रिकामो आसतलो. एक धांवती नदर ताणें डब्यांतल्या सिटांवयल्यान भोंवडायली. एकूय रिकामो सीट ना. आपूण डबो चुकलां असो ताका दुबाव आयलो.

गाडयेचो वेग वाडलो तसो डब्याक झटको बसून सिटांच्या रांगांमदीं उबो आशिल्लो आनंद लकलो. ताणें आपणाक सांवरून घेतासर टी. सी. भितर सरलो. तिकेट दाखोवन ताणें टी. सी. क आपलो डबो खंय आसा अशें विचारलें.

"होच." तागेली तिकेट पळोवन टी. सी. न जाप दिली.

सीट नंबर एकवीस. आनंदान परत एक खेपे नंबर सारको पळयलो आनी आपल्या सिटाचेर बशिल्ल्या दुसऱ्या मनशाक हटकिलो. जनेलांतल्यान भायर पळयत बशिल्ल्या त्या मनशान आदीं जाप दिली ना. पूण जेन्ना आनंदान ताका हात लायलो तेन्ना कांय एक

उलयना आसतना तो सिटावयलो उठून उबो रावलो आनी डब्यांतलो भायर गेलो.

आनंद वचून आपल्या सिटाचेर बसलो. जनेलाकडचो सीट. आपलो जागो आपणाक मेळ्ळो हाची खोशी ताका जाली. शेणिल्ली वस्त परत मेळपासारकीच खोशी ती!

ताच्या दाव्या हाताकडेन कितेंशें उळउळ्ळें. ताणें कुशीक पळयलें. कुशीच्या सिटाचेर बशिल्ले बायलेले साडयेचो पदर वाऱ्यान फडफडटा आनी आनंदाच्या दाव्या आंगाक आपटता. ती वाचपांत गुल्ल.

मुखावयल्या सिटाचेर एक दादलो बसला. मध्यम वयाचो. कानसुलांकडेन ताचे केंस पिकल्यात. पूण माथ्यावयले काळे कुळकुळीत. माजरासारक्यो ताच्यो मिश्यो. त्यो धव्यो फुल्ल. कित्याक कोण जाणा, पूण तो रुपडें घालून बसला अशें आनंदाक दिसलें. आनंदान त्या मनशाक बारीकसाणेन निरखिलो. मोठ्ठे वाटकुळे दोळे, रुंद दाट भुंवयो...

एका खिणाखातीर दोगांच्योय नदरो एकमेकांक भेटल्यो. ताणें आनंदाक म्हळें, "तुजी आडखळ नासत जाल्यार आमी सीट बदलुया?"

"म्हजी हरकत ना" अशें म्हणून आनंदान कुशीक बशिल्ले बायलेकडेन पळयलें. पुस्तकांतली नदर भायर काडून तीय आनंदाकडेन पळयताली. ती निखटी हांसली. त्या हांशांत विनंती आसली... त्या हांशांत उपकाराची भावना आसली.

जाग्यांची अदलाबदल जाली. येदोवेळ आपूण खांकडून बशिल्लों अशें आनंदाक दिसलें. मेकळेपणान ताणें हात रुंदायले आनी पांय सोडले आनी मुखार पळयलें.

तीं दोगांय एकामेकाकडेन फुतफुततालीं. तो तिच्या कानाकडेन तोंड व्हरून कितें तरी सांगतालो आनी ती हांसतां हांसतां आपले कान सांसपिताली. आनंदाक दिसलें, तागेल्यो मिश्यो तिगेल्या कानाभोंवतणीं उळउळ्ळयो आसतल्यो...

ल्हवूच ताणें कसलो तरी विनोद केलो. काय तिका कातकुतल्यो केल्यो? ती व्हडाव्हडान हांसूंक लागली. हांसता हांसता साडयेचो पदर पोशांत घेवन तिणें तोंड लिपयलें. लजेन तिचीं कानसुलां गुलाबी जाल्लीं. तो संतुश्ट मनान भितल्ले भितर हांसतालो. आनंदाक ओगीच दुबाव, तीं आपणाक हांसनात मूं?

लिपयिल्लें तोंड तिणें वयर काडलें आनी एक चोरटी नदर आनंदाचेर फिरायली. ते नदरेंत एक साद आसा अशें आपणाक कित्याक दिसलें तें आनंदाक कळ्ळें ना. पूण वे अर्द खिणाचे नदर भेटीन आनंद सुखावलो. आनीक कांय नासलें जाल्यार फुडलीं साडे तीन वरां हो सुखदिणो आपालिपाचो खेळ आसतलो असो अदमास आनंदान केलो. आनी नदर भायले वटेन व्हरपाचो यत्न केलो.

गाडी आतां नेटान धांवता. दोळयांमुखावयलीं दृश्यां आकार मतींत थिरावचे आदींच नदरेआड जातात. नदरेमुखार रावताली ती... चोरटी नदर. तो सूचक हांसो. तो साद. परत नदर भितर घेता आनी तिचेवटेन व्हरतासर ताका कळटालें, आपले वयली नदर आतां तिणें कुशीक काडल्या आनी ओगीच कितेंय तरी उलोवंक जाय म्हणून ती त्या दादल्याकडेन उलयता.

तो दादलो... ती बायल. इतलेंच तांचें नातें? घोव आनी बायल...? दोगांचे सीट वेगळे कशे पडले? निमाणें घटकेक रिझर्वेशन केलें देखून आसुये. काय डब्यांत चडटकच तीं एकामेकांक मेळ्ळीं?

परत तिणें आनंदाकडेन पळयलें. तो तिज्यांत शेणून गेल्लो. ताका भोंवतणच्या संवसाराचो विसर पडिल्लो आनी ती कितें तरी सोदताली. चोरटे कटाक्ष भोंवडावन ती नातें जुळयताली...? शेणिल्ली वळख नव्यान सोदताली?

अचकीत काळजाच्या खंयच्या तरी एका कोनशाक काजुलो चकचकचो तसो अंधूक उजवाड फांकलो आनी आनंदाक दिसलें, आपूण तिका वळखतां. केन्नाच्यान? आमी खंय मेळिल्लीं? तिचें नांव कितें...? ती रावता खंय? करता कितें?

एकाय प्रस्नाक आनंदाकडेन जाप ना. तकलेक ताण दिवनय ताका कांयच येवजना. पूण तिका पळयतां पळयतां दिसूंक लागता, आपूण तिका वळखतां हें खरें. खूब लागींची वळथ. खूब आदली वळख. आपले भाशेनच तिची आवतिकाय जाल्ली आसतली. तिका लेगीत अजाप दिसता आसतलें, आजून आपूण तिका कसो हटकिना... वळख कशी दाखयना?

तिणें परत पुस्तकांत नदर थिरायली. केंसांचो एक मस्तो पोड भोंवन भोंवन तिच्या दोळयांर येता आनी तिच्या पोल्याक कातकुतल्यो करून तिच्या वाचनांत आडखळ हाडटा. ती पुस्तकांतली नदर कुशीक काडिना आसतना उजव्या हाताच्या बोटान तो पोड फाटीं सारता आनी उपरांत त्याच बोटान पोलो सांसपिता. पूण मस्तो पोड परत तिका पिडूंक येता.

ती तो पोड बोटा भोंवतणी गुठलायता आनी सदचें संवयेन करचें ते भाशेन आपल्या ओंठांमदीं धरता.

आनंद थीर नदरेन तिका पळयता. अचकीत ती दोळे तिरशे करून आनंदाकडेन पळयता आनी ल्हान भुरग्याली चोरी धरतकच आवयन हांसचें तशी हांसून ओंठांतलो केंसांचो पोड सोडटा. बोटांतले विळखे तशेच दवरून आपलो सकलो ओंठ दोनय बोटांमदीं धरता.

आनंद बेगिबेगीन नदर जनेलांतल्यान भायर काडटा. पूण ताची अस्वस्थताय थांबना. तो मुखावयल्या दादल्याक हात लावन विचारता, "तुमी खंय वतात?"

"खंडाळा." तो जाप दिता आनी आनंदाकडेन पळयना आसतना तिच्या कानाकडेन तोंड व्हरता.

हे खेपे मात आनंदाक दिसता, ताणे आपले विशीं तिका कितें तरी सांगिल्लें आसूंक जाय. तिची प्रतिक्रिया पळोवंक तो तिचेर नदर थिरायता. पूण ती ताचे कडेन पळयना. एकदम गंभीर जाल्ले भाशेन पुस्तक बंद करता; केंस सारके करता. आपल्या सिटारच घोळून बसता... फाटीवयलो पदर फुडें घेवन तो आंवुळटा.

त्राशीक नदरेन ती मनगटाचे घडयाळींत पळयता आनी हाताचेर कपल तेंकोवन ल्हवू दोळे धांकता.

एक अनवळखी अस्वस्थताय आनंद अणभवता. डब्यांत फेरीवाले येवन वतात. रेस्टॉरण्टाचे बेअरर ऑर्डर घेवन वतात. एक च्या मागोवची अशें आनंदाक दिसता. घडये हुनहुनीत घोंट घेतकच अस्वस्थताय सोंपतली अशें तो येवजिता. बेअरराक आपयता.

"तुमी च्या घेतले?" तो त्या दादल्याक विचारता. आपणें थोडेशें आंगतूकपण केलें

अशें ताका मनांतल्या मनांत दिसता.

तो तिका विचारता, ती आनंदाकडेन पळयता. हे खेपे मेकळेपणान हांसून म्हणटा, "नाका, गाडी खंडाळाक पावचेली जाल्या. थँक्स."

ती जाप आयकून आनंद सुखावता आनी बेअरराक म्हणटा, "कांय नाका."

"तूंय खंडाळाक देंवता?" तिगेलो प्रस्न.

"ना."

"मागीर च्या कित्याक घेना?" हो प्रस्न ताणें विचारलो.

"च्याची गोडी ताच्या फ्लेवरांत थोडी आसता, चडशी कंपनीत." हांसून आनंद जाप दिता.

ती लजेली? काय तशें आनंदाक दिसलें? तिणें अर्दो हांत तोंडार धरून हांशिल्ले भाशेन केलें.

गाडी खंडाळा स्टेशनांत भितर पावली आनी ती पुरती थांबचे आदींच तीं दोगांय उठून दाराकडेन गेलीं.

आनंद तिचे फाटमोरे आकृतीचेर नदर थिरावन आसलो. देंवचे आदीं तिणें नदर घुंवडावन आनंदाकडेन पळयलें आनी ती गोड हांसली. तोच साद घालपी हांसो!

*

कळो

भायले वाटेन घोग्यांनी पावस रकता. कुडीच्या जनेलांतल्यान नळयां वयल्यान गळटल्यो उदकाच्यो पांवळयो दिश्टी पडटात. जनेला भायर एक दसणीचें झाड आसा, जाका एका अर्दान नळयांवयल्यो पांवळयो आनी दुसऱ्या अर्दान झडटल्या पावसाच्यो धारो सोंसच्यो पडटात. पूण झाडाची कागाळ ना. पावसा सांगातान वारो येता तेन्ना मात तें भियेवन आकुळ-पिकूळ जाता. कोणाकय काकुळट दिसची अशी ताची दशा पळोवं नज जाता. वाऱ्या सांगातान ताच्यो ताळयो एके दिशेन व्हांवत वतात आनी तितल्याच नेटान परत्यो दुसरे दिशेन ओडत वतना धडापसून तुटून पडटल्यो काय दिसतात. पूण त्या आकांताच्या वेळार दसणीच्या त्या ल्हानशा झाडाक आदार कोण दितलो? ताच्या उल्याक कोण धांवन येतलो?

कुशीक आंब्याचो रूख आसा. एका मनशाची वेंग धडाक पावचिना इतलो रुंद. चारय दिकांनी आपल्यो खांदयो पातळावन तो धर्तरेक सांवळी दिता. कितलीं गोरवां, कितलीं मनशां, कितलीं सवणीं ते सावळेक येवन बसतात! वेळार ताची बडाय पळोवची. वाऱ्यान कातकुतल्यो केल्लेवरी तो आपल्यो खांदयो मंद झुलयता आनी वाऱ्याचो इश्ट जावन आसरो घेवंक आयिल्ल्यांक आयणो धरता.

शियाचे दीस लागीं पावले म्हणटकच आंब्याचो भार पळोवंक जाय! जेन्ना तो चंवरता तेन्ना त्या परमळान पुराय वाठार धुंद करून उडयता. तसल्या वेळार ताका मदींच केन्नाय दसणीची मस्करी करीनशी दिसता. तो एकाद्रें पिकिल्लें पान तिच्या आंगार झडोवन

तिका अचळय जागयता आनी विचारता, “खूब दीस तूं कुळारा गेली ना. आनी कुळारचो कोण तुजे खबरेक आयलो ना.”

आपल्या कुळाराचो आंब्याक कितलोसो हुस्को हें दशीण नकळ अशें न्हय. पूण मर्माचेर बोट दवरपाची कला आंब्या रूखाक बरी सादल्या. ताणें कुळाराचो उगडास काडिनाफुडें ती दशीण कुळाराचे यादीन पिशी जाता. आनी आंब्यारूखा कडेन पोटभर गजाली करून समादान मानता.

“हांगा तुका कांय भंय ना गे.” आंब्यारूख तिका धीर दिता. “दिसाचो, रातचो तूं केन्नाय उलो मार, आमी तुज्या उल्याक धांवन येतले इतलो विस्वास दवर. हांव एकोडो ना. हो पळय माड आसा. पलतडीन वडाचो रूख आसा. जाणटी पेर तुजे कुशीकच उबी आसा.

ह्या उतरांनी दसणीक सदांच धीर मेळचो. पूण त्या पावसा सांगातान आयिल्ल्या वादळान ह्या रूखांची आनी महारूखांची आवतिकाय पळयतकच दसणीचो आवरो उडटा. गांवच्या वीर शिपायान सदांच गांवांत बडाय मारची आनी गांवचे शिमेर शत्रू पावनाफुडें वाट फुटत थंय पळ काडचो तशी तांची अवस्था पळोवन दसणी झाडाक भियेल्ले अवस्थेंत लेगीत तांची काकुळट दिसूंक लागता. तांच्या धिरार आपणें जगपाचें अशें म्हणपाची आतां माणसुकी उरूंक ना. जण एकलो आपल्या नशिबानच जगतलो वा मरतलो अशें ती मानता.

जनेलाकडेन उबी रावन ती पावस नियाळटा. झाडा-रूखांची भास समजल्ले भाशेन तांचें म्हणणें आयकून घेता. पूण आपलें म्हणणें ती कोणाक सांगिना. कित्याक कोण जाणा, तिका ह्या पयसुल्ल्या गांवांत आपली अशी दिसता ती दशीण. कुडीच्या जनेलाभायर वतांत तापून, शिंयांत आंखडेवन आनी पावसांत भिजून ती आपल्याक सांगात दिता. आपलें बरें जावचें अशें मागता. देखूनच ती दसणीच्या झाडाकडेन इतली एकरूप जाल्या. दसणीच्या झाडाची भास तीच उलयता आनी तीच आयकता.

फाटले वाटेन कोणाच्या तरी पावलांचो आवाज आयलो. एकदम तिणें आंग काडलें. थरथरतल्या दसणी झाडाक “राव आं; कोण आयलो पळयतां” अशें खुणायलें आनी नदर फाटल्यान केली.

धा वर्सांची धाकली नणंद. ह्या घरांत येतसावन ती सांवळी कशी आपणाचेर पाळत दवरता अशें तिका दिसता. कुळारचे यादीन एकाद्र्या वेळार दोळो [illegible]ो जालो जाल्यार वयनी रडटा म्हणून ती घरभर बोवाळ करता. मागीर सगळें घर तिचेसरीं येता. एकांतांतलीं सपनां थंयच भंगतात. लटकी लज आनी लटकी खोशी तोंडार हाडून कांयच घडूंक ना अशें सांगचें पडटा.

“वयनी, जनेल बंद कर; वावझड भितर येता.” नणंद भावजेक सांगता.

“ही वावझड तोंडार घेतली जाल्यार तोंड गोरें जाता. तूंय यो, हांगा उबें राव.” ती ताका लागीं आपयतां.

“खरें म्हणटा?” दुबावान नणंद विचारता आनी लागीं येता.

भायले वाटेन पावसाचो नेट वाडला. ताका वाऱ्याचो सांगात मेळ्ळा. कर कर केरांयच... आवाजासरशीं नणंद भावजेक वेंग मारता. मुखावयल्या वडाची एक खांदी

तुटून जमनीर पडटा. घडांयच करून आवाज येता... तो छाती धडधडावन उडयता.

"या आमी हांगाचीं. जनेल बंद कर." नणंद रडूंक लागता.

दुसरो उपाय नासून ती जनेल आड करता. मनांत खंय तरी एक खंत उरता, दसणीच्या झाडाक भायर पावसांत एकलेंच दवरलें. त्या वेळार तरी ताका आपलो सांगात जाय आसलो.

नणंद भितर वता आनी ती परत जनेलाकडेन येवन उबी रावता. भायल्या वाठाराकडेन कान दिवन आयकता. पावसाचो नेट उणो जाला. वारें थांबलां. ती परत जनेल उकतें करता. मळबांत सैमाचो आपालिपाचो खेळ चलला. दोन कुपांमदीं उरिल्ले ल्हानशे चरींतल्यान सुर्याचीं किर्णां धतरेर पावल्यांत आनी तीं थेट भायले वाटेन आशिल्ले दसणीच्या आंगार खेळटात.

प्रियकराच्या स्पर्शान आंग थरथरचें तशी ती दशीण शिरशिरता. आनी अचकीत तिगेली नदर ते खांचींत वता... ते खांचींत जंय एक कळो फुलला.

कळो काय दोडिल्लें पान? भायले वटेन वचून आपणें हातांनी सांसपून पळोवचें अशें तिच्या मनांत येता. पूण नवी व्हंकल अचकीत भायर सरून पोरसांत कशी वतली? नदरेनच ती दसणीचें सगळें आंग तपासून घेता. ओगीच तिका दिसता, तिची कांत रसरशीत जाल्या. पानांमदीं एक नवी टवटवसाण आयल्या.

तो छंद तसोच उरता.

दुसऱ्या दिसा एक हळडुवें सवणें आंब्यावयल्यान उडून दसणीचेर येवन बसलें आनी आतां आकार घेवंक लागिल्ल्या कळयाच्या मुळांत आपले माणकुले चोंचीन कितें तरी उस्तूंक लागलें. सुंदर-गोमटें सवणें. पूण ताणें कळो खावन उडयलो जाल्यार? तिणें सवण्याक आमुडलें. तिगेल्या आवाजान सवण्यान आंग काडलें, तरी उडून गेलें ना.

झाडाची एक खांदी जनेला लागसार आयिल्ली. तिणें ती ल्हवू ओडून घेतली आनी दसणीचें झाड मंद हालयलें. आंगावयलें पावसाचें उदक थेंब्याच्या शिंवरान झडलें आनी पुराय झाड कडकडलें. एक शिरशिरो तिच्या आंगांतल्यान देंवंक लागलो. दुसऱ्याच खिणाक तें सवणें चिंवचिंवलें. संगिताची एक लकेर आनी ओलीं पांखां फडफडावन ताणें सुकयलीं आनी दिगंताचे दिशेन उडून गेलें.

"तुका हांवें त्रास दिवंक नात." ती दसणीक सांगूक लागली. "त्या सवण्याक धांवडावंक हांवें खांदयो हालयल्यो. कित्याक जाणा, तुज्या कळयाक दुखी लागची न्हय म्हणून."

आपली भास दसणीक समजली अशें तिका दिसलें. ओलसार पानां वतांत हालोवन दशीण मुमुरखी हांसली. ...ती तृप्तीचें समाधान घेवन ती हारशामुखार येवन बसली.

आपल्यांत कितेंय तरी बदल घडटा... दसणीभाशेन आपल्या आंगारय कळो धरता अशें तिका दिसलें. त्या भासासरशीं ती लजून द्राक्ष जाली. आपल्या पडबिंबाक नदर दिवपाची लेगीत तिका लज दिसूंक लागली.

*

भावार्त

"आजय म्हज्या सपनांत ती परत आयली..." तिणें म्हळें.

हातांतलो पेपर सकयल दवरून ताणें रागीट नदर बायलेचेर थिरायली.

तो कांय उलयलो ना. पूण तागेले मोठे दोळे पळोवन ती समजुपाचें समजली. ताच्या मुखावयलो च्याचो रिकामो कप घेवन मोन्यांनी भितर गेली. तरी कुडीच्या हुमराकडेन पावतां-पावतां दामून धरिल्लो हुडको फुटलोच.

हुडक्याच्या आवाजा सरशीं ताणें तिचे वटच्यान पळयलें. पदराचो बोळो तोंडात कोंबून ती तुरतुरीत भितर गेली.

कितें करचें तें ताका समजना जालें. फाटले आठ दीस तांचेमदीं एक संवाद चलतालो. सुरवेक ताणें तिका समजावपाचो यत्न केलो. पयले खेपे तिणें समजल्ले भाशेन केलें. दुसरे खेपे तिणें इल्लो हट्ट धरलो तरी तो तापलो ना. तिका म्हऱ्यांत बसोवन ताणें म्हळें, "जें कितें करपाचें तें थंडसाणेन करुंया. तूं ओगीच काचाबूल जावं नाका. म्हाका सांगलें म्हणटकच तुजी जापसालदारकी सोंपली. फुडें कितें करपाचें तें हांव पळयतां."

त्या वेळार ल्हान भुरग्याभाशेन तिणें तकली हालयली आनी ताचो दावो हात आपल्या दोनय हातांनी घट धरून पोल्याकडेन व्हेलो. ताका दिसलें तितल्यान प्रस्न सोंपतलो. पूण चौथ्या दिसा परत तीच खबर. सकाळीं उठून पेपर वाचीत तो च्या घेता ते मेरेन ती ओगी रावता आनी अचकीत तेंच वाक्य उलयता.

'रातीं परत सपन पडलें.'

तो जाणा आशिल्लो. सपनांत ती येता. णव वारी कापड न्हेशिल्ली, कपलभर कुकूम लायिल्ली, आंगार-माथ्यार भांगर माळिल्ली, पिट्ट गोरी, तेजिश्ट बायल. ती येता, संकोचान कुशीक रावता आनी ल्हवू विचारता, 'बाय, हांवें सांगिल्लें तें तूं विसरली? म्हजे धुवेचें लग्न आसा... म्हाका तुजो भांगराचो सुरंगा वळेसर उश्णो जाय, व्हंकलेक माळूंक. लग्न जातकच परत हाडून दितां. ना म्हणूं नाका...'

पयले खेपे ताणें तिचें म्हणणें मनाक लावन घेतलें ना. दुसरे खेपे मात तें उतर ताच्या मनाक लागलें. कितली भावार्ती आपली बायल! तिका रात-दीस सुरंगा वळेसराचो विचार. कितलीं वर्सां आपले फाटल्यान लागून तिणें तो करून घेतला. तो ध्यासच तिका लागिल्लो. कारणय कितलें वेगळें आसलें!

ल्हानपणांत तिगेले आवयन दारांत आयिल्लो एक सुरंगा वळेसर विकतो घेतिल्लो. तिणें आवयकडेन तो मागलो आनी आवयन तेल लावन तिजे केंस वळयले. गंगावन धरून केसांचो आंबाडो घालो आनी मोटे लक्तुबायेन तो सुरंगा वळेसर त्या आंबाड्याचेर बांदलो. भांगरा रंगाचो वळेसर... ताजीं... टवटवीत सुरंगां... अबुद्ध पिराय. त्या दिसा ती अचळय भोंवली. आयिल्ल्या-गेल्ल्याक मोटे उमेदीन ती आपलो वळेसर दाखयताली.

व्हडली भयण देवळांत वचूंक भायर सरिल्ली. तिची नदर त्या सुरंगां वळेसराचेर गेली. तिणें तो मागलो. हिणें दिलो ना. फाटले-फुडले भयणींमदलीं झगडीं. व्हडले भयणीन वळेसराक हात घालो आनी हिणें तो ओडपाचो यत्न केलो. झटापटीमदीं वळेसर पिसुडलो. सगळीं सुरंगां जमीन भरवण जालीं. ती रडली. खुब्ब रडली. आवय व्हडले भयणीक

उलयली. तीय देवळांत वचनासतना रडत बसली. घरचें वातावरण एकदम गंभीर जालें. आपणाक सुरंगां वळेसर घेतलो ना आनी धाकले भयणीक मात घेतलो. मात्सो मागलो जाल्यार उलोवणीं खावचीं पडलीं, हें व्हडले भयणीचें दुख्ख. कितले उमेदीन आपणें आंबाडो घालून माळिल्लो सुरंगा वळेसर पिसडून गेलो हें हिचें दुख्ख... आवयक ताचो पात्सो.

बापायन दोगांय चलयांक समजायलीं. दुसऱ्या दिसा दोन वळेसर हाडपाचें उतर दिलें... वातावरण निवळ्ळें. पूण दुसऱ्या दिसा सुरंगां दारांत आयलींच नात.

कितलीं वर्सां उलगलीं हे गजालीचेर! दोगांयचींय लग्नां जालीं. भुरगीं-बाळां जालीं. संवसार वाडले, फुल्ले. पूण तिका जेन्ना जेन्ना कोणाच्याय माथ्यांत सुरंगाचो वळेसर दिसतालो, तेन्ना-तेन्ना तो प्रसंग याद जातालो. मनांतल्या मनांत ती खंती जाताली आनी ते खंतीची सांवळी तिचे जिणेचेर खूब दीस मेरेन उरताली.

केन्ना तरी भावनेचे उमळशिकेभरशीं तिणें घोवाक ती खबर सांगली. घोवान म्हळें, "म्हजे हात मोटवे. ना जाल्यार सुरंगा वळेसरच कित्याक, व्रजाच्यो वेडी लेगीत तुका करीन आसलों."

"जाणां हांव. हांव हट्ट धरिना. भुरगेपणांतली एक याद मनांत घर करून बसल्या, ती तुका सांगली."

ते गजालीचो परिणाम घोवाचेरय नकळटना जालो. लग्नाच्या हॉलांत कोणाल्याय माथ्यांत भांगराचो सुरंगा वळेसर दिसचो आनी घोवान बायलेकडेन आनी बायलेन घोवाकडेन पळोवन उदास हांसो हांसचो अशें घडत रावतालें. पूण आपली मर्यादा तो जाणा आसलो. तीय जाणा आसली. जोडटलो कितलें? खातलो कितलें? वाडटे पिरायेच्या भुरग्यांच्यो गरजो भागयतलो कशो? ही जाका विवंचना, ताका सुरंगा वळेसर हें सपनच दिसल्यार अजाप कसलें!

पूण जिणेंत कांय योग विचित्र येतात. तांचे जिणेंत तसो योग आयलो. चली कॉलेजींत शिकता आसतनाच कोणें तरी तिका मागणी घाली आनी बऱ्या घरा पावली. ताका जोतें झरोवचें पडलें ना. वरदक्षणा मेजची पडली ना. लग्नाचो खर्च लेगीत न्हवरेकारांनीच केलो. चलो शिकून सवरून आपल्या पांयाचेर उबो रावलो. बरी नोकरी मेळ्ळी आनी जिणेंत तो थीर जावंक पावलो. तांच्या जाणटेपणांत घोटेरांतलीं दोनय पिलां उडून गेलीं. पूण एक कृतार्थताय दोगांकय आसली. जिणेंत भांगराची वस्त तांणी केली ना; पूण तांचे जिणेचें भांगर जालें. आतां कितें, निवृत्त जावप आनी एकामेकाकडेन उलोवन फाटल्यो यादी काडून भुरग्यांच्या फुडाराचीं सपनां रंगयत जियेवप.

निवृत्तीच्या वेळार एक रकमी पयशे आयले. ताका सुरंगाचो वळेसर करीन सो दिसलो. ताणें बायलेक जाग लागूंक दिली ना. सुरंगांचो वळेसर तो. ताचें जोख खंय काडचें पडटा? ताणें एक करून घेतलो आनी त्या उपरान्त लग्नाच्या वाडदिसा तिका तो भेटयलो.

जिणेंत आपणें कितें तरी केलां म्हणपाची धन्यताय त्या दिसा ताका भोगली. सुरंगांचो वळेसर पळोवन ती कितली भुरकुटली! तिचे छातयेंत खोशी भरून ती घुसमटली आनी दोळयांतल्यान दुकां गळोवन ती रडली.

रडत-रडत तिणें ताका सांगलें, "खऱ्यानीच म्हाका आतां सुरंगा वळेसराचो सोंस उरूंक

ना. ही पिराय कितें भांगरां घालचेली? पूण मनांतलें एक सपन तुवें साकार केलें...''

म्हयनो उलगलो आसत, नासत. एकय दीस तो सुरंगा वळेसर माळून ती खंय भायर गेली ना. तितले म्हणसर तें सपन हात धुवन तिचे फाटीक लागलें. णव वारी कापड न्हेशिल्ली, कपलभर कुंकूम लायिल्ली, आंगभर भांगर घाल्ली ती सवायशीण बायल... तिका उणें कितें? फक्त एक सुरंगा वळेसर. तो ती मागताली.

बशिल्लेकडेन हें सगळें ताणें येवजिलें आनी उठून बायलेफाटल्यान भितर गेलो. भितरले कुडींत उशांत तोंड लिपोवन ती मुळमुळीत रडटाली. ताणें म्हऱ्यांत वचून तिचे फाटीर हात दवरलो. तशी ती हुडकेली. व्हडा-व्हडान रडूंक लागली.

''हें पळय,'' ताणें म्हळें, ''सुरंगा वळेसर तुजो. खरें म्हळयार खोशयेभरशीं तूं रडली तेन्ना ताचें मोल वसूल जालें. तूंच सांग, कितें करुंया?''

तिजें काळीज भरून आयलें. घोवाचें व्हडपण जेन्ना-जेन्ना तिणें पळयिल्लें तेन्ना-तेन्ना तिणें ताचे पांय धरिल्ले. हे खेपेय तशेंच केलें. पांयार घालून घेतलें आनी म्हळें, ''एक प्रसाद घेवया.''

''खंय?''

''फातर्प्यां... ना जाल्यार शिरोड्या... कवळयां. सपनांत येता ती बायल सादी न्हय. ती देवताच! ती कोण तें विचारून घेवया.''

''आनी खंयचेय एके देवतेन ती आपूण म्हणून सांगलें जाल्यार...?''

एक व्हडलो हुडको दिवन तिणें म्हळें, ''तो तिच्या ताटांत दवरून उदक सोडुंया. तें आमचें भाग्यच म्हणपाचें. नाय जाल्यार तो सुरंगा वळेसर घेवन हांव कितें करतलीं?''

तो वेव्हारी मनीस. तसो नास्तिक न्हय. पूण सपनांत येवन देव वस्त मागता ही गजाल ताच्या मनाक पटना. तरी तो कांय उलयलो ना. पांय धरून रडटले बायलेक दोनय भुजांक धरून उबी करता आनी म्हऱ्यांत ओडून म्हणटा, ''तुजे इत्सेनच सगळें जातलें... नाय जाल्यार तुजी इत्सा देखूनच सुरंगा वळेसर केल्लो न्हय!''

*

केंसांचें धन

''असलें दुखणें दुस्मानाक लेगीत जावं नाका.'' मुग्धाक कड फुटले आनी उशांत तोंड लिपोवन ती रडूंक लागली.

तिगेली व्यथा प्रणवाक कळटाली. तोय मनांतल्यान खूबच भियेल्लो. पूण असल्या प्रसंगाचेर हातपांय सोडून उपकरना हें तो जाणा आसलो. डॉक्टरान सांगिल्लें, ''दुखणें नाजूक आसलें तरी आतां शास्त्र खूब फुडें पावलां. ती बरी जातली.''

ऑपरेशन मात करचेंच पडटलें. ब्रेन ट्युमराचें!

बायलेक म्हऱ्यांत बसोवन प्रणवान समजायली आनी म्हळें, ''भंयाचें कांय ना. फकत एकेच गजालीचें तुका वायट दिसतलें... तुजें केंस कापचे पडटले...''

मुग्धाक इतलो जबर धक्को बसलो की तिची वाचाच धरली! उशांत तोंड लिपोवन ती

हुडक्या हुडक्यांनी रडूंक लागली.

"केंस कापचे परस हांव मरण पसंत करीन. फकत ह्यो कळा मात सोंसूंक नजत." तिणें रडत-रडत घोवाक सांगलें.

'तूं तुजे पुरतो विचार करता. म्हजो मातसो विचार कर. तूं म्हाका जाय... तूं नासल्यार ह्या संवसारांत हांव कसो जगतलों?' प्रणवाक हुडको फुटलो.

घोवाक रडटना तिणें केन्नाच पळोवंक नासलो. ती एकदम सादूर जाली. तिणें आपलीं दुकां पुसलीं. "अडेचो हांसो तोंडार हाडलो आनी म्हळें, ना, ना; तशें कांय जावचें ना. हांव ऑपरेशन करून घेतलीं, केंस कापल्यार कितें जालें? ते परत वाडटले."

आपले साडयेच्या पदरान तिणें प्रणवालीं दुकां पुसलीं. तिका धीर दिवचे खातीर तो उश्णें अवसान हाडूंक सोदतना ताचो धीर कोसळून पडिल्लो आनी आतां मुग्धाच ताका धीर दिवंक लागिल्ली.

उपरांत नदरांची मोनी भास सुरू जाली. दोगांनीय आपलीं दुकां पुसलीं आनी आंवड्यां सांगातान दुख्ख गिळ्ळें.

प्रणवाचो दोळो लागतकच मुग्धा उठली. आपले कुडींत तिणें व्हडलो हारसो बसोवन घेतिल्लो. त्या हारशामुखार वचून ती उबी रावली.

हारशांत आपल्या केंसांचेर नदर थिरावन मुग्धा केदो वेळ उबी आसली. मात्शी मान हालयली जाल्यार ते सळसळटाले!

लांब रस्मी केंस! काजळावरी काळे. ह्या केंसांचो तिका कितलो अभिमान! एक खेपे प्रणवान तिका म्हणिल्लें, "तूं सुंदर हातूंत दुबावच ना. पूण तुज्या नाजूक देहापरस... तुज्या गोमट्या रूपापरस, तुज्या नुस्त्यासारक्या दोळयांपरस... हांसतना चकचकतल्या डाळबांतल्या दाण्यांसारक्या दांतांपरसय तुजे केंस सुंदर... तुका घडये खरें दिसचें ना। पयले खेपे हांवें तुका फाटमोरी पळयली आनी तुजे केंस पळोवन हांव तुज्या मोगांत पडलों... तुजें रूप, तुजी सोबितकाय त्या उपरांत पळयली.'

इतलें सांगून प्रणव ओगी रावलो ना. ताणें आपल्या दोनय पोशांनी ते सळसळीत केंस धरले आनी तातूंत आपलें तोंड लिपोवन तांच्या स्पर्शाचें सुख भोगूंक लागलो.

आपल्या लांब रस्मी केंसांचो मुग्धाक ल्हानपणांतसावन अभिमान दिसतालो. मुळावे शाळेंत वतासतना लेगीत तिगेले दाट, लांब केंसांची विणी फाटीचेर नदरेंत भरताली. वर्गांत फाटल्या बांकाचेर बसतल्या एका मस्त्या भुरग्यान एक खेपे तिगेले ते लांब विणयेक एक व्हडली दोरी बांदिल्ली आनी दोरयेच्या दुसऱ्या तोंकाक सुताची गाडी. वर्ग सोंपतकच जेन्ना मुग्धा उठून घरची वाट चलूंक लागली, तेन्ना शाळेंतलीं सगळीं भुरगीं तिका हांशिल्लीं. तीं कित्याक हांसतात तें मुग्धाक खूब वेळ मेरेन कळ्ळेंच ना. वाटेवयल्या फातराक गाडी आडखळ्ळी आनी मुग्धाले केंस ओडले. तेन्ना नदर फाटीं करून पळयलें. फाटल्यान आशिल्ले एके चलयेन ती दोरी सोडयली तेन्ना तिका लजेन मरूंक पुरो जालें.

"तुजे केंस खूब लांब आसात. आतांच्या काळार इतले लांब केंस कोण दवरिना. तूं ते कापून कित्याक घेना?" ते चलयेन म्हळें

केंस कापपाची कल्पना मुग्धाक सोंसली ना. तरी मनांत एक विचार आयलो. ह्या

समाजांत वावुरतना हेरांपरस वेगळी जावन उपकरचें ना. हेरां सारकीच जातासतना घडये केंस कापचे पडटले.

मुग्धाल्या तोंडावयले भाव नियाळीत ते चलयेन फुडें म्हळें, "अनमनपाचें कारण ना. केंस ते. कापले म्हण तेदेच उरतले अशें न्हय. फुडें वाडटले. तुवें कापले नात जाल्यार म्हाका दिसता, चार-पांच वर्साभितर तुजे केंस जमनीर पावतले.';

दुसऱ्या दिसा सकाळच्या वेळार आवय केंस वळयताली तेन्ना मुग्धान तिका सांगलें, "सगल्या चलयांचे केंस ल्हान आसात. म्हजे चड व्हड. सगलीं म्हाका केंस कापूंक सांगतात."

आवयन हातांतली दांतोणी सकयल दवरली आनी कपलार हात मारून म्हळें, 'पिशें गो तूं. लांब केंस ही देवाची देणगी! व्हडल्या-व्हडल्या बायलांक अशे लांब केंस मेळनात. देखून त्यो गंगावन गुठलायतात. आनी तूं देवान दिल्ले केंस कापचे म्हणटा...?"

चलयेक अशी जाप दितासतना तिच्या मनांतलो संस्कार चाळवल्लो. बायलेच्या केंसांक कातर लावप ही कल्पनाच तिका सोंसली ना. असलें अवाच्च उतर मुग्धा कशी उलोवन गेली हाचो तिका खेद जालो. पूण खंयच्या उतरांनी ती मुग्धाक समजायतली आसली?

"केंस कापले म्हणून तेदेच खंय उरतले! फुडें ते वाडटलेच. तुकाच पळय वळयतना कितले त्रास पडटात."

"म्हज्या त्रासांचो तूं हुसको करूं नाका. कापिल्ले केंस वाडटात हें हांवय जाणां. पूण तूं चलो न्हय हें विसरूं नाका. बायलेच्या केंसांक कातर केन्ना लायतात तें तूं जाणा मुगो?"

"केन्ना लायतात आई?" भावार्तीपणान मुग्धान विचारलें आनी आवयन दाव्या हाताचे मुठीन तिचें ताळवेर कुटलो मारून म्हणिल्लें,"मागीर सांगतां.'

आवयले जापेन मुग्धाक कसलोच बोध जालो ना. पूण तिका इतलें समजलें की ज्या केसांचो आपणाक अभिमान दिसता, ते कापूंक आवयचो लेगीत विरोध आसा.

हायस्कुलांतलें शिक्षण सोंपोवन कॉलेजांत पावसर मुग्धान केंसांच्यो तरेकवार रचणुको शिकून घेतिल्ल्यो. प्रसंगाप्रमाण ती केन्ना ते मेकळे सोडटाली, केन्ना भुजार घेताली, जाल्यार केन्ना आंबाडो घालताली...

कॉलेजांतली तिची मैत्रीण सेलीना. पिंगशा केंसांची नाजूक चली. पळोवंकच पाखली कशी दिसताली. तिची गोरपाण, तिची लांबाय, तिचे सफरचंदावरी तांबसार पोले, चांफ्यावरी नाजूक नाक आनी पिटकोळेच्या पाकळयांवरी पातळ ओंठ... सगळेंच मुग्धाक सुंदर दिसतालें. हारशामुखार उबी राविल्ल्या वेळार ती सदांच येवजिताली, देवान म्हाका रूप दिलां, सुंदर देह दिला; पूण केंस हें म्हजें खरेलें धन. घडये म्हजे केंस लांब नासले जाल्यार हांव इतली सुंदर दिसपाची न्हय. म्हजेपरस सेलीना सुंदर!

सेलीना कडची इश्टागत बरी जुळ्ळी. पूण सेलीनाचे केंस मुग्धाक केन्नाच आवडलेनात. पिंगशा रंगाचे मुदयाळे केंस. जिरेटोप चडयिल्लेवरी दिसताले.

सेलीनान केन्नाय मुग्धाक म्हणचें, "देवान तुज्याकय अर्दान लेगीत म्हाका केंस दिल्ले जाल्यार कितलें बरें जावपाचें! म्हजे केंस कितलेय वाडले तरी मुदयाळे जाल्ल्यान येदेच

दिसतात.''

त्या दिसाच्यान मुग्धाःलो आपल्या केंसांविशींचो अभिमान वाडिल्लो. ती मनांतल्या मनांत म्हणटाली, सेलीना सगळया आंगांनी सुंदर आसूनय केंसांची देणगी देवान तिका दिली ना. पांच पक्वान्नांचें जेवण आसूनय तातूंत मीठ नासतकच तें अळणी लागता. सेलीना तशीच अळणी अशें मुग्धाक दिसलें.

आज हारशामुखार उबी रावन आपले केंस तोखेतना मुग्धाक हे सगळे प्रसंग येवजले आनी अचकीत तिचे दोळे भरून आयले.

सदांच अशें घडटा. दोळयांत उदक येनाफुडें तकली उसळूंक लागता. सोंसूंक नज इतली उसळटा. किळच्यो मारच्यो अशें तिका दिसता. तिणें दोनय हातांनी तकली दाबून धरली आनी एक अस्पश्ट किळांच तिच्या तोंडांतल्यान भायर सरली.

कुशीक आशिल्ले खाटीचेर न्हिदिल्ल्या प्रणवाक जाग आयली. तो एकदम उठून मुग्धासरीं आयलो आनी ताणें बायलेक हाताक धरून खाटीर बसयली. फुडें कितें जावं येता तें तो जाणा. ती घुंवळून पडटली आनी तो काचाबूल जातलो. हे आदीं अशें जायते खेपो घडलां. असल्या वेळार कितें करचें तें डॉक्टरान ताका सांगून दवरलां. गुळी तयार आसली. थर्मासांत उदक आसलें.

गुळी घेतकच मुग्धा न्हिदली. प्रणव तिच्या उशाकडेन बसलो. ल्हव बोटांनी ताणें तिचें माथें दाबलें. ल्हवू ल्हवू तिचो दोळो लागलो!

*

भाजर

काशीक वचपाचें ताणें येवजूंक नासलें. योगायोगानच तो काशीक पाविल्लो. काठमांडूक सावन दिल्लीक वतलें विमान वाराणसी विमानतळाचेर तंत्रीक कारणा खातीर अडून उरलें आनी सगळया पॅसेंजरांक विमान कंपनीन कळयलें की विमान दुसऱ्या दिसा सकाळीं सात वरांचेर सुट्टलें.

सांजेचीं साडे चार वरां जाल्यांत. म्हळयार आनीक पंदरा वरां वाराणसी शारांत सारूंक जाय. विमान कंपनीची बस सगळया पॅसेंजरांक घेवन हॉटेलांत गेली. चडावत पॅसेंजर ही आयती आयिल्ली संद वगडावची न्हय अशें येवजून काशी विश्वनाथाच्या दर्शनाक वा गंगास्नानाक गेले. तो एकलोच हॉटेलाचे लॉबींत बसून उरलो.

सगळी सांजवेळ कितें करतलो? काशीविशीं ताणें खूब आयकलां. पूण काशीक वचपाचें ताच्या मनांत केन्नाच येवंक नासलें. आज विमान कंपनीन तांकां एक तरेन बळयां काशीक थांबोवन घेतिल्लें. तांची रावपाची आनी खावपाची फुकट देवस्था केल्ली.

तशें पळोवंक गेल्यार ताका दिल्लीक पावपाची ताकीत आशिल्ली अशें न्हय. एक नवो देस पळोवचो, नवे अणभव घेवचे अशें येवजून तो नेपाळाक गेल्लो. पिकनिकेच्या मुडांतच काठमांडूक सावन परतल्लो. तीर्थस्थानाविशीं ताचे तकलेंत व्हडलीशी श्रध्दा ना. जिवितांत तो खंयच्याच तीर्थाचेर त्या आदीं वचूंक नासलो. ल्हानपणांत नव्यानच

मोटारसायकल शिकतना रस्त्याचे कुशीक आशिल्लें एक माजराचें पील ताचे मोटारसायकली पोंदा चिड्डून मेल्लें. सादी गजाल ती. ल्हानशें पील. हरशींच मरतुकडें, तातूंतय रस्त्यावयलें. जल्माक घालतले आवयक जंय आपल्या पिलाचो हुसको नासलो, थंय रस्त्याचेर मोटरसायकली पोंदा चिड्डून मेल्ल्या पिलाखातीर कोण रडलो ना वा चुरचुरलो ना जाल्यार अजाप कसलें!

खासा तें पील टायरापोंदा चिड्डलें आनी आवाज करिनासतनाच ताणें प्राण सोडलो.

ताका ताचें व्हडलेशें कांय दिसलें ना. तरी आपले मोटारसायकली पोंदा एक जीव चिड्डून मेलो ही गजाल मनांत उरली.

रातीकडेन जेवता आसतना घरचें माजर ताटालागीं आयलें तेन्ना ताका त्या पिलाचो उगडास जालो. आपले आवयक ताणें घडिल्ली खबर सांगली.

"कोणाकय विचारून पळय." एकदम हुसकेल्ले भाशेन करीत आवयन ताका सांगलें. "माजर आपल्या हातान मेलें जाल्यार काशीक वचून भांगराचें माजर देवाक भेटोवचें पडटा अशें म्हणटात."

आवयकडेन संवाद चलता आसतना ताटा कुशीक बशिल्ल्या माजरान ताच्या ताटांत तोंड घालें आनी आपल्या दाव्या हातांत आशिल्लो उदकाचो पेलो त्या माजराचे खड्डेर मारून ताणें ताका आमुडलें.

उपरांत व्हडान हांसून ताणें आवयक म्हळें, "तूं आनी खंयच्या युगांत आसा गे? तुका दिसता, हांव माजराची हत्या करूंक ताचे फाटल्यान गेल्लों? तें पील मरपाचेंच आसलें. ताच्या नशिबांत म्हजे मोटारसायकली पोंदा मरपाचें आसलें. देखून तें मेलें."

आवय कांय उलयली ना. ती गजाल तो विसरूनय गेल्लो.

कितलीं वर्सां जालीं हे गजालीक! हॉटेलाचे लॉबींत बशिल्लेकडेन ताणें हिशोब केलो. पंचवीस वर्सां उलगल्लीं. त्या लांब काळांत जाणटी आवय मेल्ली. पूण दुसरें कसलेंच विपरीत घडूंक नासलें. ताचो धंदो बरो चल्ला. घर-संवसार सुखाचो आसा. नशिबान ताका बायल बरी मेळ्ळया, जी घरचे कारभार बरे तरेन सांबाळटा. भुरग्या-बाळांनी घर भरलां. सूख उपाट हांसता... कांय म्हळ्यार कांय घडलें ना. माजराचे हत्येचें पातक ताका बादलेंना!

याद काडटां काडटां तो मनांतल्या मनांत हांसलो. तरी ताका दिसलें, नशिबानुसार काशीक पावलां जाल्यार वचून देवाचें दर्शन घेवचें. पुण्य मेळूं वा मेळूं नाका; वेळ तरी बरो वतलो. आनी खऱ्यानीच पुण्य मेळटा आसत जाल्यार आयती चलून आयिल्ली संद कित्याक सोडुया?

व्हड्यांत बसून एका भोंवडेकाराचे नदरेन ताणें काशीचे घाट पळयले. अस्तमत्या सुर्याचे साक्षीन नामस्मरण आनी वेद घोषाच्या उच्चारांत गंगेच्या पात्रांत न्हावन पातकां धुतल्यांक ताणें पळयले. सगळ्या पिरायेंचे, सगळ्या प्रांतांतले, तरेकवार भासो उलोवपी साधू-संन्यासी आनी गृहस्थ लोक श्रद्धेन न्हाताले.

विश्वनाथाच्या मंदिरासरीं व्हडें कडेक लावन तो देंवलो. घाट चडून गर्देंत भरसलो. देवळांत वचून दर्शन घेतलें आनी देवाक काणूकय केली.

देवळांतल्यान भायर येतना एका पंड्यान ताका गांठलो. जळू कसो तो ताची फाट

सोडिना जालो.

"म्हाका कसलेंच देवकार्य करचेलें ना.. कसलोच विधी नाका." ताणें पंड्याक सांगलें.

"अशी संद परत येवची ना." पंडो ताका समजायतालो. "गंगास्नान केल्यार पातकां धुवन वतलीं. पितरांचें तर्पण केल्यार तांचे आत्मे संतुश्ट जातले आनी देवकार्य केलें जाल्यार प्रापंचीक ताप न्हिवतले..."

"पितरांचें श्राद्ध हांव वाडटां." ताणें पंड्याक जाप दिली.

"तें वेगळें. मनीस जेन्ना तीर्थस्थानाचेर येता, तेन्ना ताचे मरून गेल्ले पितर ताचे फाटल्यान येतात. ताणें आपलें तर्पण करचें अशी तांची अपेक्षा आसता. केलें ना जाल्यार ते आत्मे स्राप दितात." पंडो ताचे भावनेक हात घालूंक सोदतालो.

पूण तो बदलो ना. ताणें म्हळें, "असल्या गजालींचेर म्हजो विस्वास ना."

"नासूं. गंगास्नान करून पातकां पयसावपाची सादी प्रार्थना करूं येता."

'पातक आनी पुण्य हांव मानिना.' ताणें म्हळें.

आनी अचकीत ताका आपले मोटारसायकली पोंदा चिड्डून मेल्ल्या माजराच्या पिलाचो उगडास जालो. आवयन सांगिल्लीं उतरां परत कानांत घुमलीं. ताणें पंड्याक विचारलें, "एक सांग, हातान माजर मेलें जाल्यार कितें करतात?"

"महापाप." पंड्यान आपले पोले आपल्याच हातान फोडून घेतले आनी हात जोडून म्हळें, "नरहत्त्ये इतलोच गंभीर अपराध... भांगराचें माजर अर्पण करचें पडटा. तो विधीच वेगळो. तुजेकडच्यान माजराची हत्या घडल्या?"

आपलें चुकलें अशें ताका दिसलें. आतां पंड्यालो विळखो आनीकय आंवुळटलो अशें येवजून ताणें म्हळें, "ना, ना. तशें कांय घडूंक ना."

"तर बेस बरें जालें, पूण मनीस म्हळो की कळून-नकळून ताच्या हातान हत्या घडटाच. केन्ना तरी कीड-मूय पांयापोंदा चिड्डून मरता. मूस, जळार, भिकूण मारिल्लो आसता.. जीवहत्येसारकें पातक ना. सादें प्रायश्चित घेवन तें पातक पुसून उडोवं येता." पंड्यान म्हळें.

तो बदलो ना. ताचेकडेन कपडे नात. तुवालो ना. गंगेंत न्हातलो कसो? तो घाट देंवन परत व्हड्याकडेन आयलो. ताणें गंगेच्या पात्रांत उबो रावन हात-पांय आनी तोंड धुवन घेतलें. आचमन केलें आनी बुडट्या सुर्याक नमस्कार करून गंगाजल ताका ओंपलें.

निर्शेल्लो पंडो कुशीक उबो रावन ताका पळयत आसलो. ताणें पंड्याक लागीं आपयलो आनी बोल्सांतली धा रूपयांची एक नोट ताच्या हातार दवरून म्हळें, "ही तुज्या श्रमाची बिदागी."

पंडो आनीक कितें सांगूंक वतालो; पूण ताचें म्हणणें कानामनार घेनासतना तो परत व्हड्यांत बसलो आनी हॉटेलांत परतलो.

मनांत एक दुविधा रातभर उरली. आपसूक काशीक पावनय पितरांचें तर्पण केलें ना... माजर-हत्येचें पातक धुवन उडयलें ना. पूण जेन्ना ताचो दोळो लागलो, तेन्ना तो सगळें विसरलो.

सकाळच्या विमानान तो दिल्लीक परतलो. आतां जेन्ना जेन्ना ताका माजर दिसता, तेन्ना तेन्ना आपणें केल्ले माजर-हत्येचो ताका उगडास जाता. आनी प्रायश्चित घेतलें ना म्हणपाची खंतीची एक सांवळी खीणभर मनांत दाटून येता.

*

अरुंधती

तिचें नांव अरुंधती. पूण सगळे तिका अती म्हणटात. उच्चारूंक सोपें म्हणून आसत वा दर एके गजालीचो अतिरेक करपाची तिची संवय देखून आसत; पूण म्हाका तें नांव मानवलें ना. एक खेपे तरी हांवें तशें तिका सांगलें तेन्ना तिणें म्हळें, "तुका आवडटा अशें नांव तूं म्हाका दवर आनी त्याच नांवान उलो मार."

"मूळ अरुंधती ह्या नांवांतलीं अक्षरां घेवनच नांव घडोवंक जाय अशें ना."

इतलें उलोवन ती म्हज्या तोंडाकडेन पळयत रावली. म्हज्या तोंडांतल्यान कसलें नांव येता हाची तिका उमळशीक आसली. पूण म्हजे तकलेंत नांव तयार नासलें. खरें म्हळयार ती एक हुतहुती चली. पूण तो सभाव उक्तावपी नांव खंयच्यान हाडटलों? हांव येवजूंक लागलों.

"सांग, कसलें नांव दवरलें तुवें म्हाका?"

"हें पळय," हांवें म्हळें, "तुका नवें नांव दिलें म्हणून तुजें अरुंधती हें नांव बदलचें ना. मागीर नवें नांव दवरून फायदो कितें?"

आपली निर्शेणी तिणें लिपयली ना. म्हळें, "दवर तूं तुका जाय तसलें नांव. म्हाका वायट दिसचें ना."

"हांव तुका अरू म्हणूं?" हांवें विचारलें.

"तुका आवडटा जाल्यार म्हण अरू" अशें सांगून ती खळखळून हांसली.

अरू म्हळयार खळखळ. ल्हानशें कारण मेळ्ळयार पुरो, तिका हांसो येता. हांसतना ती खळखळून हांसता. एक खेपे हांसूंक लागली म्हणटकच तिका हांसो आवरना. दोळ्यांतल्यान दुकां येयसर ती हांसता. आनी ती चड वेळ हांसली म्हणटकच तिगेल्या हांशाक कुच्छित्रीपणाचो वास मारता. अशा वेळार म्हाका तिडक येता. हांव तिडकलों जाल्यार एकदम ती हांसो थांबयता आनी हांसो गिळून हुडको भायर काडटा. तिगेलीं उतरां ताळ्यांत अंदतात आनी दोळ्यांतल्यान मोतयां झडूंक लागतात.

त्या वेळार ती पळोवपासारकी आसता. तोंडावयली गोरपाण तांबडी जाता आनी ल्हवू पर्स उकती करून ती लेंस काडटा आनी आपलें नाक पुसूंक लागता. दोळ्यांतलें दूक मात पुशिना.

मनांत येता, ल्हवू हात फुडें करचो आनी तिगेल्या दोळ्यांतलीं दुकां पुसचीं. पूण तसलें धाडस म्हज्या दुबळया हातांक केन्नाच जालें ना.

आज अचकीत अरूचें तें रूप दोळ्यांमुखार आयलें आनी हांवें म्हज्या म्हाकाच विचारलें, "पयले खेपे म्हाका अरूंधती खंय मेळिल्ली?"

अरुंधतीचो उगडास काडूंक बसता आसतना वेगवेगळीं चित्रां दोळयांमुखार उबीं रावतात. पावस पडटालो आनी हांव रेल्वे प्लॅटफॉर्माचेर हेर लोकांमदीं आंग चोरून उबो आसलों. पावस थांबपाची वाट पळयत ते गर्दैतल्यान वाट काडीत एक चली मुखार आयली. प्लॅटफॉर्माचे धडेचेर उबी रावली. तिणें नळयावयल्यान गळटालें तें पावळेचें उदक तीर्थ घेवचें तशें आपल्या पोशांत घेतलें आनी तें थंड उदक आपल्याच तोंडार मारून घेवन म्हळें, "पावसांत भिजपाची मजा आसता." आनी हातांत सत्री वा आंगात रेनकोट नासतना ती चली एकलीच पावस आंगार घेत तुरतुरीत चलून गेली. तेन्ना हांवें तिचें तोंड सारकें पळोवंक नासलें. तिचें रूप म्हजे नदरेंत भरूंक नासलें. ती कोण हेंय हांव नकळं आसलों. पूण त्या खिणांत पावसांत आंग भिजत म्हणून पावस थांबपाची वाट पळयत रावतल्या म्हजी म्हाकाच लज दिशिल्ली.

आनीक एके खेपे हांव बसीक उबो राविल्लों. केदो वेळ बस येना म्हणून रांगेंतल्या हेर लोकांवरीच हांवय पिरंजळटालों. अचकीत म्हजी नदर बसीची वाट पळयता आसतना तोंडांत घोळयिल्ल्या च्युविंग गमाचो बोमाडो फुलोवन आपलेकडेनच खेळटले चलयेकडेन गेली. कित्याक कोण जाणा, स्टेशनाकडेन पावसांत भिजून गेल्ली ती चली हीच आसूंक जाय अशें म्हाका दिसलें. तिका तशें विचारचें अशें म्हज्या मनांत आयलें. रांगेंतलो भायर सरून हांव तिच्या म्हऱ्यांत गेलों लेगीत. पूण ऐन वेळार मनान कच खाली. जीब लुळी पडली.

शेळेल्ले भाशेन जावन हांवें मार्गान वतले टॅक्सीक हात दाखयलो आनी टॅक्सींत चडटां चडटां उश्णें अवसान हाडून ते चलयेक विचारलें, "लिफ्ट जाय?"

अर्द नदरेन म्हाका पळोवन परत आपली नदर तिणें तोंडांतल्या बोमाड्याचेर थिरायली आनी म्हळें, "तूं वच. म्हाका ताकीत ना."

अरुंधतीचें आनीक एक रूप म्हज्या दोळयांमुखार केन्ना केन्नाय येता. फुटपाथार उबी रावन भेळ खाता आसतना कोणाचो तरी धक्को कोपराक लागलो आनी सगळी भेळ तिच्या आंगार रकली. आंगावयली भेळ जल्लो फाफुडचो तशी तिणें झाडली आनी कांयच घडूंक नाशिल्लेवरी भेळीची आनीक एक प्लेट मागोवन घेवन खावंक लागली.

म्हजी तिची वळख वेगळेकडेन जाली. टेलिफोन बुथांत ती सुरती रुपया सोदताली. आनी हांवें म्हाका करूंक जाय आशिल्लो तो फोन करिनासतना म्हज्या बोल्सांतले तिनूय रूपया तिका दिल्ले. तिणें एका फाटल्यान एक अशे तीन फोन केले. मित्रांक आसत वा मैत्रिणींक आसत. सगळयांक तिणें 'आज जमचें ना, फुडें केन्नाय पळोवया' अशें सांगलें. तिसरे खेपे रिसीव्हर हुमकळायत परत म्हज्या मुखार हात धरलो.

"आनीक रुपया ना!" हांवें म्हळें.

"सोड गजाल" तिणें म्हळें आनी ती खळखळून हांसली, "तुका हांव कितले देणें?"

"ती गजाल सोड" हांवें म्हळें.

म्हजें बोल्स तीन रूपयांनी ल्हव जाल्लें. गरजेचो फोन करपाचो उरिल्लो. पूण एक नवी मैत्रीण हांवें जोडिल्ली.

रेस्टॅरन्टांत वचून काफी घेतां घेतां आमी एकामेकाचीं नांवां विचारून घेतलीं. वळख समजून घेतली. भायर येतकूच इश्टागतीची हुनसाण उक्तावचे खातीर तिणें हात फुडें

केलो आनी म्हजो हात हातांत घेवन आपलें एक बोट ल्हवूच म्हज्या तळव्याचेर भोंवडायलें.

"सी यू!" तिणें म्हळें आनी हात सोडलो.

आमच्यो वाटो वेगळावल्यो.

पूण ते उपरांतूय अरुंधती अशीच अचकीत मेळटाली. हटकिल्यार जाप दिवंक लागली. एखाद्र्या वेळार आपूण जावन गर्देतल्यान वाट काडीत धांवत म्हजेसरीं येवन हटकूंक लागली.

एक दीस अरुंधती हातांत फुलांचो बुके घेवन वतना मेळ्ळी. तिणेंच म्हाका हटकिलो. हांवें विचारलें, "आज कोणाचो वाडदीस?"

"वाडदीस न्हय, लग्न. म्हज्या दुस्मानाचें." हांसून तिणें जाप दिली आनी आपले संवयेभाशेन खळखळून हांसूंक लागली.

"दुस्मानाचें लग्न? आनी ताका फुलांचो बुके?" अजापून हांवें विचारलें.

"म्हज्या फाटल्यान लागिल्लो... त्या त्रासांतलें सुटलें; देखून बुके." अरुंधतीन जाप दिल्ली.

आज विदेशांतल्यान एक कार्ड आयलां. पॅरिसांतल्या ऍफेल टॉवराच्या म्हऱ्यांत अरुंधती एका दादल्या सांगातान उबी आशिल्ल्या फोट्याचें कार्ड. कार्डाचेर बरयलां, "तुजी याद आयली, देखून हें कार्ड."

आज ती खंय आसा तें हांव नकळं. पूण तें कार्ड पळयतां पळयतां साबार यादी मनांत दाटून येतात. आनी म्हाका बुके दिलेबगर अरुंधती कशी गेली असो म्हाका प्रस्न पडटा.

*

एकवट

शेकान शेक डांबरी रस्तो. पयस कुशीक खंयय बसकीं घरां. घरांचे नळे वा त्या घरांच्या पोरसांतल्यो केळी नदरेंत भरतात तितल्योच. हरशीं रस्त्यार नदर व्हेली जाल्यार नदर पावता थंय मेरेन दनपारच्या रखरखान तापिल्लो डांबरी रस्तो.

रस्तो सोंपता थंय गांव सुरू जाता. गांव चरतें पातळचें तसो धुंवत धुंवत रस्त्याक समांतर आयला. रस्तो सोडून गांवांत वतलो म्हळयार दुसरी आडवाट ना. शशांकान मदींच उबो रावन कितलें अंतर आपूण चलून आयलों आनी कितलें अजून चलचें उरलां हाचो अदमास घेतलो आनी ताचें मन खचलें. आंगांतल्यान हुमेच्यो पांवळयो गळटात आनी ते चिकचिकीत ओलसाणेन तागेले भिजिल्ले कपडे आंगाक दसल्यात. हे खेपे ताचे फाटीक दाट घामोळें आयलां आनी हुमेक लागून तें किटकिटूंक लागलां.

ताच्या हातांत एक जड पोती, जी तो मदीं मदीं दुसऱ्या हातांत घेता आनी चरचरून तांबडे जाल्ले तळवे पोशेता. पोतयेंत कितें आसा तें तो जाणा. आवयच्या कळवळयाक गरजेची दिसली ती वस्त तागेले आवयन ते पोतयेंत घाल्या. नाल्ल आसात, तांदूळ

आसात, म्हसंगाच्यो सांगो आसात, नव्या आंबाड्यांच्या लोणच्याची एक बाटली आसा. घराफाटल्या आंब्याक जाल्लीं मागूस तोरां ते पोतयेंत तिणें भरल्यांत... हें सगळें घेवन तो आपले भयणीगेर वता.

मदींच शशांकाक दिसलें, कसल्या गांवांत आपली भयण पावली! मुख्य रस्त्याचेर बसींतल्यान देंवतकच उणेंच दोन मैल चलूंक जाय. पंचायतीन पांयवाट रुंदावन डांबरी रस्तो केला. ह्या रस्त्याचेर एक जितो मूस लेगीत ना. दनपारच्या रखरखाक लागून कावळे आनी सवणीं लेगीत पयसुल्ल्या झाडांच्या खांदयांचेर लिपून बसल्यांत. गांवचीं घरां नदरेक दिसलीं तरी सुणें भोंकिल्ल्याचो लेगीत आवाज येना.

ताणें घसघशीत पावलां उखल्लीं आनी जितलो कळाव लागतलो तितले आपले कश्ट वाडटले अशें येवजून हातांतली पोती खांदाचेर धरली. ही वेवस्था बरी अशें ताका दिसलें. आतां तो घसघशीत चलूंक लागलो.

गांव लागीं पावतां पावतां ताची नदर एका म्हाल म्हाताऱ्या रूखाकडेन गेली. हे आदीं एक दोन खेपो तो भयणीगेर आयला. पूण हो रूख ताणें पळोवंक नासलो. रस्त्याचे कुशीक चिऱ्यांचें दवरणें आसा आनी त्या दवरण्याक ओणखून तो रूख उबो आसा. आपल्यो खांदयो ताणें चारय दिकांनी पातळायल्यात आनी एके तरेन रखरखत्या रस्त्याचेर सत्री धरल्या. सोंपत्या उबाळाच्या दिसांतलो मंद वारो व्हांवता आनी त्या रुखाचीं हळडुवीं फुलां दंवाच्या थेंब्यांवरी झडटात.

पुराय रस्त्याचेर हळडुवें जाजम पातळ्ळां. अजून शशांक रूखाचे सांवळेक पावंक ना. पूण तो रूख, ताची ती सत्री आनी फुलां झडोवन ताणें पातळायिल्लें जाजम पळोवन ताच्या दोळ्यांनी शितळसाण अणभवली. खऱ्यांनीच अप्रूप असो तो देखाव!

केदो वेळ मेरेन तो रूख नियाळीत आसलो. शेकान शेक धा-पंदरा फूट रूख वाडला आनी वयर ताका खांदयो फुटल्यात. एक एक खांदी म्हळयार एक एक सत्री. आनी ते सत्रेचेर पातळ्ळयात रंगांच्यो तरेकवार छटा. कंवळ्या पोपटी रंगापसून गाढ काळसार पाचव्या रंगामेरेनचे रंगीत पटे. एके सत्रेचेर वयर दुसरी सत्री. माथ्यार आशिल्ल्या सुर्याचें एक कीर्ण लेगीत ह्यो सत्रो भेदून जमनीर पावनात.

आपल्या म्हेळया पांयांनी त्या फुलांचें जाजम माडोवचें ताच्या जिवार आयलें. पूण करतलो कितें! दुसरी वाटच नासली. ताच्या पांयांत रबराचें जोतें आसा. तें ताणें काडलें आनी खांक्यांत धरलें. उकत्या पांयांनी तो जाजमाचेर आयलो. तितलो तरी मान त्या जाजमाक फावता अशें ताका दिसलें.

ताणें अचळय पावल दवरलें. आपल्या पांयान फुलां चिड्डूं नये अशें ताका मनापसून दिसतालें. ती नाजूक थंडसाण तळव्यांक कातकुतल्यो करून गेली. शिरंत्रांनी एक नाजूक शिरशिरो थरथरलो. थंयच उबो रावन ताणें दोळे धांपून घेतले.

पूण ताका ताकीत आसली. जेवणा आदीं भयणीगेर पावचेलें आसा आनी सांजची बस धरचे खातीर हातार उदक पडना फुडें परतुचेलें आसा. ताका वचूंक जाय.

अचकीत वाऱ्याचो एक शितळ झोत सगळो वाठार सळसळावन गेलो. घामेल्ले ओलसाणेक लागून एके तरेची शितळसाण मेळ्ळी आनी खंय तरी कांकणां किणकिणिल्ल्याचो आवाज ताणें आयकलो.

नदर घुंवडायली ती पडली दवरण्याकडेन बशिल्ले बायलेचेर. फुलांच्याच रंगाचो हळडुवो पायघोळ घागरो जमनीमेरेन पातळिल्लो. त्या घागऱ्याक गाढ चॉकलेटी रंगाची देग आनी ते देगे मदीं एक एक हळडुवें फूल. वयर पुराय आंग धांकपी लांब हातांचो ब्लावज. माथ्याक एक स्कार्फ बांदला. तोय हळडुवो. ह्या हळडुव्या रंगांत ती एकरूप जाल्या.

पूण कांकणां खंय आसात?

ताची नदर आपणाचेर थिरावल्या हें तिका कशें कळ्ळें? तिणें मान घुंवडायली आनी हात मेकळे करून आळस झाडलो. आतां परत कांकणा वाजलीं. ताणें थीर नदरेन पळयलें. मेथयेन रंगयिल्ले हाताचे तळवे आनी दोनय हातांक पाचव्या कांकणांचे चुडे... ओगीच ताका दिसलें, आंगाची हळद अजून देंवंक नासतली. ती कोणाची तरी वाट पळयता आसूंक जाय. घोवाची काय कुळारच्यान येतल्या भावाची?

तो थंयच थीर. ताची नदर अविचल. ती मात अस्वस्थ. तिणें स्कार्फांत तोंड लिपयलें. छातयेकडेन हात धरून आंग लिपयलें आनी एकदम उठून उबी रावली. पांयांत घुंगूर आसात काय? ते दिसले नात. पूण खुळखुळिल्ल्याचो आवाज ताणें आयकलो.

आपलें चुकलें अशें ताका दिसलें. क्षमा मागची अशेंय मनांत आयलें. पूण ताणें खांदावयली पोती परत हातांत घेतली आनी मोन्यांनी फुडलें पावल उखल्लें.

चार धेंपां घसघशीत उखलून तो फुडें पावलो. आतां गांव उल्याचे वाटेर उरला.

अजून ती थंय आसा काय?

ताणें नदर फाटल्यान व्हेली.

रखरखत्या रस्त्यावयल्यान पयसुल्ल्यान एक आकृती घसघशीत चलत येता. पूण ती दिसली ना.

नदर फुडें व्हरतां व्हरतां हळडुवो घागरो वाऱ्यान धोललो आनी ते सावळेंत उबी राविल्ली ती ताका दिसली.

ताचीं पावलां जड जावपाचें कारण नासलें. कोण खंयची तो नकळ. पूण नवी व्हंकल आसतली. कुळारचे यादीन आकुळपिकूळ जाल्ली आसत वा घोवाच्या विरहान फडफडटा आसत...

ताका कांय करचेलें ना. तिचे कडेन उलोवचेलें ना. तिची वासपूस करचेली ना. तरी ही नसती बारीकसाण कित्याक? तो फुडें पावल उखलूंक वता, इतले म्हणसर ताच्या कानार साद पडटा.

“ओ.. रे... ओ...”

साद काय कुलो?

तो मान फिरावची न्हय अशें थारायता. घुंगूर वाजले. कांकणां किणकिणलीं आनी दनपारच्या त्या रखरखत्या किण्णांत आवाज विरत गेलो.

रावं नज जावन तो मान फिरायता आनी ताका सिनेमांतलो देखाव दिश्टी पडटा. नायक धांवत येता. नायिका धांवत वता...

आलिंगनाचो खीण लागीं पावला. तो देखाव चुकोवंक फावना अशें ताका दिसता. वताची पर्वा करिना आसतना तो आपली नदर तांचेर थिरायता.

तो धांवत येता.. ती धांवत वता आनी तांणी रूंदायिल्ल्या आपल्या हातांचे विळखे एका मेकांच्या देहाभोंवतणी पडटात. द्वैत गळटा; अद्वैताचो अप्रूप देखाव तो विस्मीत नदरेन पळयता.

अचकीत ती कुशीक सरता. फाट फिरावन झाडाचे दिकेन पळयता आनी ताचे पसून पयसावन झाडाचे दिकेन बोट दाखयता.

शशांकाक दिसता, आपले आड कागाळ केल्या. नाशिल्लें बळ पांयांत एकवटावन तो भयणील्या घराचे दिशेन धांवता.

❋

आलवांतीण

गांवचे शिमेभायर शेत. शेताचे धडेर एक बांद. बांदावयली पायवाट एकेवटेच्यान मुख्य रस्त्याक येवन मेळटा आनी दुसरे वटेन शेताक वळसो घालून गांवांत वता. त्या बांदाचेर एक ल्हानशें मातयेचें घर. पाचव्याचार शेतामदीं बांदाचे उबारेचेर आशिल्लें तें घर नदरेंत भरता. मुख्य रस्त्यावयल्यान शंबरेक मिटर अंतराचेर तें घर आसतलें.

त्या गांवांत पाविल्लेय खेपे हांव तें घर तोखेतां. हळडुव्या रंगाच्यो वणटी आनी खांबे. वयर गांवठी नळे. नळयांचेर दुधनीची वाल. हांवें पळयल्लेय खेपे ती वाल थंय आसली. फाटले वाटेन निरपणसाचें एक झाड आनी कुशीक कुचकुचीत केळी.

बांदार मेकळो वारो व्हांवता हें बांदावयल्या माडांच्या चुट्टांकडेन पळयना फुडें कळटा. लागसार खंयय तरी तळें वा न्हंय आसूंक जाय. खंयच्याय म्हयन्यांत पावलो तरी बांदाच्या दोशीं पाचवीं शेतां पळोवंक मेळटात. तांबडीं गुंज कापडां न्हेसून एके रांगेंत उब्यो रावन बायलो शेतांत नडणी करतात. तो देखाव पळोवपासारको आसता. म्हाका अजाप जातालें तें हे गजालीचें, एकेच रांगेंत काम करतल्यो त्यो धा बारा बायलो एकाच वेळार कशो उब्यो रावतात वा बागोवन काम करतात?

जायत्या खेपो गांवचे शिमेभायर गाडी उबी करून हांवें हो देखाव म्हज्या दोळयांच्या कॅमेऱ्यान टिपून घेवन ताचें एक चित्र उगडासाच्या पड्ड्याचेर रंगोवन दवरलां. पडट्या पावसांत आनी भांगराच्या वतांत हो गांव सदांच सोबीत उरता.

केन्नाय म्हाका दिसचें, बांदावयल्या माडाचेर एकाद्रो रेंदेर आशिल्लो आनी कवळांत बसून तो एकाद्रें कांतार म्हणटालो जाल्यार हे सोबेक एक वेगळी कळा येतली आसली.

मे म्हयन्यांत हांव त्या गांवांत पावलों तेन्ना म्हजें लक्ष ओडून घेतलें तें तांबडे अप्रुपायेन. त्या घराचे पलतडीन एक शंकराचें झाड आसा आनी गिमाचें वत पियेवन तो पाना कणकणी फुल्ला.

इतले दीस हो शंकर हांवें कसो पळयलो ना, हाचेंच म्हाका अजाप जालें. मागीर हांवें म्हज्या मनाचो समज घालो. घराच्या आडसाक उरिल्लें तें झाड आतां घरापरस वयर सरलां देखून नदरेंत भरला आसुये.

हे खेपे मनांत शंकराची ओड उपजली. दिसलें, शंबर मिटर चलून वचचें आनी तें

घरय सारकें पळोवन घेवचें. सांजवेळचो सूर्य अस्तमतेक देंवला. वत मोव जालां. चारय उकत्या दिशांतल्यान झणझणीत वारो व्हांवता. शेतांत एक बावलें सोडलें जाल्यार दुसरो कोण ना. त्या बावल्याचेर दोन कावळे बसून ताका टोंचतात.

मोटारींतल्यान सकय ल देंवलों आनी चारय दिकांतली पाचवी अप्रुपाय दोळ्यांत भरून घेतली. मे म्हयन्याच्या रखरखांत शेतां पिकून हळडुवीं जावप म्हळयार केदें अजाप! एक कणस तोडून घेवपाची इत्सा हांवें मनांतच चिड्डिली आनी पयसुले कोगळीच्या गिताच्या तालांत पावलां उखलून त्या घरासरीं गेलो.

निरपणसाचेर चार कुंवले पिकून गळगळ्यात. एक पाचवी किरांटी त्या पाचव्या पानांमदीं हालता तेन्ना तिची तांबडी चोंच नदरेंत भरता. आनीक लागीं पावलों तेन्ना पळयलें, दोन केळी वियेल्यात. तांच्या कवळांतल्यान बोंडां भायर सरल्यांत. एका बोंडाची पाकळी उसवल्या. धव्या केळफुलाचे दांत नदरेंत भरतात.

कसलो तरी आवाज आयलो. दुसरे केळीचेर एक व्हडलो घड लांबता आनी त्या घडाचेर बसून एक माकड पिकिल्लें केळें चाबडायता.

म्हजेर ताची नदर गेली. ताणें आपले दांत दाखोवन म्हाका चाळयलो. उपरांत भियेवन केळीवयल्यान नळ्यांचेर उडकी मारली. वतान सुकिल्ले नळे चरचरीत फुटले. माकड घराचे फाटले वाटेन गेलो.

म्हाका दिशिल्लें, येदो बोवाळ जातकच घरांतल्यान कोणय तरी भायर येतलो. कांय नासलें जाल्यार माकडाक धांवडावंक लात तरी वाजतलें. पूण कांय घडलें ना. सवण्यांचे आवाज. पयसुल्या गांवांत भोंकतल्या एकाद्र्या सुण्याचो आवाज सोडलो जाल्यार घरा भोंवतणी जाग ना.

घराक वळसो घालून हांव फुडल्या दारांत आयलों. घर मोडकळेक आयलां म्हणपाचें नदरेंत भरलें. मुख्य दार सताड उकतें. मोडक्या व्हारांदांत माकड आनी घयरांव. म्हजे जागेन माकडांनी उडयो मारल्यो. चरचरिल्ल्याचे, आपटल्ल्याचे, पडिल्ल्याचे, झडिल्ल्याचे आवाज.

दिसाचो उजवाड आसतनाय म्हाका भंय दिसलो. आतां परतुया अशें येवजितासर म्हजी नदर शंकराकडेन गेली. ल्हानसो रोपो. सुमार पंदरा फूट वाडला. आनी खांदये कणकणी फुल्ला.

पडक्या घरांतल्यान माकडांचे आनी पांख्यांचे कर्कश... चिंवचिंव आवाज येतात आसले तरी फुलांचेर नदर वतकच भंय गळून पडलें आनी मन प्रसन्न जालें. पयसुल्यानच हांवें नदर भोंवडायली. म्हजे फुडें पिकून भांगर जाल्लीं शेतां. लुवणी तोंडार आयल्या. वचचे आदीं एक कणस खुडून घेवचें अशें मनांत आयलें. उजवे वाटेन दोनशें अडेजशें मिटर मेरेन बांद पातळ्ळा. बांदावयले माड वाऱ्यासरसीं धोलतात. फाटले वाटेन आशिल्लें शेत पाचवो शालू न्हेसून बसलां. खंयय कणस फुटलां तरी अजून दाणो धरूंक ना. शेताचे पलतडीन गांव. घरांचे नळे आनी झाडांच्यो तेंगशो नदरेंत भरतात. खंयय धुंवराचो लोट दिसता.

लख्ख उजवाड. चकचकीत वत. उबाळाचे ऐन दीस. फुडले पंद्रशेंत मीर्ग लागुंये तरी ह्या वाठारांत ही अप्रुपाय!

परतुपाचो विचार करतना भाताचें कणस खुडून घेवपाची इत्सा परत जागी जाली आनी हांव शेताचे धडेर आयलों.

शंकराच्या झाडापोंदा कितें तरी हालिल्ले भाशेन दिसलें. एकदम हांवें आंग काडलें. तांबड्या रंगाचें कापड आनी कपलभर तांबडो कुकूम सारयिल्ली एक बायल थंय उकडयां बसल्या. म्हाका पळोवन तिणें आपले दोळे मोटे केले आनी पडिल्ल्या दांतांचो बोळ उक्तो करून रडिल्ले वरी हांसली.

‘ही... ही ही... हूंक.. हूंक.’

म्हज्या आंगार कांटो फुल्लो! पांयांत एके तरेचो कंप. पांय फुडेंय वचूंक धजनात आनी फाटींय येवंक भियेतात अशी अवस्था. ते बायलेन आपली नदर म्हजेवयली कुशीक काडली. हांव तिचेर नदर थिरावनच फाटीं सरलों आनी पायवाटेचेर पावनाफुडें रस्त्याचे दिकेन धांवत सुटलों.

रस्त्यार पावलों तेन्ना थोडी थाकाय आयली. पूण अजून छाती धडधडटाली. आंगांतल्यान हूम गळूंक लागली. तोंड सुकून आयलें.

हांव मोटरींत येवन बसलों. गात्रां शिथील जाल्ल्याचो अणभव म्हाका आयलो. हात पांय हालताले, पूण तातूंत त्राण नासलें.

केदो वेळ मेरेन हांव तसो बसून रावलों तें म्हाकाच खबर ना. रस्त्यावयल्यान माथ्यार पांटें घेवन एक दादलो येता. तो लागीं पावसर हांव ताका पळयत रावलों आनी तो म्हन्यांत पावलों तेन्ना हांवें ताका थांबयलो.

“कितें जालें?” ताणें विचारलें.

“त्या घरांत कोण रावता?”

“म्हाका खबर ना.” ताणें जाप दिली, “लोक तरातरांनी उलयतात. तूं थंय वचूं नाका.”

इतलें उलोवन तो चलत रावलो.

म्हज्या आंगांत परत कापरें भरलें. गांवांत वचूंक तशीच गाडी सुरू केली.

गांवच्या च्याच्या दुकानांत वचून बसलों. दुकानांत एक ग्रामोफोन आसा (जसलों हालीं पळोवंक लेगीत मेळना) आनी ताचेर एक पोरनी रेकॉर्ड खरखरता. भायले वाटेन गांवची येरादारी आशिल्ल्यान म्हज्या जिवांत जीव आयलो. हांवें एक कप च्या मागली.

हुनहुनीत च्या घेतकच घडिल्लो प्रसंग सपनावरी दिसूंक लागलो. हांवें हाताच्यो मुठी आंवळून पळयल्यो. ओगीच पांय दाबून घेतले. आनी परतुपा खातीर उठलों.

परत तेच वाटेन वचपाचें?

हांवें दुकानदाराक विचारलें, “हो रस्तो फुडें खंय गेला?”

“दोंगरा मुळांत सोंपला.”

“ह्या गांवांत येवपाक दुसरी वाट ना?” हांवें ताका विचारलें.

“खंय वचूंक जाय तुका?” ताणें परतो प्रस्न केलो.

म्हजेकडेन जाप नासली. ताणेंच म्हळें, ‘मोटार वचपाची दुसरी वाट ना. एक पांयवाट आसा...”

“ती बांदावयल्यान वता ती?”

"हय, तीच. बांदावयल्यान परत रस्त्याक वचून मेळटा. पूण त्या बांदार कोण वचना. कोणाकोणाक थंय आलवांतीण दिसल्या अशें म्हणटात. खरें फट हांव नकळ. हांवें काय पळोवंक ना."

हांवें कच्च करून आंग काडलें. परत कदेलाचेर बसून आनीक एक कप च्या मागयली.

*

घोंट

घरा मुखावयल्या रस्त्याचे पलतडीन एक आंब्याचो व्हडलो रूख आसा. ह्याच आंब्याचे सावळेंत वाऱ्यावयलीं गोरवां दनपारच्या वेळार विसव घेतात आनी तांच्या आंगावयल्यो हुलको खावंक कावळे थंय जमतात. दुसरे वाटेन भुरगे खेळटात. भुरगे आनी गोरवां हांचे मदीं जाग्याचें वांटप बरें जालां अशें व्यंकटेशाक सदांच दिसत आयलां.

रस्त्या पलतडीन तांचें घर. जाणटेल्यांनी केन्ना तरी मातयेच्यो चार वणटी उबारून वत आनी पावसापसून राखण करपाखातीर वयर चुट्टांनी शिंविल्लें. व्यंकटेशाल्या आज्यान त्या घराचेर नळे चडयले तेन्ना व्यंकटेश ल्हान आसलो. ताका उगडास आसा, नळे चडयता आसतना चार दीस घरच्यो बायलो शेजारच्या घरांत न्हिदूंक वताल्यो आनी दादले त्या आंब्यामुळांत न्हिदताले.

आंब्यामुळांत न्हिदप ही ते पिरायेचेर एक व्हडली पर्वणीच दिसताली. चारय दिकांनी व्हांवतलो शितळ, मेकळो वारो इतलो सळसळीत आसतालो की उबाळाच्या दिसांनी लेगीत आंगार पांगरूण घेवचें पडटालें.

अशेच उबाळाचे दीस आसले. वारें आयलें म्हणटकच खांदयेन खांदी हालताली...मागीर पिकिल्लीं घोंटां झडटालीं! हांतुणावयले उठून भुरगे आनी जाणटे त्या काळखांत घोंटां पुंजायताले. सकाळ जायसर पन्नास साठ घोंटां जमतालीं.

घर शिंवताले त्या दिसांतलो एक प्रसंग व्यंकटेश अजून विसरूंक ना. कितलीं वर्सां जालीं ते गजालीक! पूण अजून केन्नाय पिकिल्लें घोंट झडलें जाल्यार तो धांवत आंब्या मुळांत वता आनी जमनीवयल्या घोंटाक हात घालतना त्या प्रसंगाचो उगडास काडून आपणाक कोण पळयना मू हाची खात्री करूंक भोंवतणी नदर भोंवडायता.

फांतोडेच्या वेळार ताका गाढ न्हीद लागिल्ली. बोवाळान तो जागो जालो. रातभर दोळयाक दोळो लागूंक नासलो. कऱ्यांचो पावस पडचो तशीं ते रातीं पिकिल्लीं घोंटां झडिल्लीं. रातभर घरच्या दादल्यांनी पांटेंभर घोंटां पुंजायिल्लीं.

"थोडीं पसऱ्यार विकूंक दवरचीं आनी उरिल्ल्या घोंटांचें फाल्यां सांसव करचें" तागेल्या बापायन आंब्या मुळांतल्या हांतुणाचेर तो बशिल्लो थंयच्यान कुशीक न्हिदिल्ल्या आपल्या भावाक सांगिल्लें.

पसरो हो कुटुंबाचो. आज्यान बाजारांतले चाळींत एक कूड भाड्याक घेतिल्ली आनी थंय पसरो घाल्लो. खेड्यांतल्या पसऱ्याचेर उलाढाल ती कितली! पूण जी वस्त विकून चार

पयशे जोडूं येताले, ती त्या पसऱ्यार विकती मेळटाली.

तांगेल्या घराच्या मागीलदारांत न्हाणयेचें उदक व्हांवन वचून कोंड जालां. थंय एक आंबाड्याचो रूख उबो आसा. वंयेक रोयिल्ले ताळयेचो व्हडलो म्हशींग जाला. कुशीक केळी आसात... आंबाडे, म्हसंगाच्यो सांगो आनी केळीं आदीं दुकानाचेर विकूंक वतालीं. भुरग्यांच्या वांट्याक थोडींच येतालीं.

पूण घोंटांची गजाल वेगळी. त्या आंब्याक भाटकार ना. बापायन एक खेपे म्हणिल्लें व्यंकटेशान आयकल्लें. "तो आंबो इगर्जेचो. कोण ताची वासपूस करिना, जाका जाय ताणें येवन तो बुड्डुपाचो."

त्या आंब्याचें एक वेगळेपण आसलें. तीन वर्सांनी एक खेपे तो चंवरतालो आनी चंवरता तेन्ना पाना कणकणीं तोरां लागतालीं. गांवच्या बायलांचे धुवाळे भागोवचे खातीर तांचे घोव ह्याच आंब्याचीं तोरां बुड्डिताले. वाड्यावयले भुरगे आंब्याच्या मुळांत खेळटां खेळटां त्याच आंब्याचीं तोरां फातरायताले. राखण्यांची गजाल वेगळी. ते आंब्याच्या रूखाचेर वयर चडून घोंसाचे घोंस काडटाले आनी बाजारांत व्हरून विकताले... इतलें करूनय उबाळाचे दीस लागले म्हणटकच आंब्याचेर उरिल्लीं सुरिल्लीं घोंटां पिकूंक लागतालीं आनी वारो व्हांवलो म्हणटकच पट् पट् करून झडटालीं.

एक एक घोंट म्हळयार साकरेचें काप. खालें जाल्यार ताची रूच दीसभर जिबेर उरताली. चिंचाऱ्यायेदो काथो आनी लिंबायेदें घोंट. पुराय घोरपान भरिल्लें. झडिल्लें घोंट जाच्या हातांत पडत तो ताचो धनी. ताणें तें खावपाचें. तें घोंट खावचे खातीर केन्ना केन्नाय जाणटे आनी भुरगे हांचे मदीं, तेच भाशेन भुरगे आनी दुकरां हांचेमदीं सर्त लागताली.

व्यंकटेशाल्या आज्यान घराक नळे घालपाचें थारायलें आनी थोड्या दिसांखातीर तांगेल्या घरचे दादले आंब्या मुळांत न्हिदूंक लागले. एके तरेन आंब्याचो हक्क तांच्या कुटुंबाकच मेळिल्लो. तरी दीस उजवाडीं गोरवां आंब्याचे सांवळेंत गोठेतालीं. भुरगे दुसरे वाटेन खेळटाले. जें घोंट झडटा, तें तांचे तावडेंतल्यान सुटना आसलें.

रातीच्या वेळावयली गजाल वेगळी. पांटेंभर घोंटां एके रातींत मेळप म्हळयार एक व्हड पर्वणीच आसली.

सकाळचो बोवाळ जालो आनी व्यंकटेशाक जाग आयली. उठून पळय जाल्यार रस्त्याचे कडेक पाद्री उबो रावला आनी घोंटांचें पांटें इगर्जेंत पावोवंक सांगता.

"हीं झडिल्लीं घोंटां दीसभर गोरवां खातात वा भुरगीं व्हरतात. आमी तीं पुंजायलीं. तीं इगर्जेक कशीं येणें तेंच समजना," तागेल्या बापायन म्हळें.

"हो आंबो इगर्जेचो, देखून घोंटांय इगर्जेचीं. तुका जाय जाल्यार विकतीं व्हर." पाद्रीन सांगलें.

"इतलीं वर्सां सगळया गांवान घोंटां खालीं. हेच खेपे तूं हक्क सांगूंक कसो आयलो?" व्यंकटेशाल्या बापायन पाद्रीक विचारलें.

"हे आदीं कितें जालें तें म्हाका लागना" पाद्रीन जाप दिली, "हीं घोंटां तुका जाय जाल्यार कितले पयशे दितलो तें सांग. नाका आसत जाल्यार हांव व्हरतां." पाद्रीन थंडसाणेन जाप दिली. उप्रांत सांगातान आशिल्ल्या मनशाक ताणें म्हळें, "चल भाडेलाक आपय."

"व्हर, व्हर. चार घोंटां खावन आमच्या आंगात रगत जावचें ना. व्हर तीं." तिडक आनी खंत ते जापेंत भरिल्लीं.

पांय आपटीत बापूय हांतुणाचो कवळो उखलून गेलो आनी व्यंकटेश एकलोच थंय उरलो. ताची नदर भोंवन भोंवन घोंटांनी भरिल्ल्या पांट्याचेर आनी पाद्रीच्या तोंडाचेर वताली.

एक साक घेवन भाडेल आयलें आनी ताणें पांट्यांतलीं घोंटां सांकांत रकयलीं. धा बारा जमनीर पडलीं.

तटास नदरेन व्यंकटेश पळयत रावलो. दोळयां सामखार आपलें धन कोणतरी लुटून व्हरता अशें ताका दिसलें.

मातयेंत पडिल्ल्या घोंटांकडेन बोट दाखोवन पाद्रीन व्यंकटेशाक म्हळें, "तुका व्हर तीं."

त्या दुख्खांतय व्यंकटेशान सुख अणभवलें. धांवत वचून ताणें तीं घोंटां पुंजायलीं... एक... दोन... ताच्या माणकुल्या पोशांत तीं पावनात जालीं. ताणें तीं मेजलीं. इकरा आसलीं. खोमसाचे होटींत तो तीं पोशांत भरता म्हणसर ताचो बापूय थंय आयलो आनी व्यंकटेशाकडलीं घोंटां पळोवन म्हळें, "हात लांव नाका त्या घोंटांक. पाद्रीची भर जावं दी. आमकां नाका ताचें घोंट..."

व्यंकटेशान होंटींतलीं घोंटां जमनीर रकयलीं. पाद्रीन थंडसाणेन तीं साकांत भरलीं आनी त्या भाडेला फाटल्यान तो गेलो.

खूब वर्सां जालीं हे गजालीक. अजून त्या आंब्यासरीं पावता तेन्ना ताका तो प्रसंग येवजता. पाद्रीची बदली जाली. कितले नवे पाद्री आयले आनी गेले. परत आदली वेवस्था चलूंक लागली. आजय गोरवांक आनी भुरग्यांक तो आंबो आपलोच दिसता.

व्यंकटेश रस्त्यावयल्यान आंब्या मुळांत पावलो आनी ताच्या मुखारच एक घोंट झडलें. आवाज आयकून भुरगे धांवत आयले आनी व्यंकटेशाक पळोवन परतले.

व्यंकटेश मात थंयच उबो रावन जमनीर पडिल्लें तें घोंट पळयतालो. तुटिल्ल्या देंठांतल्यान दीक व्हांवतालो. पूण बागोवन तें घोंट उखलूंक ताचो हात फुडें आयलो ना.

दोन खीण त्या घोंटाकडेन पळयत रावल्या उपरांत ताणें तें उखल्लें. ह्या वर्साचें तें पयलें घोंट! अजून शिगमो लागूंक ना. अर्द वयर तोरांक काथो लेगीत धरिल्लो नासतलो. तरी ताणें मोह टाळळो आनी भुरग्याक उलो मारून म्हळें, "हें पळय घोंट. कोणाक जाय?"

*

स्ट्रोक

दर्यावेळेर तापिल्ले रेंवेंत ताका गळयामेरेन पुरून दवरला. रेंवेंचो खारो शेक दिलो जाल्यार ताका गूण पडटलो अशें गांवठी वैजान सांगलां. डॉक्टर जाले आनी सगळया तरांचे उपचार जाले. शेणिल्ल्याचें मन धा कडेन, तशी तिची गत. कोणें जो उपाय सांगलो तो तिणें केलो.

हरशीं देवाधर्माचेर तिचो विस्वास ना. पूण आंगवणी जाल्यो. उपास-तपास जाले.

तीर्थ-आंगारे लावन पळयले. गूण ना.

विवंचना तरी थोड्यो? ताका अचकीत स्ट्रोक आयलो आनी उजवो हात लुळो जावन पडलो. उजवे बरगडेकडलो भाग भेरेवेन निर्जीव जालो. जीब खंय तरी आडखळ्ळी...पांयांनी चलता... दोळयांनी पळयता... कानांनी आयकता... काळजान अणभवता... नाकान हुंगता... उलयना तरी जिबेक रूच आसा, पोटाक भूक आसा. पूण निरुपयोगी जावन पडला. घरांत आडखळीच्यो साबार वस्तू आसात. तातुंतली तो एक जावन बसला.

उजवो पांय दुबळो जाला. पूण दाव्या हातांत बडी घेवन, दाव्या आंगार आनी पांयार भार घेवन चलतना तीच आडायता. फाटल्या सत्तकांतलीच गजाल. मागील दारांत ती बांयचेर न्हाताली. ताका कितें येवजलें कोण जाणा. सोंपिल्ले जिणेचीं विरिल्लीं सपनां याद जाल्लीं आसुये. बडयेचेर भार घालून तो फाटले पडवेर येवन उबो रावलो आनी थीर नदरेन आंगार कळशे रकयतना तिका पळोवंक लागलो.

अचकीत तिची नदर ताचेकडेन गेली आनी कळसो थंयच आपटून ती ताचेसरीं गेली. ताच्या हाताक धरून तिणें ताका भितर व्हेलो. म्हळें, "म्हाका भंय दिसता. पडून दाव्या पांयाचें हाड मोडलें जाल्यार कितें जातलें हाचो विचार तरी केला?"

खाटेर ताका बसयलो तेन्ना ताणें बडी कुशीक उडयली आनी तिच्या आंगावयल्या ओल्या न्हेसणांत आपलें तोंड लिपोवन तो मुळमुळीत रडलो.

तिकाय त्या वेळार ताची काकुळट दिसली. जेवणाचें ताट मुखार आसचें, पूण भुकेल्ल्या पोटांत दोन उंडयो घालतलो म्हळयार हात नासचो...

एक व्हडलें ल्हार आयलें आनी तिगेले साडयेचो पदर, जो वाऱ्यान फडफडून सकयल पडिल्लो, ताचें पोंत भिजोवन गेलो.

दर्याक भरती येवंक लागल्या. ल्हवू ल्हवू ल्हारां वयर मेरेन पावतलीं. पूण ल्हारांचें उदक ताचेसरी पावचें ना. ओले रेंवेंतली ती उठली आनी वयले वाटेन सुके रेंवेंत येवन बसली. माथ्यार वत रखरखता. पूण व्हांवत्या वाऱ्याक लागून तें सोंसूं येता.

तिणें ताचेकडेन पळयलें. अस्तमत्या सुर्याचीं किरणां दोळे दिपकायतात, देखून ताणें दोळे धांपून घेतल्यात आनी तोंडान तो कितें तरी पुटपुट्टा. देवळांत तो केन्ना गेलो ना. भजनां, प्रार्थना ताका येनात. घडये देवाचें नांव घेता आसुये. घडये आपल्या तोंडांतल्यान उतर सुटत हे आशेन धडपड करता आसुये.

ओले रेंवेंत बसून तिणें हातांनी लाडू वळिल्ले. एक एक लाडू अर्द अर्द किलाचो... वळटां वळटां ती येवजिताली. ताका पिठ्याचे लाडू खूब आवडटात. लग्ना उपरांत तिणें ताका विचारिल्लें, "कुळारचें वजें येवपाचें आसा. तुका कसली वस्त आवडटा?"

"पिठ्या लाडू!" ताणें जाप दिल्ली.

तिगेलो रकाद मेळटकच आवयन दोन करंड भरून पिठ्या लाडू धाडिल्ले. तेन्ना नवलाय आसली... लक्तुबाय आसली. आयज तिगेलें दुख्ख तिका एकलेकच भोगूंक जाय.

वळिल्ले लाडू वेळेरच दवरिल्ले. ल्हार आयलें आनी सगळे विरगळून गेले.. तिगेले जिणेचें सपन अशेंच विरगळून गेल्लें. एक रोपो वाडटां... वाडटां अचकीत बावन गेल्लो.

उमेदी करपून गेल्ल्यो. कर्तव्याचीं बंधनां तितलीं उरिल्लीं.

स्ट्रोक आयलो आनी तो घरांत उरलो. गूण पडटलो आनी परत कामाक वतलो अशें येवजितालो. पूण गूण पडलो ना. नोकरी सोडची पडली. येणावळ बंद जाली.

लग्ना आदीं ती नोकरी करताली. लग्ना वेळार ताणेंच तिका ती सोडूंक लायिल्ली. आतां तिका नोकरी थोडीच मेळूंक आयल्या! मेळिल्लीय जाल्यार ताका घरांत एकलो दवरून ती कशी वतली?

सुकी रेंव हातांत घेवन लाडू वळपाचो यत्न केलो; पूण ती भुसभुशीत रेंव वळना. हातांतल्यान गळून पडटा.

ओगीच विचार मनाक आफडून गेलो, जिणेचे लाडू वळटना मोगाची ओलसाण जाय आसता. ती ओलसाण आतां उरली ना. लाडू वळप जावचे नात.

सगलीं सपनां भंगिल्लीं. पूण ताका असो सोडून ती जगूंकय शकना आसली आनी मरूंकय शकना आसली.

फाटल्या सप्तकांत हेच सुवातेचेर बशिल्ल्या वेळार तिणें उन्मेशाक पळयिल्लो. एके बायले सांगातान वेळेवयल्यान पासयो मारतालो. ताचो हात तिच्या कमरार आनी तिचे केंस वाऱ्यान उबून ताच्या पोल्याक आफुडटाले... पयसुल्ल्यानच ती ताका वळखल्ली. जुवानपणाच्या हुंबरार आसतना तिचें पावल ताकाच आपटल्लें. पूण ताची चालरीत ती जाणा आसली. ऑफिसांतल्या हेर चलयांनी तिका शिटकायिल्ली. 'उन्मेशापसून सांबाळ. तो गोरो-गोमटो, सुंदर आनी खूबच बुदवंत... तो तुका मागणी घालतलो. खंयचेय चलयेक आदर्श दिसचो असोच तो आसा. त्या वेळार भाळून वचूं नाका. मन घट करून नकार दी. फट उलोवपाचें त्राण आसलें जाल्यार आपलें लग्न थारलां अशें सांगून उडय... तो धड न्हय. चार दीस खेळयतलो आनी मागीर वासपूस सोडटलो.''

शिटकावणी वेळार मेळिल्ल्यान ती सादूर राविल्ली. उन्मेश आयलो... इश्टागतीचो, मोगाचो हात फुडें केलो. ती चलबिचल जाली. असली संद सोपेपणान परत येवची ना अशें तिका दिसूंक लागलें. जिणें शिटकावणी दिल्ली तिका नसाय आसुये... पूण भावनेच्या संकोचान आनी तर्काच्या भयान जैत जोडलें. तिणें ताका नकार दिलो.

ते उपरांत कितले दीस मेरेन तिका दिसतालें, आपलें चुकलां. अजून चूक सुदारून घेवची. पूण उन्मेश परत तिचे वाटेक गेलो ना. तरीकय थोड्या काळा भितर ताच्यो सतरा प्रेयसी जेन्ना पळयल्यो, तेन्ना आपणें निर्णय सारको घेतिल्लो अशें तिका दिशिल्लें.

तो उन्मेश कितल्या वर्सां उपरांत फाटल्या सप्तकांत तिणें पळयिल्लो. एके बायले वांगडा. ती ताचीच बायल आसत काय? तो लागीं पावलो तसो तिणें खांदावयलो पदर माथ्यावयल्यान ओडून तोंड लिपयिल्लें. तिका पळयना आसतनाच तिच्या म्हऱ्यांतल्यान उन्मेश फुडें गेल्लो.

दादल्यांचें बरें आसता. बंधनाच्यो गांठी ते जितल्या सोपेपणान बांदतात, तितल्याच सोपेपणान त्यो सोडयतात, ना जाल्यार तोडटात. बायलांक तशें करूंक जमना. एक खेपे मारिल्ली गांठ जल्मभर सुटना वा तोडूंक मेळना.

पर्थून एक खेपे तिणें ताचे कडेन पळयलें.

मनांत विचार आयलो, कसलें सूख ताणें आपणाक दिलें? लग्नाची बायल इतलेच

खातीर ताका घोव मानपाचो! घोवाचो कसलो धर्ग तो पाळटा? आज पळय कसो हाडामासाचो गुळो जावन रावला. येवजितां-येवजितां तिका किळस आयली. ह्या दादल्याकडेन ती संवसार करताली! कसलो संवसार? प्रोव्हीडंट फंडाच्या पयशांच्या व्याजान आनी दयेची भीक म्हणून तागेल्या ऑफिसान दिल्ल्या पेन्शनांतल्यान ती ताका रांदून वाडटाली. ताची सेवा करताली. सेवा? सेवा तरी कसली? कितलेय पयशे दिल्यार नर्स लेगीत करपाची न्हय आसली! त्या बदलाक तिका कितें मेळटालें?

ताचेकडेन पळयत येवजितना तिचे तकलेंत एक विचार आयलो. ताका जो स्ट्रोक आयला, तो ताका येनासतना तिका आयिल्लो जाल्यार?

...तिका आयिल्लो जाल्यार...? तिचो उजवो वा दावो हात एक पांय...अर्दें आंग लुळें जाल्लें जाल्यार? जाल्यार तो तिची सेवा करतलो आसलो? सेवेचें सोड, तिचेकडलें नातें चलयतलो आसलो? काय कुळारा धाडून दिवन दुसरें लग्न जातलो आसलो?

घोवागेर कितलेय त्रास पडले तरी बायलांक कुळारा वचपांत सुख नासता. पूण दादल्यांक बायलेची येदीशी आडखळ जाली जाल्यार ती नाका आसता... सगळ्यांची प्रकृत तीच. तांकां एक सांगातीण जाय आसता, जी आपलें मन मारून आपलो देह तांचे सुवादीन करीत... तांकां एक रांदतली जाय आसता, जी कागाळ करिनासतना तांचे आवडीचें जेवण रांदून घालीत... तांकां एक वावराडी जाय आसता, जी तांचें घर सांबाळीत, कपडे धुईत...

ना...ना! ना हें जिणें सोंसूंक जावचें! पूण करतली कितें? कसलें बंड? आनी बंड करून वतली खंय?

हातांतली रेंव तिणें शेंवटून उडयली... ती वाऱ्यान उडून तिच्याच दोळयांत पडली...!

❋

फुलां

सतरा अठरा वर्सांची गोरी गोमटी चली. आंगाचेर चकचकीत झिळमिळीत साडी. ते साड्येच्या रंगाकडेन कसोच मेळ बसना असो गाढ पाचव्या रंगाचो ब्लावज. रखरखीत पूण लांब केंसांची फांती खांद्यावयल्यान फुडले वाटेन घेतली तरी धोंपरामेरेन पावताली. चली तशी मोटवी. चार फुटांपरस लांब नासतली. लांबोडो तोंडावळो आनी कपलाचेर पंचवीस पयशांच्या नाण्यायेदो गंधाचो तिबो. तिगेल्या त्या गोऱ्या कपलाचेर तोच आदीं नदरेंत भरतालो. पूण तितलेच खातीर ती नदरेंत भरताली अशें न्हय. पळयतल्याची नदर तिचेर दोन खेपे थिरावताली.

"फुलां जाय, फुलां?" आपली धीट नदर गिरायकाचे नदरेक दिवन तिणें विचारलें जाल्यार तिचे दोळे मुखावयल्या मनशाच्या काळजांत रिगताले. आंखीव भोंवयो, जशो काय निकत्योच ट्रीम केल्ल्यो. दोळे मासोळेचे. गाढ काळे... भोंवयां इतलेच रूंद.

देवळाचे वाटेर तिका हांवें जायते खेपे पळयल्या. अजापाची गजाल म्हळयार ती सद्दां एकेच पोझींत, एकाच भेसांत थंय उबी आसता. पावसाचे दीस आसले जाल्यार मात

तिचो जागो बदलता. देवळाचे आयले वाटेन एक बसकें घर आसा. त्या घराचे पाखेती पोंदा ती उबी रावता. हरशीं देवळापसून पयस आशिल्ल्या नाक्यार ती आसता.

तिगेलें आनीक एक वेगळेपण आसा. हेर फुलकान्नी जे तरेचीं फुलां विकतात, तांचे परस तिगेलीं फुलां वेगळीं. लांब देंठाचे गुलाब वा हेर फुलां आनी पानां गुंथून बांदिल्लो तुरो. मोगरेची फांती ती विकिना. पूण टवटवीत मोगरेचे कळे तिच्या ल्हानशाच पाटल्यांत आसतात. एका खांद्याक ती एक पोती लांबयता आनी ती पोती फाटले वाटेन धरून खांक्यांत गुलाब धरता.

हांवें पळयलां, येतलो वतलो तिगेलीं थोडीं तरी फुलां विकतीं घेता. देवळांत सावन परत येतना बायलो तिचेसरीं वचून एकाद्रो गुलाब घेवन मोठे उमेदीन केंसांत खोयतात.

म्हाका देवळांत वतना फुलां व्हरपाची संवय ना. भक्तिभावान फुलां व्हरप आनी देवामुखावयल्या ताटांत तीं दवरून देवाची भेट घेवप; पूण तें फूल देवाच्या आंगार चडिल्लें आपणाक पळोवंक मेळचें न्हय, हें म्हाका विचित्र दिसता. फूल देवाच्या नांवान व्हरचें जाल्यार ते देवाच्या आंगार ओपूंक मेळूंक जाय. भेटेवेळार डबयेंत जे पयशे घालतात, ते देवाच्या वा देवळाच्या कार्यांत लागतले अशें समादान मेळटा.

एक दीस म्हज्या सांगातान एक इश्ट आसलो. देवळाचे कुशीक आशिल्ल्या एका हॉलांत एका कार्यक्रमाक आमी वताले. ताणें एके फुलकान्नीकडलीं फुलां घेतली आनी आमी दोगय देवाची भेट घेवंक गेले. थंयच्या पुजाऱ्यान तीं फुलां मुखावयल्या ताटांत दवरूंक लायलीं तेन्ना म्हज्या इश्टान पुजाऱ्याक म्हळें, "हीं फुलां ताजीं आसात. देवाच्या आंगार घालूंक मेळचीं नात?"

"ताटांत दवरलीं म्हणटकच देवाक पावलीं. एक खेपे पूजा जातकच देवाच्या आंगार परत फूल घालिनात." पुजाऱ्यान ताका जाप दिली.

ताजी निर्शेणी तोंडार दिसली. पूण इश्ट कांयच उलयलो ना. कार्यक्रम सोंपून परत येवन पळय जाल्यार तसलींच फुलां घेवन फुलकान्न उबी आसा.

इश्टाक ओगीच दुबाव आयलो. ताणें तिका विचारलें, 'तुगेलीं सगलीं फुलां हांवें विकतीं घेतिल्लीं न्हय गे! मागीर हीं फुलां खंयच्यान आयलीं?'

"घरच्यान हाडलीं." तिणें जाप दिली.

इश्ट बरोच अस्वस्थ जालो. हांवें ताका म्हळें, "तूं खंती कित्याक जाता? तुजीं फुलां देवाक पावलीं अशें समज."

"म्हाका एक दुबाव येता." ताणें म्हळें, "तीं सगळीं फुलां देवळांतल्यान फुलकान्नीकडेन परत येतात आसूंक जाय. लोकांचे श्रध्देचो फायदो घेवन हांगा फटींगपणा चलता काय कितें?"

हांवें ताका जाप दिली ना. एक खेपे दुबाव तकलेंत येतकच म्हजीय नदर बदल्ली.

देखूनच दुसरे खेपे त्या देवळांत पावलों तेन्ना हांवें परिक्षा घेवपाचें थारायलें. गाडी थांबोवन पायवाटेचेर आयलों आनी फुलां विकपी ते सुंदर चलयेन साद घालो, "फुलां घे, फुलां."

तिका हांवें पयसुल्ल्यान खूब फावटीं पळयिल्ली. त्या दिसा हांवें तिगेलीं फुलां घेवपाचें थारायलें. तिचेसरीं वचून पळय जाल्यार तिचेकडेन फकत दोन गुलाब उरल्यात.

पाटल्यांत चार बावके तुरे.

"गुलाब कशे दिल्यात?" हांवें तिका विचारलें.

तिणें दोनय गुलाब आपल्या हातांत घेतले आनी आपले सुंदर दोळे घुंवडावन म्हळें, "देवाचेर भक्ती आसल्यार देवाक ओप. पूण हे गुलाब बायलेक व्हरून दिले जाल्यार तिका कितली खोशी जातली तें येवजीय!"

तिगेलें लाघोळेपण तिकाच सोबपाचें. देवळाकडेन फुलां विकपी चलयेचो धा तरेच्या धा लोकांकडेन संपर्क येता. हाड नाशिल्ली जीब कोण कशी वापरीत हाचो नेम नासता. देखूनच असल्यो बायलो इल्ल्यो फटकळ आनी फाजील आसतात. तिजेकडेन संवाद करपाची म्हाका इत्सा नासली. हांवें परत विचारलें, "पयशे कितले?"

"पांच रुपया."

हांव फुडें वचूंक लागलों तेन्ना तिणें विचारलें, "कितले दितलो?"

"तीन रुपया."

"व्हर" तिणें गुलाब म्हज्या हातांत दीत म्हळें, "आतां सांजवेळ जाल्या आनी म्हाकाय कळाव जाता."

दोनय गुलाब घेवन हांव देवळांत गेलों. ते ताटांत दवरता म्हणसर पुजाऱ्यान म्हाका आडायलो.

"हांगा दवरूं नाका गुलाब." ताणें म्हळें, "आनी उपकार करून ते देवळांतय हाडूं नाका."

म्हाका अजाप जालें. हांवें विचारलें, "अशें कित्याक म्हणटा तूं?"

"तें मागीर सांगतां. आदीं तीं फुलां भायर व्हरून दवर आनी हात धुवन भेटेक यो."

सगल्यां हुजीर म्हाका लज जाल्ली ताचेय परस चड तिडक आयिल्ली. श्रध्दा आनी भक्तीची गजाल वेगळी. म्हजी श्रध्दा पुजाऱ्याक कशी कळटली? कळची अशी म्हजी अपेक्षाय नासली. तरीकय सगळयांचीं फुलां ताटांत घेतल्या ह्या पुजाऱ्यान म्हजीं फुलां भायर व्हरूंक कित्याक सांगलीं? भायर वचून हांवें फुलां दुर्गाचेर दवरलीं. कुशीक आशिल्ल्या नळाचेर वचून हात धुले आनी परत देवळांत आयलों.

देवळांत दुसरो कोण नासलो. पुजाऱ्यान म्हाका तीर्थ घालें आनी सांगणी करून प्रसादाचें फूलय दिलें.

हांव अजापून ताचेकडेन पळयत रावलों. हो असो कित्याक वागलो काय? प्रस्नाची जाप म्हाका जाय आसली.

"जाणा तूं," म्हज्या मनांतलो प्रस्न वळखून पुजाऱ्यान सांगलें, "ते चलयेकडल्यान कोणेंच फुलां घेवचीं न्हय. सामकी रस्ताद चली!"

"तिचें चारित्र्य आमकां कित्याक लागता? तिणें हाडलें म्हणून फूल थोडेंच अपवित्र जातलें."

"चारित्र्याची खबर सांगिना हांव तुका" पुजाऱ्यान म्हळें, "तशी ती सामकी बेबदी आनी बाजारी चली. पूण ते खातीर हांव म्हणिना. एका पेद्याकडेन तिणें इश्टागत केल्या आनी शिमितरींतलीं फुलां हाडून तो तिका दिता... देवळाकडेन येवन ती विकता!"

म्हज्या आंगाक शेळो घाम फुटलो. निर्णेवन गेल्ले सारके अवस्थेंत हांव देवळांतल्यान भायर सरलों. दुर्गाचेर दवरिल्लीं फुलां आजून थंय आसलीं; पूण तांकां हात लावपाचें म्हाका धाडस जालें ना.

जड पावलांनी चलत हांव नाक्याचेर आयलों. पूण ते आदींच ती चली थंयची गेल्ली.

❋

कुकूम

"हें तुज्या कपलाक कितें?" आवयन सायराक विचारलें.

सायरान आपल्या उजव्या हातान कपल धांपून घेतलें. आवयक जाप दिना आसतना ती भितरले कुडींत गेली.

हारशामुखार रावन सायरान आपलें रूप पळयलें. तिच्या कपलाक गुलाबी पिंजरीचो एक ठिपको आसा. अजून पिंजर उरत असो तिका दुबाव लेगीत नासलो. ती जाणा, हिंदू बायलो कुकूम लायतना आदीं मेण लायतात आनी वयर कुकूम लायतात. सुको कुकूम झडून वता.

आज ती स्वातीगेर गेल्ली. तीनसांजचो वेळ. स्वाती आनी सायरा भायल्या आंगणांत बसून खबरी करतालीं. स्वातीले आवयन येलापे केल्ले. खबरो करतां करतां तीं येलापे खातालीं.

सूर्य अस्ताक गेलो. झाडाच्यो सांवल्यो लांब पातळत काळखाचे काजळेंत विरून गेल्यो. अस्तंतेकडेन मळबांत नखेत्रां चकचकूंक लागलीं.

"आतां हांव वतां स्वाती." अशें म्हणून सायरा उठूंक वताली. इतले म्हणसर स्वातीची आवय भायर आयली. आंगणांतले तुळशी मुखार तिणें निरांजन पेटयलें आनी आपले दोळे धांपून, हात जोडून प्रार्थना करूंक लागली.

सायरा मोठ्या अजापान तिका पळयताली. भोंवतणी दाटत राविल्ल्या काळखांत निरांजनाची थरथरती वात चकचकताली. तिचो उजवाड स्वातीले आवयच्या तोंडाचेर पडिल्लो. त्या उजवाडांत तिचें तोंड उजळ जाल्लें आनी ती गोरी कांत सायराक खूबच सोबीत दिसली.

प्रार्थना सोंपली. स्वातीचे आवयन कुकमाचो करंड उकतो केलो. चिमटेंत थोडो कुकूम घेवन तो वृंदावनाक लायलो. उपरांत कुकमाचें बोट आपल्या कपलाक लावन ती स्वातीसरीं आयली. स्वातीच्या कपलाक तिणें कुकमाचें बोट लायलें. स्वाती आपले आवयक पांयां पडली. तिच्या माथ्यार हात दवरून आवयन "बरें जावं!" असो आशिर्वाद दिलो.

इतलो वेळ लक्तुबायेन सायरा स्वातीले आवयक पळयत आसलें. आंगणांतले ते अंधूक पसयेंत सायराक ती देवतेसारकी दिसली.

स्वातीले आवयन परत कुकमांत बोट बुडोवन तें सायराच्या कलपाक लायलें. आंग काडून सायरा फाटीं सरली. पूण ते आदींच कुकूम तिच्या कपलाक लागिल्लो.

स्वाती पडिल्ली तशी सायराय तिका पांयां पडली. स्वातीले आवयन तोंडभर आशिर्वाद

दिलो, 'बरें जावं... बरो घोव मेळूं...'

कित्याक कोण जाणा, सायराचें आंग झिणझिणलें आनी मन लजेलें.

स्वातीली आवय भितर गेली तश्यो दोनूय इश्टीणी उठल्यो. वतां वतां सायरान स्वातीक विचारलें, "तुका आवय सद्दां असो कुकूम लायता?"

"हय. ती तुळशीक पांयां पडून येतकच म्हाकाय कुकूम लायता आनी हांव तिका पांयां पडटकच ती आशीर्वाद दिता... तूं जाणाच, कुकूम हें सौभाग्याचें प्रतीक..."

सायराच्या मनांत आयलें की कसलें सौभाग्य आनी कसलें प्रतीक? तिगेले आवयन दिल्ले शिकवणेचो सायराक उगडास जालो आनी कपलाचो तिबो पुसून उडोवचे खातीर तिणें हात उखल्लो... पूण दुसऱ्याच खिणाक तिचो हात जड जालो. तिणें तो फाटीं घेतलो.

एकाद्रें स्वाती म्हणटा तशें तें सौभाग्याचें प्रतीक आसत. आपलें सौभाग्य आपल्या हातांनी पुसपाचें दळिद्रीपण कित्याक करपाचें?

घरा परतता आसतना सायराक भोंवन भोंवन त्या कुकमाच्या तिळयाचो उगडास येतालो. आवयन ल्हान आसतना तिका सांगिल्लें - मुसलमान चली जेन्ना जल्माक येता तेन्ना तिच्या कपलाचेर अल्लाचें नांव बरयिल्लें उरता. तिचें भाग्य अल्लाच थारायता, संकटाच्या वेळार राखण दिता; अडचल्ल्या वेळार आदार दिता... कपलाचेर कुकूम वा तिळो लावंक फावना. लायल्यार अल्लाचें नांव पुसून वतलें. अल्लाचें नांव पुसून गेलें जाल्यार ती मुसलमान उरचीना आनी कुकूम लायलो म्हूण हिन्दू जावची ना. तिका धर्मच उरचो ना!

धर्मच उरचो ना ही कल्पना कितली भयंकर! मुसलमान आपणाक मुसलमान मानचेनात आनी हिन्दू कपलावयलो तिळो पळोवनय आपली समजुचेनात.

सायरा शिकता. कॉलेजांत एक हुशार विद्यार्थिनी म्हूण तिची नामना आसा. ज्ञान-विज्ञानाचो अभ्यास करतना तर्काच्या कसाचेर विचार घांसून पळोवचेली विद्या तिका समजता. हें सगळें फकाण. मनशाचो जल्म हो जनमशास्त्राक धरून जाता. जल्मतना कोण धर्म घेवन येना. आवय-बापूय आपलो धर्म ताका दिता. अल्ला मुसलमान भुरग्याक वेंचून आपलें नांव थोडेंच बरयतलो! अल्लाचे नदरेन सगळे जीव सारके न्हय? तो भेद कित्याक करतलो?

पूण संस्कार चिवट आसतात. जें आपूण मानतां, जें वेंगावन बसलां तें लटकें हें जाणां जावनय तें सोंसपाचो धीर जायना. खंयचेय चलयेच्या कपलार तिबो पळयतकच तिच्या कपलावयलें अल्लाचें नांव पुसून गेलें असो दुबाव ओगीच तकलेंत येता.

अल्लाचें नांव थंय बरयिल्लें आसता हें खरें मानलें जाल्यार कपलाक लायिल्लो तिबो सौभाग्याचो कित्याक मानचो न्हय? पुसचो काय दवरचो ह्या विचारांत सायरा हारशामुखार केदो वेळ उबी रावल्या. फाटल्यान तिची आवय येता आनी म्हणटा, "थंय हारशांत कितें पळयता? कोणाकय दिसचें आदीं कपल धुवन घे."

आनी आज्ञाधारक चली आपल्या मनगटानच आपलें कपल पुसून घेता. ओगीच तिका दुबाव! कुकूम पुसलो... पूण तो पुसतना अल्लाचें नांवय पुसून गेलें ना मूं?

❋

झणझण

दर्याचे वेळेर वचून बसपाची क्षितिजाक ल्हानपणासावन संवय. सगळें ल्हानपण दर्यावेळेर ताणें सारिल्लें. दर्याच्या खाऱ्या वासाचो आनी वाऱ्याचो सहवास ताणें यतीश्ट भोगिल्लो. सकाळच्या वेळार सूर्य उदेवचे पयलीं आनी सांजच्या वेळार सोंपत्या दिसाक निरोप दिवचे खातीर तो दर्या वेळेर वचून भुसभुशीत रेंवेंत एकलोच बसतालो. हेर भुरगे रेंवेंत खेळटाले कांय धांवताले. कांय रेंवेंचीं घरां बांदताले. खूबशे बॉलांनी खेळटाले. मातशे व्हडले पिरायेचे भुरगे तीनकात्रीच्या वेळार कुल्ल्यो धरताले. पूण ह्या सगळयांपरस क्षितिज वेगळो.तो एके कुशीक एकमुळो बसून वरांचीं वरां उसळट्या ल्हारांक, उडट्या सवण्यांक, पयसुल्या व्हड्यांक ना जाल्यार दर्याच्या अथांग उदकाक पळयत बसतालो.

जाणटेपण मनशाच्यो खोशयो देंवोवन घेता. क्षितिजाक तरी हालीं तशें दिसतालें. शिक्षण सोंपलें आनी नोकरेची सक्ती जिणेंचें बंधन जावन बसली. घाटमाथ्यावयल्या गांवांत तो पावलो! जंय राती वेळार मळब आसलें; पूण त्या मळबाचो सांगाती दर्या नासलो.

दर्याक जंय मळब मेळटा, तो देखाव पळोवंक क्षितिज आंवडेतालो पूण प्रपंचाचे व्याप एके नदरेन ताका बांदून दवरतालो.

आतां रेंवेंत बशिल्लेकडेन ताणें दोनय मुठींनी भुसभुशीत रेंव घट धरली आनी ती गळत रावली तशी सोंपिल्ल्या कालखंडाचीं वर्सां मेजून घेतलीं.

सुर्याचें तांबडें बिंब अस्ताक वचून खूब वेळ जाला. काळखाची काळी कांबळ सैमाचें आंग धांकीत धांकीत उदेंन्तेकडच्यान अस्तंन्तेकडेन फुडें सरकत आसा.

अचकीत क्षितिजाची नदर मुखावयल्यान येतले काळे आकृतीचेर गेली.

दर्यांतल्यान चलून येतली आकृती. बायबलांतली कथा वाचतना येशू ख्रिस्त दर्यांतल्यान चलून आयिल्ल्याचें वर्णन ताणें वाचिल्लें. तसलोचसो तो देखाव.

आकृती काळी आनी कृष्णपक्षांतली काजळी पसय. सांवळी कशी ती वयर सरकता. आनी ते सांवळे वयल्यान दादलो काय बायल तें कळना.

चित्त विचल जालें. अनंतांत अंत सोदपाचो खेळ अचकीत थांबलो. ती आकृती कोणाची, खंयच्यान आयली, खंय वता हें समजून घेवपाची उमळशीक लागून उरली. लस्कराचे कवायतीचीं पावलां उखलीत ती आकृती आपले दिकेन येता असो ताका भास जालो. एकदम तो सतर्क जालो... ओगीच... हातांतली सुरी म्हाका तोपली जाल्यार... आतां कोण कोणाक आनी कित्याक सुरी तोपीत हाचो नेम ना.. सगळेंच असुरक्षीत जालां.

पूण भयाचो विचार ताणें कुशीक सारलो आनी येवजिलें, कोणय दर्याचेर न्हावंक गेल्लो आसतलो. वयर खंयय कपडे दवरिल्ले आसतले.

आकृती लागीं पावली तशें क्षितिजाचें काळीज ओगीच धडधडलें.

अचकीत आकृती ताचे मुखार उबी रावली. काळखांत दोळे मोठ्ठे करून ताणें ते आकृतीचें तोंड पळोवपाचो यत्न केलो. पूण वळख पटली ना.

"म्हाका शीं खाता, बेगीन तुवालो दी." ते आकृतीन हात फुडें केलो.

बायलेचो आवाज. आतां दोळयांक काळखाची संवकळ जाल्या. खऱ्यांनीच बायल. उकतो देह. उदकान भिजिल्लो आनी वाऱ्याचे शितळसाणेक लागून थरथरता.

"म्हजेकडेन तुवालो ना." गोंदळिल्ल्या क्षितिजान जाप दिली.

"फकाणां पुरो. म्हाका थंडी भरतली." ती बायल एकदम घुंवली. दोनय हात छातयेर पांगरून धांवली.

तिचे फाटमोरे सांवळेकडेन क्षितिज पळयत रावलो. कितें घडलें तें ताका कळूंक नासलें. हें सपन...? काय भास?

पयस दुसरी एक आकृती आसा थंय वचून ती थांबली. सारकें दिसना, पूण ती आंग पुसताली हें कळटालें. दुसरी आकृती म्हऱ्यांत उबी. सांवळेची हालचाल सुचयताली, ती कपडे बदलता.

दर्यांतल्यान वयर येतना ती जागो चुकिल्ली... काळखांत आपली आकृती ती आपल्या सांगात्याची आकृती मानून आपलेसरीं आयिल्ली.

कसली तरी एक याद विसरायेच्या तळयांत हुळहुळूंक लागली. कसली याद...? कृष्णान केल्ल्या गोपीच्या वस्त्रहरणाची...?

अचकीत एके गोपीचें रूप दोळयांमुखार उबें. कितलीं वर्सां वलांडलीं! जशी काय युगां युगां आदली ती गजाल. आळवाच्या पानावयल्या दंवाच्या थेंबावरी वज्रासारकी खीणभर दोळे दिपकावन दुसऱ्याच खिणाक ती घडणूक सोंपिल्ली. त्या वेळार एक वेगळो अणभव क्षितिजान घेतिल्लो आनी उपरांत तो विसरूनय गेल्लो.

दर्या लागसार एक खारें तळें. त्या तळयांत निळीं साळकां. शाळेची पिकनीक वेळेर आयिल्ली. आनी ती चली! राधिका तिचें नांव. उगडास जातकच सगळें चित्र दोळयां मुखार उबें रावलें... तळयांतलें साळीक पळोवन धांवत क्षितिजासरीं आयिल्ली... चलयो रिंगांनी खेळटाल्यो. चले फुटबॉल खेळटाले... क्षितिज मात माडा मुळांत बसून दर्याच्या ल्हारांनी शेणून बशिल्लो.

राधिका आयली आनी तिणें ताका हात लावन ताची तनर भंगयली. धांवत आयिल्ल्यान ती खरशेताली.

"थंय यो." तिणें क्षितिजाक सांगलें. "तळयांत एक निळें साळीक आसा. म्हाका काडून दी."

"तुका जाय जाल्यार तूं काडून घे." क्षितीज उबगून फडफडलो.

पूण राधिका निर्शेली ना. ताच्या हाताक धरून ती ओडूंक लागली. चाळीस पन्नास वर्सां आदली गजाल. तेरा चौदा वर्साचे पिरायेचो क्षितीज. राधिका देड दोन वर्सांनी ल्हान आसतली. पूण चलयेच्या स्पर्शाचो झणझण त्या दिसा पयलेच खेपे ताच्या रंध्रारंध्रांनी झंकारिल्लो. ल्हंवे कणकणी चंवर फुटिल्लो! आनी ताणें दोळे धांकून घेतिल्ले.

तिणें हात सोडलो ना आनी तो सुटचो न्हय अशें क्षितिजाक दिसलें.

उठून तो तिच्या सांगातान गेलो. दनपारचो वेळ. कडक वत. दर्या-वेळेवयल्या वाऱ्याक लागून धग जाणवना आसलो. पूण उकत्या पांयांक तोपिल्ले रेंवेचो शेक बसतालो...

खूबशीं साळकां. आनी साळकांचीं पातळिल्लीं पानां. सवणीं आनी पांखे हांची गर्दी त्या साळकां मजगतीं एकच निळें साळीक! नागिणीवरी आपलो फणो धोलयत

आपयतालें.

“तें पळय.” तागेलो हात सोडून आनी साळकाकडेन बोट दाखोवन राधिकान म्हळें, “तें साळीक म्हाका जाय.”

इतल्या वर्सांच्या काळांत मजगतीं एकेच खेपे तो प्रसंग ताच्या दोळ्यांमुखार उबो राविल्लो... महाभारत वाचतना द्रौपदीन भीमाकडेन तळयांतलें एक फूल मागिल्लें तो प्रसंग.. तें फूल काडूंक भीम उदकांत देंवलो आनी ताका यक्षान हटकिलो. भीमान यक्षाक जुमानलो ना आनी तो बेशुद्ध जावन पडलो... महाभारतांतले यक्षप्रस्न ह्या प्रसंगांतल्यानच उपजल्यात.

पूण क्षितिजाक त्या वेळार यक्षप्रस्न पडूंक नासलो. ताका कोणें हटकूंक नासलो. ताचो भंय वेगळो आसलो. तळयांत रेबो आसलो आनी रेब्यांत आपलो पांय मुंगरत हे भिरांतेन तो फाटींफुडें सरतालो.

आयज त्या प्रसंगाचो उगडास काडटना क्षितिजान मनांत म्हळें, रामाकडेन भांगराचें हरण मागपी सीता आनी भीमाकडेन सोबीत फूल मागपी द्रौपदी... संवसाराच्या आरंभाक सावन घडये अशेंच चलत आयिल्लें आसुये...

त्या दिसा तो रेब्यांत देंवलो. ताणें निळें साळीक खुडलें. तें घेंवंक फुडें पावल उखलिल्ली राधिका पांय निसरून रेब्यांत पडली. दोगांयलीं आंगां आनी आंगाचीं रेब्यान भरलीं. आंग धुवंक आनी आंगाचीं धुवंक तीं वेळेर आयिल्लीं. अबुद्द पिराय. संकोच वा लज नासली. आंगावयले कपडे काडून राधिकान ल्हाराच्या उदकानी आंग धुलें. तिगेलो फ्रॉक ताणें झंजळावन पिळिल्लो... व्हड्याचेर सुकयिल्लो.

इतल्या वर्सां उपरान्त लेगीत ताच्या जीर्ण देहान तो झणझण परत अणभवलो... त्या उपरांत राधिका ताचे जिणेंत केन्ना आयली ना. पूण ताका ओगीच दुबाव... निकतीच न्हावन भायर सरिल्ली ती बायल राधिकाच न्हय मू?

मन जेन्ना तर्क करता, तेन्ना तें चड विचार करिना. भावनेचे अधीन जावन वता. ती राधिका कशी आसतली? राधिकाय आतां जाणटी जाल्ली आसतली... क्षितिजाली बुद्ध ताच्या मनाक शिटकायता, तरी अमुरपिक्या चिंचेबोटाची गोडी येवजीत ओंठावयल्यान जीब भोंवडावची तशें ताचें मन यादींचे तळयेंत बुचकळ्यो मारता... तो दोळे धांपून घेता.

*

तिळो

हारशामुखार उबी राविल्लेकडेन श्रेयान परत एकवेळ सदचे संवयेन कपलावयल्यान बोट फिरयलें. आतां तेद्या कुडक्याक एक ल्हानशें फोंडकूल पडलां. चवनाचें खीण इल्लें विस्तारलां अशें तिका दिसलें. पन्नास पयशांच्या नाण्यायेदें व्हडलें...

कुंडेकुस्कुटाभाशेन आपलेंय भाग्य फळटलें अशें येवजीत लिपस्टिकीचो एक थर तिणें लायलो आनी उपरान्त तांबडे पिंजरेचो वाटकुळो तिळो लायलो. कपलाच्या मानान तिळो

व्हडलो खरो; पूण दुसरो इलाज नासलो.

भायले वाटेन बोवाळ चलला. हरशीं मनशां चड नात. पूण सगळोच कुलकुलाट. असल्या सुवाळ्यांची श्रेयाक आतां सवंय जाल्या. ते अडेचें हांशे, ते खोंचक प्रस्न. सगळे दोळे तिचेर थिराविल्ले उतरतले. गिधाडांच्या चोंचीसारक्यो त्यो नदरो तिच्या आंगाक तोपतल्यो. पूण आतां आंगाकय संवय जाल्या... कात वातड जाल्या. ताचें तिका कांय दिसना. निमाणें कोणाची तरी नदर त्या कपलाकडेन वतली. मागीर एक वयलेचाराचो साळसूद प्रस्न कोणय एकलो विचारतलोः ‘‘तूं येदो व्हडलो तिळो कित्याक लायता?’’

‘म्हाका आवडटा देखून!’ हारशांतल्या बिम्बाकडेन उलयिल्लेभाशेन करून श्रेयान कपलाचो तिळो पुसलो; पिंजर तोंडभर जाली. लिपस्टिकीची चिकटसाण नाका-पोल्यार पातळ्ळी. मागीर परत ती बेसिनाकडेन गेली. थंड उदकाचो पोसो तोंडार मारून शाबू लावन तोंड धुतासर आई भितर आयली.

‘‘आजून तूं तयार जावंक ना?’’ तिणें विचारलें

ते अवस्थेंतय श्रेयाक मस्करी येवजली. तोंडाक शाब्बाचो फेणेर चोळटां-चोळटां तिणें आईक म्हळें, ‘‘म्हाका कसली ताकीत गे? हांव तांकां पळोवंक येवंक ना. तेच म्हाका पळोवंक आयल्यात. बसतले थोडो वेळ...’’

‘‘हे चलयेचे जिबेक हाड म्हणून ना. वेळ-प्रसंग पळय नासतना कितेंय उलयता. बरें बाये... तुका जाय तशें कर... पूण उपकार करून बडबडूं नाका.’’

तीस वर्सांचो देह सजोवंक तिका तीस मिनटां लागतात. तीस मिनटां तरी नाकात? तशें नटप, सजप, तिका निखालच मानवना. तिचे वृत्तींतच तें ना. सादेपणाचें एक शालीनपण आसता, हें वळखूंक कलाकाराची नदर जाय आसता. पांच फूट धा इंच... सगळे आंकडे तिका तोंड पाठ आसात. भारत सुंदरीचे सर्तीखातीर फॉर्म भरतना लागतात ते सगळे आंकडे श्रेया तोंडपाठ जाणा. पूण ते वाटेन ती केन्ना गेली ना. चार-चौगांसारकी रावपच तिका आवडटा. शिक्षणांत ती तितली हुशार न्हय. सामकीच ढ न्हय. दिसपांत देवान लांबाय दिवंक नासली जाल्यार चलयांच्या घोळक्यांत ती नदरेंत भरपाची न्हय. कॉलेजांत आसतना तिका ‘जिराफ’ हो फिशपाँड मेळिल्लो. सगळे हांसले पूण तिका तातूंत उणेंपण दिसलें ना. जी गजाल आपल्या गुन्यांवान घडूंक ना, तिची लज ती कित्याक मानतली?

पूण ल्हान पिरायेसावन आयिल्ल्या गेल्ल्या म्हऱ्यांत उबी रावन आपले परस लांब कोण हें मेजपाची इत्सा तिच्या मनांत सदांच उरताली. कारणय सादें. एक दीस आईन म्हणिल्लें, ‘‘आमच्या श्रेयाक घोव सोदतना शिक्षण वा पगाराची वासपूस करचेपरस ताचे लांबायेची वासपूस करची पडटली.’’

पूण अशें आसूनय आपले लांबायेचेर ती कसली ना. बायलेपरस घोव वेंतभर नासलो तरी चार आंगळां वयर आसचो असो नेम खंयच्या शास्त्रांत सांगला? घोव मोटवो आसल्यार तातूंत लज कसली? आपणें आपणाक विचारिल्ले प्रस्न एकांतांत बशिल्ल्या वेळार ती आपल्या मनाक विचारताली आनी तांची जाप आपूणच दिताली. मनाचे चाळे ते, दुसरें कितें?

कोण तरी कुडींत आयलो आनी विचाराची तनर तुटली. गळसणिल्लो साडयेचो पदर

तिणें सारको केलो आनी तोंडावयल्यान हात फिरावन कपलार दसयिल्ली तिकली बोटान चिड्डून घट केली.

भायल्या सालांत श्रेयान पावल दवरलें तसो कुलकुलाट थांबलो. एक असह्य शांतताय सगळेकडेन पातळ्ळी. परकी आयिल्ले ते नाटकाचे स्टेजीचेर प्रवेश केल्ले नायिकेकडेन पळोवपाचे तटास नदरेंत तिचें आंग आंग तपासताले. घरचे दुबाव आनी अपेक्षेचे उमळशिकेन खंय उणें उरूंक ना मू तें तेळून घेताले.

"बस तूं." बापायन श्रेयाक बसूंक सांगलें.

धा नदरांच्या बाणांच्या धारांनी शिणून गेल्ल्या देहाक कदेलाच्या आदारान थोडी थाकाय मेळ्ळी. तिणें जमनीचेर थिराविल्ली नदर ल्हवू वयर काडून आयिल्ल्या सोयऱ्यांक पळोवन घेतलें.

एक कुवाडें सुटलें ना. सगळेच तरनाटे. तीन दादले, एकली बायल. तातुंतलो तो खंयचो? तिका कांय कळ्ळें ना. एकलो इल्लो चड उलयतालो. दुसरे दोगय थोडेशे नर्व्हस जावन बशिल्ले. तिच्या मनान घेतलें, हो उलयता तो बायलांकडेन उलोवपाची संवकळ आशिल्लो तो न्हवरो आसचो ना.

बंद पातयो जेन्ना उक्त्यो जाताल्यो, तेन्ना मुखावयल्या दोगांचीं रूपां दोळयांनी भरून घेवपाचो यत्न करताल्यो.

सगळ्या तरांचीं उलोवणीं जालीं. उलयतां उलयतां वातावरण ल्हव जालें. संकोच आनी परकेपणाचो तणाव ढील जालो. पूण अजून कोणाची नदर कपलावयल्या तिळयाचेर वचूंक ना. काय वचूनय कोणें कांय विचारूंक ना?

तिळो किटकिट्टा, बोट दवरून खरपुचो असो दिसता; पूण तो निखळून पडत म्हणपाची भिरांत. एक बरें, लजेस्त व्हंकलेची तोखणाय जाता आनी लजपाचें निमित्त करून तिळो लिपोवंक मेळटा.

आयिल्ले लोक निरोप घेवंक उठले तशी श्रेया उबी रावली. दोन पावलां फाटीं सरली. सुटकेचो उस्वास तिणें सोडलो. हे खेपे कोणाची नदर तिळयाकडेन वचूंक ना. येदो व्हडलो तिळो कित्याक लायलो अशें कोणें विचारलें ना.

दादले फुडें सरले. बायल फाटल्यान रावली. एक सोपस्कार उरिल्लो. होंट भरपाचो. आतां होंट भरपाची संवय आईक जाल्या. तिचेकडेन ती तयार आसता. एक खण, त्या खणांत गुलाबी लाखाटो, दोन नाल्ल आनी पगड्यांत तांदूळ-फुलां. रुप्याचे दोन करंड. हळदीचो आनी कुकमाचो. तयारच आसता... धुवेक कोण केन्ना पळोवंक येतलो हाचो नेम नासता. दारांत आयिल्ले सवाशिणीची होंट भरूंक जाय. तिचो मान राखूंक जाय.

होंट भरली आनी ती तरनाटी बायल आईच्या पांयांक हात लावन पांया पडली. आईन तिका तोंडभर आशीर्वाद दिलो आनी कुकमांत बुडयिल्लें बोट ओगीच श्रेयाच्या कपलाक आयिल्लेभाशेन केलें. फकत रीत म्हणून.

ते बायलेन कुकमाचो करंड हातांत धरलो आनी आदीं आईच्या कपलाक लावन दुसरी चिमटी श्रेयाच्या कपलाकडेन धरली.

तिचो हात खीणभर थिरावलो. येदो व्हडलो तिळो पळोवन तिका अजाप जाल्लें आसुये. कांय उलयली ना. खीणभर येवजिलें आनी कपलार लावपाची चिमटी तिच्या

नाकार लावन हात फाटीं काडलो... काय श्रेयाचे कपला मेरेन तिचो हात पावलो ना?

"एक सांग, तूं येदो व्हडलो तिळो कित्याक लायता?"

कसल्याय तरी गुपिताचो स्फोट जावचो तशी घरच्यांचीं तोंडां काळीं-धवीं जालीं. पूण श्रेयान असले अणभव हे आदींय पचयल्यात. तिणें जाप दिली, "कपलाक माव आसा ती धांकचे खातीर व्हडलो तिळो लायतां."

फुडलो प्रस्न विचारपाचें धाडस ते बायलेक जालें ना. ती मात्शी फाटीं-फुडें जाली आनी "येतां आं" म्हणून मुखार गेल्ल्या दादल्या सांगातान वचूंक गेली.

श्रेयाली जाप कोणाक रुचली ना. जें लिपयलें तें मुजरत सांगूंक कित्याक जाय आसलें? लग्न जातकच सगळयांकच कळटलें आसलें. ते मेरेन धांकिल्ली मूठ.

"अशें कित्याक सांगूंक जाय आशिल्लें?" आवयन तिका विचारलें. त्या प्रस्नांत रागापरस खंत चड आसली.

"लिपोवंक तरी कित्याक जाय आसलें?" श्रेयालो परतो प्रस्न, "हांव जशी आसां तशी उरतलीं. हांव बदलूंक सोदिना... फटोवंक सोदिना."

कोण कांय उलयलो ना. पूण बापायन एक सुस्कारो सोडलो. ताचीय आतां तिका संवय जाल्या. ती तशीच परत कुडींत गेली आनी हारशामुखार वचून तिणें तो प्लॅस्टिकाचो तिळो काडलो. मावेवयल्यान बोट फिरयलें. तेसरसीं सगलें भुरगेपण दिमखुन्यांनी चलत दोळयांमुखार आयलें.

आजी कुंडे कुस्कुटाची काणी सांगतालीः रानांतल्या घरांत कुंड्याचे कुडींत भांगराचे अलंकार कुंडे कुस्कुटाक मेळिल्ले. मोराचेर बसून तें कीर्तनाक गेल्लें. परत येतना कपलाक लायिल्लो वज्राचो तिळो काडून दवरूंक विसरलें...

आज्येचे मांडयेर झेमता-झेमतना श्रेया काणी आयकतालें. फुडें कितें जालें तें समजून घेवपाचे उमळशिकेन दोळे तटास उकते दवरपाचो यत्न करतालें. पूण जडाविल्ल्यो पातयो ते बंद करताल्यो.

आजी सांगताली, "रात्रींतलो इंगळो कपलाचेर दवरलो तो असो चकचकत उरलो..."

श्रेया न्हिदलें. गाढ न्हीद. पूण मनांत इंगळो उरलो. आज्येन केल्ल्या चकचकीत वज्राचें वर्णन कानांत घुमत रावलें!

दुसऱ्या दिसा सकाळीं रांदचे कुडींत कोण नासलो. सात वर्सांचें श्रेया एकलेंच रात्रीकडेन गेलें आनी सगळयांक विस्मित करपाचें येवजून इंगळो कपलार दवरलो...

त्या इंगळयाचो हो पर्वकाळ! कुंडे कुस्कुटाचें भाग्य उजळ्ळें; श्रेयाच्या वांट्याक मात तेन्नाच्यान कुंडे कुस्कुटाची जीण आयल्या!

आतां अशेंच घडटा. जुळटां-जुळटां लग्न मोडटा. कपलावयली माव नडटा... कोणाच्यान सांगूं येता? हे मावेन घडये तिच्या नशिबांत वेगळेंच कितेंय बरोवन दवरिल्लें आसुये!

❋

जात्रा

दोंगर चडून वयर वतकच एक उकतें पठार लागता. बोडको दोंगर. नदर वता थंय तळपांच तळपां. तळपांच्या खांचींनी धोंपरभर करड वाडलां, जें आतां सुकून गेलां. कोणाली विडी पडली जाल्यार पुराय मळभर उजो पातळूंक कळाव लागचो ना. असो विचार ताचे तकलेंत येता आनी पेटोवंक काडिल्ली सिगरेट तो पेटयनासतना बोल्सांत घालता.

अस्तमतेक देंवतल्या सुर्याचें वत अजून मोव जावंक ना. दोळयांचेर हात धरून तो दोंगरा पलतडचो थाव घेता. दोळयांत भरतात तीं माडाचीं चुडटां आनी तांचे पलतडीन वतान लखलखतीं दर्याचीं ल्हारां. कडयिल्लें रुपें रकतकच व्हांवता तसो ताका तो देखाव दिसलो. वताचो रखरख इतलो खर, पांयांतलें रबरी जोतें तापून ताच्या तळव्याक हुलप बसताले. ते आदीं काण्णीचो एक कांटो रबरी जोतें भेदून ताचे खोंटेंत रोमिल्लो, जो काडीत सावन ताका वेग मारताले. अजून वेग तशेच मारतात. झाडामुळांत बसून सिगरेटीचो एक बूट दिलो जाल्यार वेग कमी जातलो असो एक विचार ताचे तकलेंत घोळटा. पूण पेटयिल्ली काडी कड्डाक लागत हे भिरांतेन तो फाटीं-फुडें सरता.

आतां गांव लागीं आसा. धा धेंपां घसघशीत उखल्लीं जाल्यार तीनसांज जावचे आदींच तो गांवांत पावतलो. सामको दीस उजवाडे ताका गांवांत वचपाचें ना. जात्रेक म्हणून वतलो मनीस बेगसार म्हळो तरी दीस बुडचे आदीं पावल्यार कशें सोबतलें?

तसो गांवांत ताका कोण वळखना. पोरूंची याद दवरून तो परत जात्रेक आयला.

...पोरूंची याद म्हळयार एक शितळ सुखदिणो उगडास! यादीसरशीं सुकिल्ल्या ताळयांत शितळ उदकाची धार पडिल्ल्याचो अणभव ताणें घेतलो. दोळे धांपून त्या प्रसंगाचो परत उगडास काडलो. प्रसंग सामको सादो. जात्रेचें नाटक सोंपतासर फांतोड जाल्ली. ते मेरेन अर्दो माटव उठून गेल्लो. माचये वयलीं सवंगां झेमत, पेंगत नाटकाची कथा फुडें व्हरतालीं. पूण गंभीरपणान कोणच नाटक पळयनासलो. ताकाय नाटक पळोवपाचें नासलें. रातभर तो उबोच उरिल्लो. कितलीं सोदां, कितल्यो च्या, कितल्यो पानपट्ट्यो जाल्ल्यो. परत वचपाक दीस जावंक जाय. एक दोंगर चडून देंवपाचो इतलो लागीं ताचो गांव. पूण काळखांत कसो चलतलो? सांगाताक कोणय जाय. पांयापोंदा जिवाणें येवचें ना म्हणपाची जतनाय घेवंक चूड वा टॉर्च जाय. ते भायर रानवटी जनावरांची भिरांत आसाच.

ल्हवू-ल्हवू देवळा भोंवतणची गर्दी पातळ जायत रावली. ती तो दोळयांनी पळयतालो. लोक घरा परततालो. जांचीं घरां गांवांत नासलीं ते सोयऱ्यांले, वळखिच्यांले पडवेचो आदार घेताले. तो खंय वतलो?

ताणें आपणाकच दुशण दिलें. खंय वचपाचें ना जाल्यार तूं जात्रेक आयलोच कित्याक? तशी मार व्हडली जात्रा न्हय ती. येदोसो गांव आनी ल्हानशीच जात्रा. सगळीं तीन च्याचीं दुकानां म्हळयार आटाप केदो तें कळटलें.

पूण कोणें तरी ताका सांगिल्लें, ते जात्रेची म्हयमा वेगळीच आसा. थंय वतल्यांचीं लग्नां जुळटात. देवळाच्या प्रकारांत, नाटकाच्या माटवांत, फेरयेंतल्या दुकानांनी खंय तरी नदरेक नदर आपटता आनी ब्रह्मदेवान मारिल्ली निसरगांठ थंयच घट जाता!

ताच्या गांवचो एक वाळेस भुरगो असोच जात्रेक गेलो आनी फांतोडेर व्हंकलेक घेवनच

घरा परतलो! नक्षत्रासारकी सुंदर व्हंकल! आनी हो तर वाळेस. पूण त्या गांवची करामत. ब्रह्मदेवान मारिल्ली गांठ. ताचो गुन्यांव ना आनी तिजीय चूक ना.

हे खेपे ताणें सामकें थारायिल्लेंच. फाटले खेपे तागेलें चुकिल्लें आनी ऐन वेळार तागेल्या मनान कच खाल्ली. हे खेपे ती चूक तो सुदारतलो...

पोरूं असोच दुसरें कांय करपाचें ना म्हणून तो खंय तरी पांयाक विसव दिवचो अशें येवजून नाटकाच्या माटवांत बशिल्लो. थंय कांय जाण बसून बसून झेमेताले, तर कांय नाटक पळयतां पळयतां जमनीर न्हिदून पडिल्ले.

अचकीत ताच्या खांद्याक कोणाचो तरी हात लागलो. दोळे उकते करून पळय जाल्यार ओणव घाल्ली सुंदर बायल मुखार उबी. सपन बी न्हय मू? ताणें दोळे चोळळे. ते मेरेन ती थंयच उबी. स्टेजीर नाटक चलता. कुशीक सोडाच्या बाटल्यांचो गुड्ड्यो आवाज काडून फुट्टात. खंय तरी भुरगीं रडटात. पेंपारीं वाजतात. नाटकांतलीं सवंगां भाशण किळचेतात... ताणें दाव्या हातान उजव्या हाताक ल्हवू चिमटो काडलो आनी तें सपन न्हय म्हणपाची खात्री केली.

परत ते बायलेन ताका हात लायलो आनी विचारलें, "म्हाका मातसो ते पाळणीकडेन पावयता?"

तरीकय ताचो आपणाचेर विश्वास बसना. अजून रात सोंपूंक ना. विजेचे दिवे देवळा भोंवतणी आसात तितलेच. पाळण खंय तें तो नकळ. पूण थंय दिवे आसचेनात. पाळणीकडेन कित्याक? तूं सांगता थंय हांव पावयन, अशी जाप मनांत येता; पूण तोंडांत येना. तो बेगिबेगीन उठून उबो रावता आनी म्हणटा, "चल या."

उजवाडांतल्यान काळखाकडेन ती वता. फाटल्यान तो. ओगीच ताका दिसता, तिचें रूप दोळयांत भरून घेतलें ना. ती सुंदर आसूंक जाय. दोन पावलां फुडें उखलून तो अदमास घेता. ती चड मोटवी ना आनी लांबय ना. आरेच्चा! ती घोवाची बायल काय कितें, तें ताणें पळयलेंच ना.

काळखी वाट सुरू जातकच मुखार चलतना ती मातशी थांबता. ताका म्हणटा, "काळोख आसा. पळोवन पांय घाल... तुका त्रास दिले... पूण ह्या वेळार हे पाळणींत बायलमनशेक सदांच भंय. जिवाणीं, कोले नासले जाल्यार तवनास दादले पिडटात."

आपूण अनवळखी आसूनय ती कशी विश्वासली असो प्रस्न ताका पडटा. तो म्हणटा, "त्रास बी कांय न्हय. हांव वाट नकळं. पूण सांगात व्हड खोशयेन दीन."

"वाट हांव जाणां..."

आतां ती मातशी खेटून चलता. केन्ना तरी भुजाक भूज, हाताक हात तेंकता तसो ताचे छातयेचो धडधड वाडटा.

"एकलीच आयिल्ली?" तो विचारता.

"येतना सगळीं आसलीं. नाटक पळोवंक बसलें. थंयच लकणी लागली. उठून पळय जाल्यार सगळीं गेलीं. एकली चली काळखांतल्यान कशी वतली? धिराक कोणय जाय देखून तुका उठयलो..."

तो कांय उलयलो ना. तीय उलयली ना. पयसुल्ल्यान केरोसिनाचे दिवे पेटिल्ल्याचो उजवाड दिसता. पाळण सोंपता आनी इल्लो रूंद रस्तो लागता.

"हांव पावलीं." ती म्हणटा, "तूं आमगेर कित्याक येना? मातशी फाट तेंकय आनी च्या घेवन सकाळीं वच."

अकल्पित आमंत्रणान तो गोंदळटा.

"ना, ना." तो म्हणटा, "म्हाका दुसरे रावतले."

"बरें तर." ती म्हणटा आनी ताचो निरोप घेवंक सोदता. तिचें रूप एक खेपे नदरेंत भरून घेवपाचो यत्न करूंक तो मातसो लागीं सरता. पूण त्या काळखांत दिसता ती काळी आकृती.

"उपकार जाले तुजे." ती म्हणटा.

तो धीर करून हात फुडें सारता आनी विचारता, "आतां परत केन्ना?"

"तुका काय आमगेर येवंक फुरसत ना. आतां बद्द फुडल्या वर्सा."

ताचो हात ती हातांत घेता. थोडीशी ऊब आनी जोगलाचें कंपन. दुसऱ्याच खिणाक हात सोडून ती वता.

तो येवजीत बसता. म्हजें चुकलें. हाचे परस वेगळें ती कशी सुचयतली आसली? जड पावलां उखलून तो देवळाकडेन परतता तेन्ना उदेंन्तेकडल्या मळबांत गुलाल उबूंक लागिल्लो दिसता.

ह्या वताच्या कडार बोडक्या दोंगराच्या माथ्यार उबो रावन तो सगळो प्रसंग तो येवजिता आनी ओली जीब सुक्या ओंठावयल्यान भोंवडावन तृतीचो आंवडो गिळटा.

कितले बेगीन वर्स उलगलें! ह्या दिसाची वर्सभर तो वाट पळयतालो. तो दीस आज उदेला. पयस खंय तरी लावडस्पिकराचेर सिनेमांतलीं पदां वाजतात... हय, जात्रेचें मळ लागीं पावलां.

पूण ती ताका परत भेटत? भेटली जाल्यार वळखत?

पठाराचेर एकूय झाड ना. पूण पठार सोंपून देंवती सुरू जाता थंय एक झाड आसा. उणेंच देड मैल अंतर आसतलें. वाडिल्ल्या कड्डा मदली नागमोडी वाट नदरेंत भरता.

ताळो सुकून आयला. आंग हुमेन चिप्प भिजलां. रातीच्या शिंयाची तयारी म्हणून ताणें आंगांत कोट घाल्लो तो काडलो. कोटाच्या बोल्सांत ल्हानशी टॉर्च. ती पेटोवन पालयली आनी तो घसघशीत पावलां उखलून चलूंक लागलो.

तुळशीदासाची कथा ताणें वाचिल्ली. प्रियेचे भेटेक वतना जनेलाचेर चडटलो सोरोप ही दोरी समजून तो वयर चडूंक सोदतालो. ती अवस्था कशी आसुये ताचो अदमास ताका आयलो. कड्डांतल्यान एक जिवाणें हुळहुळून गेल्लें ताणें पळयलें. पूण तो भियेलो ना. जशी काय ताका जिवाण्याची पर्वाच नासली!

पोरूंची याद आयसफ्रुटाचे बडयेवरी ताचे तकलेक शितळसाण दिताली. तितली गजाल सोडली जाल्यार बाकी सगळो रखरख. झाडाच्या मुळांत वचून तो बसलो. मेळळें जाल्यार इल्लें उदक पियेतलो आनी उपरांत पांयाच्या तळव्याक सिगरेटीचो बूट दितलो.

एक कोलो आडवो गेलो... उजव्यान... तो ताणें शुभ शकून मानलो आनी मोटे उमेदीन फुडली वाट चलूंक लागलो.

*

मनीस

ल्हान भुरगो किराक मिरसांग खावयता. माणकुल्या बोटांचे चिमटेंत ल्हानशी मिरसांग ताणें धरल्या आनी पांजऱ्याच्या दारा कुशीचे जाळयेंतल्यान तो ती किराक खावयता.

किरान मिरसांगेक चोंच मारली ती भुरग्याच्या बोटाक तोपली. रगत आयलें. हात फाटीं घेतना दुसरें बोट पांजऱ्याच्या दाराक लागलें आनी दार उकतें जालें.

उलयतलो कीर. वर्सभर घरांत पोसला. सगळयांचे आवडीचो. उकत्या दारांतल्यान ताणें तकली भायर घाली. पांखाटे फांफडून ताणें बळाचो अदमास घेतलो. भुर्र करून उडून दारांतले पेरीचेर वचून बसलो.

मेकळो वारो, उकतें मळब पळोवन तो भुरकुटलो. चारय दिशांचो थाव घेतलो आनी रानाचे दिशेन उडून गेलो. कीर उडून वतकच घरातं कितें जालें ती वेगळी काणी. आमी किरा सांगातान रानांतच वचुया.

वर्साच्या काळांत किराच्यो संवयो बदलल्यात. मुखार येत तें खाण खावपाची संवय जाल्या. घरचीं मनशां शिकयतात तें उलयतलो हो कीर आपली भास विसरला.

आंब्याच्या झाडाचेर सात आठ कीर बसल्यात. एके कुशीक तो माणसाळिल्लो कीर. सगळे ताका दुबावान पळयतात.

"हांव सांगतां तुमकां," एक कीर हेरांक म्हण्टा, "हो मनशांचो गुप्तहेर. आमी खंय रावतात तें पळोवन वतलो आनी फाल्यां मनीस येवन आमकां धरतले."

"तशें म्हणूं नाकात, भावांनो," काकुळटेक येवन कीर सांगता, "एका वर्साचो बंदिवास हांवें भोगलो. म्हजे तळमळे तुमकां कितें सांगू?"

एकल्याक ताची काकुळट दिसता. तो म्हणटा, "आमचोच भाव तो. ताका पिडूं नाकात. तो मनशांली भास शिकून आयला. आमकां ताचो फायदो जातलो."

आंब्याच्या रुखाचेर हेर किरां वांगडा माणसाळिल्लो कीर रावंक लागलो. पूण बाबडो सदांच कश्टी उरतालो.

"तुजें घडलां कितें?" एक दीस दुसऱ्या किरान ताका विचारलें.

"घरचीं याद येता."

"घरचीं? खंय आसा तुजें घर?"

"तो पांजरो हेंच म्हजें घर. तो बंदिवास हें हांव जाणां. पूण वर्साच्या राबित्यान ते जिणेची संवकळ जाल्या. थंयचीं सुखां आंगवळणीक पडल्यांत."

रस्त्यावयल्यान एक बायल वता. ती लागीं पावतकच माणसाळिल्लो कीर दुसऱ्यांक शिटकायता. ती बायल पदां म्हणीत जळोव पुंजायता. आंब्यातळा येवन सांवळेक बसता.

सगळे कीर तिका पळयत रावतात.

अचकीत थंय एक दादलो पावता. आंब्यामुळांत बशिल्ले बायलेक पळोवन थांबता. विचारता, "हो जळोव खंयच्यान हाडलो?"

ती जाप दिना. ताका पळयत रावता. तो दादलो जळवाच्या भोऱ्याक हात घालता.

ती पांया पडटा. "हो जळोव घरा व्हरून रांदन पेटोवंक जाय... जेवण शिजोवंक जाय."

"आज बरी सांपडली तूं. सद्दां जळोव चोरून व्हरता. हाचे फुडें जळवाक हात लावंक मेळचो ना."

"जाल्यार हांव जेवण कशें शिजोवं?"

"तुजें तूं पळय. जळवाक पयशे पडटात."

"पयशे खंयचे हाडटलीं?" ती विचारता.

"घोव जोडटा न्हय? तुका तांदूळ फुकट मेळटात? दाळ फुकट मेळटा? पयशे दिवन तूं सगळें हाडटा. जळव मात फुकट व्हरता?"

लाचार बायल, रानांतलो एकांत. वाद-विवाद बरो वेळ चलता. मागीर ती वश जाता. ताका जळवाचें मोल मेळटा.

दोगांय वतकच हेर कीर माणसाळिल्ल्या किराक विचारतात, "तांचें कितें जालें?"

कीर जाप दिता, "मनीस म्हळयार दोन पांयांचें जनावर. काल तो माकडासारको आसलो. रानांत रावतालो. उपरांत ताणें फुडल्या दोन पांयांचे हात केले, घर बांदलें आनी घरांत घरकान्नीक हाडून कुटूंब उबें केलें. पूण जेन्ना तो एकोडो उरता, तेन्ना ताका कालची जीण याद जाता. ती तो जगता."

हेर किरांक कांयच समजलें ना. एकल्यान विचारलें, "मनीस म्हळयार रानांतल्या जनावरासारको?"

"हय, मनीस हें जनावरच. तो घरांत रावता, इतलोच फरक. पूण हांवें पळयलां, आपणें बांदिल्लें कुटूंब नांवाचें घर तो आपले करणेन मोडूंक लागला... तो परत रानांत रावंक येतलो. तो परत जनावरांची जीण जगतलो."

"केन्ना?" एक कीर विचारता.

"फाल्यां."

"फाल्यां?"

"हय फाल्यां. तांचो एक दीस म्हळयार एक यूग. तांचें काल आमचेसारकें आसलें. तांचें आज वेगळें दिसलें तरी आमचे सारकेंच आनी ते जे दिशेन वतात तें पळयलें जाल्यार तांचें फाल्यां जनावरांच्यानय पाशट आसतलें."

सगळे कीर हांसले. कितें समजलां म्हणून न्हय, तर तो माणसाळिल्लो कीर पिशांची भास उलयता म्हणून!

पूण शारांतल्या किरान मात खंतीचो सुस्कार सोडलो.

*

ख्यास्त

आयताराचें मीस आयदान केन्नाच चुकोवंक नासलें. पूण फाटले तीन आयतार चुकलें. भाटकारागेर कामाक लागत सावन अशें घडूंक लागलां. भाटकाराल्या घरचो कोणूच मिसाक वचना आनी भाटकान्न आयदाकय इगर्जेंत वचूंक दिना.

पयल्याच शेनवाराची गजाल. रातीकडेन तिणें मागीलदारांत आशिल्ल्या भाणांत बांयचें

उदक काडून भरलें आनी भाटांत भोंवन पुंजायिल्लो जळोव राज्रींत घालून पेटयलो. सुकून सडसडीत जाल्लो जळोव भरभरीत पेटलो आनी ताचो धग घेत आयदा राज्रीमुखारच बसली. उज्याच्यो जिबो, भाणाच्या काळया पोंदाक वेंगावन बशिल्लो. सुक्या जळवासरशीं ओलो जळोव लेगीत पेटूंक लागिल्लो.

ओगीच तिका काजुबियेचो उगडास जालो. भाटकारागेर येता आसतना पोतयेंत तिणें दोन बचकां काजुबियो घाल्ल्यो. उजो आयतो आसा, बियो भाजून जातल्यो अशें येवजून ती उठली. फाटले वासरेर जळवाची कूड आसा. तेच कुडींत एका कोनशाक आयदान आपली पोती वांशाक बांदिल्ल्या राजवाच्या कुडक्याक हुमकळायिल्ली.

तें पोतयेंत तिगेलो पुराय संवसार भरला. संवसारांत तिचें अशें आसलें तें तितलेंच. एक ताफेताचो स्कर्ट-ब्लावज, जो आवयन तिचेखातीर शिंविल्लो. आवयचो तो एक गोड उगडास. आज ह्या संवसारांत तिची आवय ना आनी बापूयय उरूंक ना. भावंडां नात. मायेचो असो एकूय मनीस ना. उरला तो आवयचो उगडास... स्कर्ट-ब्लावजाच्या रुपान...! एक तांबड्या मणयांची माळ आसा ती तिगेले आवयची. दोन विटके व्हिस्तीद आनी काजुच्यो बियो. तिगेल्यो अशो वस्तू ह्यो इतल्योच.

आवय मेली. पयसुल्ले मावशेन तिका आपणागेर व्हेली. तशी मावशी मायेस्त, पूण अडचणींतल्यान संवसार चलयताली. दोग जाणां जेवलीं जाल्यार दुसऱ्या दोगांक उपाशीं रावचें पडटालें. तितलेंच जेवण कुळण्यांत शिजतालें. मागीर तायखिळो, मशींग बुड्डून हाडप आनी उकडून खावप.

"तुका हांव भाटकान्नीगेर कामाक धाडटां." एक दीस तिणें आयदाक सांगलें, "दोन वेळचें जेवण तरी मेळटलें. आंगाक घालूंक कपडे मेळटले. घडये थोडो पगार तुज्या नांवान जमा जातलो. एक दीस बरो घोव मेळून तूं तुज्या संवसाराक पावतलें."

एक सपन तिणें आयदामुखार रंगयिल्लें. ताचो पुराय अर्थ आयदाक समजलो ना तरी तिची उमेद वाडिल्ली. मावशेक सोडून वचचें पडटा, इतली खंत मनांत दाटून आयिल्ली.

धगामुखार बशिल्लेकडेन तें सपन दोळयांमुखार उबें रावलें. भाटकान्नीलें काम तशें चड न्हय. व्हडलें घर, घरांत मनशां चार. भाटकान्नीचो घोव, भाटकान्न आनी तांगेलीं दोन भुरगीं. एक पूत आनी एक धूव.

धूव सुंदर दिसता. इंत्रुजाच्या खेळांनी तिणें राजकुंवरीक पळयिल्ली. तिचेपरसूय सोबीत. ती म्हऱ्यांतल्यान गेली जाल्यार चेरावो परमळ आयदाच्या नाकांत भरून तिचें मन धादोसता. तिचो भाव सामको राजकुंवर! कामां अशीं कांय नासतात. एक शीतकडी शिजोवपाची आनी नुस्तें भाजपाचें. जेवण तितलेंच. घरचीं जेवन उरता तें सगळें आयदालें...

जेवता आसतना उंडी ताळयाकडेन आडखळटा. मावशेगेर थोडे गोटे पाविल्ले जाल्यार चार भुकेल्ले जीव संतुश्ट जातले आसले अशें दिसूंक लागता. पूण धाडटली कशी?

पोतयेंतल्यो बचकभर बियो हाडून तिणें राज्रींत घाल्यो. खिणांत तांचो घमघमाट सगळयाक पातळलो. भितल्ले कुडींत आशिल्ली भाटकान्न वासासरशीं धांवत मागीलदारांत आयली आनी फाटल्या दाराच्या हुंबऱ्यार उबी रावन अविस्वासान राज्रीमुखार बशिल्ल्या आयदाकडेन पळयत रावली.

केदो वेळ ती पळयत तशी उबी आशिल्ली देवाक खबर! एक बी उसळ्ळी, तशी आयदान तकली फाटीं काडली. तेन्ना तिची नदर हुंबऱ्यावयले भाटकान्नीचेर गेली.

नदरेक नदर मेळ्ळी तेन्ना भाटकान्नीन एकदम आकांतून विचारलें, "हें तूं कितें करता आयदा?"

"न्हावच्याक उदक तापयतां." सादेपणान आयदान जाप दिली.

"उज्यांत कितें घालां...? जळोव खंयच्यान हाडलो...? तुका न्हावच्याक तापयिल्लें उदक कित्याक जाय...?" तोफेंतल्यान गुळे सुटचे तशे भाटकान्नीच्या तोंडांतल्यान प्रस्न भायर सरले.

हे सादेपणान विचारिल्ले प्रस्न न्हय म्हणपाची गजाल भाटकान्नीची नुरा पळयनाफुडें आयदाच्या लक्षांत आयिल्ली. तरी सडसडीत उबी रावन आयदान थंडसाणेन जाप दिली. "फाल्यां आयतार..."

"खंय नाचाक वतलें काय कितें?" भाटकान्नीलो परतो प्रस्न.

"इगर्जेंत... मिसाक..."

"तुका आनी म्हाका मीस कित्याक? पातकां करता ताका मिसाक वचूं दी... उदक न्हातलें जाल्यार बांयचेर वचून शेळें उदक न्हा. जळोव असो काबार करूं नाका... आनी त्यो बियो खंयच्यान हाडल्यो?" भाटकान्नीलो सूर मात्सो देंविल्लो.

"हांवें येतना घरच्यान हाडिल्ल्यो." आयदान जाप दिली.

"बरें आसा... फोड आनी बाबाक दी. ना जाल्यार तूंच सगळ्यो खावन उडोवशी..."

न्हाण उरलें. रुचीन भाजिल्ल्या काजूच्या बियांची रूच घेवचेली उरली. पूण आयदाक खऱ्यांनी वायट दिसलें तें इगर्जेंत वचूं नाका म्हळें ताचें... त्या खिणाक तिणें मनांत म्हळें, आपूण मरतकच सर्गांत वचूंक जाय. म्हाका यमकोंडांत धाडूंक सोदता ही! पूण दुसऱ्या दिसा जेन्ना घरचो कोणच इगर्जेंत गेलो ना हें तिणें पळयलें, तेन्ना आपणाली भाटकान्न खऱ्यांनीच किरिस्तांव काय कितें असो दुबाव आयदाक आयलो.

तीन आयतार अशेच गेले. कितलीं पातकां तिच्या नांवार रुजू जाल्लीं कोणाक खबर! खंय धुवन काडटली? कशी धुतली? आयदा येवजिताली.

पयसुल्यान इगर्जेच्यो घांटी वाजतात त्यो तिका आयकूंक येतात. घराकुशीक जी वंय आसा, तिचे पलतडीन तांबडे मातयेचो रस्तो सरळ इगर्जेकडेन गेला. मिसाक वतल्या येतल्या लोकांक आयदा सदांच पळयता. बऱ्यांतली बरी मुस्तायकी आंगार घालून दादले-बायलो आनी भुरगीं मिसाक वतात. तिणेंय आजमेरेन एकाय आयताराचें मीस चुकोवंक नासलें. भाटकान्नीगेर येत सावन चुकलीं.

"मनांत सैतानाचें राज्य चलता तेन्ना ताका जाल्ली येवजणी तकलेंत रिगता. ही येवजणी तकलेंतली काडून उडोवचेखातीर मीस आयकुचें." एक खेपे पाद्रीन सांगिल्लीं तीं उतरां तिचे तकलेंत आतां घणधणलीं... इगर्जेचे घांटीसारकीं.

भाटकान्न उठून भायर आयली तेन्ना दीस वयर सरिल्लो. आयली तशी तिणें आयदाक उलो मारून घर झाडूंक सांगलें.

"आज कितें नवीदाद भाटकान्नी?" आयदान अजापून विचारलें.

"घर झाडूंक सांगल्यार नवीदाद कसली?" भाटकान्नीन परतो प्रस्न केलो.

"दोन दिसां आदींच झाडिल्लें म्हूण विचारलें." आयदान म्हळें आनी मान सकयल धालून झाडणी हातांत घेतली.

सालांत वयर एक कंवचेचें झुंबर आसा. भुरगेपणांत आयदाकडेन तसलें एक भींग आसलें. त्या भिंगांतल्यान संवसारांतल्यो सगळयो वस्तू रंगीत दिसताल्यो. झाडणेच्या धपक्यान एक भींग सकल उडोवचें अशें तिच्या मनांत आयलें. तिणें फाटलें वटेन पळयलें.

फाटल्यान भाटकान्न उबी.

"थंय झाडणी घालनाका. ती कंवचेची वस्त... फुटत... तसली वस्त आतां मेळना... कितलेय पयशे दिल्यार मेळची ना..."

झाडणी कुशीक काडून वणटीचेर नाशिल्लो धयरांव काडपाचो यल करतना चुन्याचो एक कपचो निखळळो आनी सकल पडलो. तितलेंच भाटकान्नीक पुरो जालें. तिणें आयदाक फैलार घेतली आनी विचारलें, "तकली खंय आसा तुजी?"

एक थापट तिच्या पोल्यार आपटलें. पोल्यापरस काळजाक दुखी चड जाली.

"म्हजो कांय गुन्यांव ना भाटकान्नी." तिणें सांगपाचो यल केलो आनी पश्चातापाचो हुडको गिळळो.

"मागीर चूक कोणाची, म्हजी?" भाटकान्नीन तिका कडकडायली. "इतलीं वर्सां कपचो पडलो ना... आतांच कसो पडलो? तुवें बडी आपटिल्ली?"

"ना. कपचो पडपाचो पडला."

"उरफाटी जाप दिता? आतां तो सारको कोण करतलो?"

आयदान जाप दिली ना. मोन्यांनी तो चुन्याचो कपचो हातांनी उखल्लो आनी जनेलांतल्यान भायर उडयलो.

जनेलाकडेन ती खीणभर थांबली. मार्गावयल्यान मिसाक गेल्लो लोक परत येतालो. कांय भुरग्यांच्या हातांत तांबडे हळडुवे बोमाडे आसले.

"आयज इगर्जेकडेन फेस्त काय कितें गे भाटकान्नी?" तितल्याच सादेपणान आयदान विचारलें.

"तकलेंत फेस्त गेलां दिसता तुज्या!" भाटकान्नीन म्हळें, "तूं फेस्ताक वचूंक सोदता?"

प्रस्नाचो रोख वळखुपाइतली आयदा शाणी आसली. हय म्हणून तोंडार आयिल्ली जाप मान सकल घालून तिणें गिळळी. परत झाडणी हातांत घेतली.

"पुरो. दवर ती आतां. आनीक कपचे उडोवशीत. तुज्या हातांत घर दिल्यार तूं सगळें घर पाड घालून उडोवशीत."

"आज कितें आसा भाटकान्नी?"

"सगळयो जायण्यो तुका नाकात. सांगलां तें काम तूं कर..." भाटकान्न पांय आपटीत भितर गेली.

पयस इगर्जेंत घांट वाजली. आपलो उजवो हात कपलार, छातयेर आनी दोनय भुजांचेर भोंवडावन आयदान देवाचो उगडास काडलो आनी मागलें, "धनया, म्हजो गुन्यांव भोगोस. हांव मिसाक पावलीं ना. तातूंत म्हजो गुन्यांव ना. मागीर ही ख्यास्त म्हाका कित्याक?"

❋

केळ

मागीलदारच्या सोपणाचेर बशिल्लेकडेन प्रियान दाव्या पांयाच्या दुसऱ्या बोटांतलो रुप्याचो वेडो भायर काडलो आनी ताचें टोंक गांचान घांशीत बोटाक रोंबतालें तें कूस परतुपाचो यत्न केलो.

अचकीत प्रियाची नदर बांयचे पलतडीन वंयेक ओणखून आशिल्ले केळीचेर गेली. आनी थंय गुबगुबीत तांबसार बोंड पळोवन एक सुखदिणी संवेदना तिच्या आंगांतल्यान देंवली.

केळीक बोंड फुटिल्लें!

हातांतलो वेडो आनी गांच थंयच दवरून ती उठली. ल्हान भुरग्याभाशेन धांवत भितर वचून आपले मांयक उलो मारलो. "आई, भायर येवन पळय. अजाप घडलां."

दनपारच्या वेळार न्हिदपाची मांयक संवय ना. पूण हालींच्या दिसांनी ती खाटेचेर बसून स्तोत्रां वाचतां वाचतां एकाद्री झेम काडटा. सुनेच्या उल्यासरशीं आंग काडून ती जागी जाली. कुडीच्या दारांत येवन उबी राविल्ले प्रियाचेर नदर थिरावन विचारलें, "अशें घडलां तरी कितें गे?"

"भायर येवन तूंच पळय." प्रियान जाप दिली.

मांयचें आनी सुनेचें नातें हरशीं आवय-धुवेसारकेंच आसा. लग्न थारत सावन हालीं हालीं मेरेन मांय आयिल्ल्या गेल्ल्याकडेन प्रियाच्यो तोखणायो करताली. ह्या दिसांनी ती थोडीशी जड जाल्या. ना जाल्यार हरशीं प्रियाले केंस, रंग, रूप, साडी न्हेसपाची आयट, घरकामांतली हुशारी... हांची तुस्त-तोखणाय तोंड वळसर ती करताली. हालीं मात सुनेक पळोवन मांय सुस्कारे सोडूंक लागिल्ली. देवान सगळें दिलें, पूण होंट रिकामी दवरली म्हणपाची खंत शुक्ल पक्षांतल्या चंद्राभाशेन तिच्या मनांत वाडटाली.

आपणाली कूस उजवना हातूंत आपलो गुन्यांव कसलोच ना, तरी मांय आपलेकडेन वेगळे नदरेन पळयता म्हणपाची जाणविकाय प्रियाक नासली अशें न्हय. पूण ती बाबडी कितें करतली? देव-देवसपणाचेर तिचो विस्वास ना. पूण मांयच्या मनाचें समाधान करचे खातीर तेंय तिणें केल्लें. प्रियालो घोव शाणो आनी बुदवंत. ताणें आवयक म्हणचें, "तुका नातू जाय जाल्यार हांव कोणाल्याय भुरग्याक पोसको घेतां."

पूण भुरगो पोसको घेवपाची कल्पना मांयक मान्य ना. प्रियाकय नाका. पोसको घेतलो जाल्यार आपणाचेर वांझपणाची म्होर बसतली म्हणपाची तिका भिरांत दिसताली. मांयच्या विरोधाचें कारण वेगळें. ती दुसऱ्याल्या भुरग्याक आपल्या वंशाचो दिवो मानूंक तयार नासली.

कुडीच्या दारांत उबी राविल्लेकडेन प्रियाक हें सगळें येवजलें. आतां सून आपणाक भायर व्हेलेबगर रावची ना हें वळखून त्राशीक तोंड करून मांय उठली. खाटेवयल्यान सकयल देंवतना तिच्या दाव्या धोंपरांत कळ आयली. सदांचीच ती. संधिवाताचो त्रास ह्या दिसांनी वाडला.

"दुखलें?" प्रिया बेगिबेगीन मांयच्या आदाराक गेली, "मिठाच्या उदकाचो शेक मारल्यार बरें दिसतलें. आज मारुया."

"शेकाचें मागीर पळोवया. तूं आतां म्हाका भायर कित्याक व्हरता सांग." मांयन

विचारलें.

धुवेन आवयचे मानेंत तोंड घालून माथें तिच्या खांद्यार दवरचें तशें प्रियान केलें आनी म्हळें, "हांव सांगिना. तूंच येवन पळय."

असल्या वेळार मांयचें मांयपण विरगळून वता आनी आवयची माया खतखतून वयर येता. आतांय तशेंच जालें. प्रियाचे फाटीर हात दवरून मांयन विचारलें, "माजर वियेलां?"

"ना आई. तूंच येवन पळय."

मागीलदारच्या सोपणाचेर दवरिल्लो वेडो मांयच्या पांयाक लागलो आनी तिणें सुनेच्या पांयाचें उकतें बोट पळोवन म्हळें, "घडलां कितें तुजें? पांयांतलो वेडो हांगा पडला ताचें भान लेगीत तुका ना!"

सोपणावयलो वेडो उखलता आसतना प्रियान केळीकडेन बोट दाखोवन म्हळें, "पळय आई... अप्रूप घडलां. केळीक बोंड फुटलां. तें पळय..."

"खंय गे? दाखय." ल्हान भुरग्याचें हुतहुतेपण एकदम मांयकय घेरून बसलें जेन्ना तिणें बोंड पळयलें, तेन्ना भुरकुटून वचून तिणें म्हळें, "जावं, हो शुभशकून थारूं."

दोनय हातांचीं बोटां सुनेच्या कानसुलाचेर धरून मांयन तीं कडकडीत मोडलीं आनी सुनेक थंयच सोडून तीं भितर गेली. उबी राविल्ले कडच्यान सून मांयक पळयताली. मांय गेली आनी देवाफुडल्या निरंजनांतली वात सारून तिणें तें पेटयलें.

एक संवेदना... एक सुखदिणी कळ प्रियाचें आंग शिरशिरावन गेली...

मांयन सांगिल्लें, "तूं तो केळंबो रोवं नाका."

वांझ बायलेन रोयिल्लें झाड फळना ही मान्यताय आसा हें प्रियाकय खबर आसलें. तरी हट्ट करून तिणें तो केळमो रोयिल्लो. सत्यनारायणाचे पुजेखातीर हाडिल्लो केळमो. बांयचे कुशीक रोयलो जाल्यार रसरशीत वाडटलो, इतलेंच तिणें येवजिल्लें. एके तरेन त्या केळम्याच्या रुपान प्रियान आपलें भाग्य रुजवणा घाल्लें.

दिसपट्टो केळमो वाडत वतालो. सकयलो दांडारो सुकून बावता. पान देंवता. वयले वाटेन दुसरें पान फुट्टा. पोपटी रंगाची ल्हानशी नळी वयर सरतां सरतां उसवता आनी वाऱ्या वांगडा धोलतां धोलतां आंवुळिल्लो देह विस्कटावन आपलो वेगळो संवसार थाटून बसता.

केळ वाडली. वाडत रावली. वाड लेगीत रसरशीत. एक एक पान स स हातांचें. कापलें जाल्यार एक पंगत वाडून काडूं येतली. मळबाक तकली तेंकोवपाची सर्त लायतां लायतां एक एक पान खर्शेतालें. पूण केळीक बोंड फुटना!

आपलेंच चुकलें अशें प्रियाक दिसूंक लागलें. ह्या जाणटेल्यांच्यो मान्यतायो अणभवांतल्यान घडिल्ल्यो आसतात. त्यो फट कशो जातल्यो? एका केळम्याचो उद्धार आडावपाचें पातक जालें अशी एक खंत तिच्या मनांत दाटून येताली.

हरशीं केळ रसरशीत वाडिल्ली. मागीलदाराच्या सोपणाचेर बसून सकाळ सांजवेळ प्रिया तिका पळयता. बारकेलो केळमो लांबायेन वाडटालो तसो ताचो घेरय रूंद जातालो. खूब वाडली तरी केळीक घडावलें लागलें ना. कुशीचे ल्हान केळीक व्हडले व्हडले घड हुमकळटाले. तें पळोवन कोणेंय म्हणचें, "तुमी कित्याक दवरल्या? ती हेर केळींचे

वाडीक बादतली आनी आपूणय फळ दिवची ना.''

कोणेय म्हणचें ''दादलो केळ ती...''

प्रिया जाणा, वांझ उतर वापरचें न्हय इंतलेच खातीर ते केळीक दादलो केळ म्हळां.

केळीचे वाडीकडेन प्रियान मनांतल्या मनांत आपल्या नशिबाची गांठ बांदून उडयिल्ली.

देवाकडेन पेटयिल्ल्या निरांजनामुखार रावन मांय देवाक पांयां पडटा. प्रियान अस्तमतेकडेन देंवतल्या सुर्याचीं भांगरा किरणां केळीच्या भाग्यान चकचकतालीं तीं पळयलीं आनी दोळे धांपून घेतले... एक तरेची धुंद तनर तिका लागली. आपले दोनूय हात पोटावयल्यान भोंवडावन तिणें एक नवो अणभव घेवपाची तयारी दवरली आनी ते कल्पनेसरशीं तिच्या आंगावयली ल्हंवेन ल्हंव चंवरली!

*

ती

धा वरांचेर दूरदर्शनावयल्यो इंग्लीश बातम्यो सोंपल्यो आनी सदचे संवयेन व्यंकटेश सकयल देंवलो.

पावस निकतोच झडून गेला आनी डांबरी रस्तो न्हंयंत न्हावन ओल्या आंगान वयर सरिल्ले म्हशीसारको निवळ दिसता.

व्यंकटेशान आपल्या लेंग्याचे पांय हातांचे चिमटेन वयर उखल्ले आनी रबरी जोत्याचो फट फट आवाज करीत रस्तो क्रॉस केलो.

मुखारच बनारसी पानवाल्याचें दुकान. एक ट्रांझिस्टर 'विविध भारती'चीं फिल्मी गितां वाजयता आनी त्या गितांचे धुनीचेर पानवालो पानाक कात चुनो लायतना आपलें आंग धोलयता.

ह्या वेळार त्याच वाठारांतले लोक पानवाल्याच्या दुकानाचेर येतात. हेर सगळीं दुकानां आदींच बंद जाल्यांत. रस्त्यावयली येरादारी उणी जाल्या.

पिजामां आनी अर्धो चड्ड्यो घाल्ले लोक पानवाल्याच्या दुकाना कुशीक घोळको करून उबे आसात. कोण आपले भितर उलयता. कोण गितां आयकता. जाल्यार कोण पान-सिगरेट घेवंक आयल्यात.

गर्दी उणी जावपाची वाट पळयत व्यंकटेश कुशीक उबो रावलो. ताका जण एकल्याचे रुचीचें अजाप सदांच दिसलां. कोणाक पिकिल्लें पान जाय आसता, कोणाक पाचवें. कोणाक चिमटीभर चड चुनो जाय आसता, कोणाक कात चड जाय आसता. त्या ल्हानशा पानांत कितले नग म्हणून घालचे! सुपारी थोडी. बचकांनी साकर, गुलकंद, लवंगां, मिरयां, वेलदोडे... मेजून वस्तू सोंपच्यो नात. मागीर पान दोडून कोण मेलांत बुडोवन घेता जाल्यार कोण ताका रुप्याची बेगड लावन घेता. थोड्यांक सादें पान उपकरना. तांकां तातूंत तंबाकू जाय आसता. तंबाकूकय वेगवेगळे नंबर आसतात.

आपल्या रांपेल्ल्या बोटांनी गिरायकाच्या तोंडाक पळयत, गिताच्या तालाचेर आंग धोलयत पानवालो जाची फर्माईश ताका पावयता. मदींच कोण सिगरेट मागता, कोण

अमृतांजनाची बाटली कोण पोस्टकार्ड जाल्यार, कोण दंतमंजनां. पानवाल्याच्या दुकानार मेळपाच्यो वस्तू ह्यो इतल्योच. ना म्हळयार तो ॲस्प्रो ॲनासीनच्यो गुळयो दवरता. कोणें तरी व्यंकटेशाक सांगिल्लें, पानवाल्याकडेन अफूय मेळटा.

पानवाल्यावयली नदर कुशीक काडटना दुकानाच्या हारशांत आपलो तोंडावळो एक वेळ नियाळून घेतल्या उपरांत व्यंकटेशान मार्गाचेर पळयलें. एक जितो मूस दिसलो ना!

पानवाल्यान ताका हटकिलो आनी तागेलें सदचें मगई पान व्यंकटेशाच्या हातार दवरलें. रुपयाचें नाणें व्यंकटेशान पानवाल्याक दिलें तें डबयेंत उडोवन आवाज काडलो.

शारांतले हे भरिल्ले वस्तींत फ्लॅट घेवन रावंक आयल्यार व्यंकटेशाक आतां वर्स जायत आयलां. तो कोणाक वळखना आसलो तरी कांय तोंडां संवकळीचीं जाल्यांत. पानवाल्याचें दुकान त्या उपरांतचें. सुरवेक ताका दिशिल्लें, हें पानवाल्याचें दुकान चलचें ना. पूण पळय जाल्यार ल्हवू ल्हवू ताचोय जम बशिल्लो.

पयसुल्यान एक आकृती येता ती व्यंकटेशाक दिसली. तो सादूर जालो. आपले बिल्डिगेच्या दारांत वचून उबो रावलो. तालबद्ध पावलां उखलीत ती आकृती लागीं पावली आनी ताच्या मुखावयल्यान फुडें गेली. सेंटांत भरसल्ल्या पावडराचो परमळ पातळावन गेली.

सदांच ती ह्या वेळार वता. स्टेशनावयल्यान येता आनी ह्या पानवाल्याच्या दुकानाकडल्यान फुडें वता. खूब खेपो व्यंकटेशाक दिसचें, ती खंय वता तें पळोवन घेवंक जाय. पूण एकूय दीस ताचे पांय हालले नात. रातीच्या वेळार ते चलये फाटल्यान तो चलूंक लागलो जाल्यार पानवाल्याच्या दुकाना भोंवतणी जमिल्लो घोळको ताच्यो भगल्यो केलेबगर रावचो ना, हो विचार तकलेंत येवन ताचे पांय जड जाताले.

पोर वाळेस आनी तवनास. रस्त्यान येतली वतली एकली चली दिसली जाल्यार तांकां कवीत येवजता. कोण शिळोणी घालता... कोण सिनेमांतल्या गिताच्यो खोंचक ओळी म्हणटा... असल्या वेळार ती चली आपले साडयेचो पदर आंवळून मान सकयल घालून थोडी गती वाडोवन चलत रावता. व्यंकटेशाक तिची मोटी लक्तुबाय. तो सदांच मनांतल्या मनांत म्हणटा, 'हती आपले गतीन वता... भोंकतलीं सुणीं भोंकत रावतात!'

केन्ना केन्नाय ताका दिसता, ते चलयेक हटकुची. तिची वळख घेवची... केन्ना त्या टवाळखोरांक तांच्या घरांत भयणी, भावजो नात काय कितें, अशें विचारचें.

पूण व्यंकटेश कांय करिना. तरीकय ती येवन मुखार गेले बगर ताका सूख लागना... आनी सद्दां ती येता. त्याच वेळार येता. घडये त्या वेळार तिगेली गाडी पावता आसुये. ती खंयय नोकरी करता आसुये. घडये एकाद्र्या हॉस्पिटलांत नर्स आसुये...

ती कोणय आसना, तिचेविशीं व्यंकटेशाच्या मनांत एक वेगळें अगत्य. सद्दां रातची तिका पळोवपाची ताका संवय जाल्ली... ती येतकच मवाल्यांचे उद्‌गार संवकळीचे जाल्ले... आतां आतां तो टवाळी कानामनार घेना आशिल्लो. पूण ती नदरेपसून पयस जायसर आपले नदरेची राखण तिका दितालो.

कांय गजालींची मनशाक संवकळ जाता. ते चलयेचीच गजाल पळयात. पान घेवंक सकयल देंविल्ल्या वेळार ती चली दिसली ना जाल्यार कितें तरी चुकलां अशें व्यंकटेशाक दिसता. हरशीं ती कोण... कोणाली... तिचें नांव लेगीत तो नकळ.

एक दीस अशीच पावसाची दडक येवन गेली आनी भिजिल्ल्या रस्त्यावयली येरादारी

एकदम बंद पडली. पानवाल्याच्या दुकानामुखार लेगीत गर्दी ना. आपलें मगई पान दाडवणांत धरून व्यंकटेश रस्त्यार एकलोच पासयो मारूंक लागलो. रस्तो रिकामो म्हणपाचें ताका अजाप दिसूंक नासलें. ताका अजाप जाल्लें तें वेगळेच गजालीचें... अजून ती कशी आयली ना?

पयसुल्यान एक दिवो दिसलो. स्कुटर आसुये... रिक्षा आसूये. पूण ती रिक्षान केन्ना येना. व्यंकटेश कुशीक रावलो. एक स्कुटर येवन ताच्या मुखारच थांबली.

अजापून ताणें पळयलें. फाटले वटेच्यान ती बसल्या आनी एक तरणाटो स्कुटर चलयता. तोच तिका घेवन आयला.

तो सकयल देंवलो आनी पानवाल्याच्या दुकानार गेलो. ती स्कुटरीसरीं उबी रावल्या. पयलेच खेपे तिणें नदर वयर करून व्यंकटेशाकडेन पळयलें. व्यंकटेशाची नदर तिचेर थिराविल्ली आसली. ताका ओगीच दिसलें, ती आपणाक वळखता आसूंक जाय. नांवान जरी वळखना तरी आपूण जसो तिका तोंडान वळखतां तशी ती आपणाक वळखता आसूंक जाय.

खीण, दोन खीण नदरेक नदर भिडली. एक अस्पश्ट हांसो तिच्या तोंडार फुल्लो.

पानाच्या दुकानार गेल्लो तरणाटो परत आयलो आनी ताणें कांय नोटी तिच्या हातार दवरल्यो.

तिणें त्यो मेजल्यो. तो स्कुटर सुरू करूंक वतालो. तिणें ताच्या हाताक धरून ताका आडायलो.

"आनीक वीस रुपया दी."

"मोड ना." ताणें म्हळें.

"तर हाताची घडयाळ काडून दवर. फाल्यां पयशे हाडून घडयाळ परत व्हर." दारांत वसुलेक आयिल्ल्या मारवाड्याच्या सुरांत ती उलयली.

विस्मीत नदरेन व्यंकटेश पळयतालो. ताणें बोल्सांत हात घालो. विसांची एक नोट तिच्या आंगार शेंवटिली आनी कीक मारून स्कुटर स्टार्ट केली.

वतां वतां तो तिका एक पोजडी गाळ संवलो आनी तो पयस गेलो. तरी ही गाळींचो शिंवर करीत रावली.

ह्या अचकीत घडिल्ल्या प्रसंगाक लागून व्यंकटेशाक आपलो आपणाचेरच विस्वास बसना जालो. तिचेकडेन पळयना आसतना तो आपल्या फ्लॅटाचीं सपणां चडूंक लागलो.

*

याद

पुण्याक वचपी बस कोल्हापूरच्या स्टॅण्डाचेर पावली तेन्ना सकाळचीं पावणे पांच वरां जाल्लीं. कंडक्टरान व्हडा व्हडान किळच्यो मारून झेमेतल्या पॅसेंजरांक जागयलें. खूबशे लोक देंवले. फुडें वचपी बसून रावले. अजयाचे कुशीक बशिल्लो पॅसेंजर देंवनाफुडें ताणें मात्शें विस्कळ बसून घेतलें आनी भायले वाटेन पळयलें.

अजून अंधूक काळोख आसा. भायले वाटेन दाट धुकें पडलां. बसींतल्या मनशांची ऊब आसतनाय कुडकुडो खाता. रातींच ताणें मफलर कानाक गुठलायिल्लो आनी आंगांत स्वेटर चडयिल्लो. तरी वाऱ्याचो एक शीतळ झोत आयलो आनी ताच्या तोंडार बसलो. शिंयान भेरेल्ले गाल सणसणले. ताणें जनेलांचो हारसो बंद केलो.

बसीचे भोंवतणी च्या-सिगरेट विकतल्या भुरग्यांची गर्दी. अर्द अदीक बस भरिल्ली आसा.

धा-पंदरा मिनटां बस त्या स्टँडाचेर उबी उरली. सिटार बशिल्लेकडच्यान कोल्हापूर शार नदरेंत आस्पावन घेवपाचो यत्न करतल्या अजयाक फकत धुक्यान भरिल्लो वाठार दिश्टी पडलो.

कुशीक एक झाड आसा. त्या झाडाच्या मुळांत सुकिल्लीं पानां आनी कागदाचे कुडके पुंजावन कोणें तरी धग पेटयला. त्या धगाक एक जोडपें बसलां. पेट्ट्या उज्याचो उजवाड तिगेल्या तोंडार पडटा. माथ्याक मफलर बांदिल्ले ते बायलेचें तोंड पर्जळता.

ताणें बडयेन उजो सारलो आनी एक कीट तिच्या आंगार उसळळी. ते सरशीं ती उबी रावली आनी ताका दूशण दीत कितें तरी उलयली. तोय गुन्यांवकारासारको उबो रावलो. पूण कांय उलयलो ना.

त्या अंधूक उजवाडांत तिचो तोंडावळो वळखीचो दिसलो आनी तकलेंत कसली तरी याद धवळून वयर आयली. 'हें कोल्हापूर न्हय?' ताणें कंडक्टराक विचारलें आनी तागेले जापेची वाट पळयनासतना वयल्या रेकाचेर दवरिल्ले आपले सुटकेसीक हात घालो.

"तुवें पुण्याची तिकेट काडल्या न्हय?" कंडक्टरान ताका विचारलें.

"हय. पूण हांव हांगा देंवतां.' ताणें म्हळें."

तो बसींतलो देंवलो.

सकयल देंवतकच कितें करचें हें ताका येवजलें ना. बसीक वळसो घालून तो त्या पालवत चलिल्ल्या धगाकडेन आयलो. थोडो वेळ हात शेकोवन घेवचे अशें ताका दिसलें. पूण ताणें तो मोह टाळळो.

ताची नदर त्या जोडप्याक सोदताली. पूण तें थंय नासलें.

एके कुशीक कितल्योशोच बसी उब्यो आसात. भाडें मेळत हे आशेन रिक्शावाले कावळयांसारके घिट्ट्यो घालतात. ते गर्देंत तिका खंय सोदतलो?

अजयान एका रिक्शाक हात दाखयलो. ल्हान भुरग्यान पाठ केल्लो श्लोक म्हणचो तसो त्या रिक्शावाल्याक पत्तो सांगलो. रिक्शा सुरू जाली.

रिक्शाच्या वेगासरशीं तोपरें शीं आंगाक बोचूंक लागलें. ताणें दांतार दांत कडकडायत हातपांय पांगरून घेतले.

पुण्याक वचपी बस कोल्हापूरच्यान वता हें तो जाणा आसलो. हरशीं बस रातची दोन वरांचेर पावता. आज बसीक कळाव जाल्लो आनी ताच्या मनांत तिची याद जागी जाल्ली. देखून तो देंवलो.

रिक्शा शाराभायर उकत्या रस्त्यार पावतकच ताणें रिक्शावाल्याक विचारलें, "खंय वता?"

ताणें सांगिल्लो पत्तो रिक्शावाल्यान परत सांगलो आनी म्हळें, "हो गांवाभायलो पत्तो.

खूब पयस आसा. सात-आठ कि. मी. पयस."

आपलें चुकलें अशें अजयाक दिसलें. ते बायलेक पळयली आनी अलकाचो उगडास आयलो. पूण ह्या वेळार अलकागेर वचूंक आपूण भायर सरलां तें शाणेपणाचें न्हय अशें ताका दिसलें. काम तरी कसलें? कांय ना. बेठी खबर घेवपाची. दोळेभर पळोवन घेवपाचें. सुखा-दुख्खाचीं चार उतरां उलोवपाचीं आनी दुसरी बस घेवन पुण्याक वचपाचें.

रिक्शा नेटान धांवता. शिंयाचो कुडकुडो वाडटा. भायर सरलाच जाल्यार वचुया अशें तो येवजिता. घडये अलकाय खोशी जातली. इतल्या वर्सांउप्रांत आपलो उगडास काडलो हें पळोवन ती सुखावतली. ती मेळटली तेन्ना कसले संवाद जातले हाची कल्पना करून तो आपल्या भाशणाची मनांतल्या मनांत येसाय मारूंक लागलो.

धुंवरे कुशीक बशिल्लेकडेन ताणें उजो सारलो तेन्ना उसळिल्ली कीट तिज्या आंगार पडली. अशेंच कितें तरी घडिल्लें अशें ताका रावन-रावन दिसूंक लागलें. आनी येवजितां येवजितां त्या प्रसंगाचो उगडास जालो.

तुळशीचें लग्न जावन गेल्लें. खळ्यांत खोबरें सुकत घाल्लें. थंय एक धुंवरी पेट्टाली. काजूच्यो बियो, पणसाचीं भिकणां हाडून ते धुंवरेंत भाजून घेवन तो खातालो. बियांचे आशेन भिकणां वा चिंचारे भाजून घेवपाखातीर एक दीस अलकाय आयली. धगामुखारच बसली.

"कुशीक सर. दीख उसळटलो." ताणें तिका धांवडावपाचो यत्न केलो.

पूण चली निगरगट्ट. ती हालली ना. तिणें म्हळें, "म्हजेर उसळटलो तसो तुजेरूय उसळटलो. तूं कित्याक लागीं बसला तर?"

तोंडांतलें उतरा तोंडांत आसासर धुंवरेंतली काजूची बी फुटली आनी दिखाची एक शिळकी अलकाच्या दोळ्यांत उसळ्ळी.

मागीर सगळो आकांत! सगळें घर धांवन आयलें. अलकाक दोतोरागेर व्हेली. तिच्या दोळ्यांत फूल पडलें!

घरभर लोकांनी ताका दोश दिलो. एके वाडटे पिरायेचे चलयेच्या दोळ्यांत फूल पडप म्हळ्यार कितल्या आकांताची गजाल! फुडें तिचें कशें जातलें? सगळे ताका दोश दिताले. आवयन सान्नीच्या खुटाऱ्यान ताका बडयलो. आपली चूक ना, आपणें तिका शिटकायल्ली हें तो जाणा आसलो. पूण ताणें सांगलेंय जाल्यार कोणच आयकून घेवपाचो न्हय. अलकान लेगीत एका उतरान अजयालें चुकलें ना अशें म्हळें ना.

लोक तरा-तरांनी उलयतालो. कोणें म्हणचें, 'आतां तिचेकडेन लग्न कोण जातलो? तुका जाता असली दोळ्यांत फूल पडिल्ली बायल?'

आपणें हयकार दिवचो, आड्डून संवसाराक तशें सांगचें, अशें ते अबुद्द पिरायेचेर अजयाक दिसलें. पूण तो उलयलो ना.

एक वळण आयलें आनी रिक्शांत बशिल्लेकडेन तो लवंडलो. एका हातान गळसणिल्ली सुटकेस सारकी करीत ताणें रिक्शावाल्याक विचारलें, "अजून कितलें पयस आसा?"

"पावले. आनीक पांच मिनटां." ताणें जाप दिवन रिक्शाची स्पीड वाडयली. आनी तो हिन्दी सिनेमांतलें एक पद बेसूर आवाजांत गावंक लागलो.

खंय कोल्हापूर आनी खंय गोंय? अलकाच्या लग्नाक तो मुजरत गेल्लो. तांगेल्याच सोयऱ्यांचें एक कुटुंब कोल्हापुराक रावतालें. थंय अलकाली सोयरीक जाल्ली. दुसरेपणांत. तसो तिगेलो घोव चड जाणटो न्हय. दोगांचे पिरायेंत बारा वर्सांचें अंतर. पदराक दोन भुरगीं आसात. बायलेक अचकीत मर्ण आयलें. भुरगीं वाऱ्यार पडूं नये म्हूण तो दुसरें लग्न जालो. कशेंय आसना, अलका उजविल्ली... तिचो उद्धार जाल्लो.

अलका बऱ्याक पडली. तो तेन्ना कफल्लक. पसऱ्याचे नाबीचेर तागडी जोखतां जोखतां पिराय वाडिल्ली. काळजांतल्यो उमेदी तागडेच्या दाल्यांभाशेन सदांच रिकाम्यो उरिल्ल्यो. परत कोणेंच ताका विचारलें ना, "तूं जातलो अलकाकडेन लग्न?" विचारिल्लें जाल्यार 'हय' म्हणपाची ताची तयार आसली. पूण ताका विचारिनासतना अलकाचें लग्न थारायिल्लें. एके तरेन भुरगेपणांतच म्हणूंक जाय.

रिक्शा एका घराच्या दारांत थांबली. लायटीचो झोत उडोवन रिक्शावाल्यान भायलो नंबर पळयलो आनी म्हळें, "हेंच तें घर."

अजयान सकयल देंवन भाड्याचे पयशे फारीक केले आनी आपली सुटकेस उखलून तो त्या घराच्या दारांत गेलो. परत नंबर तपासलो. घर नंबर सारको आसा. आतां मातशें फालेलां. उजवाड वाडला. दाराची बेल सोदून हात वयर उखलतना तागेली नदर दाराक लायिल्ल्या कुलपाचेर गेली. घर बंद आसा!

निर्शेणीचें एक ल्हार ताचें मन वेंगावन गेलें. भोंवतणी ताणें पळयलें. शेजारच्या घरांतली बायल वणटीच्या आडसाक रावन ताका पळयता.

"घर बंद आसा." स्वगत भाशण करचें तशें ताणें ते बायलेकडेन पळयलें.

"कोण रावना थंय आतां. तुमकां कोण जाय?" ते बायलेन अजयाक विचारलें.

अलकाच्या घोवाचें नांव तोंडपाठ आसा. पत्तो लेगीत तिगेल्या भावान एक खेपे ताका बरोवन दिल्लो आनी ताणें तो पाठ करून दवरिल्लो. कितलीं वर्सां जालीं हे गजालीक! कितल्योशोच यादी तो विसरिल्लो; पूण तो पत्तो ताका अजून तोंडपाठ आसा.

तें नांव ताणें परत उच्चारलें.

"ते रावनात आतां हांगा." ते बायलेन जाप दिली.

"खंय गेले?'

"घर सोडून गेले."

"केन्ना?"

"जालीं तीन-चार वर्सां."

"नवो पत्तो खबर आसा?"

"ना."

"ताची बायल... अलका?"

पूण तागेलो प्रस्न आयकून घेवचे आदींच ती बायल आपल्या घरांत भितर सरली. तिणें बंद केल्ल्या दाराचो आवाज पयसुल्यान लेगीत अजयान आयकलो.

✱

योग

सुखां आनी दुख्खां केन्नाच एकोडीं येनात हाचो अणभव रोहिणीन जायते खेपो घेतिल्लो. सत्तावीस वर्सांचे तिगेले ल्हानशे जिणेंत योग-वियोगाच्यो घडणुको इतल्यो घडल्यात, नशिबाच्या चमत्कारांचो विशय कोणेंय काडलो जाल्यार ती आपल्यो ह्यो घडणुको एकाद्र्या अणभवी जाणट्या मनशासारक्यो लोकांमुखार दवरताली.

साडयांच्या दुकानांत सेल्समनान एका फाटल्यान एक अशो तरेकवार साडयो गिरायकामुखार दवरच्यो तशी रोहिणी आपल्या अणभवांच्यो कथा आयकतल्यामुखार दवरताली आनी तो वाज येवन कुशीक सरलो तरी तिचें उलोवप चालू उरतालें. पूण कोणय सहानुभूती उक्तायता तेन्ना रोहिणीन म्हणचें, "असली जीण कोणाच्याच वांट्याक आयिल्ली नासत." त्या खिणापुरती ती विसरताली, जण एकल्याची जीण वेगळीच आसता. ती दुसऱ्याले जिणेसारकी नासता.

"पूण म्हजी जीण वेगळी." रोहिणीन म्हणचें, "म्हजी कथा वियोगाची. थंय योग आयलो तो कितेंय तरी वेगळावपाखातीर, पैसावपाखातीर."

रोहिणीचो बापूय तिच्या जल्माआदींच संवसाराक अंतरिल्लो आनी तिगेली आवय तिका जल्म दिता आसतना संवसार सोडून गेल्ली. व्हडलें भावंड ना आनी फाटलें जावपाची वाटच बंद. अशे अवस्थेंत रोहिणी ही एकली एकसुरी जल्मली आनी चार-चौगांमदीं वाडली. सदांच एकोडी उरली.

हॉस्पिटलांतल्यान तिका मावशेन आपल्या घरा आपणागेर व्हेली. एक पयसुलो मामा आसलो. तो तिका आपणागेर व्हरूंक सोदतालो. मामाक भुरगें ना. पोटच्या पोराची माया दिवन ताका आपूण वाडयतां अशें ताणें मावशेक सांगलें. पूण मावशेन आयकलें ना.

मावशेगेर एका अनाथ भुरग्यासारकी ती वाडली. हरशीं घर भरिल्लें. पूण पोर अवलक्षणाचें असो रोहिणीचेर छाप बशिल्लो. ती मावशेच्या घरांत आयली त्या दिसा खंय आकांताचो पावस पडलो आनी गोठ्यांत वीज पडून गाभणी गाय मेली. तितलेंच कारण मावशेल्या घरच्यांक तिजो तिरस्कार करूंक पुरो जालें. तिका उगडास आसा तेन्नाच्यान रोहिणीक कोणें केन्ना म्हन्यांत घेतली ना. केन्ना लक्तुबायेन तिची वासपूस केली ना वा केन्ना मायेचो हात तिचे फाटीर दवरलो ना. उरफाटें तिगेली सावळी आपणाचेर पडची न्हय म्हणून पिसाविल्ल्या सुण्याक आमुडचें तशे जाणटे आनी भुरगे तिका आमुडटाले. मावशेक तिचेविशीं कळवळो. पूण लोकीक म्हणात वा मनांतली भिरांत म्हणात, तिका रोहिणी पसून पैसच दवरताली. भरिल्ल्या घरांत आसुनूय रोहिणी सदांच अर्द उपाशीं उरली. तिच्या आंगार केन्ना बरे कपडे चडले नात. शाळेंत तिका कोणें धाडली ना. आनी तिचो जेवणा-खाणाक हात लागचो न्हय म्हणून घरचें काम तिका केन्ना कोणें दिलें ना.

ह्या विशाळ संवसारांत मायेचे उबेक भुकेतली रोहिणी फकत एके बाबतींत भाग्याची आसली. देवान तिका बरी भलायकी दिल्ली. तिच्या कपलाक केन्ना मिरीं लागलें ना. बरें रूप दिल्लें. साध्या कपड्यांत लेगीत ती नक्षत्रासारकी सुंदर दिसताली.

मावशेले व्हडले चलयेचें थारूंक आयिल्लें लग्न रोहिणीक लागून मोडलें अशें जेन्ना

मावशेन मनांत घेतलें तेन्ना उरिल्ली सुरिल्ली तिगेली माया आटून गेली. गुन्यांव रोहिणीचो अशें कशें म्हणूं येत? मावशेले चलयेक पळोवंक न्हवरेकार आयले तेन्ना सगळ्यांनी रोहिणीक फुडल्या दारांत येवं नाका अशें सांगून दवरिल्लें. रोहिणीची सांवळी पडल्यार कितेंय विपरीत घडत ही तांकां भिरांत आसली. रोहिणीन लेगीत आपणाक लागून विपरीत घडचें न्हय अशें येवजून मागील दारांतले वासरेर बसकण मारिल्ली.

न्हवऱ्याले आवयक ऐन वेळार घर पळयन दिसलें आनी ती मागीलदारांत आयली जाल्यार रोहिणीचो कितें गुन्यांव? तरी ती आपूण जावन कुशीक सरून कोनशाक उबी रावली. न्हवऱ्याचे आवयचे नदरेंतल्यान रोहिणी सुटली ना, हाचें अजाप ना. घरच्या मनशांनी केन्ना नदर थिरावन तिचेकडेन पळोवंक नासलें. आंगार सादीं वस्त्रां घाल्ली आसलीं तरी तोंड धुवन केंस वळोवन उबी आशिल्ली रोहिणी कोणाचेय नदरेंत भरपाचीच.

"ही कोणाली चली?" असो प्रस्न विचारून न्हवऱ्याची आवय ओगी रावली ना. तिणें रोहिणीक लागीं आपोवन घेतली. फट तरी कशें सांगतलीं? मनांतल्या मनांत नशिबाक दूशण दीत रोहिणीचे मावशेन सांगलें, "म्हजे भयणीची चली... व्हंकलेची मावशीभयण..."

खरें तें जीब उलोवन गेली. आनी तितलेच खातीर जिबेक ख्यास्त मेळ्ळी. दांतांमदीं तिणें ती चिड्डून घेतली. न्हवऱ्याचे आवयचेर वेगळोच परिणाम जाल्लो. तिणें रोहिणीक लागीं आपोवन घेतली आनी विचारलें, "अशी कुशीक कित्याक? चल, भितर यो." आनी हाताक धरून तिका भितर व्हेली. तिगेल्या सौंदर्याची तोंडभर वाखाणणी केली. व्हंकलकारांक लजेन मरूंक पुरो जालें. न्हवरेकारांच्यो नदरो रोहिणीक वाखाणूंक लागल्यो.

मावशेच्या तोंडाक खिळी. निंदा कशी करतली? आनी तोखणाय तरी कशी करतली?

विपरीत घडपाचें घडलेंच. न्हवरेकारांचो नकार आयलो. वयल्यान एक रकाद आयलो, व्हंकलेचे मावशीभयणीचो विचार करूं येत.

"तांकां खंय खबर ही मावशीभयण म्हळयार एक अपसरण म्हणून?" मावशी दांत किड्डून उलयली. "जल्मूचे आदीं बापायक खालो, जल्मतना आवयक गिळ्ळी आनी आतां ही मावशेक पिड्डूंक लागल्या..."

दोनय हातांचीं बोटां कानसुलांकडेन व्हरून मावशेन कडकडीत मोडलीं तेन्ना रोहिणीच्या काळजाक कितले कांटे रोमले ते तिकाच खबर. शिकिल्ली सवरिल्ली नासली तरी तिकाय देवान काळीज दिलां आनी आपलो कसलोच गुन्यांव नासतना आपणाक हें सगळें सोंसचें पडटा म्हणपाची खंत तिका सदांच उरता.

मुळांत घरांत ती कोणाक नाका आसली, पूण त्या दिसा उप्रांत सगळेच तिका तोंडार निंदूंक लागले. आनी गुन्यांवकाराचें मन घेवन ती घरांत वावरूंक लागली. तिका दिसलें, आज आई आशिल्ली जाल्यार तिचे कुशींत तोंड घालून पोटभर रडून घेवपाचें!

मावशेक कळवळो आयलो. तो वयलेचाराचो काय कसलो तें ती नकळ. तिका एकोडी गांठून तिणें म्हळें, "तुका तांणी पसंत केल्या. तुजें लग्न जाल्यार हांवय सुट्टलीं आनी तूंय. पूण एक भिरांत दिसता. शिकिल्लो सवरिल्लो चलो. घराण्याचो ततर... आनी तूं निरक्षर... तूं निरक्षर म्हूण कळ्ळें जाल्यार तीं कितें करतलीं?"

"पसंत करूं ना करूं... म्हाका लग्न जावचेलें ना." रोहिणीन मावशेक सांगलें. आनी सामकें रावं नज जावन कड फुटचे तशी ती उलोवन गेली, "एक खेपे मरण आयिल्लें जाल्यार हांव सुट्टलीं आसलीं आनी दुसरेय सुट्टले आसले..."

"अशें अभद्र उलोवं नाका." खंय तरी मायेचो झरो फुटलो आनी मावशेन रोहिणीच्या तोंडार हात धरलो, "शिकून म्हणून वेगळें कितें करचें पडलां? बायलेच्या नशिबांतली रांदची कूड काय सुटना. पळोवया. तांकां रकाद धाडुया."

योगाची गजाल पळयात. तो रकाद पावचोच आसा, आनीक दोन-तीन कडच्यान रोहिणीक मागण्यो आयल्यो. आयिल्ल्या गेल्याक खंयच्या उतरांनी सांगपाचें, चलयेक वाचूंक-बरोवन येना म्हूण? मावशेच्या देरान बरें केलें. भायल्या दारांत तो बसून आसता. येतल्या-वतल्याची वासपूस करता आनी हातचें कांय राखून दवरिनासतना सांगपाचें आनी सांगपाचें न्हय तितलेंय सांगून उडयता.

पूण रोहिणीच्या नशिबांतल्या वियोगाइतलोच योग खर. मागणी घालूंक आयिल्ल्या जण एकल्याक ती निरक्षर म्हूण सांगलें तरी ते परतले नात. 'आमकां उपकरता' अशीच जाप सगळयांनी दिली.

आज कोणेय योगाची खबर काडली जाल्यार रोहिणी म्हणटा, "योग आनी वियोग, संकटां आनी सुखां एकोडीं केन्ना येनात हें विसरूं नाकात. संकटावेळार खचले जाल्यार सूख कशें मेळटलें? म्हजेंच पळयात!"

*

भेळ

आर्ट गॅलरीच्या दारांत भेळ विकपी गाडो. गाड्या भोंवतणी दादल्यांची आनी बायलांची गर्दी. कागदाचो खोलो करून भेळवालो कांदो, शेव, बटाटाच्यो फोडी, मसाले घालून वयल्यान आमटाणीचें उदक रकयतालो आनी हातांतल्या कागदाक दोण्याचो आकार दिवन भेळींतले सगळे घटक एकरूप करतां करतां गिरायकाकडेन उलयतालो. गाड्याचे कुशीक चौदा पंदरा वर्सांची चली उबी आसा. गिरायकाकडले पयशे ती घेता. तिचेमुखार एक लाकडी पेटूल. वयल्या खणांत नाणीं आनी भितल्ल्या खणांत नोटी.

चलयेची नदर गिरायकाचेर थिरावल्या. कोणें कितें घेतलें आनी कोणें पयशे दिवचेले आसात हाचो हिशोब ती मनांतल्या मनांत दवरता. तिच्या आंगार निळया रंगाचो पायघोळ घागरो आनी तांबड्या फुलांचो ब्लावज.

एक गिरायकान पन्नासांची नोट मुखार धरली. नोट भितल्ल्या पेटलांत उडोवन ती ताका मोड दिवंक विसरली. उरिल्ले पयशे घेवचे खातीर तो थोडो वेळ उबो रावलो. उपरांत हेर लोकांनी पयशे दिले. पूण ताका तिणें पयशे दिले नात.

"एक भेळ घेतल्या, पन्नासांची नोट दिल्या." ताणें तिका याद करून दिली.

"बरो आयलो नोट दिवपी! कोण सांगता तुवें नोट दिल्या म्हणून? काड पयशे काड. पांच रुपया दी आनी चलूंक लाग." आपले काळे दोळे घुंवडायत ते चलयेन सांगलें.

"बरो न्याय हो!" त्या तरणाट्या गिरायकान म्हळें, "हांवें पन्नासांची नोट दिल्या... पंचेचाळीस परत दी."

"फुकटांत भेळ खावन वयल्यान पयशे लुटपाची ही रीत न्यायाची दिसता... पयात बाबा... तुमीच सांगात, हागेले पन्नास रुपया घेतिल्ले जाल्यार हांव वयले परत दिवचीं न्हय...? ताचें तोंड पळयात. अजून भेळ चाबता थंय आसा." ते चलयेन धा जाणखार कागाळ केली.

"आरे, गरिबाचे पांच रुपया खावन कितें मेळटलें? दिवन उडय तिगेले पयशे. एके जाणटेले बायलेन पाणीपुरी तोंडांत उडयतां उडयतां म्हळें. तिणें तोंड धांपलें तशें फुटतलें 'पाणी' तिच्या आंगार उसळ्ळें. खंयच्यान आपूण उलोवंक गेली अशें तिका दिसलें आये.

"खरें सांगतां माँजी, हांवें पन्नासांची नोट दिल्या. म्हज्या बोल्सांत आनीक एकय यसो ना." काकुळटेक येवन तो तरणाटो समजावंक लागलो.

मोट्टे दोळे करून त्या तरणाट्याकडेन पळयत राविल्ले ते चलयेन दोनय हात ताच्या दोळयांमुखार नाचयले आनी म्हळें, "तुगेले पयशे चोरूंक म्हाका कितें भीक लागल्या? बोल्सांत पयशे नात जाल्यार धर वाट आनी परत भेळ खावंक येवं नाका. बरो आयला! पयशे दिले खंय! तुका पयशे दितना कोणें पळयलो जाल्यार विचार."

सगळो लोक त्या तरणाट्याक दुबावतालो. हांवें ताका पयशे दितना पळयिल्लो मनांत आयलें, सांगचें. पूण कित्याक कोण जाणा, म्हजी वाचा धरली. तमाशा पळतल्या प्रेक्षकाच्या तटस्थपणान हांव ओगी रावलों.

त्या तरणाट्यान कोणूय गवाय दितलो हें आशेन सगल्यांचेर नदर भोंवडायली. पूण भेळ खातल्या एकल्याकय ताचें पडून वचूंक नासलें. निमाणें ते चलयेक जिखिल्ल्याचो आनंद जालो. तिणें म्हळें, "आतां उलय!"

तो बाबडो कितें उलयतलो! सामको रडकुरो परतलो. मान सकयल घालून ताणें म्हळें, "खऱ्यांनी हांवें दिल्यात. तूं ना म्हणटा जाल्यार तशें म्हण. हांव फाल्यां तुजे पांच रुपया हाडून दितां."

"दी ना जाल्यार दिवं नाका." ते चलयेन ताका चाळयत म्हळें, "पूण कोणालें फकीट मात मारूं नाका. सगळे लोक आमचे भाशेन सादे न्हय. हाताक सांपडलो जाल्यार तुजीं हाडां मोडून उडयतले."

तो थंयचो फाटीं सरून आर्ट गॅलरींत भितर गेलो.

म्हाका ताची काकुळट दिसली. ताणें पयशे दिल्ले. हांवें म्हज्या दोळयांनी पळयिल्लें. पूण चार चौगांमुखार तशें सांगूंक हांव अनमनलों. हांवच गुन्यांवकार अशें म्हाका दिसूंक लागलें. ते चलयेचो कितें गुन्यांव? घडये ती खऱ्यांनीच विसरिल्ली. दुसऱ्या कोणेय सांगिल्लें जाल्यार पयशे दीत आसली.

भेळ खावंक म्हणून हांव गाड्यासरीं गेल्लों. पूण घडिल्ले घडणुकेक लागून म्हाका भेळ खावपाची वान्साच मरून गेल्ली.

"ए, असो घुरून कितें पळयता?" ते चलयेन आपलो रोख म्हजेर हाडलो.

हांव गडबडलों. त्या वेळार तिका सांगचें अशें दिसलें, ताणें पन्नासांची नोट दिल्या. पूण जे तरेन तिणें म्हाका हटकिलो ती तरा पळोवन हांव शेळेलों.

रस्त्यार भेळ विकपी ही तरुण फटकळ चली. हिचेकडेन वाद घालूंक गेल्यार रेबो म्हज्या आंगार उसळटलो हें येवजून हांव थंयचो वचूंक लागलों.

"चल... वच" ती चली हांसली, "घराकडेन बायल-भयण आसा काय ना रे तुका?" फाटीं सरतल्याचेर सुरी शेंवटुची तसो तिणें म्हाका प्रस्न विचारलो.

म्हाका राग आयलो. जळजळीत नदरेन तिचेकडेन पळयलें. ते चलयेन कितें करचें! दोनय हातांनी आपली छाती धांकून घेवन म्हळें, "निर्लज्ज खंयचो! वता जाल्यार वच बेगीन."

सभ्य मनशामुखार दुसरो पर्याय नासलो. हांवय आर्ट गॅलरींत भितर सरलों.

फाटल्यान ती चली बडबडत आसली. म्हाका एकेच गजालीचें अजाप दिसलें. येदें व्हडलें झगडें जालें, ते चलयेन दोगांचो अपमान केलो, पूण तिगेल्या बापायन - खरो बापूय काय कोण देवाक खबर!- तोंडांतल्यान एकूय उतर काडलें ना. भेड्ड्या मनशान काम करीत रावचें तशे ताचे हात धा नगांची बचकां काडून भेळीची भेसळ करपांत गुल्ल आसले.

गॅलरीच्या दारांतल्यान भितर सरलों आनी वातानुकूलनाक लागून मातसो शांत जालों.

दारांत एक चली उबी आसली. तिणें एक फोल्डर मुखार धरलो. हांवें तो घेतलो आनी फोल्डर पळोवचे आदीं चलयेकडेन पळयलें. ल्हानशा तोंडावळयाचेर व्हडलें वक्ल, जें नाकाच्या शेंड्यार गळसणलां. बॉय कट. आंगाक हातकापें बानयान. ताचेर एक विचित्र चित्र छातयेरच! बरयलां 'स्टे अवे' (पयस रावात). एक डिव्हायडेड स्कर्ट, जाचो एक पांय धोंपरावयर आनी दुसरो वेंतभर सकल.

मात्सो कुशीक वचून हांवें फोल्डर उक्तो केलो. फोल्डराचेर वयरच ते चलयेचो फोटो. तीच चित्रकार काय?

परत वचून तिचें अभिनंदन करप नाटकी दिसतलें अशें येवजून हांव चित्रां पळोवंक लागलों. जाका ॲबस्ट्रॅक्ट आनी ॲबसर्ड म्हणूं येता अशीं चित्रां. ती कला पारखुपाची नदर म्हज्यांत ना. तरीकय दगदगीच्या अणभवाउपरांत थोडो वेळ त्या थंड हॉलांत सारचो अशें दिसलें.

अचकीत म्हजी नदर त्या तरणाट्याकडेन गेली. भेळ खावन पंचेचाळीस रुपया वगडावनय वयल्यान निंदा जोडिल्लो तो तरणाटो! एका चित्राचेर नदर थिरावन पुतळो कसो उबो आसा.

हांव ताचेसरीं गेलों. तटास नदरेन तो चित्रां पळयता. अशें त्या चित्रांत कितें आसा? एक न्यूड पोझ! दाळमाच्या झाडाफाटल्यान देह लिपयल्ली आदिवासी चली. जिका तोंडच ना खंयतरी एक हात. खंयतरी इल्लें पोट आनी फूटभर पयस दोळे.

तणामदीं कण सोदपाचो यत्न हो तरणाटो कित्याक करता?

हांव ताच्या मुखार गेलों तेन्ना ताची नदर शून्यांत थिरावल्या म्हणपाचें कळ्ळें. हांवें ताका हटकिलो. आंग काडून तो भानार आयलो.

"ते भेळवाले चलयेन तशें करूंक फावना आसलें." हांवें म्हळें.

एक उदास हांसो ताच्या तोंडार उदेलो.

"पयशे गेले हाचें म्हाका दुख्ख ना. नाय जाल्यार म्हज्या बोल्सांत केन्ना पयशे येनात.

आयले जाल्यार उरनात. पूण तिणें सगळ्या लोकांहुजीर म्हाका फटींग केलो."

ताज्या तोंडांतलीं निमाणीं उतरां कापरीं जालीं आनी दोळे दुकांनी भरले.

हांवें म्हळें, "खंयचीच सभ्य चली अशी वागपाची न्हय. तूं तें मनाक लावन घेवं नाका. तुजी अडचण आसल्यार थोडे पयशे हांव दिवं?"

मोट्टे दोळे करून ताणें म्हजेकडेन पळयलें. तोंडार अविस्वासाचो भाव उदेलो.

"नाका." ताणें म्हळें.

तो कडेक सरलो. जशें काय म्हजेकडेन ताका आनीक उलोवपाचें नासलें.

पुराय गॅलरी पळयली. खुबशा चित्रांचेर सोल्ड (विकल्यांत) अशीं लेबलां लागिल्लीं. असल्याय चित्रांक मागणी आसता तर!

हातांतल्या कॅटलॉगांत एका विकिल्ल्या चित्राचें मोल पळयलें आनी म्हजो आवरो उडलो. ताचें मोल साठ हजार रुपया आसलें!

तीन संवसार म्हजे नदरे मुखार भोंवंक लागले. सोबेचें चित्र घेवन साठ हजार रुपया मोडपी संवसार... ते फाजील मस्ते चलयेचो बेदरकारीचो संवसार आनी त्या लाचार तरनाट्याचो संवसार, जाका आज घडये सक्तीचो उपास करचो पडुंये.

गॅलरींतलो भायर सरलों आनी परत भेळीच्या गाड्याकडेन पावलों. एका ल्हान भुरग्यान रस्त्यावयल्यान पुंजावन हाडिल्ले चित्रकलेच्या प्रदर्शनांतले फोल्डर आनी कॅटलॉगांचो एक पेळो ते चलयेकडेन दिलो आनी तिणें पेटलांतलें एक नाणें ताच्या हातार दवरलें.

❋

झाड

वताचो रखरख दनपारभर आंगार घेतले उपरांत उदेंतेकडल्या मळबांत काळीं कुपां दाटून आयिल्लीं पळोवन सुकून सडसडीत जाल्ल्या झाडाच्या मनान एक अनोळखी शीतळसाण अणभवली.

अंदूं गीम चड तापलो. सगळो शियाळो आपल्या आंगावयल्यान वचूंक दिता आसतना गिमाच्या रखरखांत तग धरप आपणाक जमचें ना अशी एक भिरांत उकत्या शेतांतल्या बांदावयल्या एकसुऱ्या झाडाच्या मनांत वाळटेवरी घर करून बशिल्ली. ताप वाडटा तशी भिरांत वाडटाली आनी आतां जाल्यार जगपाची उमेदच सोंपून गेल्ली.

कालच एक कावळो सांवळेचे अपेक्षेन त्या झाडाचे सुकिल्ले खांदयेचेर येवन बशिल्लो. तानेन आकुळपिकूळ जाल्ल्या त्या जिवांत कावकाव करपाची शक्त लेगीत उरूंक नासली. शेताचे पलतडीन एक व्हाळ व्हांवतालो. तोय आतां आटून गेला. त्या कावळयाचे तळमळे पळोवन झाडाचें मन चुरवुरलें. अचकीत मान गळून कावळो भूंय पडलो. एका जिवाचें मरण त्या झाडान दोळ्यांनी पळयिल्लें. कावळयाक मरण नासता अशें ताणें आयकल्लें. पूण उदकाच्या थेंब्याखातीर तळमळत मरपाचो प्रसंग एका उडट्या जिवाचेर आयलो. जाल्यार आपले सारके भुयेंक बांदूक उरिल्ल्या झाडाची गत कितें जातली असो प्रस्न ताका पडलो.

सैमाची रीतच वेगळी. अजून ताका तो दीस याद आसा, जेन्ना जमनीची छाती चिरून

ह्या अप्रूप संवसाराचें ताणें दर्शन घेतिल्लें. वेळ फांतोडेचो आसलो तरी तितल्याच उजवाडान तागेले दोळे दिपकावन गेल्ले! मागीर पावसाचे मस्ते थेंबे ताका कातकुतल्यो करीत न्हाणयताले. वाऱ्याचो झोत नाचयत, खेळयत सुकयताले! अशा खेळांतच भुरगेंपण सोंपून जुवानपण केन्ना आयलें तें कळळेंच ना. भुरगेपणाची कंवळी अप्रुपाय जेन्ना पाचवी जाली तेन्ना भोंवतणचो वाठार आंगार पाचवी पामरी पांगुरिल्ल्या तागेल्या जुवानपणाक तोखेतालो. पाचवो चुडो आनी पाचवो शालू न्हेसून सव्यार चडिल्ले व्हंकलेवरी त्या दिसा तें मुरगुटिल्लें.

झाडाक खंय फुलां येतात... आंगाक चंवर फुट्टा... आनी वासाळ हांशान जीव पिसो जाता! फुलां फुलतात... परमळटात आनी बावन झडटात. दिसपट्टो झडिल्ल्या फुलांचो शितोडो जमनीर पातळटा. पूण कुसवो रितो उरना. नवीं फुलां फुलून येतात. कांय फुलांनी दळ उरता. तीं फळटात...

ह्यो आयकल्ल्यो गजाली. बांदावयल्या त्या एकसुऱ्या झाडान जुवानपणाचीं मस्तीं सपनां दिसा उजवाडे खूब पळयलीं. पूण फुलपा फळपाचें ताचें सपन वांझ उरलें.

तरी कागाळ ना. रसरशीत पालेल्लें झाड कितल्या सवण्यांक आनी पांख्यांक आपोवन घेतालें! इतल्याय वाठारांत एकसुरें झाड! शेतांत तण आसा आनी कुशीनखंयय झोपां आसात. पूण झाडामुखार तांची गणती कोण करीत! सावळेच्या नांवान शितळसाणेच्या सोंदांत सवणीं, पाखे ह्याच झाडाच्या खांद्यांचेर येवन बसताले. तांणी केल्ल्यो अचळय कातकुतल्यो कितल्यो सुखदिण्यो आसल्यो! एकाद्रें मस्तें सवणें खांदयेचेर अशे तरेन चोंच मारताले की केन्ना केन्नाय दीख भायर सरतालो. घोवालें नाखूट तोपून बायलेक रगत येवचें तसो!

कल्पना एका सपनाच्या संवसारांत व्हरता आनी झाडासारक्या झाडाक लेगीत लजोवंक लागता. हरशीं कोणाक लजोवपाचें! वाठारांत दुसरें एकूय झाड ना. पूण कल्पनेची सृश्ट नव्याच संवसारांत व्हरता...

पावस सोंपलो आनी वताचो आनी पावसाचो आपालिपाचो खेळ सुरू जालो. झाडाक आपली कात घट्ट आंवुळिल्ल्या चोळयेसारकी तटट्टूंक लागली. फुलपाचे हेच दीस, हें झाड जाणा, सदां फांतोडेर जाग येतकच पयली नदर आंगावयल्यान तें भोंवडायतालें. खंयय एकाद्री कळी फुल्ल्या काय म्हणून नियाळटालें. पावसाचोवा दंवाचो थेंबो सकाळच्या कंवळया वतांत चकचकलो जाल्यार लटकी उमेद जागयतालो. पूण तो झडून गेलो म्हणटकच तेंय सपन भंगतालें!

शिंयाचे दीस आयले आनी रसरशीत साल तटातट फुटूंक लागली. पांचवीं पानां हळडुवीं जावन खंगूंक लागलीं. आकांताचें शीं आनी मस्तो वारो... हाडान हाड सणसणायतालो. जुवानपणांतलें वाऱ्यासांगातान धोलप वेगळे सूर काडटालें. आतां वाऱ्याचेर धोलतना खांदयो कटकट्टाल्यो... म्हातारेन आपलीं बोटां मोडचीं तशो!

पयलें पान सुकून झडलें तेन्ना झाडान एक दूक गळयलें. जुवानपण सोंपिल्ल्याची गवाय दितलो माथ्यांतलो पयलो धवो केंस पळयतकच सुंदर बायलेक भोगता तसलें तें दुख्ख आसलें. पूण सद्दां मरतल्याक कोण रडटलो! दुसऱ्याच दिसा पसोभर पानां सुकून झडलीं आनी वारो व्हरीत तशी सळसळत वचूंक लागलीं. नदर भोंवडावन पळय जाल्यार पांचवीं न्हेसणां सोडून आनीक कितलींशींच पानां हळडुवें पितांबर न्हेसून बसल्यांत. हाराकिरीचे हे

सर्तींत आपूण फाटीं उरचें न्हय अशें दर एका पानाक दिसता.

पूण हें कितें? हे आदीं पानां झडलीं तरी नवीं आंकरी येतालीं. पूण ह्या सोंपत्या शिंयांत नवें पान आंगार फुटलेंच ना. शिंयाचो नेट उणो जालो आनी झाड सुखावलें. आतां एक अरिश्ट सोंपलें अशें ताका दिशिल्लें.

पूण घडलें वेगळेंच. वाऱ्याचो मद वाडलो आनी सोंपिल्ल्या शिंयान पानाचे देंठ दुबळे करून सोडले. एक दीस असो वारो व्हांवलो, झाडाच्या आंगाचेर वखदाक लेगीत एक पान उरलें ना.

बोडक्या साधूची ती अवस्था पळोवन झाड पिशांतरावरी जालें. सगलीं पोरां सैमान दिलीं आनी सैमान व्हेलीं. ह्या विशाल उजाड संवसारांत आपणाक पुराय लुटून एकलेंच दवरलें. कसलो हो जिवघेणो खेळ!

फुटिल्ले सालींचे कपचे निखळून पडूंक लागले, व्हडल्या घरचें व्हडपण सोंपतकच चिरे निखळचे तशें! उकतें धड भेरेवन गेलें. कसलीच जीवसाण थंय ना.

वताचो धग वाडटा तशी जीवघेणी सुरी खोलखोल रिगता. जी थोडी भोव ओलसाण, जी थोडी भोव जीवसाण भितल्ल्या शिरांनी उरल्या ती लुसून घेता. आटून गेल्ले बांयंत कळसो बुडोवन रिकामोच वयर ओडटले बायले भाशेन पाळांमुळां जमनी पोंदची शितळसाण सोंपिल्ल्यान निर्शेवन गेल्यांत.

कितेंय तरी जावचें आनी मळबांत काळीं कुपांत दाटून येवचीं. जोगलां चकचकचीं, गडगडाच्या गर्नालान सैमाचे कान फुटून वचचे आनी पावसाची अखंड धार गळची...

पावसाची धार खंयची! हुमेचो थेंबो लेगीत ह्या दिसांनी पळोवंक मेळना. आतां कावळोय मरून पडलो. पुराय वाठारांत पांचवीसाण खंयच दिसना. पावस येता काय?

आनी आयलो तरी परत म्हज्या आंगार आंकरी फुटत काय? काय वंश फुडें चलोवपाची वान्सा सासणाची सोंपोवन वांझ झाडाची जीण अशीच सोंपतली?

...उदेंते कडच्यान शितळ वारो आयलो... खूब दिसां उपरांत अणभविल्ली ही शितळसाण झाडाच्या हाडाक सुखावन गेली. दोळे उकते करून पळय जाल्यार उदेंतेकडेन काळीं कुपां वयर चडटात!

पावस येतलो. सैम पांचवो चुडो चडोवन सव्यार उबो रावतलो. पूण तो मेरेन हांव उरना? पावसांत म्हज्या आंगार नवी आंकरी फुटत?

*

ओले कण

अचकीत पावसाची दडक आयली. आंगणांत उदक भरून व्हांवंक लागलें. घराच्या पाख्यावयल्यान गळटल्यो पावळयो पळयत मानुयेलाच्या दोळयांमुखार एक प्रसंग उबो रावलो.

अशीच अचकीत दडक आयिल्ली. मे म्हयन्यांतलें दीस. आगऱ्याक ताजमहल पळोवंक तो गेल्लो. ताजमहल पळयतकच हेर भोंवडेकारां सांगातान तो लाल किल्ल्याचेर आयिल्लो.

रानांत चरूंक व्हेल्ल्या गोरवांक आमुडचीं तसो तांगेलो गायड तांकां आमुडटालो.

किल्ल्याच्या उंचयल्या भागांत एका मिनाराच्या सोपणाचेर तो गायड उबो रावलो.

अचकीत मळब भरून आयलें. सगल्या वाठाराक धुल्ल दाटून आयलो. काना दोळयांत आनी तोंडांत लेगीत धुल्लाचे कण भरून गेले. खिणा आदीं रखरखीत वत आसलें आनी तें सगळें भोंवडेकार वण्टीचे सांवळेक उबे आसले. आतां सुर्याक लेगीत चंद्राची सया मारूंक लागली.

आँधी आयिल्ली. आनी आँधी सांगातान पावस.

गिमाचे तापेन कासावीस जाल्ले भोंवडेकार त्या पावसांत आपलीं आंगां भिजोवन घेवंक लागले. कांय जाण नाचूंक लागले. कांय जाण पावसा सांगातान झडटले गरे पुंजावन चोखूंक लागलें

मानुयेल उबो आशिल्लो थंयच रावलो. ताका हो सगळो नवो अणभव. टोळ धाड कशी येता हें ताणें एका सिनेमांत पळयिल्लें. टोळ धाड येता तेन्ना दनपारच्या वेळार लेगीत सुर्याचो उजवाड आडावता आनी तिनसांजचो काळोख पातळटा हें ताणें सिनेमांत पळयिल्लें. भोंवडेकार नाचतात आनी वेळ फुकट वता म्हणून पश्चाताप करीत गायड कुशीक उबो रावला असो तो देखाव ह्या खिणाक मानुयेलाच्या दोळयांमुखार उबो रावलो.

पावस झडटा, पांवळयो गळटात. आंगणांत उदक व्हांवता... आनी मानुयेल येवजिता, आगऱ्याच्या लाल किल्ल्यांतलो तो प्रसंग घडून वीस वर्सां जालीं. ताका घट याद आसा, मे म्हयन्याची बावीस तारीख आसली. वेळ आसलो दनपारचो... सुमार अडेच वरांचो.

अजापाची गजाल. आतांय दनपारचोच वेळ. तारीख मात वेगळी.

पावस थांबलो आनी वातावरणांत एके तरेची शितळसाण आयली. उदेंतेकडल्यान क्षितिजाचेर कितलींशींच इंद्रधनुष्यां उदेलीं. पयस यमुना न्हंयचें पात्र. न्हंयचे देगेचेर आपल्या पांखांचे आयणे फुलोवन चार मोर नाचताले. पुराय देखाव खूबच सुंदर आनी मन भाळोवपी आसलो.

"आयकात, आयकात!" आपल्या सुत्राचो तुटिल्लो धागो परत जोडपाचो यत्न करीत गायड भोंवडेकारांक सांगतालो, "हांगा बादशहा! थंय बेगम, बादशहा बंदिवासांत आनी बेगम हमामांत. हमामाक जाळयेचें जनेल. वारो उजवाड येवचे खातीर. बेगमीन थंय येवन रावचें आनी बादशहान हांगा बसून तिका दोळेभर पळोवन घेवची... मोगाची भास मोनी आसता. ती काळजाची भास दोळयांनी उलोवपाची आसता..."

इतिहास मानुयेलाक खबर ना; पूण गायड उलयता तें आपणाक समजता अशें ताका दिसलें.

त्या भोंवडेकारांचे टोळयेंत एक गोरी बायल आसा. युरोपियन आसुये. घडये अमेरिकन आसुये. दिल्लीक सावन एका डब्यांतल्यान आनी आगऱ्याक पावतकच एकेच बसींतल्यान तांची भोंवडी जाल्ली. वळख ती तितली. याद करूनय ताका तिच्या नांवाचो उगडास जालो ना. त्या दिसा रातीकडेन ताज एक्सप्रेस दिल्लीक पावली आनी उपरांत तांच्यो वाटो बदलल्यो.

आज तिचो उगडास अचकीत जालो. पावसाची दडक आयली आनी तिची मूर्त दोळयांमुखार उबी रावली. गायड हिंदी आनी इंग्लीशींत उलयतालो. सगळे भोंवडेकार कान

दिवन आयकताले. तेन्ना तिणें मान फिरावन मानुयेलाचेर खीणभर नदर थिरायिल्ली.

ती कितें सुचयताली काय?

तिचेकडेन एक कॅमेरा. ताजमहलाचे फाटभुंयेचेर तिका आपले फोटे काडून घेवपाचे आसले. मानुयेलाचो तिणें आदार घेतलो. तेरकवार पोझींतले, तरेकवार कोनांतले ते फोटे.

गायडालें भाशण सोंपलें. आतां परतुपाची तयारी.

"आमी बाजारांत वतले. कोणाक शॉपींग करूंक जाय ताणी तें करचें. देड वर मेळटलें." गायडान सांगलें

मानुयेल हेरां सांगातान किल्लो देंवतालो. ताच्या दाव्या दंडाक धरून कोणें तरी ओडलो. पळय जाल्यार ती. कॅमेरावाली गोरी बायल!

"म्हजो हांगा एक फोटो काड." तिणें सांगलें.

पावसांत न्हावन ती बायल चिप्प भिजल्या. आंगावयलीं वस्त्रां तिचें तरणे कुडीक वेंगावन बसल्यांत... लजेन तीं पारदर्शक जाल्यांत.

"सारको फोटो घे. इंद्रधनुष्य घेवंक आयल्यार पळय." तिणें मानुयेलाक सांगलें.

आनी ती पोझी दिवंक लागली. आदीं बसली. उपरान्त उबी रावली. आंगाक वेगळया वेगळया तरांनी पिवळ दिवन पोझी घेतल्यो आनी अचकीत ओल्या ब्लावजाचो वयलो बटन सोडोवन म्हळें, "सारको घे."

मानुयेलाचे हात कडकडिल्ले... त्या शितळ वातावरणांत पावसाचे थेंब आनी धुल्लाचे कण हुमकळटाले. तरीकय मानुयेल घामाघूम जाल्लो. फोटे काडून जाले. उपकार मानपाची तिची रीत वेगळी... उपकार आसत वा निरोप आसत, तिणें कॅमेरा आपल्या हातांत घेवचे आदीं आपलो दावो हात मानुयेलाच्या कमरा भोंवतणी धरलो आनी म्हळें, "सगल्या फोट्यांनी हांव आसां. म्हाका तुजो एक फोटो घेवंक जाय."

घडिल्ल्या प्रकारान मानुयेल बरोच गोंदळिल्लो. मात्सो नर्व्हस जाल्लो. मान सकयल घालून तो फोट्याक उबो रावलो.

"असो मुखार पळय." तिणें सांगलें.

मानुयेलान तकली वयर केली. तिच्या दोळयार कॅमेराची लॅन्स. मानुयेलाची छाती धडधडली. कॅमेऱ्याचो फ्लॅश उजळळो.

"थँक्यू." म्हणून ती धांवली.

मानुयेल सवकासायेन किल्लो देंवलो. बसीचो ड्रायव्हर हॉर्न वाजयतालो. गायड किळचून बेगीन येवंक सांगतालो. पूण मानुयेलाच्या पांयांत त्राण नासलें.

त्या उपरांत ती ताका दिसली ना. परत मेळळी ना... आतां जिणेची सांज घरांत बसून एकोड्यान सारतना केन्ना तरी एकाद्री घडणूक घडटा आनी आदल्या गजालींची याद जागी जाता. कांय यादी आंगावयल्यान मोराचें पांख भोंवडावन वतात... कांय यादी आगऱ्याक यमुनेचे देगेवयल्या आयणें फुलोवन नाचतल्या मोरांच्या नाचाचो ताल काळजांत घुमोवन वतात. कांय यादी खंतीची सावळी मनाचेर पातळावन वतात... आनी कांय यादी आँधी आनी पावस झडून वतकच वातावरणांत हुमकळटल्या धुल्लाच्या ओल्या कणांभाशेन मनांत हुमकळत रावतात.

❋

कांय घडलें ना!

घडणूक सामकी सादी. असल्यो घडणुको दिसपट्ट्यो घडटात आसतल्यो. पूण ते घडणुकेन ज्युलियाची जीण धवळून गेली. अजून ते घडणुकेचो उगडास काडलो जाल्यार तिच्या आंगार चंवर फुलता. आतांच ती घडट्य अशें मानून ती दोळे धांकून घेता... आनी फुडें कितें तरी घडपाची वाट पळयता.

पूण कांय घडना.

घराकडच्यान ऑफिसामेरेनचो प्रवास ही एक उबगणीची यात्रा. कितलीं वर्सां ती तो प्रवास करता. सकाळच्या वेळार बसी भरिल्ल्यो आसतात. दोन शारांमदल्या तिगेल्या गांवांत मुखेल रस्त्याचेर एकच बस स्टॉप. एक्सप्रेस बसी थंय थांबनात. पूण सकाळच्या णवांची बस चुकली जाल्यार ती वेळार ऑफिसांत पावना. णवांची बस तिका चुकना, पूण ती सदांच भरून येता.

एक-एक दीस तर बसीच्या दाराक गोळोव मारून लोक हुमकळटात. सगले सीट भरून मर्दी लोक उबे आसतात. कंडक्टर कोणाक आडायना. अजाप दिसता तें इतलेंच, जे बसींत पावल दवरूंक रीग नासता ते बसींत एक खेपे भितर सरतकच आनीक पॅसेंजर चडलो जाल्यारय बस फुट्टली अशें दिसूंक लागता. पूण स्टॉपाकणकणी बस थांबता. कोणच देंवना. एक-दोन नवे पॅसेंजर चडटात. उबे राविल्ल्या पॅसेंजरांक कंडक्टर घोळून घेवंक सांगता. लोणच्याच्या बुयांवांत भरिल्ल्यो आंबल्यो कशे पॅसेंजर बसींत भरिल्ले उरतात. एक पांय एकल्याच्या बुटाचेर, दुसरो पांय दुसरेकडेन. बेडयो घाल्ल्या चोरासाके हात हालोवंक लेगीत मेळनात.

"आनीक खंय घोळूंक सांगता रे तूं? आतां मर्दी थांबोवं नाका." एक दीस ज्युलियान कंडक्टराक सांगलें.

ताणें जाप दिली, "तुका बसींत घेतलें तेन्ना बस भरिल्ली, हें तूं कशें विसरता बाय?"

आंगां चिकटलीं, हात पांय आंखडिल्ले आसले, श्वासांत श्वास भरसतात आसले तरी खूबशे पॅसेंजर ती जाप आयकून हांशिल्ले.

ज्युलियाक लज जाली. मारतें कशें घेतली? तिणें म्हळें, "सामकें लोणच्याचें बुयांव जालां. आतां आनीक आंबल्यो घालूंक जागो ना."

कंडक्टर कितलो वस्ताद! ताणें परती जाप दिली, "बुयांव आंबल्यांनी कितलेंय भरलें तरी तेल घालूंक जागो उरता... ना जाल्यार घरा वचून आवयक विचार."

परत लोक हांसले आनी जशें काय आपणाक कांयच लागलें ना अशी नुरा करून ज्युलियाय हांसली.

आतां ती जीण संवकळेची जाल्या. स... तिणें बोटां मेजलीं... न्हय, सात वर्सां जालीं. दिसपट्टी ती हेच बसीन वता. वचपाची बस थारिल्ली आसता. येवपाची बसय थारिल्ली आसता. मजा म्हळयार वतल्या पॅसेंजरांची तोंडां जशीं संवकळेचीं तशींच येतल्या पॅसेंजरांचीय वळखीचीं.

बसींतल्यान देंवप म्हळयार एका दिव्यांतल्यान भायर सरप. दीस शिंयाचे आसले तरी

आंग हुमेन चिकचिकता. आंगावयलो भेस चुरगळून वता. कार्नावालाच्या डान्साक रातीच्या उसरां मेरेन नाचल्या उप्रांत माटवांतच न्हिदतकच सकाळच्या वेळार चुरगळटा तसो आंगावयलो भेस चुरगळिल्लो आसता. ऑफिसांत पावतकच आपलें तोंड निवळ करूंक तिका टॉयलेटांत धा मिनटां लागतात.

पयलीं-पयलीं संकोच दिसतालो. बसींत अनवळखी लोक. तांकां घश्टून उबें रावप एके तरणे चलयेक सोबता? ज्युलिया बस सोडटाली. बसी वचत रावताल्यो. रिकामी बस त्या वेळार खंयची येतली? आंग चोरून बसींत चडूंक ती शिकली. फुडल्यान कोण धुकलता, फाटल्यान कोण घश्टता, गर्देंत कोण चिड्डिता आनी कळत नकळत मुड्डिता. सगळें सोंसचें पडटा! बसीन प्रवास करतल्यांक कागाळ करूंक मेळना.

तिका रावन-रावन अजाप दिसता. ह्या सात वर्सांच्या काळांत फकत चार वेळा तिका बसींत बसूंक जागो मेळिल्लो. येतना अडचण नासता. स्टॅण्डाचेर बस रिकामी आसता आनी ती सीट मेळ्ळो जाल्यारच बसींत चडटा. एक बस सोडली जाल्यार रोखडीच दुसरी बस आसता. घरा परतुपाची ताकीत कसली? घरा येवन कितें करचें पडलां? उरफाटें भायर आसतना मन रमता. ऑफिसांतल्या कामाचेर, मुखावयल्या मनशांचेर, तरेकवार देखाव्यांचेर मन थिरावता. काळजांतले खंतीचो विसर पडटा. पूण सांजेच्या वेळार गांवच्या स्टॉपाचेर देंवना फुडें ती खंत परत जागी जाता.

तशी ती सुखी. तिका घरचें काम करचें पडना. घरांत कांय उणें ना. तिजेपुरती ती स्वतंत्र. गांवच्या सुंदर चलयांमदीं आपलो आस्पाव जाता हें ती जाणा. खंयय डान्स आसलो जाल्यार तिच्या सांगातान नाचपाखातीर दादले एकामेकांकडेन सर्त करतात हें पळोवन ती सुखावता. शिकिल्ली सवरिल्ली, नोकरी करपी, आवय-बापायली अपुरबायेची एकलीच धूव.

हें एकलेपण ती एकली आसतना तिका खावंक येता. एकाद्रें जोडपें स्कुटरीवयल्यान वतना पळयलें वा केन्ना तरी पळयिल्ल्या सिनेमांतलो एकाद्रो प्रसंग, जातूंत नायक आनी नायिका हांगेलो प्रणय खेळ चलता, दोळयांमुखार उबो रावता. ना जाल्यार घोंटेरांत परततलें एकाद्रें सवण्यांचें जोडें झाडाचे खांदयेचेर बसून मोनो संवाद करतना दिसलें म्हण्टकच तिच्या काळजांत कळ येता. देवान सगळें दिलां, पूण एक आंग रितें उरलां. ती एकली!

तशी ती एकली न्हय. घरांत आवय आसा, बापूय आसा. आनीकय लागशिल्ले पयशिल्ले सोयरे आसात. भरिल्लें घर. आवाजान आनी मनशांनी. खंय कांकणां किणकिणटात. आयदनां वाजतात. हांशे फुलतात... घरांत सगळें आसा. पूण त्या भरिल्ल्या घरांत ती एकली उरता.

खूब वर्सां ती एक सपन पळयता. परिकथेंतलो राजकुंवर घोड्यार बसून येतलो आनी हात दिवन आपणाक उखलून आपणासरीं बसोवन एका नव्या संवसारांत घेवन वतलो. त्या राजकुंवराचीं ती सपनां पळयता. मुखावयल्या दर एका तरणाट्याच्या रुपांत त्या राजकुंवराचें रूप सोदता... खूब तरनाटे तिचे जिणेंत आयले. कांय जाण इतले भिडेस्त की संवाद विसरिल्ल्या नाटकांतल्या पात्राभाशेन तिचे मुखार येवन परतले. कांय जाण खूबच धाडसी. सरळ-सरळ तिचो हात मागून बशिल्ले. कितल्या जाणांच्या विळख्यांत

भितर सरून ती तांच्या सांगातान नाचिल्ली. संगिताच्या तालाचेर आंग हालयतना ती आपल्या जोडीदाराक नियाळयली. पूण एकल्याय दादल्यांत तो सपनांतलो राजकुंवर तिका दिसूंक नाशिल्लो!

फाटल्या दिसांनी तो प्रसंग घडलो. ती बसींत सदचेवरी चडली. कुशीक एक लजेस्त, भिडेस्त तरनाटो. ताचो हात तिचे फाटीक तेंकतालो. तो आंग चोरून घेतालो. तिका आतां असल्या स्पर्शाचें कांय दिसना. ताका बाबड्याक एके तरूण चलयेचो स्पर्श पयलेच खेपे जाल्लो आसुये. तिणें नदर वयर करून ताचेकडेन पळयलें आनी च्याच्या कपांत उडयिल्ल्या साखरेच्या क्युबाभाशेन तो विरगळ्ळो. तिका हांसूंक आयलें.

ती बसींत नासती जाल्यार ताका धीर दितली आसली... ताका धीर ती कित्याक दितली? अशें कितें वेगळें आसा ताच्यांत? ना कशें तर? राजकुंवराचें... सपनांतल्या कुंवराचें हेंच रूप न्हय!

कल्पना कितली सुखदिणी आसता! काळजावयल्यान अचळय मोराचें पांख भोंवलें. सगळें आंग शिरशिरलें. तिणे दोळे धांपून घेतले.

आनी अचकीत किळच्यो आनी हुयेल्यो. कितें जालें तें तिका कळ्ळेंच ना. बसीक अपघात जाल्लो. अपघात तरी कितलो विचित्र! तो उसळून सिटाचेर पाविल्लो आनी ती ताचे मांडयेचेर.

तिका सुद्‌ध आयली तेन्ना ताचो उश्ण श्वास तिच्या पोल्याक आफुडटालो. ताच्या हातांची निबर वेंग तिच्या आंगाक विळखावन बशिल्ली. पूण ताचे दोळे उकते आसूनय तो भानार नासलो. ती मात पुराय शुध्दीर आसली. पॅसेंजर उडयो मारून भायर देंवले. ती तशीच रावली. फुडें कितेंय तरी घडटलें हें अपेक्षेन...

पूण कांय घडलें ना.

*

मिली

दनपारच्या अडेज वरांचेर वताचो रखरख असोच आसता. माथ्यार सूर्य तापता आनी पांयापोंदा काळे नागणीच्यो हजार जिबो आपलो धग दितात.

जाका काम आसता ताका चलून वचचें पडटा. सड्यावयले हे वाटेर दोशीं एकूय रूख ना. उकत्या पांयांनी चलतल्याचे पांय ल्हाय कशे भाजून येतात. जांच्या पांयांत रबराचीं जोतीं आसतात, तांकां लेगीत तळव्यांक धग लागता. दोळयांतल्यान हून वाफ भायर सरता. केन्ना काय जीव सांवळेक व्हरून घालचो, ना जाल्यार शितळ उदकांत पांय धुवन थंडसाण अणभवची अशें दिसूंक लागता.

एकाद्रो कावळो चुकून माकून रस्त्यावयल्यान उडत वता तेन्ना ताची सांवळी खीणभर रस्त्याचेर पडटा. तो जर एकाच जाग्यार थोडो वेळ थिराविल्लो, जाल्यार घडये तापिल्ल्या पांयाक थंडसाण मेळत आसली, असो विचार रुजारीच्या मनांत येता आनी ते अवस्थेंतय तो मनांतल्या मनांत हांसता.

सांवळी जाय आसत जाल्यार ह्या वेळार भायर सरपाचें न्हय. सांजेच्या वेळार सूर्य अस्ताक गेलो तरी दनपारच्या वेळार तापिल्ले रस्ते न्हिवनात. फकत फांतोडेर रस्त्याक थोडी थंडसाण आसता तितलीच.

रुजारीचो हो सदांचो अणभव; आज नव्यानच घेतला अशें न्हय. वाट चुकिल्लो कोणय मोटरसायकलवालो वा सायकलवालो ह्या रस्त्यान वचना अशें न्हय. खूब फावटीं सायकलीक वा मोटारसायकलीक हात दाखोवचो आनी आपल्याकय व्हरूंक सांगचें अशें ताच्या मनांत येता. पूण तितलें धाडस ताका केन्ना जालें ना.

नाय जाल्यार रुजार हो मुखदुर्बळ. आपूण जावन तोंड उकतें करिना. घराकडेन भुरग्यांनी बोवाळ केलो वा तीं आपले मदीं झगडूंक लागलीं जाल्यार तो एकाद्रो धेंगसो घालता आनी हाताकडेन मेळिल्ली वस्त भुरग्यांचेर शेंवटिता. जाकीन सदांच म्हणटा, "तूं असो ओगी रावता तें पळोवन केन्ना केन्ना म्हाका दुबाव येता, तुका देवान मोनो बी करूंक ना मू? देवान तोंड दिलां जाल्यार उलयना कित्याक?"

बायलेचो हो प्रस्न आयकून रुजार हांसता आनी म्हणटा, "तूं उलयता तें दोगांयच्याय वांट्याचें. दोगांय उलयल्यार लोकांक दिसतलें, घोव-बायल झगडटात म्हणून."

वाटे वयल्यान चलतना असल्या उगडासाचो रवंथ रुजार सदांच करता. आज ताचे तकलेंत घोळटा तो एक वेगळो विचार. तागेले धुवेचें काजार थारलां आनी तो न्हवऱ्यागेर उलोवणीं करूंक वता.

मनांत एक वादळ उठलां. येदीशी धूव! ती आतां घोवागेर वतली. आपली धूव व्हंकल जाल्या हें ताका खरें लेगीत दिसना. बायलेन तिज्या काजाराचो विशय काडलो तेन्ना तो हांशिल्लो. "इतले भुरगेपणांत तिका काजार करून घोवागेर धाडूंक सोदता?" अशें ताणे बायलेक विचारिल्लें. बायलेन म्हणिल्लें, "वेळार काजार जायना जाल्यार आमची धूव सासणाची आंकवार उरतली. तिजे पिरायेच्यो दोन दोन भुरग्यांच्यो आवयो जाल्यात. नेणा तूं?"

रुजारीमुखार वाड्यावयल्यो सगल्यो चलयो उब्यो रावल्यो. खऱ्यानीच मिलाग्रीन आतां व्हडलें जालां. दिमखुऱ्यांनी चलतलें मिली आतां कापड न्हेसता, हाचो ताका उगडासच जावंक नासलो.

छे! ह्यो चलयो केदे बेगीन व्हडल्यो जातात! मिली घोवागेर वतलें हो विचार खंय तरी ताका अस्वस्थ करता. प्रथा ताकाय समजतात. वाडिल्ली चली घरांत उरल्यार गळ्याक तेंकता आनी वाड्यावयल्या लोकांक फुतफुतूंक कारण मेळटा हें तो जाणा. पूण मिली घर सोडून वतलें ही कल्पनाच ताका सोंसना.

आयताराचो दीस जाल्ल्यान सकाळच्यान जाकीन ताचे फाटल्यान लागलां, 'न्हवरेकारांगेर वचून काजाराचो दीस थाराय.' मिलीच्या काजाराची ताकाय उमेद. पूण हें कसलें काजार? धुवेक आवय-बापाय पसून पयस व्हरतलें? सकाळच्यान तो टाळयालो. पूण दनपरां जेवणाक बशिल्लेकडेन जाकिनान परत तो विशय काडलो तेन्ना ताका भायर सरचेंच पडलें.

ताणें पळयिल्लें, मिली कितलें भुरकुटून गेलां! फाटल्या फेस्ताक घेतिल्लो नवो लेंस आनी नातलांकडेन शिंविल्लो नवो बुशशर्ट मिलीनच हाडून ताच्या हातांत दिल्लो.

म्हणिल्लें, "तांगेर वतना हें न्हेस."

मिलीक लजेल्लें ताणे पयलेच खेपे त्या वेळार पळयिल्लें. ती ताच्या तोंडावयली लज पळोवनच ताका दिशिल्लें, आतां मिली व्हडलें जालां.

धुवेचें कवतूक मनांत उपाट भरलें. पूण ओंठांर हांसो फुल्लो ना. काळजाचे कळीचो एक हुंडको फुटूंक आयलो, जो ताणे सुक्या आंवडयाबरोबर गिळून उडयलो.

दोळयांचेर हात धरून आनीक कितली वाट उरल्या हाचो रुजारीन अदमास घेतलो. सुमार अर्द वाट तो चलून आयला आनी तितलीच उरल्या. उपरांत एक बांद लागतलो. थंय कुशीक तळें आसा आनी तळयाचे पलतडीन मिलीच्या घोवालें घर.

पांय तापताले. पोतयेंत घाल्लें जोतें रूजारीन भायर काडलें. जोतें घालून चलतना तो सदांच आडखळटा. पूण मिलील्या घोवागेर उकत्या पांयांनी कसो वतलो म्हणून ताणे जोतें बरोबर घेतिल्लें. तळयाचेर वचून पांय धुतलो आनी जोतें पांयांत घालतलो अशें ताणे येवजिल्लें. पूण पांय तापून आयले आनी ताका जोतें घालचेंच पडलें.

जोतें घालतकच चाल मंदावली तरी पांयांक शितळसाण मेळ्ळी. मनांतल्या मनांत तो मिलील्या घोवागेर कितें उलोवणीं करपाचीं तें येवजूंक लागलो. अचकीत ताची नदर तिचेर गेली.

रस्त्याचे एके कुशीक एक फातर आसा. त्या फातराचेर एक चली बसल्या. आपलें तोंड तिणें मांडयेंत लिपयलां आनी फाटीक शेक घेवंक बशिल्लेवरी ती दिसता.

ह्या वेळार ह्या निर्जन वाठारांत वताच्या रखरखांत बशिल्ली ही चली कोण, असो रुजारीक प्रस्न पडलो.

तो थांबलो आनी ताणें उलो मारलो, "ए बाय, कितें जालां तुजें?"

जाप ना. हालचाल ना.

मनांत भलतोच दुबाव येवन रुजार फुडें गेलो. म्हन्यांत वचून तिचे फाटीक हात लायलो तें सरशी चलयेन तकली वयर केली. दोळयांवयर आयिल्ले केंस हातांनीच परतिले. आनी आगंतुकाकडेन पळयलें.

सुजून तांबडे जाल्ले दोळे आजून दुकांनी ओले आसले. एक लाचारी, एके तरेचें दुःख ते नदरेंत रुजारीक दिश्टी पडलें. मिलीचेच पिरायेची चली आसतली. रुपानय मिलीसारकीच. घरच्यान भायर सरतना मिलीन ताका निरोप दिवंक नासलो जाल्यार ती मिलीच म्हणपाचो दुबाव येवचो इतलें दोगांच्याय रुपांमदलें साम्य.

नदरेंतले लाचारीचें रूप खिणाभितर बदल्लें. एके तरेचो तिरस्कार आनी बेपर्वाय ते नदरेंत उक्तावली आनी मानेक झटको दिवन परत तिणें आपलें तोंड मांडयेंत लिपयलें.

मोनी काय ही? रुजारीक दुबाव आयलो आनी ताणे म्हळें, "बाय तुजें कितें जालें? तूं खंयचें? कोणाची वाट पळयता?"

परत तिचे फाटीक रुजारीचो हात तेंकलो-मायेच्या कळवळयानच, पूण ते चलयेन आपलो दावो हात वावुडलो, ताचो धक्को रुजारीच्या हाताचेर पडलो. ताणे हात काडून घेतलो तशें ते चलयेन म्हळें, "तूं तुजे वाटेन वच. म्हजी खबर तुका लागना."

"ना. म्हाका लागना; पूण एक भुरगें अशा निर्जन वाठारांत एकलेंच बसून रडटा तें पळोवन कोणाचें काळीज कळवळचें ना? म्हाका तुज्या बापायसारको लेख. तुजे येदी

चली म्हगेर आसा.''

तिणें जाप दिली ना. फकत तकली हालोवन नाका अशें खुणायलें.

रुजारीचे पांय फुडें उखल्ले नात. ताणे म्हळें, ''चल, हांव तुका पावयतां.''

नागणीन फडो करचो तशी एकदम ती चली उबी रावली आनी तिणें म्हळें, ''फाल्यां फोंडांत व्हरतना तूं पावोवंक यो. हांव काजारी बायल... आतां हांव कोणाची धूव उरूंक ना. म्हज्या नशिबाक हांव रडटां. तुजे वाटेन तूं वच. आनी हें पळय, परत म्हाका धूव म्हणिनाका. म्हाका बापूय ना! आसतो जाल्यार पिश्याच्या गळयाक बांदपाचो न्हय!'' पांय आपटीत ती उजाड माळावयल्यान धांवत सुटली.

केदो वेळ मेरेन तिचे फाटमोरे आकृतीकडेन पळयत राविल्लो रुजार मनांतल्या मनांत तिचें कुवाडें सोडयतालो... अस्पश्ट जायत ती अदृश्य जाली. रूजारीन पांयाचें जोतें काडून परत पोतयेंत घालें आनी मिलीच्या न्हवऱ्यागेर वचपाचो बेत बदलून आपल्या घराची वाट धरली.

*

नदर

चली पळोवंक वचपाक तो कबूल नासलो. शो केसींत विकूंक दवरिल्ले वस्तू सारकी चलयेक सजगवन आनी कितें उलोवचें, कितें उलोवचें न्हय, कशें हांसचें आनी कशें बसचें हें शिकोवन न्हवरेकारांमुखार धाडटात आनी आपले परीन न्हवरेकार तिची परिक्षा करून निवाडो दितात, ही रीतच ताका मान्य नासली.

''आतांच्यो चलयो पयलीं सारक्यो न्हय.'' तागेले भयणीन ताका समजायलो, ''कॉलेजांत शिकून आयिल्ल्यो चलयो आतां धीट जाल्यात... आनी जाणा जा, तुका जशी तिका पसंत करपाची मेकळीक आसता, तेच भाशेन तुका नापसंत करपाचो अधिकार आतांच्या चलयांनी आपणाकडेन दवरून घेतिल्लो आसता.''

''सरकारी टेंडराभाशेन काय कितें गो?'' कोटी करून तो हांशिल्लो आनी त्या हांशांतच चली पळोवंक वचपाक तागेली मान्यताय आसपाविल्ली.

सांजच्या वेळार भायर सरूंक न्हेसता आसतना हारशामुखार रावन ताणें आपलें मुखामळ नियाळळें. सकाळीं काडिल्ल्या खाडाचेर काळसाण दाटिल्ली. दावो हात खाडावयल्यान भोंवडावन ताणें तें काडलां म्हणपाचें सांसपून पळयलें आनी एक धांवतो रेझर खाडावयल्यान भोंवडावपाचें थारायलें.

खाड करतां करतां ताचें ताकाच हांसूंक आयलें. ते वटच्यान चली सजगता आसतली. हे वटच्यान आपूण कित्याक सजगतां? चलयेन पळयना फुडें आपणाक पसंत करचो म्हणून?

मिश्यो वाडिल्ल्यो. बारीक कातर घेवन त्यो सारक्यो करतना ताची नदर मिश्येंतल्या एका धव्या केंसाचेर गेली. दोनय हातांच्या बोटांनी ताणें तो धवो केंस वेगळायलो आनी ताच्या मुळांत कातर लावन तो कापून उडयलो.

ताणे परत हारशांत पळयलें. आतां मिश्यो काळयो कुळकुळीत दिसताल्यो. तरी त्या धव्या केंसान एक उदास सांवळी तागेले उमेदीचेर पातळायिल्ली.

मनांतल्या मनांत ताणे गणीत केलें... छत्तीस वर्सां फाटल्या म्हयन्यांत पूर्ण जालीं. आतां आपूण भुरगो उरूंक ना, हें ताचें मन ताका सांगतालें. आपूण छत्तीस वर्सांचो जाल्यार आपले बायलेची पिराय कितली आसची? तीस-बत्तीस वर्सांची व्हंकल...

व्हंकल ह्या उतरांतच जुवानपणाची... लजेची शाल पांगुरिल्ली मस्ती आसपावता. व्हंकल म्हणना फुडें मोने अवस्थेंत पावल दवरिल्ली, जुवान चली नदरे मुखार उबी रावता. दोंगराचे देंवतेवयल्यान खळखळत देंवपी न्हंय मळार पावतकच जशी शांत गंभीर जाता, तशी अवखळ चली व्हंकलेचो भेस आंगार चडयना फुडें दिसूंक लागता... पूण जिणे तीस पावसाळे आंगार घेतल्यात तीय व्हंकल उरता? फकत आदीं सव्यार चडली ना इतलेच खातीर...?

खरेंच, कांय गजाली वेळच्या वेळार जावच्यो लागतात. लग्न ही तशीच एक गजाल. तें जालें ना जाल्यार चलयो खंगतात आनी चले सुकिल्ल्या झाडावरी भावनाहीन जातात.

सुकिल्ल्या झाडावरी? ताणें परत मुखामळ नियाळळें. अजून तो भुरगो दिसता. ह्या देहान छत्तीस पावसाळे पळयल्यात अशें वयलेचाराक तरी दिसना.

खूब आदीं ताचें लग्न जातलें आसलें. कॉलेजांत शिकतना नाटकांतलो नायक तो जाल्लो. आनी एक नायिका आसली. आजय उगडासाचे तळयेंत बुचकळयो मारतना ती ताका सुंदर दिसता. जिवितांत लागीं आयिल्लीं आनी नाटकापुरतो आसना, ताणें मोग केल्लो ती पयली चली. येसायांच्या दिसांनी आनी नाटक सोंपल्या उपरांत लेगीत, कॉलेजांतल्या भुरग्यांनी तांच्या नांवांच्यो गांठी मारून उडयिल्ल्यो. पूण फुडलें पावल कशें उखलचें तें ताका समजलेंच ना...

एक दीस तिच्या लग्नाचें आमंत्रण आयलें आनी ताचें काळीज दुखलें. तो मुळमुळीत रडलो. जेवणावयली वान्सा उडून गेली. न्हीद खळून राती जाग्यो उरूंक लागल्यो. पूण तेय दीस गेले. घायाचेर खवळी धरली. आनी एक दीस आपल्या पिशेपणाचेर तो आपूणच हांसलो.

उपरांत आवयन ताच्या मनाक लगाम घालून उडयलो. फाटली भयण वाडल्या, तिका उजयले बगर भाव लग्न कसो जातलो?

चलयेचें लग्न जुळोवप हें एक दिव्य. ताणें जोतीं झरयिल्लीं नासत. पूण नकाराचे भाले भावा-भयणीच्या काळजाक तोंपत रावले. ह्या काळांत ताका कितल्यो चलयो सांगून आयल्यो. सगल्यो परतिल्यो. ध्यास एकच आसलो, भयणीचें लग्न जावंक जाय...

आनी जेन्ना तें जालें, तेन्ना ताणे सुटकेचो उस्वास सोडलो. स म्हयन्यां आदलीच गजाल. खूब वर्सां रावचें पडलें; पूण तिका बरें थळ मेळळें, हाचें ताका समादान आसलें.

भयणीच्या घरच्यांनी ही सोयरीक हाडिल्ली आनी चलयेक पळोवपाचो दीसय थारिल्लो. एक रीत म्हणून, एक उपचार म्हणून चलयेक पळोवंक तो भायर सरलो.

जेन्ना चलयेच्या घराकडेन पावलो, तेन्ना ताच्या ताकाच तो प्रसंग लजेचो कसो दिसलो. कोणे तरी चलयेक आपयली आनी मान सक्यल घालून, आंग चोरून ती मुखावयल्या कदेलाचेर बसली. नदर जमनीचेर थिराविल्ली. नवे रस्मी साडयेपोंदा तिचो

देह कडकडटा, हें ताका जाणवतालें.

चलयेचो बापूय गुणवर्णनां करतालो. शिक्षणाची खबर सांगतालो. चली गायता... शिवणकामांक आनी घरकामाकय हुशार...

ताका एके वटेनच्यान चलयेची काकुळट दिसताली. पूण व्हंकलेची वेगळी कल्पना ताचे तकलेंत आसली. मुखार बशिल्ली ती बत्तीस वर्सांची, जुवानपणाचो हुंबरो हुपून जाणटेपणाचे शिमेर पाविल्ली...

उपचार म्हणून तो बसून रावलो. कांय उलयलो ना. नकार ताणे थारावन दवरिल्लो. फकत तो कसल्या उतरांनी कळीत करचो हें थारूंक नासलें.

ताच्या मनांतलो प्रस्न तागेले भयणीकच कसो येवजलो देव जाणा! तिणें सट्ट करून विचारलें, "इतली गुणी चली इतलीं वर्सां लग्न जायना आसतना कशी उरली?"

धनुश्यांतल्यान सुटिल्लो बाण तो. फाटीं कसो घेतली? प्रस्न विचारलो आनी भयणीन जीब चाबली. ताकाय तो प्रस्न रुचलो ना. 'हय' 'ना' म्हणप आपल्या हातांत आसतना चलयेचो अपमान कित्याक करूंक जाय? अशें ताका दिसलें.

प्रस्न चलयेकारांकय अपेक्षीत नासलो. सगळे एकामेकांच्या तोंडाकडेन पळयत रावले.

"नशिबाची गजाल, दुसरें कितें!" चलयेच्या बापायन रडकुऱ्या आवाजांत हांसो भरसून जाप दिली.

चली पळोवन जाल्ली. सगळे उठले. तोय उठलो. सगली उमेद दोळयांमदीं एकठावन चलयेच्या बापायन ताच्या तोंडाकडेन पळयलें. बापायचे नदरेक नदर दिवपाचें धाडस ताका जालें ना. ताणे तकली सकयल घाली.

घराचीं सोपणां देंवतना ताच्या बुटाची लेस सदळ जाली. सोपणाचेर पांय दवरून तो बांदूंक लागलो. बांदतां बांदतां अचकीत नदर वयर गेली. कुडीच्या जनेलांत उबी रावन ती चली ताका पळयताली.

खिणाखातीर चार दोळे एक जाले. एक अनवळखी कळ ताच्या काळजांत रोंबली. हातांतली लेस ढील जाली.

भानार येवंक दोन खीण लागले आसुये. पूण ताणे आपणाक सांवरून घेतलो. लेस बांदली आनी भायले वाटेन थांबयिल्ले मोटारीचे दिकेन पावलां उखल्लीं.

ताणे परत एक वेळ नदर घुंवडावन तिचेकडेन पळयलें. अजून तिची नदर ताचेर थिराविल्ली. जें कोणेच सांगूंक नाशिल्लें, तें ती मोनी नदर आपणाक सांगता अशें ताका दिसलें. ते नदरेंत उमेदीचें कीर्ण दुबावाच्या कुपांआड लिपिल्लें. ज्या गुन्यांवांक आपूण जापसालदार न्हय, त्या गुन्यांवांखातीर आपणाक कित्याक ख्यास्त? असो प्रस्न ती नदर विचारताली... जिणेंतली लाचारी ते नदरेंत आसपाविल्ली!

मोटारींत बसतना ताणे चलयेच्या बापायक हात दिलो आनी नकळटना तो उलोवन गेलो, "म्हाका चली पसंत आसा."

*

सांवर

गीम तापूंक लागलो तशी तेंडल्यांयेदीं बोंडां फांदये कणकणी धरूंक लागतात. उपरान्त एक एक पान गळूंक लागता. मुळांत पाचवीं आशिल्लीं पानां पावसाचें उदक पियेवन पुश्ट जाल्लीं. पावस थांबता तशीं तीं सुकूंक लागतात. आदीं हळडुवीं जातात. मागीर करपून काळवंडूंक लागतात. मस्तो वारो व्हांवंक लागलो म्हणटकच तीं थरथरतात. माघांतल्या शिंयांत कुडकुडटात. तरी देंठ फांदयांक घट धरून रावता. शिंयाचो कुडकुडो थांबतासर त्या देंठांतलें त्राणच सोंपता. अचकीत तो धडापसून सुट्टा. वाऱ्याचेर गरगरत पान भूंय पडटा. मागीर वारो व्हरत थंय उबून वता.

पावसांतलो हो रसरशीत रूख आतां जैन मुनीसारको क्षपणक जाला. फांदयेचेर एकूय पान ना. आसात तीं कुचकुचीत बोंडां. पाचवीं चार बोंडां.

सांवरेच्या ह्या झाडाकडली म्हजी इश्टागत भुरगेपणांतली. आमच्या घराचे कुशीक एक मेकळें मळ. एका काळार थंय तळें आशिल्लें, अशें जाणटेले सांगतात. अजून बकीं आनी हेर तकरेकवार सवणीं त्या मळाचेर धिट्ट्यो घालतात. माघमेरेन पुराय मळाचेर चिखोल दाटिल्लो उरता आनी त्या चिखलांत तरेकवार झाडां आनी झोपां. कांय फळटात. कांय फुलतात. त्या फुलांभोंवतणी पाखे भोवंक लागतात. पूण चैत्र पुनवे आदीं त्या पांख्यां फाटल्यान धांवतलो भुरगो पांख्यामेरेन पावच ना. धोंपरभर रेब्यांत तो रोंबून पडटा.

मळावयलें उदक वैशाखांत आटून जमीन घट्ट जाता तरी जमनी पोंदची ओलसाण तशीच उरता. देखून पुराय मळ बाराय म्हयने पाचवेंचार आसता. त्या मळाचेर केन्ना कोण वचना. देखून सवण्यांक आनी सावदांक तें अभयारण्य जालां.

पुराय मळाचेर एकूय झाड ना. मळाचे एके कुशीक आसा तें एक सांवरीचें झाड.

सांवरीक जेन्ना गुलाबी तांबडीं फुलां येतात, तेन्ना सव्याचेर चडूंक सजयल्ले व्हंकलेसारकें तें दिसता. सद्दां भायर पडवेर बशिल्लेकडेन हांव मळावयले अप्रुपायेचेर नदर भोंवडायतां आनी निमाणे म्हजी नदर सांवरीचेर थिरावता.

ही सांवर कोणे मुद्दाम रोयली काय सैमाचे कृपेन वयर सरली तें हांव नकळं. भुरगेपणांत सावन हांव तिका थंय पळयतां. तशीच ती उबी आसा. कितलीं सवणीं तरातरांच्या रंगांचीं आनी तरेकवार सुरांचीं, ते सांवरीच्या खांदयांचेर नाचून गावन गेल्लीं आसत देवाक खबर!

सांवरीच्या बोंडाचेर नदर वता आनी भुरगेपण कमरावयली गळटली चड्डी सांवरीत म्हजे नदरे सामखार नाचूंक लागता. एका हातान चड्डी सांबाळत आनी दुसऱ्या हातान नाकांतलें व्हांवतें सैंत पुशीत त्या मळाच्या कडांनी अजून एकाद्रो भुरगो पांख्याच्या फाटल्यान धांवतना दिसता तेन्ना म्हाकाय जाणटेपणाचें वस्त्र आंगावयलें देंवोवन खुटयाळाक लावचें आनी पांख्यां फाटल्यान धांवचें अशें दिसूंक लागता.

काल एक भुरगो असोच पांख्यांफाटल्यान धांवतना मळार मदीं पावलो आनी रेब्यांत ताचो पांय मुंगरलो. एक पांय भायर काडटासर दुसरो पांय मुंगरता. कितें करचें तें त्या भुरग्याक समजना. कोणाचोय आदार मेळत काय म्हणून तो चोंय वाटांनी नदर

भोंवडायता. पूण पुराय मळ उबंत पडलां.

ताका हांव दिसना. पूण म्हाका तो दिश्टी पडटा. तागेलो खटाटोप पळयतना म्हाका हांसूंक येता. दुसरे वाटेन काकुळट दिसता. पळयतां पळयतां त्या भुरग्याच्या जाग्यार म्हाका भुरगेपणांतलो हांव दिसूंक लागतां. मागीर मात म्हज्यान रावं नज जाता. धांवत वचून हांव त्या भुरग्याक हात दितां. चिखलांतलो भायर काडटां. तो भायर येतकच म्हाका कळटा, म्हजो पांय रेंब्यांत रोंबला.

आपणें घेतिल्ल्या अणभवाचो त्या भुरग्याक विसर पडटा आनी तो ताळयो पेटोवन म्हजी ती दुर्दशा पळोवन हांसता. म्हाका तिडक येता. पूण उपरांत तागेल्या त्या पातका मेकळया भोळेपणाची लक्तुबाय दिसता. हांवय हांसतां. प्रयत्न करून पांय वयर काडटासर एक वेंतभर लांबायेचो थिगूर म्हज्या मुखावयल्यान उडकी मारून आपल्या आंगावयलो रेबो म्हज्या तोंडार फांफडून परत रेब्यांत लिपून वता.

भुरग्याचो विसर पडलो आनी एक नवो विचार तकलेंत आयलो. ह्या रेब्यांत थिगूर आसतले. घडये कासव आसतले. ही खबर कोणाक कळूंक फावना. कळ्ळी जाल्यार म्हज्या वांट्याक आयिल्लें हें उक्तें मळ आंकवार उरचें ना.

आतां पडवेर बशिल्लेकडेन तो प्रसंग नदरेमुखार येवन गेलो आनी परत चित्त सांवरीच्या बोंडांचेर थिरावलें.

वताचो रखरख. पुराय मळाचेर इल्लीय सांवळी ना. पानां गळून बोडकीं जाल्ली सांवर लेगीत वताच्या रखरखांत तळतळटा.

हें वत पियेवन सांवरीचीं बोंडां वाडटलीं. ल्हवू ल्हवू तीं तांबडीं जातलीं. मागीर सुकून काफयेच्या रंगाचीं जातासर तीं फुट्टलीं. तातुंतल्यान मिरया कणायेद्यो बियो आनी म्हातारेच्या केंसासारको कापूस भायर सरतलो. वाऱ्याचेर तो कापूस उबतलो. तेन्ना घडये हांव तो कापूस झोंपय मारून धरचे खातीर मळावयल्यान धांवतलों...

वैशाख लागूंक आयला. ह्या बोंडांचो अवतार ज्येष्ठांत सोपता. ते आदींच म्हाका तो खेळ खेळचेलो आसा. म्हातारेचे केंस सांवर झडयतली आनी हांव पोशांनी ते पुंजायतलों.

भुरगेपणांत असोच कापूस हांवें पुंजावन हाडिल्लो. हाडून आईच्या हातांत दिल्लो. आईन म्हणिल्लें, "इतलो कापूस कित्याक उपकरता? चडसो मेळिल्लो जाल्यार तुका एक उशें करून दितलीं आसलीं."

पूण आज्येची नदर कापसाचेर गेली आनी तिणें तो आपले होंटींत घेतलो.

"कितें करतली तूं ह्या कापसाचें, आज्ये?" हांवें तिका विचारिल्लें.

"वाती वळटलीं. आनी त्यो वाती देवा मुखावयल्या निरांजनांत घालून पेटयतलीं."

त्या दिसा सांजच्या वेळार आजी वाती वळूंक बसली आनी म्हज्या खेळाचो कितें तरी उपेग जाता म्हणपाचो दिश्टावो म्हाका घडलो. हांवें दिसपट्टे म्हातारेचे केंस पुंजावंक धांवचें आनी पोशांनी भरून आज्येक हाडून दिवचे.

आज आजी ना... वाती कोण वळटलो? आई ना. कितलोय कापूस पुंजायलो तरी उशें कोण शिंवतलो? वताच्या रखरखांत मळाचेर दिसतात तसल्या मृगजळा फाटल्यान धांवपांतच म्हजी जीण खरशेल्ली..

पूण सांवर अजून खरशेवंक ना. वत पियेवन बोंडां पुश्ट जातलीं. सुकून फुट्टलीं.

कणसाचें हांशें हांसतलीं.

पूण आतां हांव म्हातारीचे केंस पुंजावंक धांवचो ना.

हांव उठून भायर मळार येतां. वत कडक पडलां. सूर्य माथ्यार आयला. माती तापल्या. उकतीं पावलां भाजतात. हांव तणाची शितळसाण घेवन धगाचे हुलप थांबयतां.

पूण पावल मुखार पडना. परत सांवरीकडेन पळयतां. जमनीचेर म्हजी सांवळी पडल्या. वेंतभर सांवळी. जशी काय ती ह्या वताच्या रखरखांत विरगळून ल्हान जाल्या.

नदर वयर करून पळयलें आनी दोळे दिपावले. माथें तापलें. माथ्यावयल्यान हात भोंवडायलो तेन्ना गळिल्ल्या केंसांची जाणविकाय जाली.

घडये ह्या वतांत म्हजी पुराय सांवळी विरगळून वचत. तशें जालें जाल्यार हांव तरी खंय उरतलों? सांजवेळ जायत काय? रखरख थांबत काय? आतां तरी तशीं चिन्नां दिसनात. वत अशेंच उरतलें आनी पुराय मळ गिळून उडयतलें असो भंय दिसता.

*

ती खंय?

न्हंयचे देगेर आशिल्लें तळप तशेंच आसा.. खरें म्हळयार ह्या गांवांत कांयच बदलूंक ना.

काल गांवांत पावल दवरलें तेन्ना सावन मोहक पळयत आसा. एक एक वस्त तो वळखता. पलतडचे वाटेन एक घोंटीण आसा. ते घोंटणीचेर माकडां उडयो मारतात. तांच्या नाचान रुखाच्यो ताळयो हालतात. पिकिल्लीं घोंटां न्हंयच्या पात्रांत झडटात...

वीस वर्सां आदीं अशेंच घडटालें. न्हंयच्या पात्रांत गांवचीं पोरां पेंवतात. घोंटणीच्या मुळांत सांवळी, हेरकडेन वत; गिमांतलें रखरखीत वत. दनपार कडसरिल्ल्यान आतां उदकय तापलां. अदमासानच मोहक हें जाणा. पोरां पिकिल्लीं घोंटां चोखून चोखून साली आनी काथे त्याच पात्रांत सोडटात. उदकाच्या व्हांवत्या झोतासरशीं तीं व्हांवन वतात. थोड्या अंतराचेर नुस्तीं त्या सालींचेर आनी काथ्यांचेर झोपय घेतात. नितळ पात्रांतली नुस्त्यांची हालचाल मोहकाक निवळ बरी दिसता.

खावन खावन कितलीं घोंटां खातले? वयर धडेर तांचीं मोटवीं कालसांवां तांणी काडून दवरल्यांत. तांच्या बोल्सांनी ते कितलीं घोंटां व्हरतले?

मनान मोहक भुरगो जाता. वीस वर्सां आदलो भुरगो. अशीच काश्टी न्हेसून घोंटां-बेळसां खायत न्हंयच्या पात्रांत बुचकळयो मारतलो मोहक! तेन्नाचे संवगडेय आज खंय दिसले नात. ह्या दनपारच्या वेळार न्हंयचेर चडशे लोक नात. कावळे लेगीत उडटना दिसनात. खांदयांचे सावळेंत लिपून मदीं मदीं काव काव करतात तितलेच.

पोशांत धा-बारा घोंटां धरून एक भुरगो मोहकाक विचारता, "घोंटां जाय?" मोहक तकली हालयता. दोन घोंटां चोखचीं अशें ताकाय दिसता.

"जिखून घे आं, उडयतां." तो भुरगो म्हणटा आनी एक घोंट शेंवटिता.

मोहकाल्या वयर उखलिल्ल्या हाताक आपटून तें परत उदकांत पडटा. दुसरें ताच्या

कानाक आफडून पयस मातयेंत पावता.

"तुका जिखूंक येना." तो भुरगो म्हणटा. सगळे भुरगे हांसतात. मोहकाकय हांसो येता.

"ए, तुका पेवंक येता?" एक आडांगी भुरगो ताका विचारता.

"हय, कित्याक विचारलें ?"

"तशें जाल्यार सकयल यो. उदकांत बुडून घोंटां खावपाची गोडी वेगळी."

मोहक त्या तळपाचेर उबो रावता. ताचें जाणटेपण ताचे नदरेंत भरता. तो म्हणटा, "आसूं, आनीक एक उडोवन पळय. हे खेपे हांव जिखतां."

एक भुरगो घोंट शेंवटिता. विकेट किपरान कॅच धरची तसो बागोवन मोहक तें घोंट हातांनी झेलता. इतले म्हणसर दुसरो भुरगो दुसरें घोंट शेंवटिता आनी तें धरतां धरतां मोहकाचो तोल वता. पांय निसरून तो उदकांत पडटा.

भुरगे टाळयो मारून हुरयो घालतात. फजेत जाली तरी मोहकाकय खोशेची घुंवळ घेरता. पांयांतले बूट भिजले आनी आंगावयलीं वस्त्रां अर्दमर्द ओलीं जालीं. मोहक परत वयर येता. तळपा वयलो कुशीक देंवता. पांयांतले बूट सोडयता, पँट देंवयता. त्याच तळपाचेर सुकत घालता आनी दोनय घोंटां घेवन कुशीक आशिल्ल्या कुंबयाच्या झाडामुळांत बसून एक घोंट तोंडांत घालता.

घोंट गोड आसतलें हें तो जाणा. भुरगेपणांत ताणें शेंकड्यांनी घोंटां खाल्यांत. गांवचे लोक तिका साकर घोंटीण म्हणटात. भायल्यान पाचवीं, ल्हानशीं घोंटां! पूण भितर रसाळ! बोरा येदो काथो! तोंडांत घेवन चोखपाचो आनी जिबेच्या तोंकार धरून फूंक मारून घुंवडायत भायर उडोवपाचो. घोंटाची तोडी दांतांनी तोडटा. सगलें तोंड दिकान भरता. दीक लेगीत गोड. ताळो खवखवता; पूण हातांतलें घोंट सोडूंक नज. मोहक तें चोखूंक लागता.

वीस वर्सां आदलो तो प्रसंग. उदकांत बुचकळयो मारून माकडांनी झडयिल्लीं घोंटां तो पुंजायतालो. पलतडचे धडेचेर घागऱ्यांतली एक चली. म्हेळया तोंडाची. तिच्या हातांत एक बडी- गोरवां आमुडपाखातीर. एकूण एक घोंट उदकांत झडटा. तिका एकय मेळना.

"उदक चड खोल आसा?" ती मोहकाक विचारता.

न्हंयचें पात्र सामकेंच उथळ. पात्रांत उबो रावल्यार तळव्याक सुळसुळीत शेंकरो आनी गुळगुळीत गुंडे लागतात. धा-बारा वर्सांचो मोहक. पूण ताचे बोंबलेमेरेन उदक पावना. पावसांत न्हंयक हुंवार येता. तेन्ना तें तळप लेगीत बुडटा. तेन्नाची गजाल वेगळी. पूण आतां गिमांत न्हंयचें उदक मोहकाले बोंबलेवयर चडना.

घोंटीच्या मुळांत पात्र इल्लें खोल; पूण बुडपाइतलें न्हय. उदक छातयेमेरेन पावता.

मोहकाक मस्करी येवजता. ते चलयेक "खूब खोल आसा." अशें सांगून तो एका हातान नाक दामता, दुसरो हात वयर उखलता आनी पात्रांत उकडयां बसता तरी आपली तकली वयर आसा हें जाणवना फुडें हात वयर दवरिल्ले कडेनच तो शेंकऱ्याचेर न्हिदता. मागीर तकली भायर काडून ते चलयेक म्हणटा, 'पळयलें कितलें खोल तें!"

"तशें जाल्यार म्हाका दोन घोंटां उडयता?"

मोहकाक तिची काकुळट दिसता. तिका तो वळखना. तिचें नांव लेगीत ताका खबर

ना. पूण न्हंयचे पलतडीन ती गोरवां राखता हें तो जाणा. पलतडचो गांव वेगळो. आलतडचो वेगळो. न्हंयचेर पूल लेगीत ना.

"उडयतां. जीख आं." मोहक एक घोंट शेंवटिता.

ती चली एकाच हातान तें जिखून घेता. दुसरें घोंट ती दुसऱ्या हातान जिखता. तो तिसरें उडयता तर ती आपल्या घागऱ्याची झोळी करता आनी मोहकान उडयिल्लें घोंट ते झोळयेंत झेलता.

मोहकाक एक नवो खेळ. आनी ते चलयेक खूब घोंटां पुंजावपाची संद. झोळी भरता जड जड जाता.

"पुरो आतां. फाल्यां येतां." ती चली म्हणटा.

"हें निमाणें" मोहक एक हळडुवेंच घोंट तिचे दिकेन मोखता. मात्शें कुशीक पडटा तें जिखूंक ती हात फुडें करता म्हणसर तिचो तोल वता आनी घोंटांसयत ती उदकांत कोसळटा.

कुशीचे पाजेचेर ओलीं उमळटली एक बायल किंळचता.

दुसरे वटेन न्हातलो एक तरणाटो धांवत येता. धोंपरभर उदकांत एके वटेच्यान बुचकळयो खाता आसतना दुसरे वटेन उफेतलीं घोंटां आधाशावरी पुंजायतले ते चलयेक उखलून तो धडेर हाडटा.

चली रडटा, "म्हजीं घोंटां, म्हजीं घोंटां."

गुन्यांवकाराच्या मनान मोनो जाल्लो मोहक तिचे दिकेन पळयता. तो तरणाटोच थोडीं घोंटां पुंजावन ते चलयेक दिता.

मोहक चोराच्या पावलांनी वयर सरता आनी धडेवयल्या तुवाल्यान माथें पुसपाचें निमित्त्य करून लिपचोरयां ते चलयेकडेन पळयता. तें निमाणें घोंट उडोवंक नासलें जाल्यार...

आतां चली भानार येता. तिचीं गोरवां पलतडीन. ती आनी तिगेलीं घोंटां आलतडीन. ती आकांतून रडटा. आपणाक पलतडीन पावय म्हणटा.

ते बायलेक तिची काकुळट. ती तरणाट्याकडेन मागता, "तिका पलतडचे धडेर पावय.';

घागऱ्याची झोळी उखलून रडटली चली उबी रावता.

"आगो, तुका हांव धरतां. तूं घोंटां कशीं धरतलें?" तो तरणाटो विचारता.

इतल्या कश्टांनी पुंजायिल्लीं घोंटां. तीं सोडून कशें वतलें? ते चलयेक प्रस्न पडटा. खीणभर ती येवजिता; कमराची दोरी सोडोवन घागरो देंवयता आनी घोंटांची पोटली दोनय हातांनी धरून त्या तरणाट्याच्या खांधार बसता...

...कुंबयाच्या झाडामुळांत घोंटाचो काथो तोंडांत घोळयतां घोळयतां न्हंयचे पलतडीन नदर थिरावन घागऱ्यांतले ते चलयेक सोदता.

सगळें आशिल्लें तशेंच आसा; पूण थंय चली मात ना.

❋

उस्मान

वडाच्या मुळांत कांय पोरन्यो गाडयो उब्यो आसात. रात दीस थंय खटखुटू आवाज चालूच आसतात. वडाचेर एक ल्हानसो बोर्ड लागला. ताचेर बरयलां, 'उस्मानाली गॅरेज.'

पोरन्यो मोटारी सारक्यो करप आनी तांकां रंग काडून त्यो नव्यो करप हें काम उस्मान करता. एक बरो पूण कोल्ली कारागीर म्हणून ताची नामना आसा.

कोणय आपली मोटार घेवन उस्मानासरीं गेलो जाल्यार उस्मान ताका धांवडायता. म्हणटा, "गांवांत जायत्यो गॅरेजी आसात, थंय तुजी गाडी व्हर. म्हाका आनीक दोन वर्सां तरी फुरसत मेळची ना."

तरी गिरायक हाल्लें ना जाल्यार उस्मान ताका वडामुळांत उब्यो आशिल्ल्यो गाडयो मेजून दाखयता. तरेकवार गाडयो. ल्हान मोटारीसावन ट्रक आनी टँकरामेरेन. मोडक्या गाडयांचो खच त्या वडामुळांत पडला. कांय गाडयो तर इतलीं वर्सां थंय आसात की तांचे तळ जमनींत भरसून थंय झाडां किल्लून वयर आयल्यांत.

"एक एक गाडी सारकी करूंक उणेंच आठ-धा दीस लागले जाल्यार ह्यो सगळयो गाडयो सारक्यो करूंक कितलीं वर्सां लागतलीं तें तूंच पळय!" उस्मान नव्या गिरायकाक सांगता आनी म्हणटा, "बरें आसा, स म्हयने मेरेन तूं कांय वासपूस करचो ना अशें उतर दिता आसत जाल्यार गाडी दवरून वच."

उस्मानाली रीत अशीच. गिरायक वळखीचें आसूं, अनवळखी. गाडी घेवन आयिल्लो मनीस केदोय व्हड आसूं वा सामान्य. उस्मान ताचेकडेन हीच भास उलयता. चड वेळ उलोवंक बसना. पँटाच्या बोल्सांतली सिगरेट काडून पेटयता आनी सरळ एकाद्रे मोटारीपोंदा न्हिदून आपलें काम करूंक लागता.

उस्मानाचें काम एकदम बरें, अशें लोक म्हणटात. म्हणूनच तर तागेर गाडयो घेवन वतल्यांची रीग लागता.

"उस्मान म्हळ्यार म्हादेवाचो अवतार." म्हाका म्हज्या एका इश्टान सांगलें. मनांत मारलें जाल्यार सगलीं कामां कुशीक दवरून आनी रातीचो दीस करून एकाद्री गाडी दोन दिसां भितर सारकी करून दितलो. ना जाल्यार दोन-दोन वर्सां गाडयेक हात लावचो ना. विचारूंक गेल्यार 'तुगेली गाडी परत व्हेल्यार जाता.' अशी जाप दितलो.

"ताचें मन वळोवचे खातीर उपाय कितें?" हांवें इश्टाक विचारलें.

"उस्मानाक दोन व्यसनांः दीसभर सिगरेट ओडटा आनी रातभर सोरो पियेता. घरांत दुसरो मनीस ना. एकलो जीव आनी सदाशीव म्हणटात तसो. हॉटेलांत वचून जेवता. सोरो पियेतकच तो कोणाक जाप दिना. पूण एक गजाल हांव जाणां, ताणें ॲडव्हान्स पयशे घेतले जाल्यार त्या रिणाच्या वज्यांतल्यान मेकळो जावचेखातीर तो सगलीं कामां कुशीक दवरून जाचें ॲडव्हान्स घेतलां तागेलें काम हातांत घेता."

"हीं इतलीं कामां उरल्यांत तीं ॲडव्हान्स मेळूंक ना म्हणून?" हांवें विचारलें.

"न्हय, न्हय." इश्टान जाप दिली, 'लोक ॲडव्हान्स दिवंक एका पांयार तयार आसतात. उस्मानच घेना. फकत एकाद्र्या दिसा तो अडटा त्या वेळार जो गाडी घेवन पावता ताचें नशीब म्हणूंक जाय. पूण तो केन्ना अडटा हें ताकाच खबर."

पावस तोंडार आयला आनी म्हजे गाडयेचें पत्र्याचें काम तशेंच उरलां. देखून हांव गाडी उस्मानाले गॅरेजींत दवरूंक सोदतालों. पूण त्या म्हादेवाक मनोवप कसो तें म्हाका खबर नासलें.

गाडी घेवन हांव उस्मानाले गॅरेजींत पावलों तेन्ना दनपारचीं दोन वरां जाल्लीं. उस्मान एके मोटारी पोंदा न्हिदून काम करतालो. तागेले गॅरेजींत काम करपी भुरगे सांवळेंत बसून जेवताले.

"उस्मान खंय आसा?" हांवें एका भुरग्याक विचारलें.

ताणें मोटारी पोंदा बोट दाखोवन तो थंय आसा म्हणपाचें खुणायलें.

म्हाका उलो मारचो पडलो ना. मोटारी पोंदच्यान उस्मानानच विचारलें, "कित्याक आयिल्लो?"

"तुगेलें काम जावं दी. हांव रावतां." हांवें म्हळें.

मोटारी पोंदच्यानच उस्मानान म्हळें, "म्हगेलें काम बंद जावचें ना. तें चालूच उरतलें. तुगेलें काम कितें तें सांग."

"गाडी कामाक दवरचेली आसली."

"दुसरे गॅरेजींत व्हर." मोटारी पोंदच्यानच उस्मानान जाप दिली.

"तुवेंच काम करूंक जाय." हांवें म्हळें.

"तशें जाल्यार गाडी दवरून वच आनी दोन वर्सांनी यो." ताणें जाप दिली.

म्हाका खऱ्यांनीच राग आयलो. गॅरेज घालून बशिल्लो हो मनीस आपलें तोंड लेगीत दाखयना आसतना उर्मट जापो दिता. हांव परत वचपाचो विचार करतासर थंय एक ल्हान चली आयली आनी तिणें उलो मारलो, "चाचाऽ उस्मान चाचाऽऽ."

हांवें ते चलयेकडेन पळयलें. आंगार एक म्हेळो विस्तीद. धुल्लान राठ जाल्ले केंस. घामेल्ल्या तोंडाचेर चिकचिकीत धुल्लाचे दाग आनी वाडिल्ल्या नाखटांनी भरिल्लो चिकोल. चलयेचे मुखावयले दांत किडेल्यात. पांच-स वर्सांची आसतली.

"एक मिनीट" उस्मानान मोटारी पोंदच्यान जाप दिली.

चलयेन दोनय हातांचीं बोटां केंसांत घालून माथें खरपिलें. तो चरचरीत आवाज आयकून म्हजें आंग शिरशिरलें. एक खेपे त्या उस्मानाचें तोंड तरी पळोवया अशें येवजून हांव थंयच उबो रावलों. मोटारी पोंदच्यान उस्मान भायर आयलो. उकत्या आंगाचो, चाळीशीच्या घरांतलो, केंस आनी खाड वाडिल्लो उस्मान. ताच्या एका हातांत एक तुतयो आनी दुसऱ्या हातांत दोन चार पाने आसले.

भायर येना फुडें ताची नदर म्हजेर पडली. रागीट नदरेन ताणें म्हाका पळोवन घेतलो. म्हजे मोटारीचेरय एक धांवती नदर भोंवडायली आनी एकदम ते चलयेसरीं वचून तिका ताणें उखल्ली.

"तूं वतांतल्यान कित्याक आयलें? कशें घामेलां पळय!" तिच्या पोल्याची पापी घेत उस्मानान विचारलें, "आयसफ्रूट घेवंक पयशे जाय मगो?"

चली हांसली. किडेल्ले दांत नदरेंत भरले. उस्मानान तिका परत सकयल दवरली. ते सरशीं तिणें दोनय हातांनी माथें खरपून घेतलें. घडये माथ्यांत उवो आसतल्यो.

वडाचे एके खांदयेक एक बुशशर्ट हुमकळटालो. उस्मानान वयल्या बोल्सांतले पयशे

भायर काडून मेजले. धा-बारा रुपयांच्यो नोटी आनी थोडी मोड आसतली. दोन रुपयांची एक नोट ते चलयेच्या हातार दवरून ताणे म्हळें, "चल, आयसफ्रूट घेवन खा आनी अशें वताक भोवं नाका."

चली हांसली; पूण हाल्ली ना.

"वच मगो." उस्मानान म्हळें, "आतां आनीक कितें उरलां? हांवय जेवंक वतां" अशें म्हणून उस्मानान बुशशर्ट आंगार चडयलो आनी म्हेळया पँटाच्या बोल्सांतली चुरगळिल्ली सिगारेट भायर काडून ती सारकी केली आनी तोंडांत धरून पेटयली.

चली ताका पळयत उबी राविल्ली. तो तिचेसरीं गेलो आनी म्हळें, "तुका घरा पावोवंक जाय?"

"नाका... अम्मीन सांगलां, पन्नास रुपया मागून हाड. रेशनाचे तांदूळ आनी साकर हाडूंक जाय."

उस्मानान आपल्या बुशशर्टाचीं बोल्सां तपासलीं. पँटीचीं बोल्सां उरफाटीं करून पळयलें.

"हातांतले पयशे परत मेजले. भर जायना. चलयेक ताणें विचारलें, "आतांच जाय?"

"आयज जाय म्हणून सांगलां. आज निमाणो दीस" चलयेन जाप दिली.

दोन खीण जमनीचेर नदर थिरावन उस्मान येवजीत रावलो आनी उपरांत ताची नदर म्हजेर गेली.

"तुजें कसलें काम?" ताणे म्हाका विचारलें.

हांवें गाडयेकडेन बोट दाखयलें. ताणें वयले वयर गाडी पळोवन घेतली आनी म्हळें, "ॲडव्हान्स दिता?"

हांवें एकदम बोल्सांत हात घालून शंबरांच्यो पांच नोटी काडल्यो. उस्मानान कांय एक उलयना आसतना ते पयशे घेतले आनी तातुंतली एक नोट चलयेकडेन दिवन म्हळें, "सांबाळून व्हर. शेणोवं नाका."

ओंठांनी घुर्र असो आवाज काडीत ते चलयेन आपली पांयगाडी स्टार्ट केली आनी स्टिअरींग धरिल्ल्या सारको हात करून ती धांवत गेली.

ती नदरेआड जायसर लक्तुबायेन उस्मान पळयत रावलो आनी उपरांत आपले भितरच हांसलो.

परत म्हजेकडेन पळोवन ताणें म्हळें, "वच तूं. तुजें चड काम ना. फाल्यां येवन गाडी व्हर."

म्हजेर म्हादेव प्रसन्न जाल्लो! पूण ती चली कोण?

"ती तुजी धुवडी काय भाची?" हांवें उस्मानाक विचारलें.

पयलेच खेपे उस्मान मेकळेपणान हांसलो. ताणें म्हळें, "तशें पळोवंक गेल्यार ती म्हजी कोण न्हय.. पूण म्हाका ती चलयेसारकीच. म्हजीच चली म्हण तूं."

म्हाका कुवाडें सुटलें ना. पूण फोडणिशी विचारूंक बसलों जाल्यार हो म्हादेव खुबत म्हणपाची भिरांत.

गाडयेची चावी उस्मानाच्या हातांत दवरून हांव परततना म्हज्या फाटोफाट उस्मानय बाजाराचे दिकेन चलतालो. वाटेर हांवें म्हळें, "ती चली हुशार आसा."

'हय. ती पयशे मागूंक आयली देखून तुका चान्स पडलो. पयशांचें जाणा तूं, दर्याच्या

ल्हारासारके. येतात आनी पोशांत धरले तरी खर्चून वतात. अडिल्ल्या वेळार मेळटात तेच खरे पयशे न्हय? आतांच पळय. पयशे मागूंक ती आयली आनी म्हज्या बोल्सांत पयशे नासले. इतलेंय जोडून कित्याक उपकरलें?''

''तुका घरा कोण आसा?'' हांवें उस्मानाक विचारलें.

''घर आसल्यार मनशां आसपाचीं न्हय? म्हाका घरच ना. एक आसा ती ती... ते चलयेची आवय, जी घडये म्हजीच बायल जावपाची, पूण वयल्याक तें मंजूर नासलें!'

बाजारांत पावसर उस्मान म्हज्या सांगातान चल्लो. पूण एकूय उतर उलयलो ना आनी साबार प्रस्न म्हजे जिबेर आयले; पूण एकूय विचारपाचें धाडस म्हाका जालें ना.

*

टेलिफोन

फोन वाजलो. वाजत रावलो. भितल्ले कुडींत कावेरी न्हिदल्या. गाढ न्हीद. तिका जाग येता. आदीं दिसता तें सपन. तरी फोन वाजत रावता, तेन्ना ती उठ्ठा. ताकतिकेन उठ्ठा. भायर येता. रिसिव्हराक हात घालूंक येतासर बेल थांबता.

तरीकय ती रिसिव्हर उखलता. कानांत डायलटोन आयकूंक येता. पूण दुबाव काडूंक म्हणून म्हणटा, 'हॅलो!'

जाप ना. रिसिव्हर परत दवरता. फोनाचेर पिर्जळटा. तिगेली न्हीद ताणें मोडिल्ली.

ह्या वेळार घरांत ती एकली आसता. पूत आनी सून कामाक वतात. सांजचीं सांगातान येतलीं. तेन्ना दोगांकय च्या तीच करून दिता. रातीचें एक जेवण तिणें रांदपाचें. सकाळ सावन तयारी करूंक तिका वेळ मेळटा. पूत आनी सून घरा परतुचे आदींच जेवण तयार जाता.

तीं घरांत येतकच घराक जीव येता. दीसभर ती एकली. चार वणटीं मदल्या बंदिवासांत उरता. काम कांय नासता. घरांत टी. व्ही. आसा, पुस्तकां आसात; पूण जेन्ना ती एकली उरता, तेन्ना तिगेलें मन शेणटा. तें थीर जायना. कांयच घडिल्लें नासता तरी एके तरेची अस्वस्थताय कांट्यावरी मनाक बोंचिल्ली उरता. न्हिदूंक गेल्यार न्हीद लागना आनी ओगी बसतली म्हळयार चित्त थिरावना.

पूत आनी सून घरांत येतात तेन्ना घर आवाजान भरता. हालींच तांचें लग्न जालां. अजून वर्स जावंक ना. तांकां पळयतकच तिचो जीव धादोस जाता. नदरांनी उलोवपाची मोगाची मोनी भास तिच्या जाणट्या काळजाक लेगीत कातकुतल्यो करता. चलता भोंवतना एकामेकांक स्पर्श करपाची तांची रीत पळोवन तिका अनवळखी सूख मेळटा. तिच्या सामखार तांचे संवाद उपचारीक. सून उलयच ना. तो उलयता. ती हय, ना म्हणटा.

जेवणां सोंपलीं म्हणटकच तो टी. व्ही. सामखार बसता. कावेरी जाणा, तागेलें चित्त टी. व्ही. चेर ना. जांबयो दीत तो बायलेची वाट पळयता. अशा वेळार कावेरी सुनेक म्हणटा, ''चल तूं, आतां न्हीद. चार आयदनां उरल्यांत तीं हांव विसळून काडटां. दीसभर काम करून पुरो जावन आयल्या.''

सून अनमनता. हातांत घेतिल्लीं आयदनां धुवन दवरता. कुडींत वचचे आदीं तिची नदर आनीक जायत्या वस्तूंचेर पडटा. ती थंय हात घालूंक वता. तेन्ना सोडून चलतले गायेक आमुडची तशी कावेरी तिका म्हणटा, "चल आतां, रात जाली."

ती इशारत मानता. टी. व्ही बंद जाता. तो कुडींत वता. फाटल्यान सून वता. कुडीचें दार बंद जाता आनी उपरांत कावेरी आपले भितरच हांसता.

जिणेंतल्यो खूबशो उमेदी भागल्यो नात. भुरगेपणांतच घोव गेलो आनी पुताचो सांबाळ करतना तिणें आपलीं दुकां गिळ्ळीं. आतां ती सपन पळयता नातवाचें. नातू येतलो तेन्ना घरांत जिणेच्या संगिताचे सूर कानार पडटले. एकोडेपणाचो कांच सोंपतलो. तिचें मन खेळोवपाखातीर तिका खेळणें मेळटलें...

परत फोन वाजलो. परत विचारांची तनर तुटली.

'हॅलो.' रिसिव्हर उखलून तिणें फोन घेतलो. "हांव व्यंकटेश" फोनांतल्यान आवाज आयलो.

कावेरीन एकदम आंग काडलें. विजेचो शॉक लागिल्लेवरी तिणें हातांतलो रिसिव्हर ताकतिकेन परत दवरलो. तो निसरून सकयल पडलो.

सपन बी न्हय मूं? तिणे दोळे चोळ्ळे. आपणाकच चिमटो काडून घेतलो.

ना, सपन न्हय. पूण हें कशें जातलें? ताणे सरळ नांव घेतिल्लें.

व्यंकटेश हें तिच्या घोवाचें नांव. लग्नावेळार गांठवल सोडोवंक आयिल्ले मस्ते करवलेन घेवंक सांगलें तेन्ना एकच खेप तिणें तें नांव उक्तेपणान उच्चारिल्लें. हरशीं सदांच तोंडांतच घोळयिल्लें... तो गेल्यार वीस वर्सां जालीं. फोन कसो येतलो? कोण मस्करी बी करिना मू?

दुसऱ्याच खिणाक दिसलें, आपली मस्करी कोण करतलो? पन्नाशींतली बायल. कोणाच्या अध्यांत ना मध्यांत.

परत फोन वाजलो.

तिचें काळीज धडधडलें. हात रिसिव्हराकडेन व्हेलो आनी फाटीं काडलो. तिणें फोन घेतलो ना. फोन वाजत रावलो. वाजतां वाजतां तिगेले छातयेचो धडधड तिका निवळ आयकूंक येतालो. पूण रिसिव्हराक हात घालपाचें धाडस जालें ना.

फोन थांबलो. तिणें सुटकेचो सुस्कार सोडलो. हुमेन ती चिप्प भिजिल्ली. बाथरुमांत वचून तिणें तोंडार थंड उदक मारून घेतलें. परत कुडींत वचून न्हिदपाचें येवजितना फोनाचो रिसिव्हर काडून दवरलो. परत विघ्नां नाकात.

कुडींत आयली. पूण न्हीद उडून गेली. दनपारच्या वेळार चार मेरेन ती न्हिदता. ते आदीं तिका जाग येना वा कोणच उठयना.

दोळे उकते, मन अस्वस्थ. म्होंवाच्या पोळयाचेर कोणें तरी गुंडो मारिल्लो. बऱ्या वायट यादींचे मूस आतां तिच्या चित्तांत घोंगेवंक लागिल्ले. न्हीद गेल्याचें दुख्ख ना. पूण ही अस्वस्थताय कसली?

व्यंकटेश हें नांव दुसऱ्याय मनशाचें आसूं येता. कसल्याय कामाखातीर ताणें फोन केल्लो आसूं येता. घडये पुतालो... घडये सुनेलो रकाद दिवंक फोन केल्लो आसत...

विचारासरशीं ती उठली. मोटे अपेक्षेन तिणें रिसिव्हर परत फोनाचेर दवरलो.

फोनाम्हन्यांत ती बसली. परत तो फोन येतलो म्हणून वाट पळयली. मनीस घडये आपलें नांव सांगतलो आनी तें आयकतना ती नवे व्हंकलेच्या लजेवपाचो अणभव परत घेतली.

ना. हे खेपे ती कांचवेवची ना, भियेवची ना.

ओगीच एक विचार मनांत आयलो, सर्गांतल्यान आल्ले फोनावयल्यान उलयतात आसत काय?

विचारासरशीं आंग शिरशिरलें. भंय आनी उमेद हांचीं ल्हारां सगळें आंग न्हाणोवन गेलीं. शिरशिरो वाडलो तशें आंग घामेलें. ओंठ फडफडूंक लागले.

तशेंच आसत काय?

पूण परत फोन वाजलोच ना!

❋

लिफ्ट

लिफ्टचो बटन दामून ती वाट पळयत उबी रावली. खुणेची लायट पेटिल्ली. लिफ्ट चलता म्हणपाची ती कुरू. पूण असल्या मदल्या वेळार लिफ्ट मुखार लायन नासता. आयज तर ती एकटीच.

नरिमन पॉइंटावयले हे बिल्डिंगेंत सोळाव्या मजल्याचेर तिका वचचेलें आसा. तिची एक मैत्रीण थंय काम करता. तिणें मेळूंक आपयल्या. आजच तिका मेळूंक जाय. मैत्रिणीचें लग्न थारलां. फाल्यां ती गांवाक वतली. उपरांत लग्न जावनच येतली. जिवा-भावाची मैत्रीण. पूण मुंबय वचप तिका जमचें ना. मैत्रिणीन खूब आग्रो केल्लो. पूण वाडिल्ले चलयेक एकलीच इतले पयस धाडूंक आवय कबूल जायना. ते भायर तिगेले सोयरिकेचीं उलोवणीं चलतात. खंयच्याय खिणाक न्हवरेकार पळोवंक येत.

लिफ्टची वाट पळयतना तिगेलें मन झोपाळयाचेर बसलें. उमेदीचो एक झोको वयर घेवन वता आनी परत येतना दुबाव आनी निर्शेणेची सावली घेरून बसता.

मैत्रिण तिचेच पिरायेची. दिसूंक इल्ली फाटींच. नोकरी म्हळी जाल्यार मैत्रिणीपरस तिचीच नोकरी बरी. अशें आसूनय मैत्रिणीचें लग्न जुळळें आनी तिचें अजून जुळना.

मत्सराचें ल्हार फाटले तीन दीस तिच्या मनांत उसळटा आनी परतता. आपलें लग्न जुळना जाल्यार मैत्रिणीचो कितें गुन्यांव? तिचें बाबडेचें तरी जुळळें. आपणें मत्सर करूंक फावना...

अजून लिफ्ट येना. परत बटन दामता. सोळा मजले न्हय आसले जाल्यार ती चडून वतली आसली.

दाराचे वयर मजल्यांचो नंबर दाखोवपी पॅनल आसा. लिफ्ट हाल्लें. सकयल देंवंक लागलें. तिका सू जालें. सात, स, पांच.

पांचव्या मजल्याचेर लिफ्ट थिरावलें. परत तिणें बटन दामलो. परत प्रतिक्षेचे खीण. फाटल्यान घुंवन पळयलें. व्हडले बिल्डिंगेच्या कॉरिडॉरांत जितो मूस ना. लिफ्टाची वाट

पळोवपी ती एकलीचे.

लिफ्ट हाल्लें आनी खिणांभितर तळमजल्याचेर येवन उबें रावलें. दार आपशींच उकतें जालें. लिफ्टमन ना.

ती भितर सरली. सोळा नंबराचो बटन दामलो. इतले म्हणसर फुडले वाटेन एक मनीस धांवत येता तो तिका दिश्टी पडलो.

तो धांवत, धांवत आयलो आनी लिफ्टामुखार पावनाफुडें लिफ्टाचें दार आपसूक बंद जालें. ती सामकी गोंदळ्ळी. अशा वेळार कितें करपाचें तें ती नकळ आसली. ताणें हातांतली ब्रीफकेस दोन दारांमदीं धरून लिफ्टाचें दार बंद जावंक दिलें ना.

हें सगळें पळयतना ती भियेवन कुशीक आंग चोरून उबी राविल्ली. लिफ्टाच्या दारांमदीं तो चिड्डुत अशी भिरांत दिसून ती मारूंक गेल्ली ती किळांच तिणें यलांनी गळ्यांतच अंदिली.

दार बंद जालें आनी लिफ्ट वयर चडूंक लागलें. इतल्या दिव्या उपरांत तो खरशेतालो. ताणे लेंस भायर काडून तोंडावयली हूम पुसली आनी नदर चोरून तिचेकडेन पळोवन घेतलें.

लिफ्टांत तीं दोगांच. खिणाभितर क्षितिजाचेर काळीं कुपां दाटून येवचीं तशे भयांकृत दुबाव तिच्या मनांत जमूंक लागले. तो तरणाटो आसा. घटमूट आसा. आगळीक करचो ना मू...?

हिंदी सिनेमांनी असलो प्रसंग पदाक अनुरूप आसता. कल्पनेचीं भिरीं मळबांत उडटात. मागीर खिणांत भेस बदलून नायक आनी नायिका आपालिपाचो खेळ खेळून नाचूंक लागतात. तसलीं दिसा-सपनां हालींच्या वर्सांनी तीय पळयताली. परिकथांतलो राजकुंवर धव्या घोड्याचेर बसून येतलो आनी आपणाक अचळय उखलून व्हरतलो हें सपन तिका वयले वयर पडटा. अचकीत जाग येतकच सपन फुडें चलचें म्हणून न्हिदपाचो यल करता, पूण सपन फुडें चलना...

तागेली नदर आपणाचेर थिरावल्या हें तिका कळटा. तिरशी नदर करून ती ताका परत पळोवन घेता. मनांतल्या मनांत पसंत लेगीत करता. पूण कांच तिच्या मनाक वेंगावन बसला. तिचें काळीज धडधडूंक लागता.

अचकीत वीज गेली वा कसलोय इबाड जालो जाल्यार दोन मजल्यांमदीं लिफ्ट बंद पडूं येता. बंद लिफ्टांत काळोख आसतलो... आनी तीं दोगांच...

कल्परुखाच्या तळाक बी ती पावंक ना मू? खट खट आवाज जाता, लिफ्ट बंद पडटा आनी अचकीत दिवो पालवता.

येवजिल्लें तेंच जालें! तिची छाती धडधडूंक लागली. किळांच मारची अशें तिका मनापसून दिसलें. पूण तिणें मारली ना. खंयच्याय खिणाक विपरीत कितेंय तरी घडटलें... वेंगेंत ओडून घडये तो आपले ओंठ... काळजावयल्यान मोराचें पांख भोंविल्ल्याचो शिरशिरो ते अवस्थेंतय तिणें अणभवलो. आंगार चंवर फुलून आयलो. दोळयांमुखावयलें बोट दिसना इतलो काळोख! तरी तिणें दोळे धांपून घेतले आनी कितेंय तरी वेगळें घडटलें हे अपेक्षेन ती रावली.

कांय घडलें ना... परत खट् आवाज. ती भियेवन दोळे उकते करता. दिवो पेटला आनी

लिफ्ट परत चडटा...

आतां ती धाडस करता. ताचे नदरेक नदर दिवपाचो यत्न करता; पूण तागेली नदर लिफ्टाच्या दाराचेर थिरावल्या. तो तिचेकडेन पळय लेगीत ना...

एक सौम्य धक्को दिवन लिफ्ट थांबता. दार उकतें जाता. पांयांचे बूट वाजयत कवायत करतल्या जवाना सारको तो चलूंक लागता. ती ताचे फाटीकडेन पळयत रावता. आपणाक ह्याच मजल्याचेर देंवंक जाय, मैत्रिणीक मेळूंक जाय हें ती विसरता. तो नदरेआड जालो तरी कान ताच्या बुटांच्या आवाजाचेर, नदर तो गेल्ले वाटेचेर...

खट्... खट्, लिफ्टाचें दार बंद जाता! लिफ्ट परत सकयल देंवंक लागता, तिचेसयत!

*

बावली

"ही तुजी बावली. एक तर भायर उडय, ना जाल्यार कुळारा तरी पावय. म्हाका ती कशीच सोंसना."

अविस्वासान सीमान घोवाकडेन पळयलें. तो मस्करी करिना हें तागेल्या सुरावयल्यान दिसतालें.

"कित्याक?" एकदम किळचून तिणें घोवाक विचारलें, "म्हजे बावलेचो तुमकां कसलो त्रास जाता? ती जेवना-खायना, चाडयो करिना."

"तशें करपी कोणी आशिल्लें जाल्यारय परवडिल्लें. तुका जाय जाल्यार एक धेडी हाडची आसली. पूण ही मोनी बावली घेवन येवन आमकां सगल्यांक तुवें लजेक घाल्यात. हांव तुका सांगतां, हे बावले बगर तुज्यान रावं नज जाल्यार तूं बावलेक घेवन कुळारा गेल्यार जाता म्हाका."

घोव पांय आपटीत भायर गेलो. कुडींत बसून सीमा रडूंक लागलें.

येदीशी बावली! कितलीं वर्सां तिणें सांवळेवरी सांबाळिल्ली. लग्नाक वतना लेगीत तिका व्हेल्ली आनी विसरना आसतना तिका नव्या घरांत हाडिल्ली.

कुळारासावन घोवागेर येतना सीमान खूबशें सामान हाडिल्लें. चडशें सामान व्हंकलपावणी भायर सरचे आदींच तिगेल्या नव्या घराकडेन पावयिल्लें. लग्नाच्या हॉलांत भरिल्ल्या दोळ्यांनी सगल्या मायेच्या मनशांचो निरोप घेतल्या उपरांत नवीं नातीं जोडूंक सीमा घोवावांगडा मोटारींत बसलें. फुडल्या सिटाचेर तागेलो व्हडलो देर बशिल्लो. तोच मोटार चलयतालो. ताचे कुशीक बशिल्ली सीमाली धाकली नणंद, जिणें जिवितांत पयलेच खेपे साडी न्हेसून करवली म्हणून मिरोवन घेतिल्लें.

"हरशींच खूब कळाव जाला. आतां बेगीन वतां." गाडयेच्या स्टिअरिंगाचेर हात आपटून देरान मोटारी भोंवतणी जमिल्ल्यांक सांगलें. तशे कांय लोक कुशीक सरले. मोटारीची चावी घुंवडावन देर गाडयेचें इंजीन सुरू करतासर सीमान ल्हवू आवाजांत मुखावयल्या सिटार बशिल्ले नणंडेक विचारलें, "सगलें सामान घालां न्हय गाडयेंत?"

तिगेल्या प्रस्नाची जाप देरानच दिली. ताणे म्हळें, "सगळें सामान आदींच घरा पावलां,

तुजी एक ट्रंक फाटल्यान डिकींत आसा. आनीक कितें उरलां?"

नवी व्हंकल व्हडल्या देराकडेन कशी उलयतली? मातशी लजेली आनी करवलेक सांगलें, "येतां आं हांव."

आनी ल्हान भुरग्यान धांवचें तशी सीमा धांवत लग्नाच्या हॉलांत गेली.

सगल्यांक अजाप जालें. कितेंय उरिल्लें आसत जाल्यार तिच्यान कोणाकय हाडूंक सांगूंक येतालें. गेली ती गेली, मर्यादिन पावलां उखलून तिच्यान वचूं येतालें. पूण ती एकदम धांवली...

देर उबगलो. ताणें गाडयेचें सुरू केल्लें इंजिन परत बंद केलें आनी दार उकतें करून तो सकयल देंवलो.

"कितें उरलें तिगेलें?" कोणे तरी करवलेक विचारलें.

"खबर ना. येता आं म्हणून गेल्या." ते चलयेन जाप दिली.

कांय जाणा व्हंकले फाटल्यान हॉलांत गेलीं. हेर सगल्यांच्यो नदरो हॉलाचे वाटेर थिरावल्यो.

बँड वाजतालें आनी व्हंकल पावणी वचच्या वेळार फोगेटी मारपाचें काम जाचेर सोंपयिल्लें, ताणें सगळे मारान पेटोवन दिल्ले. सगळोच कुलकुलाट. कोण कितें उलयता तें कोणाकच सारकें आयकूंक येना आसलें.

सीमा धबधब करून हॉलांत गेली आनी तशीच परत आयली. येतना तिणें कितें हाडलें? सगल्यांच्यो नदरो सोद घेवंक लागल्यो. कोणे तरी तिच्या हातांत एक बावली पळयली. आनी बावली हाडूंक व्हंकल गेल्ली म्हणपाचें कळ्ळें.

"आतां तुका असल्या निर्जीव बावल्यां सांगातान खेळपाची गरज ना." एके बायलेक मस्करी सुचली.

सीमान जाप दिली ना. मोन्यानी मोटारींत बसली.

आपली तिडक उक्तावपाखातीर देरान निबर आवाजांत विचारलें, "आनीक कितें उरलां? काय गाडी सोडूं?"

व्हंकलेन मान हालोवनच गाडी सोडूंक सुचयलें. गाडी सुरू जायना फुडें लग्ना हॉलांतलो लोक आपापल्या घराच्यो वाटो चलूंक लागलो.

"सीमान असो शो करपाची गरज नासली. आमकां सगल्यांक लजेक घालीं." तिगेल्या भावान आवयकडेन कागाळ केली.

"तूं कांय म्हणूं नाका." आवयन ताका शिटकायलो. "ल्हानपणातसावन सीमाक बावलेचें पिशें. तिका न्हाणोवप, लावप, न्हेसोवप आनी तिचेकडेन खबरोय करप. बावले बगर ताचें पावल उखलना आसलें."

"पूण ती बावली हांगा लग्नाच्या हॉलांत कोणे हाडली?" भावालो फुडलो प्रस्न.

"आनीक कोण हाडटलो? घरच्यान भायर सरतना बावलेक आपले मांडयेर बसोवन सीमान हॉलांत हाडली. ती घोवागेर व्हरत अशें म्हाकाय दिसूंक नासलें. पूण जालां तें जालां, आतां ताचेर चर्चा नाका." आवयन म्हळें.

दुसरे वाटेन चलते मोटारींत सीमाल्या घोवाक आनी देराक बावली म्हळयार एक कुवाडेंच जावन बशिल्लें. पूण नणंडेक मात् लक्तुबाय. तिणें नवे भावजेक म्हळें,

"म्हजेकडेन दिता?"

ल्हान भुरग्यांनी वागचें तशी सीमान बावली कुशीक काडून म्हळें, "ना, ना. म्हजी बावली ती... हांव कोणाकडेन दिवची ना."

नणंडेक वायट दिसलें. ती फुगार जावन बसली. व्हडलो देर हांसलो. घोवाच्या मनांत साबार प्रस्न उबे रावले. पूण त्या वेळार तो कांय उलयलो ना. गंभीर तोंड करून बसलो.

घराच्या दारांत परंपरेचो येवकार जालो. फोगेटी मारल्यो, वाजंत्री वाजलीं आनी हुंबऱ्यावयलें माप उमथून सीमाक तिगेले मांयन घरांत घेतली, "हें हातांत कितें गे?" मांयली नदर बावलेचेर गेली.

सगळे हांसले. घोवाच्या तोंडाचेर तिडकीचे भाव उदेले. ते मान सकयल घालून आशिल्ले सीमाक दिसले नात.

"येदी व्हडली जाली, पूण अजून बावल्यांनी खेळपाची संवय मोडूंक ना." कोणे तरी म्हळें.

"नाका मोडूं." मांयन नवे सुनेची कूस घेतली, "ते बावलेवो कोणाक त्रास जातलो व्हय...? दी म्हजेकडेन, हांव सांबाळून दवरतां." अशें म्हणून मांयन हात फुडें केलो.

सीमान कश्टी मनान बावली मांयच्या हातांत दिली.

घरांत बावलेच्योच खबरी चार दीस चल्ल्यो. नवे व्हंकलेक पळोवंक येताल्यो त्यो बायलो लेगीत वस्ती, न्हेसणां वा व्हंकलेचो रंगभेस पळोवपाचें सोडून बावलेची वासपूस करताल्यो. गांवभर बावलेची नामना.

सीमाक दिशिल्लें, चार दीस फकाणां करतले आनी मागीर ओगी बसतले. बावलेचे दुसऱ्याक त्रास खंय जातात?

पूण आज हें विपरीतच घडिल्लें! तीन वर्सांचें आसतना मामान सीमाक बावली घेवन दिल्ली. मनांतल्या मनांत तिणें वर्सां मेजलीं. एकवीस वर्सांचो सांगात...

पूण चोवीस वर्सांचे जायते सांगात तिणे सोडिल्ले. जायतीं नातीं तोडिल्लीं...

नवीं जोडिल्लीं.

खऱ्यानीच चली लग्न जाता तेन्ना पोरणें सगळें तोडून नवें जोडटा?

सीमाक जाप मेळना. ती मनांतल्या मनांत घुसमट्टा आनी खाटेवयली बावली काडून ट्रंकांत घालता

*

गंधा

गंधा हें हांवें तिका दवरिल्लें नांव. एक शिरकुली चली. गिमांत शंकराक आंगभर फुलां येतकच तो जसो दिसता, तशी ती दिसताली. आंगार एक तांबडोगुंज घागरो. ताचेर वयर हळडुवो ताल्ल ब्लावज. माणकुले तकलेचेर इल्लोसो पाटलो. पाटल्यांत टवटवीत सोनचांफीं. भांगराच्या रंगाचीं. हातांत आबोल्यांचो झेलो. देवळाच्या दारांत खांब्याक तेंकून ती उबी आसली.

"फुलां जाय... फुलां?" देवळांत वतल्या जण एकाक ती विचारताली.

"कसलीं फुलां?" हांवें विचारलें.

"सोनचांफीं."

"कशीं दिता?"

"रुपयाक स."

"खूबच म्हारग..."

"चांफीं तरी आदीं पळय... असलीं चांफीं खंय मेळचीं नात. देवाक घालीं जाल्यार देव प्रसन्न जाले बगर रावचो ना."

तिगेली ती चुणचुणीत जाप आयकून म्हाका हांसूंक आयलें. एका हातान ती माथ्यावयलो पांटलो सकयल काडूंक लागली. तिची लांबाय आसत अडेच फूट. हांवें म्हळें, "पांटलो सकयल कित्याक काडटा? दिसतात म्हाका फुलां."

हांवें तिगेल्या पांटल्यांत पळयलें. ताज्या टवटवीत फुलांनी तो उपाट भरिल्लो. आनी तांचो मंद परमळ फांकतालो.

"खंयच्यान हाडलीं तुवें हीं फुलां?" हांवें विचारलें.

"आमच्या घरचीं."

"खंय आसा तुजें घर?"

तिणें दोन पावलां मुखार उखल्लीं आनी पयसुल्या एका घराकडेन बोट दाखोवन म्हळें, "तें पळय, आंब्याच्या झाडाचे कुशीक बल्कांवाचें घर आसा न्हय, तेंच आमचें घर." आनी मागीर तोंडार चिके हांसो फुलोवन सांगलें, "ल्हान न्हय तें. बरें चार चौक्यांचें!"

पयसुल्यान घर सारकें दिसना. तरी तें एक व्हडलें घर इतलें कळटालें. तें घर हिगेलें? असो म्हाका प्रस्न पडलो.

हांवें विचारलें, "तूं त्या घरांत रावता?"

"हय... ना जाल्यार खंय तर?"

"जाल्यार फुलां कित्याक विकता?"

"चोरून हाडूंक नात तीं हांवें, बाबा. मावशेनच विकूंक सांगल्यांत."

"कोण मावशी?"

तिणें जाप दिली ना. पूण म्हाका विचारलें, "कितलीं चांफीं दिवं?"

"राव गो, एक सांग, तूं शाळेंत वचना?" हांवें विचारलें.

"हांव शाळेंत गेल्यार घरचीं कामां कोण करतलो?"

"कामां? तूं कसलीं कामां करता तर?"

"ओलीं उंबळटां... आयदनां घांसतां... सात्र मारतां... सुकत घाल्ल्यो वस्तू राखतां."

"तूं थंय कामाक आसा तर?"

"हय. पूण हांव त्याच घरांत रावतां..."

"आनी तुजी मावशी?'

आतां तिका सांगचेंच पडलें. तिणें हांसून नदर फिरायली आनी म्हळें, "तशी ती म्हजी मावशी न्हय. ती घरची धनीन. हांव तिका मावशी म्हणटां."

"आनी तुजी आई?"

"ती हांगा खंय आसा? ती आमच्या घरा आसा."

"घर खंय?"

"तें गांवांत आसा..."

"तुका वर्सां कितलीं गो?"

"णव."

"तुका पगार मेळटा?"

"हय. आई मदीं केन्नाय येता आनी मावशेकडच्यान पयशे घेवन वता. बँकेंत दवरता..."

"तुका हांगा आईची याद येना?"

"आदीं येताली. आतां येना."

"आनी भांवडांची?"

"केन्ना केन्नाय येता. पूण लग्नाखातीर वरदक्षणा जमोवंक नाका?"

"कोणाच्या लग्नाखातीर गो?"

आतां मात ती खऱ्यानी लजेली. मान सकयल घालून हांसली. चोरयां नदर वयर काडून म्हजेकडेन पळोवंक लागली. दुदाचे किडिल्ले दांत नदरेंत भरले आनी गालांचेर दोन खळयो.

"तूं लग्न करतलें?"

"हय तर...! सोळा वर्सां जातकच आई म्हाका लग्न करतली."

म्हाका तिगेल्यो जापो आयकून लक्तुबाय दिसली. तिगेल्या भोळेपणाची काकुळट. जल्म दितली आवय आनी काम करून घेतली मावशी हिच्या भोळेपणाचो फायदो घेतात अशें म्हाका दिसले बगर रावलें ना.

"एक सांग," हांवें म्हळें, "हीं फुलां विकून तुका कितले पयशे मेळटात?'

"मेळटात... केन्ना पांच, केन्ना धा..."

"आनी ते पयशे तूं कितें करता?"

"मावशेकडेन दितां."

"तातूंत तुका वांटो ना?'

"ना."

"हीं फुलां कोणालीं तर?"

"आमचीं."

"कोण पुंजायता?"

"हांवच. फांतोड्डेर उठटां आनी बडयेन फुलां काडटां..."

"आनी हीं आबोलीं?"

"तीं म्हजीं न्हय. आमच्या शेजरा एक बायल रावता. तिणें विकूंक दिल्यांत. दिता ती केन्ना केन्नाय..."

"तिगेले सगळे पयशे ती व्हरता?"

"हय, तर... तिचींच फुलां तीं.'

"खपतात तरी सगळीं फुलां?"

"हय, खपतात... पूण एकाद्र्या दिसा थोडीं उरतात."

“उरिल्ल्या फुलांचें तूं कितें करता?”

“चेर.”

“चेर?”

“चांफीं उदकांत घालून उदक तापयतां आनी त्या हून उदकान न्हातां... मागीर आंगाचो हुमेचो वास वचून फुलांचो परमळ येवंक लागता.”

“मावशेक खबर आसा हें?”

“कितें?'

“तूं फुलांचो चेर करता तें?'

“हय तर. तिणेंच म्हाका तसो करूंक सांगलां. ती म्हणटा, एक खेपे फुलिल्लें फूल दनपार जातकच बावता. मागीर तें कोणाक नाका आसता... चलयांचेंय तशेंच जाता खंय.”

“तशें म्हळयार कशें गो?”

ती हांसली. परत किडिल्ले दांत दिसले... आनी लजय तिच्या तोंडार देंवली. णव वर्सांची शिरकुली चली. तिका लजूंक कशें कळटा काय? काय लज ही चलयांक जल्मावांगडाच मेळटा?

“सांग मगो...?”

“कितें सांगू...? कितलीं फुलां दिवं?”

“आर्दी चलयांचें कितें जाता सांग?'

“हांव खंय जाणां? मावशी म्हणटा. वेळार लग्न जालें ना जाल्यार चलयो लेगीत बावन वतात.”

“कोणें सांगलें हें तुका?'

“मावशेन.”

“फुलां आनी चली एकसारकीं गो? चली बावली म्हणून तिका उदकांत घालून उकडटात? काय भायर उडयतात?”

“तशें न्हय. चली जाणटी जाली म्हणटकच ती बायल जाता आनी बायलेचें लग्न जायना.”

“अशें... अशें...”

“हय तर! चेराच्या उदकान हांव कित्याक न्हातां जाणा तूं?”

“म्हाका कशें कळटलें?”

“चेरान न्हातकच आंग गोरें जाता. आंगाक फुलांचो वास येता.”

“कोणें सांगलें तुका हें?”

“मावशेन.”

“मागीर मावशी तशें कित्याक करिना?'

“ल्हानपणांत मावशी तशी न्हाताली म्हणून गोरी पिट्ट जाली. आनी... तिका गोरोच घोव मेळ्ळो.”

म्हाका हांसूंक आयलें.

“बरें, ह्या सगळ्या फुलांचे पयशे कितले?”

"पांटलोभर जाय?" खुशालभरीत जावन तिणे विचारलें.

"हय."

"तशीं दिना. मेजून घे. जातात तितले पयशे दी. रुपयाक स. तूं सगळीं घेता जाल्यार सात दितां."

"बरें, अशें कर." हांवें म्हळें, "हे पयशे; घे तितल्या पयशांचीं फुलां व्हरून चेर कर."

पांच रुपयांची एक नोट तिच्या मुखार धरली. तिणें नोट घेतली ना. विस्मित नदरेन म्हाका पळयत विचारलें, "तुका नाकात तर फुलां?"

"नाका."

"जाल्यार म्हाका पयशे नाकात. हांव हांगा भीक मागूंक बसना." मोठ्या तोऱ्यान तिणें सांगलें. आनी गाल फुगोवन थंयच बसकण मारली.

*

सत्री

कितल्या वर्सांनी सुमी आजोळा पाविल्ली! आजोळची ओड भुरगेपणांत खूब उरताली. शाळेक सुटी पडनाफुडें आवय तिका आनी तिगेल्या ल्हान भावाक चार दिसांखातीर आजोळा धाडटाली.

मामालें घर व्हडलें. घराभोंवतणी पोरसूं. पोरसांत तरेकवार झाडां. फुलांचीं आनी फळांचीं. शारांतले बंदिस्त जिणेपरस आजोळची जीण कितली मेकळी आसताली! पांख्यावरी जीव ल्हव जावन येतालो. सुमी त्या मेकळ्या वातावरणांत फुलां, फळां आनी पांखे हांच्या फाटल्यान हुस्क्या मेकळी नाचताली.

आजोळच्यो यादी ह्यो सगळ्यो तिच्या जिवितांतल्यो सुखदिण्यो यादी जावन बशिल्ल्यो. केन्ना केन्नाय तिका येवजून हांसूंक येतालें. आपलें कुळार हें आपले चलयेचें आजोळ, आपलें घर हें भाच्चेचें आजोळ, आजोळ सगल्याच नातरांक आवडटा. खऱ्यानीच थंयच्या वातावरणाक लागून काय आजोळचे भावनेक लागून?

मे म्हयन्यांतले उबाळाचे दीस. घराफाटले न्हंयचेर बायलांचो पाणटो आनी दादल्यांचो पाणटो अशे विभाग केल्ले आसात. तिका सदांच हे वेवस्थेची लक्तुबाय दिसल्या. गांवच्या एकाय मनशान- मागीर तो दादलो आसूं वा बायल, ह्या नेमाचो केन्ना भंग केलो ना. देखूनच तर गांवच्यो ल्हान व्हड चलयो आनी बायलो त्या उथळ निर्मळ जलाशयांत मनसोक्त न्हावन घेतात.

न्हंयचेर न्हावपाची गोडी वेगळी. ल्हानपणांत तिगेले मामीन सुमीक पेंवंक शिकोवचेखातीर कितले सायास केल्ले! गांवच्यो चडशो चलयो न्हंयच्या उदकांत नुस्त्यावरी पेंवताल्यो. पेंवत पेंवत पयस वताल्यो, ना जाल्यार बुडटी मारून नाच जाताल्यो... सुमीक तांची लक्तुबाय. पूण तिका पेंवप केन्ना जमलें ना. जाल्यारय उथळ उदकांत बसून रावपाची आनी बशिल्लेकडेन हेर चलयांक, बायलांक पळोवपाची खोशी वेगळीच आसली.

दनपारच्या वेळार पाणट्यार वचून शितळ उदकांत बुचकळून गिमाचो धग धुवन

काडपाचो विचार सुमीच्या मनांत आसलो. मनांतली ती उमळशीक तिका सुखायताली. दीस वयर चडपाची वाट ती पळयताली. ते मेरेन वाड्यावयल्यो बायलो आपलीं धुणीं घेवन न्हंयचेर पावतलीं.

पूण अचकीत सुमीचे उमेदीचेर विरजण पडलें. चारय दिकांनी काळीं कुपां वयर चडलीं. सकाळचीं वतां गिळून आपली सांवळी तांणी गांवभर पातळायली. उबाळाचे दीस आनी सकाळचो वेळ. न्हंयचेर न्हावपाची उमेद नासती जाल्यार असल्या अवेळार आयिल्ल्या पावसाक सुमीय येवकार दिवपाची. पूण आज तिका पावस नाका आसलो. नाय जाल्यार पावस तिका आवडना. पावसाच्या दिसांनी घरांत बंदिस्त जावन बसचें पडटा. आनी भायर पावल मारलें जाल्यार चिखलांतल्यान... उदकांतल्यान भिजून भोंवचें पडटा.

चक् चक् चकांयच...

गड् गड् गडांयच्...

आज सैमान सुमीचे उमेदीचेर उदक उडोवपाचें थारावन दवरिल्लें. खीणभर पयलीं काय बरें वत पडिल्लें आनी आतां अचकीत जोगलां चकचकतालीं. कुपां गडगडटालीं. खंयच्याय खिणाक पावस झडटलो असो विचार करतासर एक मोठी दडक आयली.

जनेलांतल्यान सुमीन भायले वाटेन पळयलें. नळयांवयल्यान पांवळयो गळूंक लागिल्ल्यो आनी आंगणांत उदक भरिल्लें...

आज तरी न्हंयचेर न्हावंक मेळचें ना.

असोच पावस आनीक एक खेपे तिणें पळयिल्लो.

केन्ना? खंय...?

अचकीत उगडासाच्या चवनावयली खवळी निखळची आनी पावसाचे पावळेवरी घडणुकेची सांखळी नदरेमुखावयल्यान सरकली.

"मामी, फाटले खेपे हांव हांगा आयिल्लें तेन्ना एक सत्री दवरिल्ली. ती ताणें मागीर व्हेली?"

सुमाली मामी तिच्या तोंडाकडेन पळयत रावली.

"खंयची सत्री म्हणटा गो तूं?' तिणें म्हळें, हे आदीं "तूं केन्ना आयिल्लें ताचो उगडास आसा तुका...? लग्ना आदीं. उणींच स वर्सां जाल्लीं आसतलीं."

"जाणां... जाणां. तेन्नाचीच खबर विचारतां हांव तुका." सुमीन म्हळें, "हांव न्हंयचे पलतडीन देवळांत गेल्लें पळय. येतना असोच पावस आयिल्लो. वरभर हांव थंय उरिल्लें. कोणें तरी म्हाका आपली सत्री दिल्ली. दुसऱ्या दिसा हांव घरा गेलें. तो ती सत्री व्हरूंक येवपाचो आसलो. व्हेली ताणें ती सत्री?"

मामीक याद जाली ना. तेन्ना घरांत आजी आसली. आयज ती ना. पूण भायले वाटेन ऑल्तेराचेर बसून पेपर वाचतल्या मामाच्या कानार हें संभाशण गेलें आनी ताणें थंयसूनच सुमीक उलो मारलो.

"तुगेली ती सत्री वयर माळयार आसा. ती व्हरूंक कोण आयलो ना आनी धाडून दितलो म्हळयार कोणाली तें आमकां खबर नासलें. आतां तिची दशा कितें जाल्ली आसत तें मात म्हाका खबर ना." मामान सुमीक सांगलें.

सुमीन नदर वयर करून माळयाकडेन पळयलें. घरांत चड जाता तें सामान माळयार

उडयलां तें ती जाणा. थंय फुटके हांडे आसात आनी मोडकीं कदेलां आसात. निसण हाडून माळयार चडचें पडटलें.

भायले वाटेन पावस पडटा. न्हंयचेर न्हावपाची उमेद बाविल्ली. न्हाणयेंत उदकाचो हांडो तापिल्लो आसा. सुमीन त्या शितळ वातावरणांत खतखतीत उदक न्हावन घेवपाचें थारायलें. ती मान्यांत गेली.

आंगार तांबयो ओततां ओततां तो पोरणो प्रसंग दोळयांमुखार येवन गेलो. दुसऱ्या दिसा घरा परतुपाचें आसलें. शेनवार हो मारुतीचो वार. तो ब्रह्मचारी रामभक्त आंकवार चलयांचे मनोरथ पूर्ण करता अशी ताची नामना. सुमी कोणाक सांगिनासतना सांजच्या वेळार पुलावाटेन गांवाक वळसो घालून मारुतीच्या देवळांत गेली.

पुलार पावली तेन्ना उदेन्तेकडल्या क्षितिजाचेर जोगलां चकचकलीं. अस्तंतेकडेन अजून वत आसा. सुमीन येवजिलें, देवाची भेट घेवन येवंक कितलोसो वेळ लागतलो? तिणें घसघशीत पावलां उखल्लीं. पूण देवळाचीं सोपणां चडटा आसतना तिच्या आंगार एक थेंबो पडलो.

ल्हानशेंच पोरणें देऊळ. थोडे भावीक देवाच्या दर्शनाक आयिल्ले. सुमी देवाक पांया पडली आनी प्रदक्षणा घालून भायर चौकार येवन पळय जाल्यार उटंगारांचो पावस पडटा.

न्हंयचे पलतडीन मामालें घर. तशें पयस न्हय. पूण पूल गांवाभायरच आसा. देवळांत वतना गांवाक वळसो घालचो पडटा.

म्हणटां म्हणटां काळया कुपांनी अस्तमत्या सुर्याचीं किर्णां गिळून उडयलीं आनी काळोख दाटूंक लागलो. ह्या पावसांत कशी परततली? रावतली म्हळयार रात जाली. आनी वतली म्हळयार भिजून वचचें पडटलें.

"ही घे सत्री. हांव फाल्यां तुमगेर येवन व्हरतां." अशें म्हणत कोणें तरी एक फुलयिल्ली सत्री सुमी मुखार धरली.

ती अजापली. थोडी अनमनली. तिच्या मुखार एक तरणाटो उबो. गांवचोच आसतलो. सुमीन ताका आदीं केन्नाच पळोवंक ना. आतां ताची वळख घेवपाच्या प्रयत्नांत नदर ताचेर थिरावली. ताचीय नदर तिचेर थिराविल्ली. जेन्ना दोळे एकामेकांक भेटले तेन्ना काळजांतलें लजेचें पान शिरशिरलें. सुमीन नदर सकयल केली आनी ताणे मुखार धरिल्ली सत्री आपल्या हातांत घेतली. मुठीकडेन हात घालो तेन्ना हाताक हात लागलो. एक झणझणीत कंप सुटलो.

पूण चड येवजूंक सुमीक वेळ नासलो. सत्री घेवन ती वाट चलूंक लागली.

कोण तो? आपूण बावडो भिजून वतलो. नांव लेगीत विचारलें ना. तो म्हाका खंय वळखतलो...? ल्हानसो गांव. घडये मामाक वळखता आसुये... मारुतीचेच उपकार. ताच्या रुपान मारुतीच पाविल्लो... देवाची इत्सा!

विचारासरशीं मन चंवरिल्लें. आतां आंगार तांबयो रकयतना त्या दिसाची अवस्था सुमीन परत अणभवली. ल्हंवेन ल्हंव फुलून आयली.

परत एक तांबयो तिणे हांड्यांत भरून घेतलो आनी लग्न जाल्ले बायलेन दुसरो विचार तकलेंत हाडचो न्हय अशें येवजून तो अणभव धुवन उडोवपाच्या प्रयत्नांत ·आंगार रकयलो... आनी रकयत रावली...

सांजच्या वेळार मामानच सत्री काडली. ते मेरेन पावस थांबिल्लो. घयरांवान भरिल्ली ती सत्री उकती करनाफुडें जल्ले आनी पाली सरसरून भायर सरल्यो. किळांच मारून तिणे सत्री शेंवटिली.

थोड्या वेळान परत उकती केली. सत्रेचें काप हुंदरांनी खाल्लें आनी आतां ती शेंवटिल्ली तेन्ना एक सरी कोंचिल्ली.

तशीच तिणे ती उखलून फुलयली. माथ्यार धरली. मनांत आयलें, जिवीतभर हें छत्र आपल्या माथ्यार उरपाचें नाशिल्लें!

❋

लग्न

तिका पिशी कोण म्हणटलो? आपल्या घराच्या सालांत एका सोफाचेर ती बसल्या. गुबगुबीत कार्पेटीचेर दोन भुरगीं खेळटात. आनी माथ्याचेर वयर विजेचो पंखो आवाज करिनासतना घुंवता.

तरीकय ती कासावीस जाल्लेवरी सुस्कारे सोडटा. आपले सुनेक उलो मारता. सून धांवत येता, आकांतून विचारता, "कितें जालें."

"इल्लें थंड उदक हाडून दी. म्हाका कितेंतरी जाता."

सून तशीच धांवत फ्रिजाकडेन वता. ग्लासभर थंड उदक हाडटा. तिचेमुखार धरता. तानेल्ल्या दाटसुराभाशेन ती सगळो ग्लास गटगटीत रिकामो करता.

"आतां बरें दिसता?" सून विचारता. सुनेच्या तोंडावयलो हुसको निवळ दिसता. एक भुरगो तिचो पदर ओडटा आनी तिका कितें तरी सांगूंक सोदता. पूण तिचें पुराय लक्ष ते बायलेचेर थिराविल्लें उरता.

"बरें दिसतलें कपल!" ती बायल म्हणटा, "अजून म्हाका कितें तरी जाता..." "डॉक्टराक आपोवं?" सून विचारता.

"आपय. तो कितेंय वखद दिता जाल्यार पळोवया. ना जाल्यार न्हिदेची गुळी तरी... न्हिदतां तितलोच वेळ संवसाराचो विसर पडटा. उरिल्लो वेळ काळीज कलकलता."

"चड उलोवं नाका." सून म्हणटा, "हांव डॉक्टराक आपयतां."

सून फोन घुंवडायता.. पयलो आपल्या घोवाक... तिच्या पुताक. दुसरो आपल्या मांवाक... तिच्या घोवाक. डॉक्टराक घेवन येवंक सांगता. तशीच परत मांयचेसरीं येता. भुरग्यांचो खेळ चल्ला. तीं करंदाय करतात. सून तांकां दटायता. खावंक दिता... खेळणीं दिता. भितरले कुडींत बसूंक आपयता.

"तांकां हांगाच खेळूं दी." मांय म्हणटा.

"तूं मातशी आड पड. बरें दिसतलें." सून मांयक सांगता.

"नाका. म्हाका भंय दिसता. हांगाच बसतां. भुरग्यांचो आवाज आयकतां ते मेरेन हांव जितीं आसां म्हणपाचेर विस्वास बसता."

धा मिनटां सुनेक धा वरांसारकीं दिसतात... पयलीं डॉक्टर येता. फाटोफाट तिचो घोव

आनी उपरान्त पूत.

ती अजून बशिल्ली आसा. भुरगीं खेळटात. सून म्हऱ्यांत उबी. पूत आवयचे कुशीक बसता. डॉक्टर आनी तिचो घोव दुसऱ्या सोफाचेर.

"कितें जालें?" डॉक्टर तिका विचारता.

"सदांचेंच. कलकलता. भंय दिसता" खरशेत ती जाप दिता.

"सदांचेंच वखद जाय? तें चड घेवप बरें न्हय." डॉक्टर म्हणटा.

"जावं, आज इल्लें दी." ती मागता.

एक गुळी दिवंक डॉक्टर सुनेक खुणायता. 'काम्पोझ'ची गुळी. ग्लासभर उदक गुळये सांगातान ती पियेता. पूत तिका हाताक धरून भितर व्हरता. खाटीचेर न्हिदयता आनी भायर येता.

"आज अचकीत कितें जालें?" डॉक्टर सुनेक विचारता.

"कांयच ना."

"लागली न्हीद?" डॉक्टर पुताक विचारता.

"ना." डॉक्टर भितर वता. स्टेथेस्कोप छातयेक लावन तपासता. रक्तदाब पळोवन घेता आनी म्हणटा, "सगळें नॉर्मल आसा. अशें जाता कितें?"

"अचकीत हांव खंय आसा तेंच म्हाका कळनाशें जाता. आनी काळजांत कलकलूंक लागता. घोव, पूत, सून, नातरां सगळीं म्हजीं; पूण त्या खिणाक तें सपन कशें दिसता. भियेवन हांव सगळयांक उलो मारतां. ट्रीं म्हऱ्यांत आयलीं तरी विस्वास बसना. तीं म्हजीं कोण न्हय अशें म्हाका दिसूंक लागता. म्हजें म्हाका हांव झाडावरी दिसतां, ज्या झाडाक फूल ना, फळ ना... आनी ताचीं पानां गळूंक लागल्यांत."

आतां दोळे पोंवशेले. उखलून धरिल्लो हात सकयल गळ्ळो. पूत म्हऱ्यांत आसलो. ताणें पांयांकडले पांगरुण तिचेर घालें आनी पंख्याची गती वाडयली.

भायर येतकच तिच्या घोवान डॉक्टराक विचारलें, "हें अशें कित्याक जाता?" "म्हाका विचारशीत जाल्यार दिसता, तिगेलें दुखणें वैजकी न्हय."

"म्हळयार?"

एकाद्र्या सायकियॅट्रिस्टाक दाखोवन पळोवया."

"हें नाका जाल्लें." सून पयलेच खेपे उलयली, "तिका कितें पिशें लागलां तर?'

"पूण तिका जे भास जातात ते पिशाच्या झटक्यासारके. तितल्या वेळा पुरती ती पिशीच जाता." डॉक्टर म्हणटा.

"पूण आतां तिगेल्या ह्या पिशेपणाक कोणाकडेन वखद आसचें ना." घोव म्हणटा आनी दोनय हातांनी आपलें तोंड धांकून घेता.

"तूं कितें उपाय सुचयता?" डॉक्टर विचारता.

"गुन्यांवकारी हांव. पूण वखद म्हजेकडेन ना. म्हजो हट्ट आज अशे भाशेन नडटा."

पूत आनी सून तटास नदरेन ताचेकडेन पळयत रावतात. डॉक्टर ताचे फाटीर हात दवरता आनी म्हणटा, "सांग कसलो हट्ट?"

"हांवें तिचेकडेन लग्न केलें ना हो. तेन्ना हांवें तिका सांगलें, लग्न म्हळयार कितें? दादल्यान आनी बायलेन एकठांय रावपाचो समाजाचो परवानोच मूं? जो समाज आमच्या

लग्नाक मान्यताय दिना, ताचो परवानो तरी कित्याक जाय...? आमी घरां सोडलीं आनी वेगळें घर वसयलें. चलो जालो... सून हाडली... नातरां जालीं. आतां तिका दिसता, हें सगळें आपलें न्हय. आपलें लग्नच जावंक ना. सायकियॅट्रिस्ट ह्या दुखण्याक कितें वखद दितले?"

"हांव वखद सांगता," सून उलयली, "तिचें लग्न करुया."

"लग्न? हे पिरायेचेर?" डॉक्टरान विचारलें.

तिणें निखटी हय म्हणून तकली हालयली. घोवान तिका दटायली. ताका दिसलें, आपले आवयक येता तसलोच झटको बायलेकय आयला.

पूण मांव समजलो.

"हय. करुया. आमच्या लग्नाचो सुवाळो जावचो उरलो. तो घडोवन हाडुया. दुबावाचें भूत तितल्यान घडये तकलेंतलें वचत!"

❋

बिराड

चंपाल्या शेजरा एक नवें बिराड रावंक आयलां. दोन खणी बिराडांची एक ल्हानशी चाळ. ते चाळींत चंपा फाटलें वर्सभर रावता. सांगाताक आनीक दोन चलयो. कोण कोणाचो न्हय. चंपाक कॉलेजांत लेक्चरर म्हणून हालींच काम मेळ्ळां आनी त्याच कॉलेजांत शिकपी दोन चलयो त्या बिराडांत रावतात. खरें म्हळयार बिराड त्या चलयांचें. अडचल्ल्या चंपाक तांणीच आसरो दिल्लो.

सकाळीं उठून चंपा कॉलेजाक वता आनी दनपरां उसरां परतता. चलयांनी शिजयिल्लो शीत-रोस जेवता. सांजच्या वेळार मात तीं सगलीं मेळून जेवण रांदतात.

व्हडल्या शारांत जागो मेळप मोठें कठीण. जाल्यारय एके चलयेन बिराड करून रावप म्हळयार दिव्यच. सगल्यांकच एकामेकाचो सांगात आसतकच धीर मेळटा. लोकोपवादापसूनय राखण मेळटा.

चंपा येत सावन शेजारची कूड बंदच आसा. एक दीस दनपारच्या वेळार कॉलेजांतल्यान चंपा बिराडार परत आयलें तेन्ना ताची नदर ते कुडीचेर गेली. दार उकतें आसलें आनी भितल्ले वाटेन आवाज येतालो.

कोण रावंक आयला काय शेजरा? अशें येवजीत चंपा दाराकडेन आयलें आनी एकदम फाटीं सरलें.

दार उकतें आनी जमनीर पातळायिल्ले शेंदरेचेर घोव आनी बायल आड पडून खबरी करतात.

अशे अवस्थेंत तांकां हटकुवप चंपाक समा दिसलें ना. उरफाटें तांकां पळोवन चंपाच लजेलें. माजराच्या पावलांनी आपल्या बिराडांत परतलें. आनी आपलें दार भितरले वाटेन बंद केलें.

दोन बिराडांमदीं एक वणत. तरी नळयांचे पाखेतीकडेन थोडी खांच आसा. वारो आनी

वताचें एकाद्रें कीर्ण एके कुडींतल्यान दुसरे कुडींत वता आसुये. तेच खांचींतल्यान त्या जोडप्याल्या उलोवपाचो आवाज येता. ल्हानसो वझरो खळखळचो तसो तिचो हांसो. ताचो हांसो मात कर्कश. एकाद्र्या पोरन्या ट्रकान ब्रेक लायतकच येता तसो.

कोण रावंक आयला? कशेय आसनात, शेजारी ते. वळख करून घेवंक जाय, अशें चंपाक दिसता.

सांजेच्या वेळार कॉलेजाक गेल्ल्यो चलयो परतल्यो आनी चंपाल्या बिराडांत चैतन्य आयलें.

चलयांचें मेकळें हांसप, उलोवप म्हळ्यार मात्सो कुलकुलाटच. भायले वाटेन एक दादलो दारांत आयलो. आंगांत मोटवी चड्डी आनी उकतो देह.

"मातसो बोवाळ थांबोवशात?" धेंगशाच्या आवाजांत ताणें म्हळें.

चंपा दारांत आयलें. त्या उकत्या दादल्याक पळोवन फाटीं सरलें. एक धीट चली मुखार गेली आनी तिणें विचारलें, "तुमी शेजारच्या बिराडांत रावंक आयल्यात?"

"नसत्यो जायण्यो तुका कित्याक? तुमी बोवाळ करूं नाकात इतलेंच सांगूंक आयलां हांव." अशें म्हणून पांय आपटीत तो परत गेलो.

कोंबयांच्या घुडा लागसार कोलो येतकच कुकडांची जी अवस्था जाता, तशी त्या चलयांची जाली. सादारण एकेच पिरायेच्यो तीन चलयो, आनी चंपा जरी लेक्चरर आसलें तरी तांचे परस दोन चार वर्सांनी व्हडलें आसतलें.

तो एक नवो अणभव आसलो.

"हें कितें? आंमच्या घरांत हांसपा उलोवपाची आमकांच चोरी?" एके चलयेन प्रस्न केलो.

सगल्यांची प्रतिक्रिया तशीच आसली. पूण चंपान म्हळें, "अशें म्हणून भागचें ना. आमकां शेजरा रावपाचें आसा. समजून घेवया... सांबाळून घेवया"

एक एक चली एक एक खबर हाडटाली. कोणे म्हळें, "लक्षणां धड दिसनात. पुराय घरांत आसा ती एक शेंदरी आनी दुसरें. कसलेंच सामान ना. पिकनिकेक आयिल्ल्या जोडप्या भाशेन तीं वागतात."

"आमी कित्याक हुसको करुया?" चंपान म्हळें, "तुमी तांचे वाटेक वचूं नाकात."

सगळी सांजवेळ तीं भायर सरलीं नात. घराचें दार बंद उरलें. काळोख पडटकच दोगांय भायर सरलीं.

"दाराक कुलूप लेगीत लावंक ना." एके चलयेन खबर हाडली.

"आसूं, आमकां कितें? तुमी कोण भितर वचूं नाकात." चंपान म्हळें.

पूण ते आदींच दुसरी चली घर तपासून आयिल्ली. तिणें म्हळें, "खरेंच घरांत कांय ना. जमनीर पातळायिल्ली एक शेंदरी. सान्न लेगीत भोंवडावंक ना. मुस्तायकी ना, आयदनां नात आनी बल्ब लेगीत ना."

रातचीं उसरां तीं दोगांय परतलीं. तांणी मेणवात हाडिल्ली दिसता. फस्क मागूंक ती आयली. चंपान तिका बसूंक सांगलें.

"आतां बसना. फाल्यां येतां." तिणे म्हळें.

सगल्यांनी तिका पळोवन घेतली. तशी बायल भुरगी न्हय. चाळीशेक वर्सांची आसतली.

गळयांत मंगळसूत्र आसलें. कपलाक कुकूम. वात पेटोवन ती गेली.

चलयांक कुतुहल. कोण ती? खंयची? बिराडार रावंक आयल्या जाल्यार तांचेकडेन सामान कशें ना?

दुसऱ्या दिसा सकाळींच तो भायर सरून गेलो. ती घरांत आसली. चंपा दारांत वचना फुडें तिणें व्हड़ान आपटून दार बंद केलें.

पोल्यार थापट मारिल्ले भाशेन चंपाक जालें. तें परत आपले कुडींत आयलें आनी तशेंच कॉलेजाक गेलें.

वतना ताणें चलयांक शिटकायलें, "तिका जाप दिवंक कोण वचूं नाकात आं."

चंपा दनपारचें उसरां परतलें तेन्ना शेजारच्या बिराडाचें दार बंदच आसलें. आवाज येना. घरांत ती एकली आसा काय तो आयला हें कळूंक मार्ग ना. सांजच्यो चलयो आयल्यो वे उपरांत तो आयलो आसुये. ताणें दार धोडायलें. कांचवेवन सगल्यो चलयो भायर आयल्यो.

"कोण आयिल्लो?" ताणे एकदम बायलेक प्रस्न विचारलो.

"कोण ना. मोठ्यान कित्याक उलयता?" तिणे म्हळें.

"हांव कोणाक भितां काय कितें? कोण आयिल्लो सांग..." ताणें म्हळें.

तो भितर गेलो. चलयो भांयले वटच्यान रावल्यो.

"फाटलें दार उक्तें कशें? खरें सांग, कोण आयिल्लो?"

"कोण ना." तिची जाप, "हांवेंच वारो, उजवाड येवचो म्हणून फाटलें दार उकतें दवरिल्लें."

एक किळच. ताणे तिचेर थापट मारिल्लें!

गाळी आनी फस्तींचो शिंवर!

तिचो आवाज ना. थोड्या वेळान सगळें शांत.

सांजवेळचीं बेगीनच तीं दोगांय भायर सरून गेलीं. रातचीं उसरां परतलीं.

कोण ती?

दुसऱ्या बिराडांनी वचून वासपूस केली. दोन वर्सां तें बिराड बंदच आसलें. ती कोण तें कोणाकच खबर ना. कोण तांकां वळखना.

रातीकडेन व्हडलीं झगडीं. सगळी चाळ तांच्या दारांत उबी.

"आतां आमी ओगी रावंक फावना." एका दादल्यान म्हळें आनी तो त्या बिराडाच्या दाराकडेन वचूंक लागलो.

"तुका कितें लागंता?" तागेले बायलेन ताका फाटीं ओडलो, "घोवा-बायलांच्या झगड्यांत आमी कित्याक पडूंक जाय?"

"कोण सांगता तीं घोव आनी बायल म्हणून?" दुसरो दादलो ताणशेलो, "हे चाळींत सभ्य लोक रावतात, आमच्या घरांनी धुवो, बायलो आसात."

ताणें दारार मारलें

भितर झगडें चालू. दार उकतें जायना. ती किळच्यो मारीत आसा.

"दार फोडुया कोणें तरी म्हळें."

चंपान चलयांक भितर हाडलीं आनी दार बंद केलें.

भायल्यान शेजारी दारार मारतात. भितल्ल्यान किळच्यो कानार येतात.

निमाणें दार उकतें जालें. दोगांय भायर आयलीं. भायर लोकांक पळोवन ताणे विचारलें, "कितें जालें?"

"बोवाळ कसलो?" एका दादल्यान विचारलें.

"ती किळच्यो कित्याक मारता?"

"हुंदराक भियेवन!" ताणे जाप दिली आनी परत दार बंद केलें.

सगळे लोक परतले.

हें सगळें चंपान आयकलें. ताणे एक सुरय फट मारल्या इतलें ताका कळ्ळें. पूण करतलें कितें?

दुसऱ्या दिसा आयतार. तांगेलें सामान घेवन एक ट्रक आयलो. चंपान म्हळें, "आतां आमी नवें बिराड सोदिल्लें बरें."

❋

आल्सेशियन

नव्यानच शारांत बदली जायत सावन रमेश घर सोदतालो. एकाद्रो फ्लॅट भाड्यान मेळ्ळो जाल्यार कुळारा आशिल्ले बायलेक तो हाडूंक सोदतालो.

"शारांनी बायल मेळटा, पूण घर मेळना" छगलानीन म्हळें.

तागेलो हो विनोद रमेशाक रुचलो ना. तरी ताणे छगलानीक म्हळें, "तुजे वळखीन खंयय मेळटा जाल्यार पळय. म्हाका एका रुमाचो फ्लॅट लेगीत उपकरता."

"बायलेक हाडूंक सोदता? ती सुंदर आसा? घरांत आनीक कोण ना...?"

एका फाटल्यान एक प्रस्न छगलानी विचारीत रावलो.

"हय." हांसून रमेशान जाप दिली.

"तशें जाल्यार तूं बायलेक हांगा हाडूं नाका." छगलानीन गंभीर तोंड करून सांगलें.

रमेश ताच्या तोंडाकडेन पळयत रावलो.

"तशें केल्यार लग्न तरी कित्याक जालो अशें बायल विचारची ना?" रमेशाकय मस्करी येवजली.

"तुका जाय तें तूं कर" छगलानीन म्हळें, "तुजेखातीर हांव घर सोदतां; पूण शारांनी बायलेक एकली घरांत दवरप म्हाका पसंत ना."

"एकली म्हळयार कशी?" रमेशान विचारलें.

"हें पळय, तूं दीसभर ऑफिसांत उरतलो. घरा एकली बायल... तुगेर भुरगीं आसात?"

"ना."

"आनी तुजी बायल तरूण. सुंदर.. हय मू?"

बायलेचें रूप दोळयांमुखार हाडून रमेश चिके लजेलो.

"ऑफीस सुट्टकीच हांव घराच वतलों."

"पळय, हांव तुजे बायले विशीं कांयच म्हणिना. पूण तूंच येवजीय. तरूण, सुंदर

बायल. एकलीच बाजारांत वतली. दीसभर घरांत एकलीच उरतली. शारांतल्या लोकांचें चित्र काडूंक नज. कोणय तिका वश करून घेत.. आतां घरांत तिसरो कोणय आसल्यार गजाल वेगळी.

"जिची दानत शुध्द नासत ती घरांत दुसरीं मनशां आसल्यार लेगीत आपणाक जाय तशी वागतली... पूण म्हजी बायल तसली न्हय. तिचेर म्हजो पूर्ण विस्वास."

"म्हजोय म्हजे बायलेचेर पूर्ण विस्वास आसलो." छगलानीन सांगलें, "पूण म्हज्या कानार गजाली येवंक लागल्यो. तेन्नाच्यान हांव सादूर जालां."

"कसल्यो गजाली? लोकांचें आयकून तुवें बायलेचो दुबाव घेतलो?"

"दुबावाचें तूं जाणा." छगलानीन म्हळें, "एक खेपे मनांत रिगलो जाल्यार तो बळावत रावता. म्हाका कोणें तरी सांगलें, बाजारांत येतना वतना म्हजे बायले सांगातान कोण तरी दादलो आसता. एक दीस तो आमच्या घरांत आयलो अशेंय हांवें आयकलें. तेन्नाच्यान हांवें कांय उपाय घेतले."

"कसले उपाय? बायलेचेर पाळत दवरली? काय तिचेकडेन झगडलो?"

"ना, ना. बायलेकडेन झगडूंक उपकरना. आपणाक घोव दुबावता अशें तिका कळ्ळें जाल्यार तिचें घोवाविशींचें आपलेंपण सोंपता. हांवें तीं पिशेपणां केलीं नात. हांवें तिका व्हिडियो घेवन दिलो आनी तिगेलो बाजार बंद केलो.. वरावरान हांव तिका फोन करतां. ती घरांतच आसा म्हणपाची खात्री करून घेतां..."

"तरी बरें, तूं फ्लॅटाक भायल्यान कुलूप करून ऑफिसांत येना..." रमेशान हांसून म्हळें.

"तितलो पिसो न्हय हांव." छगलानीन जाप दिली, "हांवें एक वेगळीच माण्णी केल्या."

"म्हाका तरी सांग मरे ती माण्णी." रमेशान म्हळें.

छगलानीन ताका आपली माण्णी सांगलीः ताणें एक दैत्य कसो आल्सेशियन सुणो पोसला. त्या सुण्याच्या गळ्याक लांब सांखळी घाल्या. सकाळचो ऑफिसाक वतना तो ताका दारामुखारच बांदून वता.

"ताचो फायदो कितें?" रमेशान विचारलें.

"खूब फायदे आसात. परकी मनशाचो वास येना फुडें तो भोंकून सगळो वाठार जागयता. शेजारच्या फ्लॅटांतले लोक आकांतून भायर येतात. तांचे जागेन आनी सुण्याच्या भंयान फेरीवाले, चोर आनी आगंतूक आमच्या घरापसून पयसच रावतात. आतां म्हाका हुसको ना. बायल भायर वचूंक ना म्हणपाची हांव फोनावयल्यान खात्री करतां आनी परकी मनीस आमच्या दारांत पावलो जाल्यार तो जितो उरपाची शाश्वती ना."

छगलानीची आनी रमेशाची इश्टागत पयल्या दिसा जुळ्ळी ती उरली.

परकी शारांत रमेशाक इश्ट नासलो. छगलानीन ताका एक फ्लॅटय मेळोवन दिलो. रमेशान बायलेक हाडली. दोनय कुटुंबांमदीं येवप, वचप सुरू जालें. दोगांय बायलांक एकामेकांचो सांगात मेळूंक लागलो.

एक दीस सांजच्या वेळार रमेश घरा चिके बेगीन आयलो. घराक कुलूप. बायल बाजारांत गेल्ली आसतली अशें येवजून तो भायरच रावलो.

बायल येतकच ताणे विचारलें, "खंय गेल्लें?"

"हांव मदीं मदीं छगलानीगेर वचून बसतां. आज तूं बेगीन आयलो?" बायलेन म्हळें.

"छगलानीगेर? सांबाळून आं! तागेर भयंकर आल्सेशियन आसा खंय."

"आसा, पूण तो म्हाका कितें करतलो! तो दारांत न्हिदून उरता."

"न्हिदून? आंगार येना... भोंकना?" रमेशान विचारलें.

"आदीं तो आयिल्ल्या गेल्ल्याच्या आंगार वतालो. आतां छगलानीले बायलेन ताची वेवस्था केल्या. ती सकाळचो घोव ऑफिसांत वचनाफुडें ताका न्हिदेच्यो गुळयो घालता आनी आल्सेशियन एके कुशीक न्हिदून रावता..."

इतलें सांगून रमेशाले बायलेन जीब चाबली आनी फुडें म्हळें, 'कोणाक सांगचें ना असो हांवें तिका सोपूत दिला. तूं छगलानीक म्हणूं नाका आं!'

*

मोगरें

उजाड मळाचेर परत एके खेपे पावस शिरशिरलो. मातयेचो घमघमाट सगळया वाठाराचेर पातळ्ळो. गिमांत तापून सडसडीत जाल्ली भूंय न्हावन धुवन निर्मळ जाल्ली. जाणटेपणांत कात सोडून तकतकीत जाल्ल्या सोरपावरी. थकिल्ली भागिल्ली जमीन पर्थून जुवान जाल्ली

...ही गजाल नवी न्हय. दर वर्सा अशेंच घडटा. अंदूय तेंच घडलें. पावस शिरशिरलो आनी वतान भेगो पडिल्ले जमिनीची कूस उजवली. पाचव्यो आंकन्यो वयर सरल्यो आनी थोड्या दिसांभितर पावसाच्या धारांच्या कातकुतल्यांनी मोडत-मोडत तण वाडलें. चातुर्मासांत तें पुश्ट जातलें. आनी आश्विन सोंपतासर आपलो अवतार सोंपोवपाचे तयारेक लागतलें.

फाटलीं दोन वर्सां त्या मळाचेर तणामदीं एक मोगरेचो रोंपो किल्लता. कोणाचे नदरेंत लेगीत तो भरना. तायखिळो आनी तण हांचेमदीं तेन्याचीं पानां वयर सरतात. एकाद्री चिरपुटीण आसता. खंयच्या काळार देवाक खबर, कोणे तरी दिवाळे दिसा चिड्डून भायर उडयिल्ल्या काट्टांतल्यो बियो उदकाचो स्पर्श जायनाफुडें किल्लतात आनी येंवाळयान पयस-पयस वचपाचो यत्न करचो तशी काट्टीण भोंवतणी पातळटा. दिवाळेच्या आदल्या दिसा कारीट सोदतल्या भुरग्याक चार काट्टां तीच दिता.

पावसांत फुलपी ही वनस्पत अंदूय फुल्ली. तणाक लेगीत फुलां येतात. धवीं, जांभळीं, तांबडीं आनी हळदुवीं. तायखिळयाचीं फुलां, चिरपुटीचीं फुलां... फुलांच फुलां. तीं पळोवन पांखे घिट्ट्यो घालतात.

सगळें मळ पाचवो शालू न्हेसून माथेंभर फुलां माळिल्ले व्हंकलेसारकें दिसूंक लागता. ह्या मळाचेर खंय तरी मोगरेचीं झोपां आसतात. तीं नदरेंत भरनात.

श्रावण येता आनी वताचीं भांगराचीं किर्णां संवसाराचेर पातळायता. त्या वेळार मळाक जाग येता. उदकांत पावसाच्या शिंवरान रातदीस भिजून गोठिल्ली पाचवी अप्रुपाय वताचो

शेक घेवंक तकली वयर काडटा. त्या वेळार मोगरेचें झाड फस्स करून हांसता. हांसतना आपले धवे फुल्ल दांत दाखयता आनी मागीर तिची नदर त्या झाडाचेर थिरावता!

मळाच्या एका कोनशाक तिचें घर. वयर पाखेत आसा आनी मातयेच्यो वणटी. देखून तें घर म्हणचेलें. घराक घरपण ना, ही खंत तिच्या मनांत घर करून बसल्या.

मोगरेचे कळयेचेर नदर पावचे आदींच परमळ तिचेमेरेन पाविल्लो आसता. परमळाच्या मार्गाचो वेध घेत ती आपली नदर कळयेमेरेन व्हरता आनी एक व्हड सुस्कार सोडटा.

ह्या संवसारांत कश्टांनी... रगत हूम आटोवन बांदून काडिल्लें उरना, रोयिल्लीं झाडां वयर सरनात. पूण तें मोगरेचें रोप पावसान किल्लता. जीवसाण आसासर आपल्या कळयांवरवीं हांसून संवसार परमळीत करपाचो यल करता.

पावसांत हें मळ पळयता आसतना तिका सदांच आपले सोंपिल्ले जिणेची याद जाता. नवी व्हंकल आसतना ती ह्या घरांत आयिल्ली. आंगार पाचवो शालू, हाताक पाचवो चुडो आनी माथ्याक मोगरेची हळी. अजून तो प्रसंग याद जाता. हुंबरावयलें माप उमथून तिणे घरांत पयलें पावल दवरलें तेन्ना तिगेले मांयन तिचें कपल कुकमान भरलें. आपल्या हातान साखरेची चिमटी तिच्या तोंडांत घाली. मोगरेची एक हळी तिच्या हातांत दिवन म्हळें, “ही माळून घे. तुजें जिवीत सदांत भरिल्लें, गोड आनी परमळीत उरतलें.”

लग्ना उपरांत पयलेक खेपे घोवागेर येतले व्हंकलेच्या दोळयांत उदकाचीं मोतयां आसतात. तीं झडयत ती येता. मांयलो आशिर्वाद तिच्या काळजाक आफडून गेलो आनी घळघळीत चार दुकां गळ्ळीं.

आज जिणेची सांजवेळ... एकोडी सांजवेळ ती ह्या घराचे पडवेर बसून सारता. अंदू पावस इल्लो लांबलो. फाटले वटच्यान पाखेतीवयल्यान गळून मातयेची वणत कोसळ्ळी. असल्या पावसांत ती सारकी करूंक कोण येतलो?... तिचेकडेन पयशाचें बळ ना आनी ह्या संवसारांत तिचो असो कोण ना, जाका आपलो म्हणचो. जाच्या नांवान कुकमाचो तिळो लायिल्लो तो आंगावयली हळद पुसचेआदींच फटयिल्लेभाशेन संवसार सोडून गेल्लो. कुळारच्यान आपोवणें येतालें; पूण माप उमथून भरिल्ल्या कपलान घरांत आयिल्ली आपलें धवें कपल घेवन ती परत खंयच वचूंक सोदिनासली.

सांजवेळ जाली म्हणटकच ती पडवेर येवन बसता. एक साक जमनीर पातळायता. फाट वणटीक तेंकयता आनी मुखावयल्या शेकान शेक मळाचेर नदर थिरावन जिविताच्या सुख-दुःखाचो रवंथ करता. सुखां पावसांतल्या वतासारकीं खिणांत हांसून कुपांआड गेलीं. दुःखां आषाढांतल्या पावसासारकीं अखंड झडत रावलीं. पूण एकेके यादीफाटल्यान जिणेचो एकेक वांटो लिपून बसला. करपल्ल्यो उमेदी, भंगिल्लीं सपनां, सगळीं त्या उगडासांनी भरिल्लीं उरल्यांत.

विशाल मळाचेर गांवचीं सुणीं येवन झगडटात. कावळे आनी सवणीं मेकळो संचार करतात. वाड्यावयले भुरगे थंयच खेळूंक येतात... हें सगळें देखता ती... निर्विकार मनान पळयता.

पूण जेन्ना चातुर्मास सोंपता आनी वर्सा सणाची चवथ लागीं पावता, तेन्ना पयस झिलांनी फुलिल्ल्या मोगरेच्या कळयांचो परमळ तिच्या नाकांत पावता आनी ती खुबळटा. आपणाक तो परमळ चाळयता अशें तिका दिसता. नाकार बशिल्लो मूस आमुडचो तशी

ती वाऱ्यान हाडिल्लो परमळ फाफुडपाचो यत्न करता. पूण मस्त्या मुसासारखोच तो परमळ तिका पुराय घेरून उडयता.

आज मात तिच्यान रावं नज जालें. आंगार अवसर आयिल्लेवरी ती कुदूंक लागली. धनुष्यांतल्यान सुटिल्ल्या बाणावरी ती तरतरीत धांवंक लागली... त्या उजाड मळावयल्यान. अजून मळाचेर झाडां-झिलां आसात. कांट्याचीं झोपां आसात. पूण तिका तीं दिसनात. ती धांवता. धांवत वता आनी किंवाट्यान तें मोगरेचें रोप हुमटावन उडयता!

रोपाचे कुशीक कातकुतलेचें एक झाड आशिल्लें जावये. तिच्या दोनय हातांचेर दादड उदेवन ते खरजूंक लागतात. तिका ताची पर्वा ना... हुमटायिल्लें झाड तिणें पांयांनी चिड्डिल्लें आनी आपले दांत किड्डून झुजामळावयल्या विराच्या पवित्र्यान ती आपले पडवेकडेन परतली!

परततना पावलां जड जाल्लीं... हातावयल्या दादडांची जाणविकाय जाल्ली. पांयांक रोमिल्ल्या कांट्यांच्यो कळो कसकसूंक लागल्यो. अवसान गळिल्ले अवस्थेंत बेबद्यावरी लकत-लकत ती परत घरांत आयली. हुंबराकडेन पावनाफुडें तिणे कांचवेवन थंयच बसकण मारली.

*

देवतेचें मळ

देवतेचें मळ म्हळयार एक लांब रूंद उकतो जागो.

ताका देवतेचें मळ कित्याक म्हणटात हें मनोहराक खबर ना. कोणाकच ताणे विचारलेंय ना. पूण ताणे आयकल्लें, एका काळार त्या मळाचे एके कुशीक देवतेचें देऊळ आसलें. फाटले वाटेन चिखलाचें एक तळें आसा. ती मुळांत देवळाची तळी. आयज तो चिखलाचो फोंड आनी उकतें मळ सोडलें जाल्यार त्या मळाचेर खंयच देवळाची खूण उरूंक ना! नांव तितलें उरलां- देवतेचें मळ.

ह्या मळाकडेन मनोहरालें सगळें भुरगेपण आनी जुवानपण घुस्पल्लें उरलां. हें मळ म्हळयार गांवांत येतल्याक आनी गांवच्यान वतल्याक एक लागींची आडवाट. रात दीस लोक ते आडवाटेन वचत राविल्ल्यान नागमोडी वळणाची ती पायवाट खळयेसारकी खोल जाल्या आनी पावसांत लेगीत थंय तण किल्लना.

जाणट्या भुरग्यांचो तो फुटबॉल खेळपाचो वा क्रिकेट, ग्रावंड. ताका उगडास आसा, पोरण्या मेयांत तण भरून केल्ल्या पेल्लांनी तो त्याच मळाचेर खेळटालो. उपरांत गांवचे टिमींतलो तो फुटबॉलाचो खेळगडो जाल्लो.

मदीं उकतें मळ. मळबाचे घुमटेतळा वतान तापता, पावसान भिजता, शिंयान आंखडेता. काळखे रातीं काळी गोजडी पांगरून तें न्हिदता. चान्र्याचे रातीं धवो फुल्ल चादर आंगार घेवन तें जागरणां करता.

घरच्यान बाजारांत बस धरून वता आसतना मळावयले नागमोडी पायवाटेन सकाळच्या

वेळार कितलेशेच खेपे तो धांवत गेला आनी केन्ना केन्नाय ताका धांवत येतना पयसुल्ल्यान पळोवन ड्रायव्हरान सुरू केल्ली बस थांबयल्या.

एक दीस विपरीत घडलें. सकाळच्या वेळार भायर सरून धांवत मळाचे धडेर यो जाल्यार कोणे तरी मळाभोंवतणी वंय घाल्या. कांट्यांचे सरयेची वंय. कुशीच्यान वतना पुराय मळाक प्रदक्षणा घालची पडली. त्या दिसा पयलेच खेपे मनोहराक बस चुकली.

अचकीत वंय कशी आयली? आपले पन्नास वर्सांचे पिरायेंत ताणे सदांच हें मळ उकतें पळयलां. देवतेचें मळ सगल्यांखातीर रात दीस उकतें आसतालें. दीसभर खेळटल्या भुरग्यांनी नाचतलें हें मळ. तिळसांजच्यो सांवळयो लांब जातकच कुशीक उबे आशिल्ल्या झाडाच्या मुळांनी पातळिल्ल्या अंधूक काळखांत बशिल्ल्या मोगी जोडयांचें फुतफुतप आयकून लजेन शिरशिरतालें... थंय चिंचेच्या झाडापोंदा भुतां नाचतालीं... ती याद लेगीत चिंचेबोटावरी आंबट!

...आतां वंय आयली. लोकाची वाट बंद जाली. हें धाडस कोणे केलें? देवतेच्या मळाचेर कोणे आगळीक केली?

दुसरे बसीची वाट पळयतना मनोहराक हो प्रस्न पडिल्लो. सांजेच्या वेळार घरा परततना ताणे मळावयली पायवाट सोडून मुख्य रस्तोच धरलो.

रातीकडेन ताणे घरांत वासपूस केली. बायलेक सांगलें, तें मळ कोणे तरी विकतें घेतलां आनी थंय व्हडली बिल्डींग येवपाची आसा.

मनोहर मनांतल्या मनांत खंती जाल्लो... तें मळ ताचें न्हय. कोणाचें तें तो नकळ. ताका देवतेचें मळ कित्याक म्हणटात तेंय ताका सारकें खबर ना. तरी देवतेच्या मळाचेर बिल्डींग येवप ही कल्पनाच ताका विचित्र दिसली... अन्यायाची दिसली... न्हय, तें पातकच अशें ताचें मन ताका सांगूंक लागलें.

दुसऱ्या दिसा आयतार. मनोहरान मुजरत मळाकडेन वचून पळयलें. थंय भुरगीं नात, आसात त्यो राशी. चिऱ्यांच्यो आनी विटांच्यो, खडयेच्यो आनी रेंवेच्यो. खूबशे मजूर काम करतात. एक बिल्डींग उबी जाता.

कित्याक कोण जाणा, आपलें एक दायज कोणे तरी लुटलें अशी भावना मनोहराच्या मनांत घर करून रावली. बिल्डिंगेचे वणटीचो एक एक चिरो, सिमेंट काँक्रिटाचो एक एक खांबो वयर सरता तसो मनोहराच्या मनावयलो भार वाडत उरलो.

रातीकडेन ताका सपनां लेगीत त्या मळाचींच पडटालीं. सपनां तरी कसलीं-कसलीं! केन्ना गांवचे सगळे भुरगे देवतेमुखार उबे रावन गाराणे घालतात आनी तांचे मदीं मनोहर आसा...! केन्ना देवता ताच्या सपनांत येवन दोळे मोठ्ठे करून ताका दटायता, हें कितें चल्लां अशें ताका विचरता. मनोहराक उतर फुटना... आनी तो कांचवेवन जागो जाता.

ताका दिसता, कोणाक तरी आपली खंत सांगची. पूण सांगतलो कोणाक? गांवच्या कांय लोकांक उमेद आसा, गांवांत स माळयाची बिल्डींग जातली म्हणपाची. भुरग्यांनी खंय खेळचें? हो तागेलो प्रस्न कोणच आयकना.

कोणय जाणटेलो मेळ्ळो म्हणटकच मनोहर देवतेच्या मळाचोच प्रस्न काडटा. एकाद्रो म्हणटा- "उजाड मळ तें. देवतेच्या नांवाक लागून कोण घेना आसलो. देखून पडंग उरिल्लें. आतां थंय व्हडली बिल्डींग जाता. ते शिळेची अहिल्या जातली. ती उध्दारतली."

ती जाप मनोहराचे बुद्धीक खरी दिसता; पूण काळीज खरी मानूंक कबूल जायना. तो दुसरी जाप सोदता. ती दीत असो मनीस सोदता.

आनी तसो मनीस ताका मेळटा.

"जाणटेले पिशे अशें तूं समजूं नाका." तो मनोहराक सांगता, "ओगीच त्या मळाक देवतेचें मळ म्हणिनात. थंय कितें करचें आनी कितें करचें न्हय हाचे विधिनिशेध आसले. आतां लोक देव मानिनात मागीर ताचो भंय कोणाक आसतलो...! हांव सांगतां तें मतींत धर. देवतेक कोप आयलो जाल्यार कितें जातलें तें पळयतलो तूं!"

मनोहराक दिसता, आपल्या सपनांत येवन देवतेन आपणाक दटायिल्लो तशी ती बिल्डिंगेच्या मालकाक दटायतली... कितेंय तरी नकलामी जातली!

सद्दां सकाळीं कसले तरी अपेक्षेन तो उठ्ठा. पूण कांय घडना. आयताराचो तो मळाकडेन पासय मारता. बिल्डींग वयर सरता. काम करतल्यांच्या आवाजान मळ गाजता. ती पांयवाट आतां लिपून गेल्या. आनी भोंवतणच्या वातावरणांत आतां ती बिल्डींगय भरसून गेल्या.

भुरगेपणांतली एक याद त्या मळाकडेन जोडिल्ली आसा. मोगाची एक कंवळी आंकरी फुटचे आदींच गळून पडिल्ली. ती कथा ह्या मळाभोंवतणी उबें आशिल्ल्या झाडांनी पळयल्या. चिंचेच्या झाडापोंदा रातीचीं भुतां आसतात अशें भुरगेपणात तो मानतालो. पूण पिराय वाडली तसो भुतांचो भंय दिसना जालो आनी जेन्ना आपल्या पयल्या मोगाक ताणें आमोरेच्या वेळार चिंचेच्या झाडा मुळांत आपयलें, तेन्ना मुग्ध किशोरीन भुताची खबर काडली.

"पिशें मगो तूं!" मनोहरान म्हणिल्लें, 'भुतां, भुतां म्हणटात तीं आमचे सारकी जोडी. भुरग्यांनी थंय येवचें न्हय म्हणून तांकां घाल्लो तो धाक."

त्या दिसा तें आयलें तितलेंच. त्या उपरांत केन्नाच आयलें ना. मळावयल्यान येतना वतना चिंचेच्या झाडाचेर नदर वता तेन्ना मनोहराल्या काळजाचो एक ठोको चुकता...

... तें घडपाचेंच नासलें... देवतेक तें मान्य नासलें. आनी ही बिल्डींग घडये देवतेक मान्य आसुये... विचाराची ल्हव फूंक काळजाच्या हुलपाचेर पडटा... तितलेंच समादान.

*

जोडें

जोडपें सामकें विजोड आसलें. हुंदरांनी केंस खावन खापां पडचीं तशें ताचें माथें. मदीं खंयय खुंटे कशे केसांचे पुंजके. उजव्या कानसुलाकडच्यान खाडकेमेरेन व्हडली काळी माव. आनी दावो दोळो कपलाक भितर सरिल्ल्यान ताचो तोंडावळो भयांकृत दिसतालो. ताची लांबाय चारेक फूट आसतली. पूण तिचेमुखार तो सामको मोटवो दिसता.

ताचे उरफाटी ती. तिचें भुरगेपण तोंडारच दिसतालें. रसरशीत कांत, सांवळो रंग, शिडशिडीत नाक आनी तेजिश्ट दोळे पळयतल्याचे नदरेंत भरताले. लांबायेन ती सवाय

पांच फुटांपरस उणें आसचिना. मानेर सोडिल्ले मेकळे केंस अर्द फाट लिपयताले. गळयाक कसलीच वस्त ना. एक सादें मंगळसूत्र तितलेंच. सादी धवी साडी, जिका रुंद निळी देग. खंयचेय संमेलनांतली स्वयंसेविका सोबची असो तिचो भेस. कपलाच्या मानान बारीक तिळो. उजव्या हाताक घडयाळ आनी दावो हात उकतो. तिच्यांत कितें तरी वेगळेपण आसलें. रुपांत नाजूकसाण, आंगलोट कोरीव आनी तोंडार हांसो.

तिची पिराय विसांपरस चड नासुये अशें पळयतल्याक दिसतालें. पूण घोवाची बायल म्हणटकच पंचविसांमेरेन आसूं येता. पूण ताची पिराय सांगप कठीण. पन्नासांपरस उणें आसचिना.

दोगांय हॉलांत भितर सरलीं आनी दारांत उबें आशिल्लें एक भुरगें ताका पळोवन किळचून आपले आवय सरीं धांवन गेलें. दुसरीं भुरगीं किळचलीं नात. पूण तीं भियेलीं. हांव कुशीक उबो आसलों. लग्न सोंपनाफुडें त्याच म्हुर्तावयल्या दुसऱ्या माटवांत सोपेपणान वचूंक मेळचें म्हणून हांव त्या भरिल्ल्या हॉलांत दाराकडेनच उबो राविल्लों.

तिका हांवें उपरान्त पळयली. आदीं नदर ताणेंच ओडून घेतली. तागेली ती विद्रूप काया पळोवन म्हाका लेगीत विचित्र दिसलें. ताच्या सांगातान ती उबी आसली देखून तिचेर लक्ष गेलें.

निमाणे रांगेंत बशिल्ल्या एका दादल्यान दाक्षिण्य दाखोवचेखातीर उठून तिका कदेल दिवंक केलें; पूण हांसूनच तिणे ताका नाका म्हळें आनी दोन रांगांमदीं आशिल्ले मेकळे सुवातेर हेर लोकांभरशीं तीय उबी रावली. कुशीक तो.

वयर स्टेजीचेर मंगलाष्टकां सुरू जाल्लीं. चडशा लोकांच्यो नदरो ते वाटेन थिराविल्ल्यो; पूण हांव मात लग्नाक आयलां म्हणपाचें विसरून त्या विजोड जोडप्याक पळयत रावलों. ती ताका हांसून कितेंतरी सांगताली आनी तो निखटो तकली हालयतालो.

न्हवऱ्यान आनी व्हंकलेन एकामेकांच्या गळयांत माळो घाल्यो आनी तीं दोगांय लोकांचे आशिर्वाद घेवंक स्टेजीवयल्यान सकयल देंवलीं. त्या जोडप्यासरीं पावलीं तेन्ना तिणें व्हंकलेक हटकिली पूण अक्षतांचो पावस आंगार झेलतले व्हंकलेन तकली वयर करिनासतनाच हांसून फुडें पावल उखल्लें. न्हवरो-व्हंकल म्हजे फुडल्यान गेलीं आनी म्हज्या हातांतल्यो अक्षता तश्योच उरल्यो. म्हजी नदर अजून ताचेर थिराविल्ली.

"कोण तो?" शेजरा उबो आशिल्ल्या एका दादल्याक हांवें विचारलें.

"कोणाविशीं विचारता तूं?" ताणें इतल्या मोठ्यान परतो प्रस्न केलो की भोंवतणचो सगळो लोक आमचेकडेन पळोवंक लागलो. ताची नदर लेगीत आमचे वाटेन घुंवली आनी ल्हवूच "कांय ना." म्हणून हांवें मान सकयल घाली.

एक चली ताटांत साखर घालून आमंत्रितांचें तोंड गोड करूंक गर्दैतल्यान वाट काडीत येताली. ती ताचेसरीं पावली आनी आकांतिल्ल्यान आसुये, घडये नदर चुकून ताका आपटल्ल्यान आसुये, तिच्या हातांतलें साखरेचें ताट सकयल पडलें.

मुळांतच गर्दी. लग्ना हॉलांतलो कुलकुलाट. तरीकय जमनीर पडिल्ल्या ताटाचो खणखणाट गाजलो. काचाबूल जावन ती चली परत गेली. कोणे तरी ती रकिल्ली साखर भरपाक आरंभ केलो आनी त्या बोवाळांत तें विजोड जोडपें गर्दैतल्यान वाट काडीत न्हवऱ्या-व्हंकेलक परबीं दिवंक स्टेजीचे दिकेन गेलें.

म्हजे पांय जड जाल्ले. तें जोडपें कोण हें समजून घेवपाची उमळशीक मनाक लागिल्ली. पूण दुसऱ्या लग्नाक पावपाची ताकीद आसली. परत एक खेपे स्टेजीकडेन जमिल्ले गर्देंत तें जोडें दिसता काय म्हणून पळोवपाचो यत्न केलो आनी हांव हॉलांतल्यान भायर सरलों.

म्हज्या सांगातान आनीक एक दादलो हॉलाचीं सोपणां देंवतालो. म्हाका पळोवन तोंडार हांसो हाडून ताणे म्हळें, "म्हाका दुसऱ्या लग्नाक वचूंक जाय. एकाच म्हूर्तार सगळीं लग्नां! एक मनीस खंय म्हणून वतलो?"

हांवें वासपूस केली. हांव वतालों त्याच लग्नाक तोय वतालो. हांवें ताका म्हजे मोटारींत घेतलो.

तो उपचार म्हणून आसत वा ताची संवंय म्हणून आसत, लग्नाच्यो खबरी सांगतालो आनी हांव अजून त्या विजोड जोडप्याचो विचार करतालों.

मदींच ताणे म्हळें, "आपूण थारायतलों म्हळ्यार कांय जायना. वेळ येतकच लग्नां जुळून येतात."

म्हजी जाप मेळना अशें पळोवन ताणे म्हाका विचारलें, "तूं कितें येवजिता?"

"कांय ना." हांवें जाप दिली, "म्हज्या दोळयांमुखार त्या हॉलांत निमाण्या वेळार भितर सरिल्लें जोडपें आसलें. ती कितली सुंदर आनी तो कितलो कुरूप अशें हांव येवजितालों."

"प्रेम तांचें, प्रेम!" हांसून ताणे म्हळें, "प्रेम खंय कुड्डें आसता, देखून ती ताचेकडेन लग्नाक कबूल जाली."

"तूं वळखता तांकां?" हांवें विचारलें.

"हय व्हय. वळखतां काय म्हणून कितें विचारता? सगळें म्हज्या दोळयांमुखारच घडलां. तो असो नासलो. मोटवो खरो, पूण स्मार्ट दिसतालो. हुशार भुरगो. इंजिनियर तो. कॉलेजांत तांचें प्रेम जुळळें आनी दोगांय एकामेकांक लग्नाचें उतर दिवन बसलीं. ते उपरान्त ताका अपघात जालो. तागेले फॅक्टरींतलो बॉयलर फुटून तो हुलपलो. मरता काय वांचता अशे अवस्थेंत स म्हयने हॉस्पिटलांत उरलो. बरो जावन येतकच असो विद्रूप जालो."

"अपघात जालो तेन्ना लग्न जावंक नाशिल्लें न्हय?'

"अपघाताक कितलींशींच वर्सां जालीं." ताणे सांगलें, "आनी तांचें लग्न हालीं दोन म्हयन्या आदीं जालां. तो कबूल नासलो. ताणे तिका दुसरेकडेन लग्न जा अशें सुचयिल्लें. पूण तीच आयकली ना."

तागेलें उलोवणें आयकून म्हाका तिची लक्तुबाय दिसली.

"असल्योय चलयो आसतात तर!" हांवें म्हळें.

"सगळयांक तेंच अजाप. खरें सांगतां तुका, एका बऱ्या घरच्या भुरग्यान तिका मागणी घाल्ली. पूण ती कबूल जाली ना. आवय-बापायन समजायली. म्हळें, मोग आसप वेगळें आनी जल्माचो संवसार चलोवप वेगळें. तेन्ना तिणे कितें जाप दिली जाणा तूं?"

उलयतां उलयतां प्रस्न विचारून तो ओगी रावलो. हांव गाडी चलयतालों देखून ताच्या तोंडावयले भाव निरखूंक मेळनासले. पूण तो ओगी रावलो आनी हांवें गाडी उबी केली. ताका विचारलें, "कितें सांगलें तिणे?"

"ताच्या वांट्याचो म्हाका अपघात जाल्लो जाल्यार तुमी ताका अशेंच सांगतलीं

आसलीं? इतलेंच तिणे आपल्या आवय-बापायक विचारलें.''

गाडी हॉलाकडेन पावसर तो आनीक कितें-कितें सांगतालो. पूण कानार पडूनय म्हाका तें आयकूंक येना आसलें.

हॉलासरीं पावले तसो मातसो दुबाव उक्तावन हांवें ताका विचारलें, ''इतली बारीक खबर तुका कशी कळ्ळी?''

गाडी थांबसर तो ओगी रावलो. गाडी थांबना फुडें उडी मारून तो देंवलो. म्हाका दिसलें, तो म्हज्या प्रस्नाक जाप दिवचो ना.

गाडयेची अर्दी प्रदक्षिणा घालून थंडसाणेन तो म्हजेसरीं आयलो आनी ल्हवू आवाजांत म्हळें, ''तुका फट दिसलें...? ती चली म्हजी धूव!''

अजापान हांवें ताच्या तोंडाकडेन पळयलें. पूण नदरेक नदर दिना आसतना तो हॉलांत गेलो.

परत तो मेळ्ळो जाल्यार ताका तोंड दिवपाचें धाडस म्हज्यान जावचें ना अशें येवजून हांव परत गाडयेंत बसलों आनी परतलों.

*

फूल

पारजताच्या झाडापोंदा धव्या फुलांची रास पडिल्ली. तांचे केसरी देंठ नदरेंत भरताले. पुराय वाठाराचेर सोबीत रांगोळी घालून मदीं मदीं कुकमाचे तिळे लायिल्लेवरी. तो देखाव गीता पळयता.

पयली बस धरपाची तिका ताकीत आसली. तरी तो देखाव पळोवंक ती खीणभर थांबली. ओगीच मनांत विचार आयलो, दंवान भिजिल्लीं तीं टवटवीत फुलां अचळय पुंजावन एक फांती गुंथली जाल्यार माळूंक मेळटली आसली. विचारासरशीं केंसांचेर हात गेलो आनी फाटी वयली केंसांची विणी तिणें भुजांवयल्यान फुडें ओडून घेतली.

मनगटाचे घडयाळींत पळयलें. स जावंक पांचच मिनटां आसात. स ची बस तिका धरूंक जाय. ती बस चुकली जाल्यार त्या आड गांवांत दनपार मेरेन दुसरी बस ना. तरीकय ताकतिकेन एक फूल उखलून ती धांवली आनी बस स्टॉपाचेर येवन उबी रावली.

सकाळचे बसीन वचपी संवकळीचीं मनशां. पूण आयज स्टॉपाचेर कोणच ना. बसीचोय नेम नासता. एकाद्र्या दिसा स जावचे आदींच बस सुटिल्ली आसता. एक मोटर सायकलवालो बस स्टॉपाकडेन पावतकच स्लो जालो. तो आतां आपणाक आपयतलो हे कल्पनेनच गीतान नदर दुसरे वटेन घुंवडायली. मोटर सायकल थांबली ना. पूण तिका जागोवंक ताणे दोन खेपे हॉर्न वाजयलो आनी मागीर एकदम वेग वाडोवन तो गेलो. धुंवराचो एक लोट सकाळच्या ओल्या वातावरणांत तरंगत तरंगत गीताच्या नाकामेरेन आयलो.

लेंसान तिणे नाक धरलें. मागीर दुसऱ्या हातांतलें पारजताचें फूल तोखेत तोखेत हुंगलें. मंद परमळाची एक संवेदना काळजाक आनी मनाक सुखावन गेली. त्या गंधान तिच्या

मनांत तरंग उदेले.

फुडल्या म्हयन्यांत तिका तीस वर्सां पूर्ण जातलीं. भुरगेपणांत वाडदीस उमेदीन मनयताली. आतां वाडदिसाचें नांव घेनाफुडें मन कांचवेता. सुकिल्ल्या रूखावयलीं पानां पिकून गळचीं तश्यो जिणेतल्यो उमेदी सोंपत्या वर्सां सांगातान गळत रावल्यात.

वळखीच्यो सगल्यो चलयो आपल्या संवसारांत रमूंक लागल्यात. फाटल्या म्हयन्यांत शेजारची वाडिल्ली चली लेगीत उजवली. वेळ येवचो पडटा म्हणटात तें फट न्हय. ना जाल्यार ते चलयेखातीर इतलीं वर्सां सोयरिको सोदीत तिगेल्या भावान जोतीं झरयलीं. नकाराची घांट आयकून आयकून तिच्या मनाक खिणां पडिल्लीं. हालीं हालीं ती म्हणटालीः आजी जावपाची ही पिराय. आतां लग्नाचो विचार हांवें काडूनच उडयला.

तिगेलीं तीं खंतीचीं उतरां आयकून गीताच्या काळजाक बिळां पडिल्लीं. आपलें कितें जातलें कोण जाणा! असो विचार काळया कुपांवरी तोंडावयलो हांसो बावोवन गेल्लो.

गिताक तिचो उगडास जाता. ती फाटल्या म्हयन्यांत लग्न जावन घोवागेर गेली तेन्ना गीताले आवयन म्हणिल्लें, "ब्रह्मदेवान मारिल्ल्यो गांठी ह्यो! वेळ येतकच घोव दारार मारता."

एका अनवळखी मनशान आपल्या दाराचेर मारलां आनी आपणें ताका दार काडलें असो प्रसंग कल्पनेनच गीतात येवजिलो. ती लजेली, हांसली, मान सकयल गेली.

बस आयली. आजय स्टॉपाचेर गीता एकलीच. चडली. अर्द बस रिती.. अशें चडशें घडना. पूण जनेलाकडचो एकूय सीट रितो ना. एका तरणाट्याचे कुशीक आंग चोरून ती बसली.

मुखावयल्या सिटाचेर एक जोडपें बसलां. घोव-बायल आसूंक जाय. ताणे आपल्या माथ्याची तोपी तिचे मांडयेर दवरल्या आनी जनेलाकडल्या हारशार तकली थिरावन तो झेमेता. बस वळणार आयली आनी गीता लकून शेजरा बशिल्ल्या दादल्याच्या आंगार पडली. बेगिबेगीन तिणे आपणाक सांवरून घेतलें आनी लजेन तांबडें जाल्लें तोंड लिपयत ताका म्हळें, "सॉरी."

तो कांयच उलयलो ना. गीतान परत आंग चोरून घेतलें आनी भायले वाटेन धांवतल्या वाठाराचेर नदर थिरावपाचो यत्न केलो.

अजून हातांत पारजताचें फूल आसा. मूठ केन्ना आंवुळळी हें तिका कळळेंच ना. खीणभर त्या बावक्या फुलाकडेन पळोवन उकत्या जनेलांतल्यान तिणे तें भायर शेंवटिलें.

...जनेलाकडेन व्हेल्लो हात फाटीं घेतना ताचे खाडकेक लागलो. आनी वाऱ्याच्या झोतासरशीं फूल परत येवन त्या दादल्याच्या आंगार पडलें.

ताणे तें हातांत घेतलें तशें गीताचें काळीज धडधडलें. तो बाबडो कांय उलयलो ना. पूण उतरांनी उक्तावं नज अशी भावना तें फूल सांगता, असो एक विचार मनांत येवन ताचें आंग चंवरलें. वाऱ्यान फडफडटालो तो साडयेचो पदर ताच्या कानसुलांक आफुडयलो. गीतान पदर ओडून आंवुळपाचें थारायलें. पूण कित्याक कोण जाणा, ती ओगी बसून रावली.

"हें फूल..." त्या दादल्यान गीतामुखार फूल धरून म्हळें, "भायर उडोवं?"

गीता निखटी हांसली आनी मानेनच हय म्हळें.

“बावलें तरी परमळ वचूंक ना.” अशें म्हणून ताणे तें फूल हुंगलें.

गीतान मान सकयल घाली.

“फुलांचें अशें आसता.” ताणे म्हळें, “तीं झाडारच सोबतात. बावचे आदीं देवाच्या आंगार वा बायलेच्या माथ्यार पावलीं जाल्यार नशीब तांचें!”

तो रूपकांत उलयतालो? गीतान ताच्या तोंडाकडेन पळयलें. मंद हांसो तोंडार हाडून ताणे म्हळें, “म्हजी बायल सद्दां सकाळीं पारजताचीं फुलां पुंजायता आनी घरांत हाडून दवरता...”

उलयतां उलयतां नदरेक नदर भिडली. त्याच खिणाक बस थांबली. तागेलो स्टॉप आयिल्लो. ताकतिकेन तो देंवलो.

वतना तें पारजताचें बाविल्लें परमळीत फूल घेवन गेलो.

❃ ❃